
चित्रलेखा



बरोवपी

स. भगवतीचरण वर्मा

अणकारपी

प्रभाकर नाडकर्णी

चित्रलेखा





बरोवपी

(स.) भगवतीचरण वर्मा

अणकारपी

प्रभाकर नाडकर्णी



ISBN NO. : 81-88202-03-7



मित्र प्रकाशन, गोंय

चित्रलेखा

बरोवपी : (स) भौ. भगवतीचरण वर्मा


अणकारपी: प्रभाकर नाडकर्णी
ई-७, धवलगिरी पार्क हौ. सोसा.
कर्वे नगर, पुणे ४११ ०५२.

उजवाडावपी : मित्र प्रकाशन
किटोलें, बेतोडें, फोंडा
गोंय : ४०३४०९

प्रकाशन क्रमांक : १३

पयली उजवाडावणी : फेब्रुवारी २००२

अक्षर रचना
आनी छापपी : रॅशनल प्रिन्टर्स
२१६, नारायण पेठ,
न. चिं. केळकर मार्ग,
पुणे ४११ ०३०



मुद्रित शोधन : आनंद वर्टी

मोल : रु. १००/-

CHITRALEKHA

Author : (Late) Shri. Bhagawaticharan Varma
(Original Novel is in Hindi)

Translator : Prabhakar Nadkarni
E 7, Dhavalgiri Park, H. Soc.
Karve Nagar, Pune - 411 052

Publisher : Mitra Prakashan
Kitolem, Betodem, Phonda,
Goa - 403 409

Publication No. : 13

First Edition : February 2002

D.T.P. &
Printing : Rational Printers
216, Narayan Peth,
N. C. Kelkar Marg,
Pune - 411 030

Proof Reading : Anand Warty

Price : Rs. 100/-

म्हज्या मनांतले

विशय वळख : ह्या कादंबरीतल्यो घडणुको दोन परस्पर विरोधी विचारांच्या भोंवतणी फिरत आसतात. आनी ते म्हळ्यार - प्रवृत्तींतली निवृत्ती बरी काय निवृत्तींतली प्रवृत्ती बरी. हाची सादी विसकावणी करून सांगपाचे म्हळ्यार - ऐन उमेदीतल्या वयांत संवसाराचो अणभव नाशिल्लो एकादलो तरनाटो 'सर्वसंग परित्याग' करून संन्यासी जाता आनी जन जीवना पसून खूप पयस वचून तो एकटोच रावता ताका निवृत्ती म्हणयेत. अशा वैराग्य पत्करिल्ल्या अवस्तेंत ईश्वरालें ध्यान जप, तप, तशेंच योगसाधनेंत दीस रात घालोवपाचे आसता आनी धर्मगिन्यान मेळवंक वेद, उपनिशद आनी दर्शन शास्त्रांचो अभ्यासूय अपेक्षित आसता. अशा वेळार ताणे आपणाल्या मनांतल्यो सबावीक इत्सा, भावभावना जाणून-सवरून मारिल्ल्यो आसतात. त्या कारणान ताका सामान्य लोकांपरस वयल्या पावंड्यावेलो समजतात. जाल्यार कांय वेळा अशेंय घडटा - म्हळ्यार ताच्यो भावना, इत्सा, भावनिक गरजो हे सगळे वयल्यान धांपिल्लेशें दिसले तरी ते भितर मनकप्यांत लिपून राविल्ले आसतात. आनी एकादल्या सन्याशाले मन जर दुबळें आसत वा काळांतरान दुबळें जायत तर ताचे मन संवसाराकडेन ओड घेता. कारण दर एक मनशाक सैमान दिल्लें तें एक वरदान आसा. देखून बळयां दाबिल्ली भावना संद मेळटकीर एकादल्या ज्वालामुखीप्रमाण नेटान वयर सरता आनी थंयच तो संन्यासी वयल्या पावंड्यावेल्यान खाला निसरता. ताका कारण निवृत्तीतली प्रवृत्ती.

मनशाली सहज प्रवृत्ती म्हळ्यार जें जें ताका जाय ताची ओड आसप. ताची इत्सा, आवड, हावेस हे सदाच मनांत घर करून आसतात आनी जो तो आपापल्या बळग्यांप्रमाण तांका आपणावन घेत, इतलेच न्हय, शक्य आसा तो मेरेन तांका ताब्यांत दवरता. परंत तेच सगळें अती जालें वा हाताभायर गेले म्हणटकीर ताका उपरती जाता-म्हळ्यार ताका संवसाराचो वाज येता आनी ताच्यापसून तो पयस, आनीक पयस वचून रावंक पळयता. ''इदं न मम''. हे म्हजें न्हय, हांव हांचेबगर सुखान, आनंदान जगूंक शकता ही भावना बळावता, आनी उपरान्त तो आपणाली सगळी धनदौलत, पयसो आडको, जमीन जुमलो सगळें सगळें गरजवंताक वा समाजाक दान करता. ताकाच प्रवृत्तीतली निवृत्ती म्हणयेत.

कादंबरीची फाटभूंय : ह्या कादंबरीतल्या घडणुकीचो काळ जीसस पयली २५० साल अदेंमदेंचो. त्या वेळार भारताच्या सगळ्या उत्तर खंडांत वेगवेगळे धर्म, वंश, जातभेद हाणी भौसांत घुस्पागदळ घाल्लो. ल्हानसान राजे, सामंतगण आपापसांत झूज, लडाय करून धुमशेण घालताले. तांतूत भरीक भर म्हूण यवन आनी हूण लोकांल्यो घुरयो भारताचेर सतत पडटाल्यो. अशा परिस्थितींत सम्राट चंद्रगुप्तान उत्तर भारतांतल्या सगळ्या

ल्हानसान राजेलोकांक, सामंतजनांक जिखून पयले फावट दक्षिणेक नर्मदा न्हयमेरेन एकसंघ राज्याचो पायो घालो. तेन्नाच गौतमबुद्ध आपणाल्या नवीन अहिंसा मार्गावयल्या धर्म प्रचाराक भायर सरिल्लो. विंगड विंगड धर्मांतल्या तरेक तरेच्या तत्त्वांक धरून वचपी भौस, राजा राजामदलें वैर आनी त्या कारणान वयलेवयर घडपी झुजां हांतूत सामान्य लोकांलें जिणें भड्डून वतालें; ते सम्राट चंद्रगुप्ताल्या खर शिस्तीच्या राज्यकारभारान सभ्यतायेच्या मार्गार उदरगत पावंक लागले. साहित्य, कला, आनी तांतूतल्या चडाओडीक उदरगती येवपाक लागली. राजालो एकसूत्री राजकारभार, ताचो धर्मावयलो अथवा धर्माचो ताचेर आशिल्लो प्रभाव हांतूत बदल घडत आसूनूय भारतीय सभ्यताय जनमानसांत तळागाळामेरेन घट्ट मूळ धरून आशिल्ली. कादंबरीतल्या व्यक्तीलें विचार, वागणूक, नीति-अनीतिच्यो तशेंच पाप-पुण्यांविशयींच्यो कल्पना त्या त्या वेळेच्या धर्मकर्मावयल्या विस्वासार आनी जागेल्या तागेल्या व्यक्तिस्वातंत्र्याक धरूनूच आशिल्लें. इतलें आसुनूय त्या काळांत लेगीत समाज हो दादल्यालो दबाजो वा अधिकाराक पाळो दिवनूच म्हळ्यार 'पुरुष प्रधान' आसलो.

ही कादंबरी गोंयच्या सभ्यतायेक धरून ना. हांतूत प्रेमाचो त्रिकोण आसा. आनी एक धर्म-अधर्माची, भौतिक सूख-वितरागांची, मिथक आनी वास्तवाची, तशेंच मनशाले कर्तव्य आनी जिणेचे तत्त्वगिन्यान सांगपी फाटभूंय आशिल्ल्या, उत्तर भारतांतल्या दोन हजार वर्सापयलीच्या सभ्यतायेची कास धरून चलपी घटिचारांची सांखळी आसा. देखून आयजच्या वाचप्यांक तेन्नाच्या काळांत घेवन वचूंक वा पुर्विल्ल्या काळांत भोंवत आसतना रसभंग जांवक नजो म्हूण त्या वेळची कांय तत्सम (संस्कृत) उतरां जशींच्यो तश्यो दवरल्यात. तांची फोडणिशी हेर पानार दिल्यात. हे सगळे ध्यानांत दवरूनच ही कादंबरी वाचूंक घेतल्यार उपकारतले. तांतूतल्या घडणुकीचे वा विचारांचे आर्विल्ल्या काळा सांगातान सर करूंक नजो. ना जाल्यार ही कादंबरी वाचतनाची मजाच शेणून वतली. कादंबरीतली बुनियादी तत्त्वां अमर आसात. त्या वेळार घडलें म्हूण समजल्यार अजून तशेंच घडूंक पावता आनी भविष्यांतूय घडूंक शकता. फकत परिस्थिती बदलिल्ली आसतली. देखून कोंकणी वाचकांसामकार ताची वळख करून दिवपाखातीर केल्लो हो म्हजो कोंकणी साहित्यांतलो ल्हानसो वावर.

रीण निर्देश: ह्या कादंबरीचो अणकार करचो म्हूण खूब वर्सानी आस्त बाळगून आशिल्लो. म्हज्या जुवानींत - ऐन उमेदीच्या जिणेंत - दरेक घटिचारांत म्हजें अद्रुश्ट चौशीन निरंतर धुमशेण घालताले तेन्ना म्हजे मन ह्या संवसाराक वाज येवन वैराग्य घेंवचेकडेन ओड घेतालें. तशा दशेंतूय बऱ्या पुस्तकाचे वाचन हेच म्हज्या मनाक स्वस्थताय दितालें. त्या वेळार अचानक - म्हज्या बऱ्या नशिबान मूळ हिंदीतली ही कादंबरी म्हज्या वाचनांत आयली. आनी तिचेर चिंतन करतां करतां जिणेविशी योग्य मार्ग झळकून गेलो. उपरान्त म्हजे जिणें सगळेंच बदलून गेलें. देखून ह्या कादंबरीतले विचार म्हजे जिवाभावाचे. तांचे रीण म्हज्या जियेवपींत सदाच आस्पावन रावला.

'चित्रलेखा' कादंबरीचे मूळ बरोवपी सर्गेस्त भगवतीचरण वर्मा हांचे सुपुत्र भौ. विजयप्रतापसिंह हांणी कांयच मोबदलो घेनासतना मूळ हिंदीतली कादंबरी कोंकणीत अणकारित करूंक मान्यताय दिल्ल्यान ही सोबीत कादंबरी कोंकणी साहित्य रसिकांल्या हातांता दवरपाचे शक्य जालें. ते देखून तांचे उपकार पयली मानता.

म्हज्या बऱ्या नशीबान कोंकणीतलो नामनेचो साहित्यकार बाब अना म्हांबरो हाणी म्हज्या विनंतीक पाळो दिवन आदी अणकाराचो अर्दो भाग संस्कारित करून दिलो आणी म्हज्या लिखाणाविशी योग्य सुचोवणी केल्यो. तशें घडिल्ल्यान म्हाका उरिल्लो अर्दो भाग उत्तम तरेन बरोवंक सोपें जाले. उपरान्त तोय भाग बाब म्हांबरोन पुराय तरेन सुदारून दिलो. ते विशी तांचो हांव सदाच ऋणी.

छापणावळी पयलेचे 'प्रूफ रीडिंग (मुद्रितशोधन)' चो खुबूच कश्टाचो वावर हातांत घेवन म्हाका आपुलकायेन मजत केल्लेखातीर म्हजे इश्ट भौ. आनंद वर्टी हांगेले मनस्पूर्वक आभार मानता. तांचे उपकार अगणित.

रॅशनल प्रिंटर्स, पुणे, हाणी हे पुस्तक बरेतरेन अक्षर जुळोवणी आनी मुखपृश्ट 'लेमिनेशन' करून सोबीत रीतीन छापून दिलें. त्या खातीर ताचो मालक भौ. बाब दत्तात्रय गानू आनी तांचो पूत बाब सुनील ह्या दोगांयले म्हजेर भोव उपकार आसात.

प्रा. भालचंद्र गांवकार हाणी म्हाका हे पुस्तक बरोवन काडूंक धीर दिलो आनी तांच्या 'मित्र प्रकाशन' वरवी उजवाडाक हाडपाची जापसालदारकी घेतली. ताचेसावन हे पुस्तक म्हजेकडसून घडले. ताकालागून हांव तांचो सदाच आभारी रावला.

हिंदीतली एक नामनेची साहित्य रचना कोंकणीत अणकारित करतना जी खोशी म्हज्या मनांक भावली ती अप्रूप आसली. हांतूतलो विचारांचो उत्तम भाग आसा तो मूळ बरोवप्यालो. आनी अणकारित भाशेंत काय उणविकाय भासल्यार ती म्हजी. ही कांदबरी वाचून खोशी मेळल्यार ह्या वावरातूच सफळताय आस्पावन रावल्या अशें म्हळ्यार चूक जावची ना इतलेंच.

ह्या वावराक हात घाल्लेपसून तरेकवार संकश्टां येत रावली आनी निमाणे चार वर्सां उपरान्त हे पुस्तक बरेतरेन छापून उजवाडाक येवंक पावले ते देवादयेन. त्या दयावान परमेश्वराले उपकार अनंत.

ही कादंबरी कोंकणी वाचप्यांक आवडटली अशी आस्त बाळगितां.

दि. : १९ फेब्रुवारी २००२
(रथसप्तमी, शके १९२३)

प्रभाकर नाडकर्णी

तत्सम उतरां आनी कांय तत्त्वगिन्यानाविशी संबंदीत आयिल्ल्या उतरांची फोडणिशी

१. नर्तकी - फकत राजदरबारांत, सामंतांच्या, वा धनिकांच्या पंगडांत मान मरातब आशिल्ली आनी खासा सुवाळ्यावेळार नाच करतली अस्तुरी.

२. मदिरा - फळां, वनस्ती पसून तयार केल्ली, कमी धुंदी हाडपी मद्यसार. तांतूक कडक सोऱ्याचो भाग अगदी थोडोसोच आसता देकून बायलांबी ती पियेवपाक आपणायताली.

३. नगर - दोन हजार वरसांपयली त्या वेळच्या संस्कृती, सायास आनी वास्तुशिल्प शास्त्राप्रमाण बांदिल्लो लोकवस्तीचो एक ल्हानसो वाढार

४. महाल - आयसपयस इमारत - फकत, राजा, मंत्री, सामंत आनी धनिक लोकांनी स्वताले सोयीप्रमाण बांदिल्ली अशी लांब रुंद घरां - जांका प्रत्येक खाशेल्या प्रसंगाविशेश वेगवेगळ्यो कुडांआसताल्यो देखीक - सुवाळ्याच्या जेवणाखातीर वेगळी, नाचगाण्याखातीर रंगमहाल, सोयऱ्यांखातीलर स्वतंत्र कूड, भौसाल्या भेटीगांठी खातीर भायर व्हड वासरी, सेवेकार सवेकान्नी खातीर मुखेल घराभायर कूड वा पडवी अशें अनेक भाग.

५. पर्णकुटी - ताडमाडाच्या पानानी घरांचे पांखे बांदिल्ले ल्हानशें घर. वणट्यो मातीच्यो वा माती थापून केल्या तट्ट्यांच्यो आसताल्यो.

६. दर्भासन - एक तरेचे विशेश तण जाका हेर ताणांपरस चड मोवसाण आसता. ताचे एकठांय करून केल्ली बसकी, जाचेर पुर्विल्ले काळांत फकत सन्यासी वा बैरागी जेन्ना केन्ना ध्यान समाधी लावंक चवायसारके वापरताले.

७. सामंत - एकादले राजान आपणाल्या दरबारांत व्हडविकाय दिल्लो आनी ताच्या आज्ञेबरहुकूम वावुरपी सरदार.

८. आर्य - सगळ्यांत वयल्या पावंड्याचो, कुळीण, उदार मनाचो, बरो मनीस, भोवमानादीक म्हणू संबोदपी उतर.

९. नृत्य - शास्त्रोक्त नाच - अभिजन लोकांसामकार माचयेर वा रंगमंचार शास्त्रीय संगीत वा ताला सांगातीन दाखोवपी अभिनयांची कला.

१०. तात - (ताता, तातो, अपभ्रंभ उतरां) मूळ संस्कृत उतर 'त्राता' म्हळ्यार रक्षणकर्ता. जाणट्या दादल्याक आदरान उलो मारपाचे, मानाचे तशेंच मोगाचें उतर.

११. प्रणाम - नमस्कार, वंदन करप, पांया पडप



१२. ममत्व - स्वतावयलो अहंकार

१३. विकार - मनशांतलें स वायट भाव - काम, क्रोध, मद, मत्सर, लोभ, दभ.

१४. वैराग्य - निरिच्छताय, सन्यास

१५. त्रिगूण - सत्व, रज, तम हे तीन गूण

१६. उपासना - देवांक संतुश्ट करून घेवपी सात तरा - भक्ती, भजन, ध्यान, मनन, जप-तप, होम-हवन आनी सेवा

१७. सर्वसंग परित्याग } आपलें म्हणून कितें आसा त्या सगल्याचो त्याग - आवय-बापूय, घरदार, नावगांव, संवसार ह्या सगळ्यापासून सन्यास

१८. तत्त्वज्ञान - तत्त्वगिन्यान - खरी म्हायती, मूळ वस्तूची जाणविकाय, सृश्ट निर्मणीचे गिन्यान, आत्म्याविशींचे गिन्यान.

१९. ईश्वरीय भक्ती - णव तरेचे भक्ती मार्ग - श्रवण, स्मरण, कीर्तन, अर्चन, वंदन, दास्य, सख्य, सेवा आनी आत्मनिवेदन.

२०. मनीसपण - माणुसकी, कर्तव्याची जाणीव, सहानुभूतिचो गूण - देखीक- दया, माया, करुणा, क्षमा हे गूण.

२१. नीतिशास्त्र - संस्कारीत वर्तणुकेचे शास्त्र, न्यायान वागपाची रीत, धर्मान वावरपाची पद्धत, माणसुकी, सभ्यताय, संस्कृताय.

२२. दर्शनशास्त्र - तत्त्वगिन्यानाचे स विशय - सांख्य, योग, न्याय, वेदांत, वैशेशिक आनी मीमांसा.

★ सांख्य शास्त्र :- पुरुष म्हळ्यार देव आनी प्रकृती म्हळ्यार सृष्टी. आत्म्याक मरण ना. तो पोन्नी कूड सोडून नवी कूड घेता ह्या गिन्यानाचेर उबारिल्लें तत्त्वज्ञान.

★ योग शास्त्र :- योगाभ्यासाची आठ तरा - यम, नियम, आसन, प्राणायाम. प्रत्याहार, धारणा, ध्यान आनी समाधी हाचे ज्ञान.

★ न्याय शास्त्र :- तर्कशास्त्र, अनुमान करपी पद्धतीचे शास्त्र, भारतीय परंपरेचे तर्कशास्त्र

★ वेदांत शास्त्र :- ब्रह्मज्ञान, उपनिषदां आनी तांच्या उपशाखांचे ज्ञान.

★ वैशेशिक शास्त्र :- संवसार कणाकणापसून घडला हे कणाद ऋषीलें तत्त्वगिन्यान

★ मीमांसा शास्त्र :- यज्ञ करपाच्या तंत्राचे शास्त्र, वा यज्ञ शास्त्र- कर्मकांडाची बारीकसारीक भासाभास करपी शास्त्र.

सुरवात

श्वेतांकान विचाल्लें ''आनी पाप?''

म्हाप्रभु रत्नांबर जशे कितें गाड न्हिदेतल्यान अचकीत जागे जाले अशें अजाप पावले. ताणी श्वेतांकाक एक खेप नियाळलें, आनी म्हळें, ''पाप? खरोच कठीण प्रस्न आसा, श्वेतांक.''

''तशें सभावीक आसा म्हणा, पाप आसा तरी कितें, हे म्हाका समजून घेवपाक जाय.'' उपरान्त रत्नांबरान थोडो वेळ कलकलाटान भरिल्ल्या पाटलीपुत्र नगरीदिकान पळयलें.

- ऊंचंच ऊंच महालाच्यो घुमट्यो फांतोडेच्या तांबसार धुंवट उजवाडांत अजुनय दिसताल्यो. - ''हय, पापांची लक्षणां सोदून काडूंक फांटी हांवेय जाय ते फावट यत्न केल्लो; पूण सदाच असफळ रावलो. पाप कितें आसा आनी ते खंय आसता हे एक व्हड आनी कठीण अशें म्हाका कुवाडेंच रावलें. आयजमेरेन ताची जाप म्हाका सोदूनूय मेळ्ळी ना. सततचे एकसारखे कश्ट केल्ल्या उपरान्त अणभावाच्या दर्यांत बुचकळून लेगीत, ज्या प्रस्नाची जाप म्हाकाच मेळ्ळी ना थंय तुका कशें समजावूं?''

रत्नांबरानी मात्शे थांबून परथें म्हळें, ''पूण श्वेतांक, तुका जर पाप कितें हे समजून घेवपाचेंच आसा जाल्यार ते तुका संवसारांत रावूनच सोदचे पडटलें. तुजी तयारी आसल्यार, घडये पाप कितें तें थंयसरूच सोदल्यार एकाद्रे मेळूंक पावतलें.''

श्वेतांकान नमळायेन मान बागोवन आचार्य रत्नांबरांक नमस्कार केलो, ''व्हय गुरुदेव, म्हजी तयारी आसा.''

''आनी तुकाय पाप जाणून घेवपाक आवडटले न्हय?'' आचार्यान विशालदेवाकडेन नदर फिरयली.

विशालदेवान आचार्य रत्नांबराक नमळायेन प्रणाम करीत जाप दिली, ''म्हाप्रभुलो दुबाव बरोबर आसा.''

आचार्य रत्नांबरालें मुखामळ खोशियेन पर्जळ्ळें. ''तुमका दोगांकूय संवसारांत भोंवडी मारून अणभव घेवंक सोडचे पयली विंगड विंगड परिस्थितींत वावुरपाची जाणीव करून दिवप म्हाका चड योग्य दिसता. ह्या नगरांतल्या दोन नामनेल्या व्यक्तींली म्हाका वळख आसा. तुमचे अणभवाचें काम पुराय करूंक त्या दोगांलो पालव घेवप गरजेचे जाला. एक योगी आनी दुसरो भोगी. योगीले नांव कुमारगिरी आनी भोगीले नांव बीजगुप्त. तुमचे प्रत्येकालें जियेवप ह्या दोगांल्या व्हांवत्या जिणेगती सांगातान भरसून व्हरचें पडटलें.''

दोनूय शिश्यानीं एकाच वेळी जाप दिली, ''आमका मान्य आसा, गुरुदेव.''

''विशालदेव, तू ब्राह्मण आनी तुका ध्यानधारणा, आराधना हांची आवड आसा. ताकालगून तू कुमारगिरीलो शिश्य जाल्यार बरें जातलें'' रत्नांबरान सांगले.

''आनी श्वेतांक, तू क्षत्रिय. तुका संवसारांतले जिणें आवडटा; तेन्ना तू बीजगुप्तालो सेवेकार जावन रावल्यार उपकारतलें.''

दोनूय शिश्यांनी सागांतान जाप दिली, ''मान्य आसा, गुरुदेव.''

''तुमची दोगांची जिणेवाट आतां नित्शीत जाली. आता उल्लो हांव. तुमी म्हजेंविशी चिंतूपाचे ना. जिणेंत अणभवाची जितली गरज आसता तितलीच उपासनेची आसता. तुमी अणभव घेयात आनी हांव म्हज्या तपाचरणेक वतां. आयजपसून एक वर्सा उपरान्त तुमी दोगांय हांगाच म्हाका परथें येवन मुजरत मेळटले. आनी ते वेळार आमी सुरवेक थारायिल्लेवरी आस्त्रमांतलें जिणे मुखार घेवन वतलें'' आचार्यांनी मात्शें वोग्गी रावन दोगाकूंय मुखार उपदेश केलो, ''पूण एक याद दवरात, - शास्त्रांचो कितलोय अभ्यास करून लेगीत जे ज्ञान उमजूंक पावना ते अणभवान घेतले म्हणटकीर तुमी स्वता तांतूत व्हावन वचूंक नजो हे म्हत्वाचे ध्यानांत दवरात. संवसाराच्या वास्तवतेचे मजगतीत तुमी स्वताक उफेयत दवरपाचे शिकून घेवप सामके गरजेचे हे मतींत आसूंदी. नाजाल्यार खंयतरी बुडून वचश्यात.''

श्वेतांक आनी विशालदेवान एकमेकाकडेन पळेंलें.

आचार्य रत्नांबरान थोडो वेळ चिंतून परथें सांगले, ''जे भोंवतणेंत तुमी रावतले तांची आदीच वळख करून दितां. कुमारगिरी हो पूर्ण योगी. जायत्या वासनांचेर येस मेळयला अशें तो नित्शितायेन सांगता. संवसारांतल्यान तो पुराय विरक्त, जाल्यारूय ताणे आपणाल्या मतीप्रमाण सुखलेगीत उमजून घेतलां अशें तो म्हणपी. ताच्यांत तेज आसा, ताच्या कुडींत बळगें आसा, तशीच आत्मीक बळकटाय बी आसा. ताणे हांवकार पुराय जिखला अशी भौसाली समजूत. जुवानीत वैराग्याचें बळगें मेळून एक अजापाची, अनवळखी तांक ताच्यांत आयल्या. हो संवसार ताचो फकत साधन आनी सर्ग ही ताची मोख, विशालदेव योगी कुमारगिरी होच तुका लायक गुरु समज.''

''आनी श्वेतांक, बीजगुप्त हो खरो भोगी. ताच्या काळजांत सदाच जुवानपणाची उमेद आनी नदरेंत गुलाबी मस्ती उचांबळत आसतात. रंगमहालांत चड फुलतात ते भोगविलास. तांचे सगळे सुख रत्नान घडयिल्ल्या मदिरा पेल्यांतूनच सामाविल्ले आसता. श्रीमंती आनी मस्तीच्या ल्हारार तो खेळ खेळत आसता. ऐश्वर्याक ताचेलागीं कायंच उणे ना. सोबीतकायेचो तो पुतळो - सर्वांगसुंदर. ताच्या मनांत संवसारांतल्यो जायत्यो वान्सां घर करून आसात. ताच्या महालाच्या दरवट्यार हत्ती झुलतात; महालाभितर सदांकाळ मस्तीन

उपाट भरिल्ल्या सोबीत नर्तिकालें नाचगाणें चालूच आसता. मन रिजवप आनी खोशीची लूटमार हेच ताचे जियेवपाचे साधन, आनी मोखूय तीच. त्या सामंत बीजगुप्तालो सेवेकार म्हूण तुका रावचे पडटलें. श्वेतांक तुका ते शक्य जातले?''

''तुमची आज्ञा शिरसावंध म्हाप्रभू,'' श्वेतांकान म्हळें. जाल्यार तशें सांगतना ताच्या कल्पने भायरशें आशिल्ले ऐश्वर्याचे, श्रीमंतीचे अणभव घेवंक तो उतावळों जाल्लों.

''आनी विशालदेव तुजो कितें विचार आसा? तुका जप, तप, योगसाधना सोसतलें मूं?''

''म्हाप्रभूल्या आज्ञेक मनापसून पाळो दिता,'' विशालदेवान नमळायेन म्हळें.

जुवानपण आनी वैराग्याचे मिस्रणान तयार जाल्या बळग्याचें म्हत्व एक खेप तरी जाणून घेवंक तो केन्नाच तयार जाल्लो.

''आतां तशेंच घडूं दी'' आचार्य रत्नांबरान आशीर्वाद दिलो.

दुसऱ्या दिसा आस्रम रिकामो पडिल्लो. गुरुदेव पावलो साधनेच्या वाठासर आनी दोगांय शिश्य थाव नशिल्ल्या संवसारात.

❊❊❊

.. १ ..

उपाट भरून उचांबळपी मदिरेचो पेलो चित्रलेखाल्या ओठांक लायत बीजगुप्तान विचाल्लें, ''चित्रलेखा, जियेवपी सुख, सुख म्हणटात ते कित्यांत आसा?''

चित्रलेखाल्या झेमेल्ल्या नदरेंत निव्वळ मस्ती भरिल्ली आनी तिच्या गुलाबी पोल्यार खोशयेचो उमाळो. जुवानीच्या उमेदीन मस्ती खेळटाली. आनी एकमेकांल्या गोपांत वासना हांसताली. मदींच उमांवांचो पावस पडटालो. बीजगुप्ताल्या ओठार आपणालो ओंठ तेकयत तिणे मोन्यानीच मात्शो कानखबरी केल्यो. उपरान्त ती फुतफुतली,''मस्तींत''.

त्या वेळार रात्र अर्द सोंपिल्ली आसूंक जाय. बीजगुप्तालो महाल शेकड्यांनी दिव्यांच्या उजवाडान पर्जळून उठिल्लो. शेनायेचो मंद बिहाग राग आयूकंक येतालो. रंगमहालांत त्या शारांतल्या सगळ्यांत सुंदर नर्तिकेक गोपांत घेवन सामंत बीजगुप्त जुवानपणाच्या मस्तींत सामको दंग जाल्लो; जाल्यार भायर मिच्च काळखांत सगळें जग बुडिल्लें.

बीजगुप्त हांसलो, ''चित्रलेखा, म्हाका सांग जुवानीची अखेर कशी आसतली?'' चित्रलेखा हांसली, जाल्यार ते हांसप खिणभरच उल्लें. अचकीत तिच्या म्होव्या आनी उमेदीन भरिल्ल्या हांसपाचेर रोखडोच पिडेन रेवाडो घालो. तिची मुद्रा कश्टी जाली. घडये केन्नातरी ह्या प्रस्नाक जाप मेळवंक तिणेय चिंतन केल्ले आसूंक फाव, पूण प्रश्नच भोव आकांताचो आसलो. त्या विशयाचेर अदीक येवजुपाचें तिणे सोडून दिल्लें. तशावेळार तिची तकली घुवंक लागताली आनी ताचेर उतारो म्हूण ती मदिरा पेल्यांत त्या त्या वेळांपुरतें ते पिडेचे

विचार बुडयताली. आयज अवचित तोच प्रस्न आयकून तिका नवल दिसले. तिणे सांगलें, ''जिवंत मरण.''

''जितेपणी मरण!! न्ही, ते खरे न्हय. तन्नेपणाची अखेर एक नकळसो काळोख. आनी ताच्या भोवऱ्यांत कितें लिपून आसा हाचे कायच गिन्यान ना; आनी ते समजून घेवपाची म्हाका कसलीच इत्सा ना. भूत आनी भविश्य ह्यो दोनूय कल्पेनेच्यो गजाली. आमका तांचो कसलोच उपेग ना. जे वर्तमान आमचे सामकार आसा आनी ताचें...'', बीजगुप्त उलोवपाचो थांबलो आनी ताणे एक उस्वास सोडलो. घडये तो मुखाल्ली उतरां सांसपितालो.

''... आनी थंयच चैन, छानछोकपणाचे उमडप आसा. संवसारांतले सगळे सुख आसा. जवानीचे सार्थक, अगळ आसा.'' चित्रलेखान हांसत हांसत वाक्य पूर्ण केलें.

बीजगुप्तान चित्रलेखाक वेंगेत घट्ट आवळून घेत म्हळें, ''तूच तर म्हजी मस्ती.'' चित्रलेखान रोखडीच जाप दिली, ''आनी तू म्हजो तुतनायक!''

चित्रलेखा बाजारबसवी नाशिल्ली. ती फकत एक नर्तिका म्हूण जगताली. त्या वेळेंच्या पाटलीपुत्र नगरांतल्या अपरूपशा सुंदर नर्तिकेन केन्नाच शिंदळकी आपणायिल्ली नाशिल्ली. ही गजाल खास अजापाची खरी, जाल्यार ताकाय तशींच कारणां आशिल्ली आनी ती सगळी तिच्या पुर्विल्या जिणेकडेन बोट दाखयताली.

चित्रलेखा एक विधवा. बामणाघरची. तिचो घोव जेन्ना अचानक सर्गवासी जालो तेन्ना तिची पिराय निखटी अठरा वर्सांची आसली. विधवा जाल्ल्या उपरान्त संयम हो तिचो सदाचो नेम जालो. पूर्ण ती दशा चड दीस तिगली ना. एके दिसा तिच्या जिणेंत तरनाट्या कृष्णादित्यान रिगाव केलो. कृष्णादित्य हो क्षत्रिय आनी शूद्राल्या वर्ण संकरातल्यान जल्माक आयिल्लो. तो एक देखाणो दादलो आनी ताच्या गोमटायेत एक खर ओडलायणो गुण आसलो. ताकालागून चित्रलेखालो संयमाचो बांध फुटलो. सोबीत चित्रलेखालें दाबिल्लें तरनाटेपण फुलून आयलें. विरक्ततायेचे तेजिश्ट वलय उमेदीच्या उर्बेन पुराय पुसून उडयले. चित्रलेखाली जिणेची वाट बदलली. कृष्णादित्यान चित्रलेखाक सोपूत घेवंक लायले, ''आमी दोगांय जिवीं आसामेरेन एकमेका सांगातीन रावपाचे'', ताणे समजूत घाली, 'तशें केल्यारूच कोणीय आमकां वेगळे करूंक पावचे नात.'' कृष्णादित्याल्या सपूतार चित्रलेखान बाबडेपणान भरवंसो दवरलो. पूण त्या उपरान्त जे कितें तिच्या नशिबांत घडूंक जाय आसलें तेंच घडलें.

चित्रलेखाक गुरवाचार आयलो. आनी मोगागुपीत उकत्यार पडलें. तेन्ना कृष्णादित्याल्या बापायन पुताक घर सोडून वचूंक सांगले. चित्रलेखाल्या घरच्यानी लेगीत तिका घराभायर काडले. श्रीमंतीत वाडिल्लो कृष्णादित्य गुरवार बायलेक घेवन जनसामान्यांत येवन पडलो. आनी जालो भीकमागो. उपेखिल्ल्या तरनाट्याक समाजांतल्या लोकांकडून उणीदुणी आयकुपाचें, हिणसावन घेवपाचें आनी अपमान सोसपाचें कठीण जालें. त्या हिणकस जिणेपरस ताका मरणांत अदीक सुख दिसलें. आतां जगून रावली ती चित्रलेखा एकटीच. तिका कोण एके नर्तिकेन आलाशिरो दिलो. चित्रलेखाक एक चलो जालो पूण जल्मताच तो हें जग सोडून गेलो.

चित्रलेखाल्या गळ्यांत कंवळ्या सुरांची गोडी आसली आनी तिची कूड!! ते बांधेसूद झेतीचे, नाजूक आनी सडपातळ आशिल्लें. ज्या नर्तिकेन तिका सांबाळून घेतले तिणेच चित्रलेखाक नाचगाण्याची तालीम दिली. उपरान्त चित्रलेखा राजदरबारांत वावुरपाक लागली. तांतूत तिका मेळटाली ती फकत चैन, मौजमजा, आनी विलासी सुखोपभोग. परथून वैधव्याचे संयम राखूंक तिणे जायते यत्न केले. कृष्णादित्य आनी ताचेपसून जाल्ले चोरडूं दोगांय तिच्या इल्लेशा जिणेंत येवन काळाच्या पोटांत केन्नाच गडप जाल्ले. आनी दोगांनीय आपणाल्यो खाशेल्यो यादी तिच्या काळजार कोरून दवरिल्यो.

पाटलीपुत्र नगराचो भौस चित्रलेखाल्या पांयार लोटांगण घालतालो. जाल्यार चित्रलेखा आपणाल्या संयमी, सुशील वागणुकेन समाजांत वावुरताली. सगळे सरदार, जागीरदार, आनी मोटे श्रीमंत तरनाटे तिच्या मोगाक सदाच तानेल्ले आसुनूय कोणी तिका वश करूंक पावले नात. लोकांमुखार ती जोगलासारकें पर्जळून खिणांत नदरेआड जाताली. एक फावट तिका कोणे पळेले म्हणटकीर, तांच्या मनांत परथून तिका पळोवपाची एक म्होवी ओडलायणी तयार जाताली.

असोच एक दीस सामंत बीजगुप्त तिचो नृत्याचो कार्यक्रम पळोवंक गेल्लो. नाचता नाचता अकस्मात तिची नदर बीजगुप्तार पडली. तिका दिसलें जशें काय कृष्णादित्यच सर्गांतल्यान देंवन सामकार येवन बसला. खिंणांत तिचें मुखामळ निर्शेल्लेशें जावन धवे फटफटीत पडलें. स्वताक तशेंच प्रेक्षागारांतल्या लोकांक सामके विसरून बीजगुप्ताकडेन एकटक नदर लावन पळेतां पळेतां नकळत ती नृत्य करची थांबली. बीजगुप्तय दोळे मोटे करून तिका नियाळटालो. पंचवीसेक वर्साचो तो तरनाटो तिच्या सोबीतकायेर भुलिल्लो. दोगांयली दिश्टादिश्ट जाली. उत्सुकतायेन उपाट भरिल्ली प्रेक्षकांली नदर आतां बीजगुप्तार सरकली जाचेर इतलो वेळ चित्रलेखाली नदर थीर जाल्ली. उत्फूर्तीन तांच्यातल्यान कुजबूज आयकूंक आयली, ''आरे! हो तर सामंत बीजगुप्त.'

चित्रलेखाल्या कानार तें वाक्य पडलें मात तिका आपणाल्या चुकीविशी पच्छताप जालो; आनी ताचेपरस संताप. बीजगुप्तावयली नदर काडून तिणे आपलें नृत्याभिनय मुखार चालू केलें. प्रयोग सोंपतकीर बीजगुप्त आपूण जावन तिका सामकार गेलो आनी नमळायेन ताणे निमगिलें, ''तुज्या घरां तुका मेळपाचे सौभाग्य म्हका मेळत?''

बीजगुप्ताक पळोवन चित्रलेखा म्होंवी हांसली आनी तिणें जाप दिली, ''ना, नाका - हांव खंयच्याय दादल्याक एकटोंशी मेळना. हांव फकत नृत्याभिनय दाखोंवक जनता जनार्दना सामकार येतां. हेर कोणीय व्यक्तीलो म्हज्या व्यक्तिगत जिणेकडेन कसलोच संबंद येवंक दिना.''

बीजगुप्ताल्या आशेर उदक पडले. ताची फुलिल्ली मुद्रा विरस पावली. तरीय ताणे तिका विचारपाचे धाडस केलेच - ''व्यक्ती व्यक्ती मेळनच तर समुदाय जाता. समुदायाची गरज ही दरेक व्यक्तीलीय गरज आसूंक फावता. मागीर हे वेगळेचार कित्याक?''

‘‘वेगळेचार समजून घेवंक जाय तर आयकम, ’’ चित्रलेखाक तिडक माल्ली, ‘‘जाका पंगडाची गरज म्हणटात तें व्यक्तीलें एकवटिल्लें रूप हे बरोबर. तांचेपसून एकाद्रचा वेळार लुकसानीची धास्ती नसूनय एकादल्या व्यक्तीलो अहंकार मात भय उप्रासपाक कारण जाता.’’

बीजगुप्त मोग उकते करूंक गेल्लो. तत्व गिन्यानाचेर तर्कवितर्क करूंक न्हय. नमळायेन ताणे म्हळें, ‘‘बरें तर, तुज्या घराचो दरवटो म्हाका कायमचो बंद आसा अशें समजूं?’’

बीजगुप्ताच्या मुखामळार निर्शेणीचे भाव उदेले. पूण ताकतिकेन मुमुरखे हांसत ताणे आपणाले विचार स्पश्ट केले, ‘‘जिणेंत व्यक्तित्व मुखेल आसता. जेन्ना व्यक्तीकूच आपणावपाक जायना तेन्ना त्या नाकारिल्ल्या व्यक्तीक पंगडाचो भाग जावन रावप म्हळ्यार स्वतालोच अपमान करून घेवपासारकें.’’ आनी तो बाणावरी वेगान थंयसरच्यान भायर सरलो.

बीजगुप्त वचूंक गेलो खरो पूण ताणे चित्रलेखाल्या मनांत उचांबळाय घडयली. दिसाफाटल्यान दीस मागशी सरले आनी चित्रलेखाक बीजगुप्त परथून दिश्टीक पडलोच ना. ताचेकडसून आपणालो अपमान जालो असो अडेचो गैरसमज व्हांवत्या काळांत उणो जायत गेलो. ताचेसावन बीजगुप्ताली याद उफेवन येवंक लागली. नृत्य, गायनाच्या कार्यक्रमावेळार सामकार बशिल्ल्या प्रेक्षकांत दरखेपेक ती बीजगुप्ताक सोदताली जाल्यार निमाणे निराशाच पदरांत पडटाली.

इत्सा दाबून धरपाचो लाखवेळां यत्न करूनूय बीजगुप्ताक थेट मेळपाचो हावेस आनिकय नेट धरूंक लागलो. एके दिसा सोंसूक नजो जावन तिणे सेवकान्नीक विचाल्लें, ‘‘ह्या नगरांत बीजगुप्त म्हूण कोण आसा?’’

दासीन जाप दिली, ‘‘बीजगुप्ताक कोण वळखना? तो ह्या नगराचो सगळ्यांत देखणो, बळिश्ट आनी लोकांत चड आदराचो सामंत आसा.’’

चित्रलेखान दासीक एक चीट दिली. तांतूत बरयिल्लें, ‘‘भोव चिंतूप केल्ल्या उपरान्त हांव एका नित्शयार येवन पावला. फकत एकूच दादलो म्हज्या जिणेंत नवो वांगडी जावंक शकता. आनी तो म्हळ्यार बीजगुप्त.’’

चीट वाचून बीजगुप्ताल्या माथ्यापसून पावलांमेरेन सुखाची एक जोगूल झोत झळकून गेली. ते दिसापसून त्या दोन जिवांक एकमेकाली साथसंगत मेळ्ळी. जाल्यार नर्तकी चित्रलेखाल्या वागणुकेत शिंदळकाय मातय नाशिल्ली.

बीजगुप्तान हांसत म्हळें, ‘‘मदांद मस्ती आनी आवाट्याचो झपाटो हे दोगांय सदाच बराबरीन रावल्यात आनी रावतले बी. चित्रलेखा, आमी कितली सुखी आसात!’’ ते आयकून चित्रलेखा ताच्या हांसपांत सामील जाली.

तेन्नाच शेनायचे सूर अचानक शांत जाले. पारेकऱ्यान वयल्या आवाजांत उलो दिलो, ‘‘श्रीमंत दारवट्यार सोयरे आल्यात. आज्ञा करात.’’

बीजगुप्त चित्रलेखाल्या आलिंगणातल्यान ल्हवूच मेकळो जालो. चित्रलेखा ताचेपसून मात्शी पयस बसली. बीजगुप्तान पारेकऱ्याक आज्ञा केली, ''सोयऱ्यांक हांगासर घेवन यो'', अशें सांगतनाच ताणे म्हऱ्यांतलो मदिरेचो पेलो उखल्लो आनी तोंडाक लायलो. तसो रोखडोच रिकामो बी करून दवरलो. येदे रातचे कोण आगांतूक हजर जाल्यात हाचेर तो तर्क करतालो आनी तेन्नाच श्वेतांकाक सांगातीक घेवन गुरुदेव रत्नांबरान रंगमहालांत पावल दवरलें. आपणाल्या गुरुदेवाक पळोवन बीजगुप्त ताकातिकेन उठलो आनी ताणे नमळायेन ताका नमस्कार केलो. चित्रलेखा मात मान सकयल घालून बशिल्ली.

बीजगुप्तान रत्नांबराली चवकशी केली, ''म्हाप्रभू, खंयचे कारण घेवन ह्या दासार उपकार करचे कश्ट घेवन आयल्यात? आनी ते लेगीत इतल्या राती वेळां?''

आचार्य रत्नांबरान हांसत सांगले, ''बीजगुप्त, सगळी गजाल सरळ सोपी करून सांगता. आयज ह्या शिश्यान म्हाका प्रश्न केला - 'पाप म्हळ्यार कितें? म्हाका ताचे निराकरण करूंक जमले ना. ह्या कामांत तू म्हाका मदत करतलो ही आस्त बाळगून आयलां. तूय म्हजो शिश्य आशिल्लो आनी तुजेकडसून हांवे केन्नाच गुरुदक्षिणा घेतली ना. पापपुण्याची सोद घेवंक ब्रह्मचारीलो आश्रम कांय उपकारचो ना. संवसारांतल्या भोग विलासांत घडये पापाचो सोद लागत. तुजो रंगमहाल आनी तुमचो समाज ह्या दोनीं विशी म्हजो शिश्य श्वेतांकाक मुजरत जाणून घेवपांचे आसा. ताकालागून सेवकाल्या रूपांत श्वेतांकाक तुजें सामकार उबो केला. आनी त्याच तरेन ताका वागणूक दिवन तुज्याच दिमतीक दवरून घेवप. जाल्यार एकमात याद दवर. हो तुजो गुरुबंधू बी आसा.''

आपले माथें बागोवन नमस्कार करीत बीजगुप्तान म्हळें, ''म्हाप्रभुली आज्ञा म्हाका मान्य, हांव तुमच्या म्हणणेक पाळो दितां.''

गुरुदेव रत्नांबरान 'हुश्श' करून सुटकेचो एक उस्वास सोडलो. ''बरें जालें, म्हजें एक काम जालें. आनी श्वेतांक घट्ट याद दवर - बीजगुप्त तुजो धनी आनी तू ताचो सेवेकार. ह्या वैभवांतले जायतें भोगून घे. त्याचवेळार पाप कसल्यांत आसता तें सोदूक यत्न कर. बरे आनी वायट दोनूंय तुजे सामकार येतलें. पूण तांच्या तपासणेवेळार एक मतींत दवर - जी वस्तु स्वत:खातीर उत्तम आसा ती हेरांकूय उपेगाची आसूंक जाय?'' आनी बीजगुप्ताक निमाणे उपदेश केलो, ''बीजगुप्त तुका सांगपाचे उल्लें - श्वेतांकाल्या चुकींक क्षमा करीत राव. तो अजून अजाण आसा, संवसारांत आतांच खंय पांय दवरता. देव बरें करूं. म्हजे आशीर्वाद आसात, हांव येतां'' - म्हणत आचार्य रत्नांबर ताकतिकेन महाला भायर सरलो.

आचार्य रत्नांबर वचूं गेलो उपरान्त बीजगुप्तान श्वेतांकाक बारीकसाणेन नियाळळें, ''तुजें नाव श्वेतांक आनी आयजपसून तू म्हजो सेवेकार'' अशे म्हणत आसतना ताच्या ओठार मुमुरखें हांसप शिंवरलें. चित्रलेखा दिकान तर्जनीन दाखयत ताणे विचाल्लें, ''श्वेतांक , ही कोण तुका खबर आसा.''

रातीवेळां झगझगीत उजवाडान भरिल्ल्या रंगमहालांत चित्रलेखाली मातिल्ली, धुंदी चडपी, ओडलायणी सोबीतकाय पळोवन श्वेतांक अचकीत नवल पावलो. ताणे सहजतायेन जाप दिली - ''खबर ना.''

''तर आयक, हिचें नाव चित्रलेखा. ही पाटलीपुत्र नगरांतली सगळ्यांत सुंदर नर्तिका आसून लेगीत ती म्हजी लग्नाची बायलेवरी आसा. ताकालागून ती तुजी मालकीण जाता,'' अशें म्हणत बीजगुप्त व्हडान हांसलो, ''घडये तुका हे नवल दिसूंक फाव, पूण तशें कांयच कारण ना. हांगासर रावन ह्या महालांतलें नित्यनेम तुका संवकळीचे जातले. ते आसूं दी. आतां हो मदिरा पेलो तुज्या मालकिणीक दी,'' आनी खरेंच मदिरेन भरिल्लो भांगरा पेलो मुखार करून ताणे श्वेतांकाल्या हातांत दिलो. श्वेतांकान तो पेलो चित्रलेखासरी व्हेलो. तो घेता आसतना चित्रलेखालीं बोटां श्वेतांकाल्या बोटांक सांसपून गेलीं. त्या मात्श्या सांसपणेन ताची सगळीं गात्रां थरथरलीं. श्वेतांकाक नियाळीत तिणे म्हळें, ''आरे तरनाट्या, ह्या अनवळखी संवसारांत पयली खेप पांय दवरिल्ल्याक तुका परबीं दितां.'' आनी दुसऱ्याच घटकेंत तिणे मदिरा पेलो रिकामो केलो.

त्याचवेळार पारेकरीन वयल्या आवाजांत उलो दिलो, ''न्हिदपाची वेळ जाली!''

बीजगुप्तान चित्रलेखाक विचाल्लें, ''हांगासार रावतलें काय आत्तांच घरां वतले?'' चित्रलेखा उठून उबी रावली. दारवट्या दिकेन चलत तिणे सांगलें, ''म्हजें घरा वचपाचे चड बऱ्याक पडटले. परंत म्हाका एकटें वचूंक जमचे ना तेंय खरें.'' त्या घटकेक तिचे पांय गळसांणिल्ले. तिच्या मजतीक रंगमहालांतली एक सेवेकान्न धावन आयली. बीजगुप्त उठून उबो रावलो, - ''हय, अशा दशेंत एकटीन वचप बरें न्हय.'' थोडो वेळ विचार केल्ल्या उपरान्त बीजगुप्तान श्वेतांकाक आज्ञा केली, ''दारांत रथ उबो आसा तांतूत तुज्या मालकिणीक बसोवन तिच्या महालापर्यंत पावोवन यो. तो मेरेन तुजी न्हिदपाची सुवात तयार जातली.''

श्वेतांक चित्रलेखाक घेवन भायर सरलो. बीजगुप्तान सेवेकान्नीक श्वेतांकाली न्हिदपाची कूड तयार दवरपाक सांगून स्वत: निद्रादेवीक शरण गेलो.

❋❋❋

.. २ ..

कुमारगिरी योगी आशिल्लो. ताणे ऐहिक संवसार सोडून सन्यासी वृत्ती धरिल्ली. मोक्ष कल्पनेचो दुसरो एक संवसार खाशेलो उबो केल्लो, आनी त्या संवसारांत खरें सूख मेळपाची आस्त बाळगून आशिल्लो. सामान्य मनशाल्या बोवाळविशी ताका मनापासून वित्राग. कल्पनेच्या जगांत वावुरपी तो एक साधक. संवसारांत सुख-समाधानाचे जिणे आनी जिवाक शांती ना मेळिल्ल्याक तो एक वशाड आनी शांत अशा वाठारार आस्रम बांधून रावतालो. संयम आनी जप-तप-व्रत हाचेर ताचो चड भरवसो. म्हत्वाचें म्हळ्यार ताणे सगळ्यो इत्सा आनी वान्सां बरेच कश्ट घेवन वश करून घेतिल्ल्यो.

योगी कुमारगिरीत जायती सिद्धी म्हळ्यार आत्मबळाची तांक आसली. ती उकती करची बदलाक तिका लिपोवन दवरपांतूच तो व्हडविकाय मानतालो. ताचे मन एकांतात थीर रावताले आनी एकचित्त ध्यानधारणेन तो आत्मशांतीचो अभ्यासूय करतालो. ताणें आपणाली कूड तपाबळान तापोवन काडिल्ली पूण ताचे ताका दुख्ख नासलें. तापून घटसाण मेळिल्ली कुडीविशी एक अचर्ये सुखाची कल्पना ताच्या मनाक शीतळताय दिवन वताली. वासना, हावेसांक ताणे पुराय दाबून दवरिल्ली कारण तांकालागून मनीस पाप करीत आसता अशें ताचें सभावीक मत आशिल्लें.

योगी कुमारगिरी सुखी आसलो. तो सदाच चिंतनांत बुडिल्लो आसतालो. ताचे सामकार खंयचीच इत्सा वा हावो नाशिल्लो आनी ताचेसावन उप्रासपी पिडा आनी तापत्रयांचे फाटलाग नाशिल्ले. जिणेचे, उपजीविकेचे कसलेंच काम न करपी ताच्या जिणेर फकत विद्या आनी विचारांचे पांगरूण पातळिल्लें. सुख एक कल्पना, पूण तांतुतूय एक धादोसकाय आसता. तान लागना देखून समाधानाक सुवात ना आनी अशा वेळार काळजार केन्नाच अथवा कसलोच भार वा पिडा आसना. दुख्ख विरयत अवस्तेंत मनाक कल्पनेच्या जगांत घेवन वचपाचे सामके सोपें. आनी तो योगी जुस्त तशेंच विस्मरणतायेच्या पड्ड्या आड जगतालो. स्वताक विसरून उपरान्त कल्पनेंत भरारी मारपांत एक मस्ती आसता, भरीक येवजणेची ओडलायणी आनी तांतून भरसल्ली धादोसकाय ह्या दोनूय नवलायेच्या खेळांतल्यान मेळपी सुखांत तो सामको दंग रावतालो. त्याच कारणासावन कुमारगिरीक योगी म्हणपाचे.

मधुपाल योगी कुपारीगिरलो शिश्य. तो गुरुदेवान मेळयिल्ली सिद्धी जाणां जाल्लो आनी ताकालागून नवल पावतालोय. एक खेप मधुपालान विचाल्लें, - ''गुरुदेव संयमाची मोख कितें आसूंक जाय?''

कुमारगिरी निटायेन बसलो. ''शांती, आनी शांती उपजत आनंद,'' आनी ताची फोडणिशी करीत ताणे मुखार सांगले, ''तें भायले दिश्टीक बदलपी रूपांत आसत जाल्यार अंतर्मनाक मात तें शून्य - म्हळ्यार कांयच ना अशें. एक शून्य आनी एक बदलपी रूप हांचे आगळेवेगळे मेळ कशें आसतात हाचे तुका अजाप दिसत, न्हय, तसो एक प्रस्न तुज्या मनांत उप्रासिल्लो आसल्यार तेंय सभावीक म्हणपाचें. परिवर्तन वा बदल आनी शून्याच्या वेगळेचाराचे समजुतीवयर जो वावर असा तोच गिन्यानाचो एक वयलो पावंडो समज. संवसार, संवसार म्हणटात तें तरी कितें आसा? तेंय एक शून्यच. आनी परिवर्तन म्हळ्यार नित्य घडणूक ते संवसाराची अर्थात शून्याची ती चाल आस्स. समज, घडणूक ही कल्पना आसा तेन्ना कल्पना हेच एक खाशेले शून्य जाता. समजलें कितें?'

गुरूल्या समजावणीचो अर्थ न कळिल्ल्यान अथवा मनांत समाधान ना पाविल्ल्यान आसूये मधुपालन परथून विचाल्लें, ''म्हाप्रभु, संवसार हो एक शून्य आसा अशें जें तुमीं सांगलें. ताचोच म्हाका उमज पडना. जी वस्तू नदरेक स्पश्टतायेन दिसता ती कशेतरेने शून्य जावंक शकता?''

कुमारगिरी व्हडान हांसलो, ''हांगाच तर योगाभ्यासाची गरज आसता. जेन्ना योगी दोळे बंद करता तेदें वेळां थंय एक अखंड शून्य आसता आनी थंय हेर कांयच बाकी आसना. त्याच शून्यांत सुख-दुख्ख, मोह-विराग, ब्रह्म-माया सगळे, सगळे कितें अचकीत नाजावन वतात. त्याच शून्याच्या झगझगीत उजवाडांत तो योगी वावरत आसता आनी उपरान्त तांतुतूच एकरूप जावन वता. अशें जेन्ना जंयखंय घडटा तेन्ना तो योगी त्या काल्पनिक जिणेंत - इल्लेशा काळाखातीर कित्याक आसना - तो पुराय शेणून वता. अशा अवस्तेत ताका खोस पुराय भोगता. त्याच निर्गुण, निराकार तत्त्वान भरसिल्ल्या शून्यांत कायमचें एकरूप जावन वचप हाकाच मुक्ती म्हणटात. अशेतरेन योगी आपणालें शरीर सांगातीन आसून लेगीत मोक्षाचे अणभव घेत आसता.

योगी कुमारगिरीविशी मधुपालाली श्रद्धा - उमळशीक वाडली, आनी कासावीस जावन ताणे गुरूल्या पांयार सरपटून नमस्कार घालो. आपणाल्या गुरूलें जबर गिन्यान आनी व्हडविकाये विशी ताका सुमाराभायरसो आशिल्लो अभिमान आतां दुपेटीन वाडलो. आपलें खर तपस्वी आचरण सोडून हो योगी आपल्या जिणेंत केन्नाच निसरपाचो ना वा खाला देंवपाचो ना हाचीय ताका नित्शितायेन खात्री जाली. त्याच वेळार आचार्य रत्नांबर आपणालो शिश्य विशालदेवाक सांगतान घेवन योगी कुमारगिरील्या आस्रमांत पावलो.

गुरुदेव रत्नांबराक अकस्मात सामकार पळोवन कुमारगिरी बेग्याबेगी आपणाल्या चवायेवेल्यान उठून उबो रावलो. दोगांनी एकमेकाली भेट हांसत आळिंगनान घेतली. उपरान्त कुमारगिरीन गुरुदेवाक चवाय दिवन बसूकं विनंती केली, आनी वासपूस केली, ''गुरुदेवान हांगासर येवपाचे कश्ट कित्याक घेतले ते म्हाका कळत?''

गंभीर मुद्रेन आचार्य रत्नांबरान जाप दिली, ''अखंड तपस्या तेजान भोवमानेस्त जाल्ल्या योगी कुमारगिरीकडसून म्हज्या शिश्याक दीक्षा मेळत काय म्हूण चवकशी करूंक, न्हय, खात्रीची आस्त बाळगून आयला.''

कुमारगिरीन नमळायेन म्हळें, ''आचार्य, सादारण अशा सन्यासीक विनाकारण तुमी मान दीत आसात. गुरु म्हण्ण घेवंक हांव अजून त्या योग्यतेचो जालो ना.''

''योगी कुमारगिरी ही जाली तुमची मनाची नमळाय. वास्तवांत तुमी खरेंच एक नामनेले योगी. तुमी तर संवसाराचो सगळ्यातरेन त्याग करून सद्यां खरेंच वयल्या पावंड्यार आसात. हांव मात अजून संवसाराक चिकटून आसा. जंय खंचीय समस्या सोडवणूकीक निखटें तर्कवितर्क उणे पडटात थंय अणभव अदीक चिंतनपूरक कल्पनेची गरज भासता. तुमच्यांत गिन्यान आसा चिंतन करपाची तांक आसा; म्हज्यांत मात निखटें संवसारांतलें अणभव. ह्याच कारणान तुमच्या म्हन्यांत आयलां. तुमच्या सांगतान रावन जायतो मनीस कितलेय कठीण संकश्टां सफळतायेन पयस करूंक पावतलो हीच आस्त बाळगून विशालदेवाक तुमचो शिश्य म्हूण पत्करून घेवंक हजर केला. तेन्ना म्हज्या विनंतीक पाळो दियात - अशी तुमचे लागी मागणी करतां.''

कुमारगिरीन विशालदेवाकडेन पळेंलें, ‘‘ जिणेंतले खंयचे कुवाडे सोडोवपाखातीर तुका म्हजे लागी येवचे पडलें विशालदेव?’’

विशालदेवान योगी कुमारगिरीक तकली बागोवन प्रणाम केलो आनी नमळायेन जाप दिली, ‘‘गुरुदेव पाप कित्याक म्हणटात हे समजून घेवपाची आस्त म्हज्या मनांत केन्नाच्यान घर करून आसा.’’

कुमारगिरी हांसलो. ताच्या हांसपांत मधुराय आशिल्ली. ताणे म्हळें, ‘‘तुका पाप कितें हे विशी गिन्यान जाय. पूण ते अदिकतायेन अणभवानूच जाणून घेवपाचें आसता. म्हज्या आस्रमांत रावन पापाचे अणभव अजिबात मेळचोना. म्हजें जगप निखटें संयम आनी नेमांक धरून. आनी ह्या दोगांयपसून पाप पयस रावता. तरीय तुका शिश्य म्हूण पत्करप ही विनंती कशी नाकरूं? पुण्याचे रूप आनी थारावणी दाखोवन दिंवक शकता जाल्यार पुण्य जाणून तुका पापाचे गिन्यान कशें कायं मेळत हेच चिंतता. पापाचे कितें कायं आसता हांव अजिबात नकळो. हें तुमकां दोगांकूय आदीच स्पश्ट करून सांगता, आनी तेंच म्हाका बरोबर दिसता.’’

योगी कुमारगिरीन खरें आनी गरजेचें ते निर्भयतेन सांगिल्ले आयकून आचार्य रत्नांबर मुमुरखो हांसलो, ‘‘योगिराज, जें तुमी सांगले तें खरेंच सांगलें. खंयच्याय समजूतदार मनशाक हांतूत कांयच अडेचें दिसपा सारकें ना.’’

‘‘आचार्याली विनंती म्हाका खोसदिणी आसा’’ कुमारगिरीन हयकार दिलो.

आचार्य रत्नांबर उठून उबो रावलो, ‘‘बरें तर, म्हाका भायर सरपाक आज्ञा दी. हांव सांगता ते आयकून घडये तुमका अजापाचे जायत, पूण पाप हे कितें आसता तें हांव तरी खंय जाणां? जायती वर्सां अभ्यास आनी जोडीक अणभव घेवनूय पूर्ण गिन्यानाच्या पोंदाक हांव अजून खंय पावला? म्हज्या शिश्याक लायक गुरूकडेन पावयला हाचीच खोशी चड. आतां स्वताचे जप, तप, योग्याभ्यास करूंक हांव मेकळो जालो. जी गजाल शिकवणुकीतल्यान वा प्रत्यक्षांत अणभवान मेळूंक पावली ना तें चिंतन, मनन आनी साधनेच्या मार्गात उमजून घेवंक फावो जातलें,’’ - इतले सांगून तो ताकतिकेन आस्रमांतल्यान भायर सरलो.

आचार्य रत्नांबर वतकीर कुमारगिरीन खुणेनच विशालदेवाक म्हऱ्यांत बसोवन घेतलें. - ‘‘विशालदेव, आतां तू म्हजो शिश्य. हे वेळार तुजेकडसून अजून कांय प्रस्नांच्यो जापो मागतां, - तुकां खबर आसा, विशालदेव, वासना कित्याक म्हणटात?’’

विशादेवान जाप दिली, ‘‘गुरुदेव, अती हावेसकायेचे दुसरे नाव वासना.’’

‘‘बरोबर. जाल्यार मनशाल्या जिणेंत वासनांची कसली गरज आसता हे तूं जाणा?’’ कुमारगिरीन दुसरो प्रस्न केलो आनी जापूय आपणेच दिली - ‘घडये ते तू नकळो. आत्तां तपशीलासयत सांगता... वासना पाप आसा. जिणे इबाडपाक ते एकमात कारण जावंक शकता. वासनेच्या उमळशिकायेन तो ईश्वराल्या नेमांक मोडूंक शकता. आनी मुखार तांतुतूच

बुडून राविल्ल्यान स्वतालो खाशेलो असो ब्रह्माक विसरून वता. म्हणटकीर आदीपसून वासनांक पयस दवरूंक जाय. जर मनीस आपणाली, इत्सा, वान्सां, हावेस मारून उडयत तर तो स्वताच बऱ्या वयल्या पावंड्यार पावता. ईश्वराले तीन गूण आसात - सत्, चित् आनी आनंद. हे तिनूय गूण वासनाविरयत निर्मळ मनाकूच मेळूंक पावतात. परंत मनांत वासना मूळ धरून आसत तर माया, ममता चड मुखेल जावन रावतात आनी अदींमदीं वयर उफेवन येतात. आसक्ती वा मायेक जो मेरेन दुबावाचें कवच आसता तोमेरेन तिनांतले खंयचेय गूण आपणावपाची शक्यताय उणीच. विशालदेव, म्हजो शिश्य म्हणटकीर जाय त्या वासना, हावेसापसून विरक्त जावन मन निर्मळ दवरूंक शिकप हेंच सुरवेक काम आसतले. ही एक तरेची तपस्या आसा, आनी ह्या तपस्येंत दुख्खाक वा पच्छतापाक सुवात ना. इत्सा चेपून दवरप केन्नाच बरें न्हय - मुळापसूनच इत्सेक उप्रासपाक दिवंनाका म्हळ्यार जालें. एकाद्रे वेळा मनांत इत्सा, हावेस चंवरली म्हणटकीर त्यो वाडटा, वाडटा सांवार जातात. ताचेखातीर तांका सदांच मारून उडोवपाचे काम तुजें सुरवेपसूनचे कर्तव्य समज - हेंच तुका परत परत सांगत आसा. बरें, आतां म्हाका सांग हे सगळे करपाक तुका जमतलें मूं?''

विशालदेवान जाप दिली, ''गुरुदेव, इतलें करपाक यत्नशील रावीन. परंत जमतले वा ना जमतले ते आत्तांच सांगूक शकना. तुमी उपदेश करून दाखयिल्ली वाट सरळ आसा. जाल्यार तांतूत काय कश्ट आसात अशें म्हाका दिसता. वासनांक मारून उडोवप हे मनशाल्या जिणेच्या बुनियादी हेतूचें उरफाटें म्हणयेत मनीस जल्माचे सार्थक कित्यांत? कर्म करपातूच न्हय कितें? तेन्ना कर्माक गरजेची आशिल्ल्या साधनांकूच नश्ट केल्ल्यान सृष्टीकर्त्याल्या सैमाविशी विरोधाभास चड जाणवता. गुरुदेव, ज्या वेळां ह्या बाबतीत तुमी म्हज्या मनांतले दुबावाचें निरसन करतले तेन्नाच म्हाका तुमी थारायिल्ल्या वाटेन वचूंक शक्य जातलें.''

योगी कुमारगिरी विशालदेवाल्या जापेची हीच अपेक्षा धरून बशिल्लेशें दिसलें.

''तुवें सहज, सरळ तेंच सांगले, विशालदेव. तुजेर अजून आचार्य रत्नांबरालो शिकवणीचो प्रभाव आस्पाविल्लो आसा. तो पुसून काडून म्हाका तुजयेर नवें संस्कार मुजरत घडोवपाचे गरजेचे दिसता. तुजें उतावळें मन तशेंच मतीतलें उरफाटे विचार मुळासयत हुमटून काडूंक जाय. पूण ते आयज न्हय. भ्रमांत पडिल्ल्या शिश्यान अनिकूय दुबावांत पडप हे सभावीक आसा. जाल्यार आचार्य रत्नांबर खंयमेरेन नास्तिकते वटेन तेंकल्यात तेंच आदी समजुपाक जाय. हांव आस्तिक, - म्हजेपसून जें कितें गिन्यान मेळोवंक जायजाल्यार पयलेपसून तुका कांय गजाली ध्यानांत दवरच्यो पडटल्यो - पयले हांव ब्रह्म आसा अशें मानता; आनी दुसरें कर्तव्यूच जिणेची मुखेल वा एक मात मोख आसा अशें म्हजें मत्त.''

विशालदेवान जाप दिली, ''गुरुदेव, ह्या दोनांकूय हांव मानता, देखून तुमच्या म्हणणेक पाळो दितां.''

कुमारगिरी उठून उबो रावलो, ''आतां हांव हुसकेंतल्यान मेकळो जालो. हांवे तुका दीक्षा दिवन मोक्षाची वाट दाखयन आनी पाप कितें आसता हाचीय वळख करून दीन.''

❃❃❃

.. ३ ..

गुरुकुलांतली शिकवण आनी धर्मगिन्यान मेळवप हेंच ब्रह्मचारी श्वेतांकालें लक्ष्य आशिल्लें. ताची पिराय पंचवीसेक वर्साची आसूंक फाव. तेद्यां वयांत ताणे दर्शन शास्त्राचो, स्मृतिग्रंथाचो अभ्यास केल्लो. भाशेचे व्याकरण शिकिल्लो. जे कांय थोंडे साहित्य हातांत पडिल्लें तांतूतली मोगाविशींची बरींच जिवंत वर्णनां ताणे वाचिल्ली आनी ती समजून घेवंक थोडे उद्योगय केल्ले. जाल्यार ते कांय उपकारले नात ती वेगळी गजाल. बायलांविशी तो सामको नेणटो आसलो आनी जुवानीची मस्ती कशी आसता हाचीय ताका जाण नाशिल्ली.

ब्रह्मचारी श्वेतांकाली आनी नर्तकी चित्रलेखाली वळख बीजगुप्तान आपणाल्या रंगमहालांत करून दिली तेन्ना थोडी मस्करी बी केल्ली. मेळिल्ल्या परिस्थितीर जसो श्वेतांक विचार करतालो तेचतरेन बीजगुप्ताल्या मनांतूय एक उत्सुकताय उप्रासिल्ली. ब्रह्मचारी आनी नर्तकी? अशें कशें घडलें! आनी त्या घटिचारार बीजगुप्त आपूणच हांसलो. जाल्यार ते हांसप मात श्वेतांकाल्या जिणेंत एक भेश्टावणी जावन रावली. ताका सदांच रातचें चित्रलेखाक रथांत बसोवन तिच्या महालापर्यंत पावोवपाचें पडटालें. त्या वेळार ती मदिरेच्या धुंदीत मातिल्ली आसताली. तिच्या नदरेची मस्ती श्वेतांकाल्या काळजांत एक तरेचो आकांत, घडयताली देखून ताचे मन कासावीस जाताले. अस्तुरी आनी मदिरा? शिव, शिव- हांव किते पळेतां? चित्रलेखा म्हळ्यार तेलांत बुडिल्ली दिव्याची एक भगभगपी वात, आनी श्वेतांक? तो जाल्लो त्या वातीभोंवतणी चोवशीन भोंवपी एक सान फुलपांकुलें. श्वेतांक जेन्ना केन्ना चित्रलेखाक नियाळटालो तेन्ना एक अजापाचे सुख ताका भोगतालें. आनी तें सुख तरी कसले? नकळ अशा हावेसाचे थरथरप. आनी ज्या ज्या वेळार चित्रलेखाल्या दोळ्यांपात्यो झेमेंत आसुनूय, तिची ओडलायणी नदर श्वेतांकाल्या नदरेक मेळटाली त्या त्या वेळार तो सामको पिसो जातालो.

बीजगुप्ताल्या घरांत श्वेतांकाक ताचो धाकटो भाव समजुनच मानंमर्यादा मेळटाली. बीजगुप्ताले सेवेकरी श्वेतांकाक सेवकाल्या पावंड्यांवेलो म्हूण हिणयनाशिल्ले. ते बीजगुप्तावरी ताका मालक म्हूणच मानताले. भोगविलासावेळार जाय ती साधना ताच्या मुखार हजर आसताली. त्या नगरांतल्या नामनेच्या व्यक्तींबरोबर ताची वळख पाळख जाल्ली. मिच्च काळखांतल्यान आयज श्वेतांक एक लिकलिकीत जगांत येवन पडिल्लो. ताका लागून तो स्वतार लेगीत भरवंसो दवरूंक पावनाशिल्लो. परंत ल्हवू ल्हवू ताणे परिस्थिती सांगातीन स्वताक जुळोवन घेतलें. अणभवान ताका कळूंक लागलें - तो संवसारातूंच आसून पाप आनी पुण्य हाचे अदीमंदी खंयतरी आसा आनी थंयसर वासनांचो एक राबितो आसा.

त्या दिसा बीजगुप्त कांय कारणान एक म्हत्वाच्या कामाखातीर घराभायर आशिल्लो. काम इतलें गरजेचें आनी अकस्मात आंगार येवन पडिल्लें. ताकालागून बीजगुप्त तिनसान उलटली तरी घरां परतलो ना. थारायिल्ल्या वेळार चित्रलेखालो रथ बीजगुप्ताल्या महालाच्या दरवट्यार येवन उबो रावलो. श्वेताकांन मालकाशिवाय रिकाम्या घरांत चित्रलेखाक येवकार

दिलो. दोगांय बीजगुप्ताल्या बसकेंत येवन पावली तशें चित्रलेखान अचर्येन विचाल्लें, ‘‘तुजो मालक खंय आसा?’’

ब्रह्मचारी श्वेतांकाक एके नर्तकीन विचारिल्लो प्रस्न आयकून ताचे मन खंती जालें. ते वाक्य ताच्या काळजांत बाणाच्या अणीवरी धोंगसलें. आनी हेर खंयचेय बायलेकडसून असलो प्रस्न आयकता आसलो जाल्यार फाटीफुडें पळयनासतना तो तिका फटकारतासलो. आनी ते विशी मातय खंती पावनाशिल्लो. श्वेतांकाक आयज पयले फावट आपणाल्या उणविकायेची जाणीव जाली. ताका लागून मात्सो पश्चतापय पावलो. मनांतले विकार लिपयत ताका सांगचे पडले, ‘‘कांय कामानिमित्तान आयज धनी दीसभर भायरूच आसात, मालकीण!’’

‘‘केदोळमेरेन तो परत येतलो?’’ चित्रलेखान थंडपणान विचाल्लें.

‘‘येवपाचो जाला. मात्शी थांबल्यार उपकारतलें.’’

‘‘श्वेतांक, तानेन म्हजो जीव कासवीस जाला.’’

श्वेतांक पयले गणमणलो, परंत निश्चळ थंयच उबो रावलो. ताका आपणाल्या हालीच्या रावतीकेच्या अवस्थेची जाणीव जाली आनी खिणभरांत तो सांवरलो. बीजगुप्तान स्पश्ट सांगिल्ले ती याद आयली,... ‘चित्रलेखा तुजी मालकीणवरी आसा.’ ताणे स्वता हातान भांगरा पेल्यांत शीतळ उदक हाडून दिलें. ते पळोवन चित्रलेखा मनापसून हांसली - ‘‘श्वेतांक तू अजून भोळोबाबडोच रावला’’. तिचो थोमणो श्वेतांकाक कळ्ळोच ना. ताणे विचाल्लें, ‘‘म्हजी कसली चूक जाली, ती म्हाका मात्शी कळत?’’ हे वेळा चित्रलेखा आनिकय व्हडान हांसली, ‘‘श्वेतांक तुका अजून समजना, वसवशी तान आनी ती अशें तरेन भागोवप उपकारना. उज्याची हुनसाण वाडोवंक उदकाचो उपेग जायना; थंय गरज आसता तुपाची. जियेवप हे एक न बदलपी सदाच वखवखिल्ली अशी व्हरस आसा. ताचें समाधान करपाचें म्हळ्यार जिणेचो अंत हे ध्यानांत घे. ह्या घडीक म्हाका उदकाची गरज ना, मदिरा जाय, मदिरा, कळ्ळें?’’

श्वेतांकाक तिच्या सांगणेचे नवल दिसलें. गजाल कितली आकांताची, जाल्यार तर्कशास्त्राच्या अनुमानाक धरून आशिल्ली. श्वेतांकाक बी हांसू आयलें, ‘‘घडये आतां पाटलीपुत्र नगरीच्या सगळ्यांत सुंदर अस्तुरीलो म्हाका शिश्य जावपाचे पडटलें.’’ अशे म्हणत ताणे रोखडो एक भरिल्लो मदिरा पेलो चित्रलेखाल्या हातांत दिलो.

एक घोट पिवन तिणे मदिरा पेलो श्वेतांकाल्या सामकार दवरलो. त्या वेळार ती उश्यांचो आदार घेवन एके कुशीन लवंडून बशिल्ली. तिचो मात्यावेलो पदर निसटिल्लो, ताचेसावन तिचें केस मिच्च काळोखावरी कुट्ट काळे दिसतालें. आनी त्या केसांत खोविल्लो मोत्या वळेसर महालांतल्या मंद उजवाडांत चकचकतालो. कितलें सोबीत आशिल्लें तिचें न्हेसण आनी आंगावयले दागिने! श्वेतांकान इतली अपरूपशी बायलेली धुंदी हाडपी सुंदरताय पळेली नाशिल्ली. अशा तरेची कल्पना लेगीत ताणे केन्नाच केल्ली नासली. ती जशें काय जुवानीतलें

एक मदमस्तीचें पडबिंबच दिसताली. तिच्या गोमट्या पोल्यार तांबसाण फांकिल्ली. तिच्या ओठांच्या ल्हव उगडिपीत मुमुरखे हांसप उफेंतालें. आनी दोळें? ते जिणेच्या मस्तीत हांसतालें.

श्वेतांक वोग्गी रावन चित्रलेखाली सोबितकाय नियाळटालो. अचानक ताच्या कानांत चित्रलेखालो प्रस्न भेतून गेलो. ती विचारताली, ''ध्यानार आसा असो दिसना तू श्वेतांक, तुवें मदिरेक अजून हात लायलो ना? हो मदिरा पेलो केन्नाच्यान तुजें मुखार पडून आसा. ताका उखलून ओठामेरेन व्हरपाची धिटाय तुज्या हातांत दिसना? एका प्रस्नाची खरेपणान जाप दिवशी?''

श्वेतांकान आपणाली तकली हायली. तो अजून वोग्गी राविल्लो. चित्रलेखान विचाल्लें, ''तू ब्रह्मचारी आसा खरो. तुज्या गुरुन तुका मदिरा पिंवनाका म्हूण उपदेश केल्लो आसूंक फाव. परंत ताचे कारण म्हाका समजून घेवंक जाय.''

''संयम'', श्वेतांकान हळूच जाप दिली. पूण रोखडेंच उश्णे अवसान हाडून ताणे फोडणिशी केली, - ''म्हळ्यार मनार ताबो दवरप हो एक बऱ्या जिणेचो गरजेचो भाग, समज. मदिरा पिवप आनी संयम हे एकमेकां विरुद्ध आसात.''

''आनी संयमाची मोख कितें आसा?'' चित्रलेखान गंभीर जावन प्रस्न केलो.

''सुख आनी शांती'' श्वेतांकाली जाप.

''आनी जिणेची मोख?'' चित्रलेखान मदिरा पेलो तोंडाक लायत विचाल्लें.

''जिणेची मोखय सुख आनी शांती'' श्वेतांकान रोखडीच जाप दिली.

चित्रलेखालें दोळें आतां मदिरा नशेन थोंडे थोडे तांबसार जाल्ल्याचे श्वेतांकाल्या ध्यानांत आयले. तशा दशेंतूय चित्रलेखाल्या गळ्यांत म्होवाळ सुरांचे संगीत आनी तिचें उलोवपांत सुंदर कवितेचो भास श्वेतांकाक जाणवतालो.

''तू हांगाच चुकता आरे तरनाट्या'', म्हणत चित्रलेखा मात्शी सांवरून बसली, - ''सुख म्हळ्यार तृप्ती वा मनांचें समाधान,. आनी शांतीचे दुसरे नाव अकर्मण्यता - म्हळ्यार कांयच काम न करपी वृत्ती. पूण मनशाल्या जिणेंत एक चुकनाशिल्लें कर्म आसा. आनी ती म्हळ्यार एक न पालवपी हावेस. जिणेंत हालचाल आसता, सतत बदल घडत आसतात. तांका लागून शांतीक थंय सुवात ना,'' - हे अशें कांय सांगतनाच तिणे श्वेतांकाल्या ओठांक मदिरेचो पेलो तेंकयलो. श्वेतांकाल्या मनांत तो पेलो कडसरावपाचो विचार एक खेप येवन गेलो. जाल्यार ताका चित्रलेखाल्या मस्तेपणान हांसपी दोळ्यांत एक विचित्रशी ओडलायणी जादू दिसली. तो तिका आडवंक पावलो ना, तशेंच स्वताकूय सांवरपाक ताका जमले ना. मदिरा ताच्या गळ्यांतल्यान घटाघट सकयल देंवली.

तेन्नाच बीजगुप्तान फांटल्यान येवन हांसत हांसत म्हळें, ''ब्रह्मचारी, आयज तुका एके नर्तकीन दीक्षा दिली म्हणपाचें. ते विशी हांव चित्रलेखाक परबीं दितां''.

श्वेतांक एक भयांकृत न्हिदेंतल्यान अवचीत जागो जालो. बीजगुप्ताल्या हांसपान स्वताली चूक ताका ध्यानांत आयली. आलटून पालटून ताणें चित्रलेखा आनी बीजगुप्ताकडेन पळेले. उपरान्त ताणें लजेन आपणाली मान सकयल केली. ताची जाल्ली दशा पळोवन बीजगुप्त हासंत आपणालो भायलो पोशाक बदलपाक भितल्ल्या कुडांत गेलो. तो नदरे आड जाल्लोसो पळोवन श्वेतांकान चित्रलेखाक संबोदून म्हळें, ''मालकीण, तुवें म्हजी आयजमेरेन कश्टान मेळयिल्ली साधनेची वासलात लायली. कित्याक म्हूण तुवें अशें केलें ते हांव नकळो. म्हज्या मनांत स्वत्वाचो एक धगधगतो उजो जळत दवरिल्लो. आगे, तू म्हज्या जिणेंत एक सांवार जावन आयल्या,'' आनी नकळत ताणे चित्रलेखालो हात घट्ट धरलो.

चित्रलेखान हांसून जाप दिली, ''श्वेतांक, तू चुकता. तू जिका साधना म्हणटा ती आत्म्याचो खून करपी आसा. हांवे तुका फकत इतलेंच दाखयले आनी ते म्हळ्यार 'मस्ती'. तीय एक जिणेची मुखेल भाग समज. तुज्या काळजाचें हुल्पावणीचे रांव दी कुशीक, मात हांवें तुका वास्तविकतायेचे म्हत्व दाखोवन दिलें.'' उपरान्त ती गंभीर जाली. आनी सटकन श्वेतांकालो हात तिणें झटकलो. पयलेचो पालव धरीत तिणे सांगलें, 'श्वेतांक याद दवर, तुज्या जिणेंत हांव केन्नाच येवपाचें संभव ना. ह्या जगांत हांव एकूच दादल्यार मोग करता आनी तो आसा बीजगुप्त. तुज्या जिणेंत हांव केन्नातरी येवपाक फावो हाची कल्पनालेगीत केन्नाच करूं नाका. आतां तू वचूंक शकता.''

श्वेतांकालें तोंड धवें फटफटीत पडलें. तो एक नर्तकी कडसून अपेशी पाविल्लो-गिन्यानांत, कर्तव्यांत, खाशेलपणान अणभवांत. ताणे नमळायेन म्हळें, ''जशी आज्ञा.''

इतलें सांगून तो अपमानित आनी निर्शेल्लो असो ब्रह्मचारी महालाच्या भितल्ल्या दारावटेन चलूंक लागलो. थोडो विचार करतकीर चित्रलेखाक बरेंच कितें ध्यानांत आयलें. तिणे श्वेताकांक उलो मारले, - ''आरे श्वेतांक मात्सो थांब. म्हाका अजून खूब कितें तुका सांगपाचें आसा. परथून हांगासर यो आनी बस कसो.''

श्वेतांक खिणभर थांबलो. राविल्ल्या जाग्यारूच गर्रकन परतो फिरलो. ताका तिडक मारिल्ली, - ''अजुनूय अपमान करपाचो बाकी दवरला काय म्हणटा?'' म्हज्या आत्म्याचे दुबळिकायेक इतली शाबासकी दिल्ली ती पुरो जाली ना? तू म्हजी धनीण, आनी साथीक म्हज्या जिणेची बी..... न्हय, तशें न्हय. तू म्हजी फकत मालकीण आनी मालकीणच. देखून तुज्या आज्ञेक पाळो दिवंक जाय. ते आसूं दी. किते सांगपाचे आसा तें बेगीन सांग.'' हे सांगतसतना ताच्या दोळ्यांत दुकां भरून आयिल्ली.

श्वेतांकाली अशी वायट दशा जाल्ली पळोवन चित्रलेखाल्या मनांत चर्र जालें. खंती मनान तिणे सांगले, 'श्वेतांक, चूक जाली ती म्हजी. तुजेंकडेन अशें वायट वागलें. त्या खातीर क्षमा मागता. श्वेतांक तुजयेर हांव जे प्रेम करतां ते भावासारके. तुज्या दोळ्यांतली दुकां पळोवन म्हाकाय दुख्ख जाता. घडये नकळत म्हजेकडसून आयज तुजी आगळीक जाल्ली आसत. आतां परथून एक फावट विनंती करता, श्वेतांक, म्हाका क्षमा कर.''

चित्रलेखान क्षमेची मागणी केल्ल्यान श्वेतांकालों राग खंयचो खंय नाच्च जालो. ताच्या काळजांतलो उजो आतां बर्फावरी थंड जावन पुराय न्हिवलो. ताका चित्रलेखाक एक करूणामयी देवीली आकृताय दिसली, आनी तांतूत एक प्रकारचो पर्जळ. ताच्या दिश्टीन चित्रलेखा आतां नर्तकी रावली ना. जशें काय तिचें आनी आपणाले पारलौकिक संबंद आसात काय कितें हाची जाणविकाय ताका जावंक लागली. ताणे खर्ज आवाजांत म्हळें, 'क्षमा मागपाची कायंच गरज ना. चूक घडली ती म्हजी आनी ताका दंड मेळूंक जाय. शिक्षा दिवपाची सोडून तुंवे म्हजेर दया दाखयली हेंच खूब जालें. खोलायेत बुडचेपसून तुवें म्हाका वाचयले हे कितें कमी जाले? तुवें म्हजेर कितलें उपकार करून दवरल्यात हाची मोजमापणी कशी करूं? मालकीण, म्हजेर अशीच कृपा आसूं दी,'' इतले सांगून श्वेतांक महालाभायर सरलो, जाल्यार चित्रलेखा मात थंयच अचेतन मूर्तीतरी बसून रावली. अजाण अशा एक नव्या तरनाट्याक तिणे नकळत आपणाल्या स्त्री सहज वागणुकीन आनी धुंदी हाडपी मस्तीन जखम केल्ली ताची तिका काकूळट दिसली.

श्वेतांक सरळ बीजगुप्तासरी पावलो. ताच्या पांयार सरपटून दंडवत घालो आनी खंती सुरांत सांगून मेकळो जालो, ''धनी म्हाका शिक्षा करात.''

''आरे श्वेतांक जालें कितें ते तर सांग,'' ताच्या वागणुकीन बीजगुप्त नवल पाविल्लो.

''धनी, हांवे तुमचो विश्वासघात घडपासारकें काम केलें.... हांवे चित्रलेखार मोग करचो गुन्याव केलो. हांव जाणां ती तुमचेर खऱ्यान मोग करता अनी तुमी तिचेर. ती म्हजी मालकीण...'' श्वेतांकान दुखखान भरिल्ल्या जड अंतस्करणान स्पश्ट केले.

बीजगुप्त सगळे कांय समजलो. तो मनांतल्या मनांत हांसलो. ताणे विचाल्लें - ''श्वेतांक तुका कशें खबर, तुजी ती मालकीण म्हजेर मोग करता म्हणून?''

''ही गजाल तिणेच म्हाका आपूणजावन सांगली.'' श्वेतांकार मदिरेची धुंदी बरीच चडिल्ली आसूंक फाव. ताणे आपणाल्या कुडींत एक तरेची हुनहुनीत वाफ उमडून आयिल्ल्याची अणभव घेतलो. तो मुखार सांगत रावलो, ''आयज हांवे तिच्या हातांतल्यान मदिरा पिवन म्हजो संयम घालयलो. खरें सांगपाचे म्हळ्यार तिणे अपुर्बायेन मुखार केल्लो मदिरा पेलो म्हज्यान नाकारूंक जाले ना. म्हाका दिसता हांव तिचेर मोग करता हेय कारण आसूंये.''

तोंडार गंभीरतायेचे सोंग घेत बीजगुप्तान विचाल्लें, ''श्वेतांक, समज म्हजेर ती मोग करता म्हूण सांगनाशिल्ली, आनी त्याचवेळार तुजेर जीव ओवाळून दिवंक तयार आसा म्हूण हयकार दिल्लो जाल्यार तेन्ना तू कितें करताशिल्लो?'' मात्सो वेळ चिंतून श्वेतांकान खासा आपणाक सांबाळत जाप दिली, ''हांव तुमचे लागी येवन माफी मागनाशिल्लो हे खरें, - परंत धनियाक फटयिल्ल्याचो म्हजेंकडसून बेंयमानीचो गुन्याव घडतासलो तेंय तितलेच खरें जाताशिल्ले.'' श्वेतांकाल्या फाटीर थापटायत बीजगुत्पान आश्वासक सुरांत म्हळें, ''आरे म्हज्या भावा, म्हजी माफी मागची कांयच गरज ना. जें कितें तुंवे केलें ते बरोबर केलें. आनी फुडारा जें कितें तू करतलो तेय परिस्थितीक धरून योग्यच आसतले हातूंत दुबाव ना. तांतूत म्हाका

तरी कांय चूक दिसना. आनी ध्यानांत घे श्वेतांक, उणेपण आसता ते निखटें परिस्थितीत. श्वेतांक हांव तुजयेर सामको खूश आसा. तुवें गुन्याव केलो खरो, पूण जागेलो गुन्याव केला ताचेकडेन आपणालो गुन्याव कबूल केलो तर तो गुन्याव साप्प पुसून वता अशें समज. म्हजेंसरी खरें तेंच तू उलयलो आनी तुज्या भलायकेक तेंच योग्य आसलें. आतां उल्लो फकत विश्वासघाताचो प्रस्न. श्वेतांक, तू एक विसरता, आतांच खंय तुंवे ह्या संवसारांत पावल दवरला आनी आमचे रावतीकायेचे वा रीतरिवाजाचे तुका अजिबात अणभव नात. अजून कितलीशी खेप तुका असलें अणभवाचे आवतिकायेतल्यान वचपाचे पडटले ते हांव नकळो. जेन्ना केन्ना तुका आपणाले कर्तव्य आनी वावराचेर भान दवरचें गरजेचें भासतले वा जेन्ना अदीमदीं तुज्या इत्सांचे, वान्सांचे सांवार तुका. सतायताले, तेदें वेळार तांका दडपून दवरचें काम तुजें तुकाच करचें पडटलें. आनी तेन्नाच तुज्या आत्मिक बळाचो कस लागतलो. यश आनी अपेशांचे वाठार म्हळ्यारूच संवसार; तो कितें वशाड भोंवतण न्हय.''

श्वेतांकाक आपले दुख्ख आडावन दवरूंक जमले ना. ताणे नित्शितायेन सांगले, ''धनी, ते सगळें खरें. पूण घडिल्ल्या ह्या चुकेक ख्यास्त ही मेळूंक जाय.'

बीजगुप्तान श्वेतांकाल्या माथ्यार हात दवरून म्हळें, ''आरे भावा, असो रडत रावतलो काय म्हूण विचारतां? बरें, ह्या गुन्यावाक सजा मेळूंक जाय न्ही? पूण जंय गुन्याव घडलोच ना थंय सजा दिवची तरी कशी? गुन्याव कर्मात आसता तो तकलेतल्या विचारांत न्हय. विचार करप हे कर्माचे साधन मात्र. बरें, ते आसूंदी. तुका ख्यास्त भोगपाक जाय न्ही? तर आयकय. तुका सगळ्यांत कठीण अशीच सजा फर्मायतां -हाचे फुडार लेगीत तुवें चित्रलेखाक सदासारखें तिच्या महालापर्यंत रातीक पावोवन येवपाचे. इतलें केलें तरी पुरो.''

❃❃❃

.. ४ ..

विशालदेवान योगी कुमारगिरीत एक म्हात्मो पळयलो. ताचे गिन्यान आनी दैवी शक्ती सामकार विशालदेवाली तकली सदाच नमिल्ली रावताली. कुमारगिरीले तर्कवितर्क निखटें विशयाक धरून आसताले. विशालदेवाले भ्रम वा दुबाव तो घटकेंत निस्तारयतालो. ताणे विशालदेवाक योगाभ्यासाची सुरवात करून दिल्ली. योगी कुमारगिरीक एक योग्य शिश्य आनी विशालदेवाक एक लायक गुरू मेळिल्लो.

त्या दिसां कुमारगिरी विशालदेवाक उपासनांचे म्हत्व विस्तारान सांगतालो. तेदें वेळार सूर्य अस्तमांत पाविल्लो. त्या जनविरयत वाठारार वशिल्ल्या कुमारगिरीच्या आस्रमांत एक सान दिवो मिणमिणटालो. अचकीत दरवट्याभायर कोणालो लागसार येवपी पावलांचो आवाज आनी निमाणे एक दादल्यालो उलो आयकुपाक आयलो, ''वाट चुकिल्ल्या वाटसरूक एका रातीपुरतो आलाशिरो मेळत?''

कुमारगिरीन जाप दिली, ''जों कोणी आलशिरो मागता ताका येवकार दितां. म्हजी पर्णकुटी वाट चुकिल्ल्या जाय त्या मनशांक उकती आसा,'' आनी तो स्वताल्याच जापेर

हांसलो. तो मेरेन एक अस्तुरेक सांगातान घेवन एक दादलो दारांतल्यान भितर सरलो. बायलमनीस पळोवन योगीक नवल दिसलें. ताणें विचाल्लें, ''आरे भोवमानेस्ता, तुजे वांगडा एक बायल आसा हे आदीच कित्याक सांगले ना? संवसार सोडून दिल्ल्या एक सन्याशालो हो आश्रम आसा हे तुमी ध्यानांत घेतले ना अशें दिसता.''

त्या दादल्यान समजावणीचो सूर धरलो, ''योगिराज, एका योग्यालो आश्रम आसा हे हांव जाणा. पूण पुरायतरेन इंद्रियां जिखिल्ल्या योगीक फकत एक रातभर वस्तीखातीर एके बायलेक जिच्या सांगातीन तिचो दादलोय आसा अशांक आलाशिरो दिवंक पावचो ना हाचो हांवे विचार केलो ना हे मात खरें.''

अनपेक्षित जापेन कुमारगिरी मात्सो वोग्गी जालो. तो मेरेन ती बायल स्वस्थतायेन लागसारच्या एके चवायेर बसली बी. थंयसर दिव्यांच्या मंद उजवाडांत तिचें मुखामळ उजळिल्लें दिसतालें. कुमारगिरीन म्हळें, ''ह्या आश्रमांत बायलांक आसरो दिवंक हांव अनमानतलो. कारण स्त्री म्हळ्यार एक काळोख, अज्ञान. थंय मोह आसा, माया आसा, अदीक वासनालेगीत. गिन्यानान पर्जळपी ह्या संवसारांत अस्तुरीक कायंच सुवात ना. बरें ते आसूंदी. सद्यांक तुमी दोगांय म्हजें सोयरे आसात देखून तुमची सरबराय करप हे म्हजें पयले कर्तव्य समजतां.''

आतां मेरेन जाल्ली दोगांली भासाभास ती स्त्री अजापान तशेंच उत्सुकतायेन आयकताली. कुमारगिरीलें निमाणे सांगणे सोंपतकीर तिणे हात जोडून नमळायेन म्हळें, ''पर्जळीर भुलिल्या सान पिसोळेक अजाण-अंधकाराचो प्रणाम.''

तिची उतरां बाणासारकी योगील्या काळजांत खोल रिगली. तांचे तोंपप योगीक जबर घातकी जाणवले. अशें आसुनूय तिच्या उलोवण्यांत म्होंव्या संगीताचें सूर, तिच्या सोबितकायेत कविता आनी आडांगीपणांत हांवकार मिसळिल्लो दिसतालो. कुमारगिरी त्या अपरूपशा तरनाट्या बायलेली चारचौगांपरस वेगळीच नमस्काराची रीत पळोवन मात्सो नवल पावलो. ताणें त्या अस्तुरेक थोडें नियाळलें, आनी ताच्या ध्यानांत आयलें ते म्हळ्यार आयजमेरेन ताणे इतली सुंदर बायलमनीस पळेली नाशिल्ली. तिच्या प्रणामाक परथें जाप न दिल्ली बरी अशें थारावन ताणे थेट दादल्याकूच प्रस्न केलो, ''सोयऱ्याली वळख म्हाका मेळत?'' त्या दादल्यान मेकळेपणान मुमुरखे हांसत सांगले, ''योगिराज, ह्या सेवकाले नाव बीजगुप्त, आनी सद्यांक पाटलीपुत्राचो सामंत आसा. आनी ही सोबीत अस्तुरी पाटलीपुत्र नगराची नामनेची नर्तकी चित्रलेखा!''

''बीजगुप्त आनी चित्रलेखा!!'', कुमारगिरीन नवलायेन चित्रलेखाकडेन पळेत म्हळें, ''नर्तकी चित्रलेखा, तुज्यांत सोबितकाय सयत आडांगीपणा बी दिसून येतात. आनी तांतूत वीख भरसिल्ले अशेंय जाणवता. आजय तू अतिथी जावन आयल्यां आनी म्हाका आदरान प्रणाम बी केलो. देखून आशीर्वादाक तू लायक जालें, देव तुका बरी बुद्धी दिवूं!

चित्रलेखा हांसत सुटली. त्या म्होव्या हांसपांत एक तरेचो ओडलायणो गूज आसलो. ''योगिराज, बरी बुद्धीचो अर्थ वेगळो आसूंक फावता. अनुराग-प्रेमांत सुख जाल्यार विरागतायेत दुख्ख. दरेक व्यक्ती आपापणाल्या तत्त्वांची नित्शीत येवजणी करीत आसता, आनी तेचतरेन खात्रीपूर्वक विस्वासूय दवरता. ताकालागून तो हेर तत्त्वांचेर भरवसो दवरपी अनुयायांक चुकीच्या वाटेन वतात अशें समजता.'' भोगवादी नर्तकीन मोहमाया जिखिल्ल्या योगी सांगातान मुजरत वाद घालो. क्रांती आनी शांती आतां एकमेकां सामकार झुजपाक तयार जाल्ली. संवसारांतले जिणें आनी मुक्तीत सर्त लागिल्ली.

योगी कुमारगिरीन निर्विकारपणान जाप दिली, ''नर्तकी, पूण सत्य एकुच आसा - वास्तवतेचे गिन्यान. तीच वाट बरोबर जंय सुख आनी शांती मेळटात.'' तपाचें तेज तरनाट्या सन्याशाल्या आंगार पातळिल्लें. योगिल्या मोट्या दोळ्यांत शांती समाधानाच्यो दिवल्यो पर्जळटाल्यो. योगीली आनी नर्तकीली दिश्टादिश्ट कायं खिणभर घडली. तपस्येमुखार वासनेन पांय फांटी घेतलो. चित्रलेखा समजली - ज्या योगी सामकार आपूण बसल्या तो बरो वयल्या पावंड्यावेलो आसा. अशें आसुनूय तिणे मात्शी धिटाय दाखयली, 'शांती आनी सुख? शांती ही कायंच न करपी अवस्था - म्हळ्यार 'अकर्मण्यता'; आनी सुख म्हणटात ते आनी ताची लक्षणां विंगड विंगड आसात.''

नर्तकी चित्रलेखाल्या नव्या तत्वगिन्यानाचे बदलिल्लें रूप आसून लेगीत तिणे तर्काक धरून केल्लें अनुमान आयकून कुमारगिरी ओग्गी जालो. ज्या बायलेवांगडा तो उलयतालो ती सोबीत इतलीच न्हय अदीक गिन्यानीबी आसा हे त्याच्या ध्यानांत आयलें. तिच्यांत एक बळिश्ट विचारशक्ती आसा तशेंच मोलादीक गिन्यानाचो पायो घटमूट आसा हेय ताणे जाणले. मुळांत एकाद्रे प्रतिभेचेर जैत मेळवप प्रतिभाच करूंक शकता. आनी गिन्यानाच्या वाठारार बुनियादी तत्त्वांकूच वयलें स्थान मेळटा. कुमारगिरी बरोच वगत नुलयत रावलो. उपरान्त मनाची पुराय तयारी करून निटायेन ताणें सांगलें, ''बरोबर आसा तुजें म्हणणें, शांती हे अकर्मण्याचे दुसरें उतर. जाल्यार म्हज्या मत्तान तांतुतूच तर मुक्ती मेळटा. सगळें जग जाका अकर्मण्यता म्हणटा तें खरें परिस्थितीक - म्हळ्यार सरभोंवतणेंत आशिल्ल्या बऱ्यावायट भोगाक धरून ना. कारण ते वेळार तकलेंत विचार चालूच आसतात. हे सोपें करून सांगपाचे म्हळ्यार - अकर्मण्यतायेचो अर्थ - ज्या शून्यांतल्यान आमचो जल्म जाला त्याच शून्यांत परथून एकरूप जावपाचें. आनी तेच शून्य आमच्या जिणेची मोख थारायिल्ली आसा. आतां सुखाविशी सांगता - तुंवे जी वेगळी फोडणिशी केली तीय बरोबर आसा पूण म्हज्या मत्तान सुख हे एकूच आसा - तांतूत तरेकतरा नात. सुख कितें आसा तें एक फावट जो कोणी जाणून घेता तेन्ना तो सामान्य अवस्तेतंल्यान बऱ्या वयल्या पावंड्यार पाविल्लो आसता.''

चित्रलेखाक कुमागिरील्या उलोवण्यांत थोडी सत्यताय दिसली. ताचो परिणाम म्हणून त्या तरणाट्या योग्याले लागसार आपूण जावन-स्वताले मनाविरुद्ध आसूनूय-आपण्यालें मन ओडून व्हरताशें तिच्या अंतर्मनाक जाणवलें. तिणें उश्णे अवसान हाडीत म्हळें, ''शून्य, योगीराज, तुमच्या त्या शून्यार विश्वास तरी कोण दवरतलो? जें कितें सामकार असा तेंच

खरें आसता आनी तेच कायमचें. शून्याचे इतलें गुणगान करताना, योगीराज म्हाका सांगात तुमच्यांत आनी म्हज्यांत आशिल्ले ममत्वांत वेगळेपण कशें दिसता? जर हयकारी जाप आसा जाल्यार तुमी शून्यार भरवंसो दवरचे नात. आनी जर जाप न्हयकारी आसल्यार तुमचे गिन्यान आनी अज्ञान, सुख आनी दुख्ख, बायल आनी दादलो, तशेंच पाप आनी पुण्य हांचोय भेदभाव साप्प फट थारतात. मनीस जल्म घेतांनाच सैमान ताचो वावराचो वाठार थारावन दिल्लो आसता. तो ह्या जगांत आयिल्ल्याक संवसारांत रावन ताणे आपापलें कर्म करीत रावपाचें. भिजूड जावन संकश्टांक फाट फिरोवन वचपाचे न्हय. आनी सुख! तो एक तृत्पीचो अणभव - म्हळ्यार, इत्सा पूर्ण जाल्या अवस्तेक दिल्लें दुसरें नाव. तृप्ती थंयच आसा जंय इत्सा, वान्सा वा वासनांचो राबीतो आसा.''

योगी कुमारगिरी खोल विचारांत पडलो. चित्रलेखा मात मुमुरखे हांसताली. इतलो वगत थंयसर बेश्टोच बशिल्लो बीजगुप्त आपणाली जिणे साथीदार चित्रलेखान आपणाल्या उलोवण्यांतल्यान तत्त्वगिन्यानांतले कांय तर्कसंगत विचार मांडिल्ले आयकून मनांतले मनांत धादोसकाय पावलो. ताका तिचे विशी मोगाची चड अपुर्बाय जाणवली. आनी ब्रह्मचारी विशालदेव! नर्तकीली तत्त्व गिन्यानांतली प्रगती पळोवन ताका नवल दिसलें. आतां दोगांय जाण योगील्या जापेची वाट पळेताले.

बरोच वेळ कुमारगिरी मोनीळ अवस्तेंतच बसून रावलो. चिंतन करतां, करतां तो आनिकूय गंभीर जालो. परथून निटायेन, हळू आनी खर्ज आवाजात ताणें आपणाले विचार मांडले, ''ईश्वर! ईश्वर आनी मनशांत कसलोच भेद ना. विंगडपणा आसात ती निखटें भायल्या दिश्टींत - आनी तेंय संवसारा संबंदीत. माया आनी ब्रह्माचे मीलनाकूच ममत्व म्हणटात. वास्तवीक माया ब्रह्माचो अंश आसुनूय भायलें दिश्टीक ती वेगळी वेगळी दिसतात. ब्रह्म जो मेरेन मायेत एकजीव जावन आसता तो मेरेन तो संवसाराच्या जंवजाळांत घुस्पून रावता. मायेपसून फारकत घेतली म्हणटकीर तो स्वयंभू आनी स्वतंत्र जाता. खरें सांगपाचे म्हळ्यार तू आनी हांव वेगळे नात; आमच्यांत कसलोच फरक ना. कारण ब्रह्माचो अंश जसो तुज्यांत आसा तसो म्हज्यांतूय आसा. जाल्यार फरक इतलोच - तुज्यांत मायेंत भरसल्लो ब्रह्म आसा आनी म्हज्यांतलो ब्रह्म मायामुक्त आसा. जिणेपसून मायेक सदाच पयस दवरपांतूंच कल्याण आसा अशें म्हजें मत. ताचेसावन म्हाका फाटल्यान वळून पळोंवपाचे लागना. आतां सुख ह्या विशयार म्हजें म्हणणे सांगता-तुवें सुखाक तृप्ती हे त्याच तोडीचे उतर सांगलें. पूण थंयच तू एक विसरता - तृप्तीच धादोसकायेचे एक मात साधन आसल्यार ते सुख खरेंच - जाल्यार कर्म आनी कर्तव्याच्या जाळ्यांत फशिल्ल्या कारणान तृत्पीचो पुराय आनंद मेळप दुरापास्त समज. मायेच्या सांगातान ब्रह्म आपणाक विसरता आनी कर्माच्या घुस्पागदळांत तो भोवंडी मारीत आसता. ताकालागून जो मायेचो पूर्ण त्याग करून स्वताक अंतर्मनांत वळखूंक लागता तेन्नाची तृप्तता ती वेगळी आसता. तांतूत एक खाशेलो खासा आनंद मेळटा. ताचेच दुसरें नांव चित्-आनंद वा चिदानंद. उपाट दुख्ख भरिल्ल्या संवसाराचो त्याग करपाकूच योगी

जन सुखाचे समजतात'', अशें सांगून योगी कुमारगिरी उठून उबो रावलो आनी निमाणे दोगांकूय संबोदून ताणे म्हळें, ''आतां चड रात जाल्या; सगळ्यांनी विस्रांती घेवप बरें.''

चित्रलेखाक योगील्या सांगळ्याचेर समाधान जालें ना. कुमारगिरी लेगीत तेच अणभवतालो. अशें आसुनूय कुमारगिरील्या खाशेलतायेन चित्रलेखाक आपणाकडेन ओडून घेतिल्लें. योगीक नर्तकीत गिन्यान दिसलें. आनी नर्तकीक योग्यांत गोमटाय. थंय एक विचित्रशी गजाल उप्रासल्ली - दोगांय एकमेकांविशीं समाधानी नाशिल्ली जाल्यारूय आपापली वरिश्टताय प्रमाणीत करूंक मुखार सरशिल्ली. एकमेकांल्या वरचपडपणाक दाद दिताली आनी प्रत्येकाली ती विशेशताय भासाभास करचे वेळार दिसून येताली.

जें कितें घडत आसलें तें बीजगुप्ताल्या मतींत मातय येवंक पावले ना. योगी आनी नर्तकील्या भासाभासेंन ताच्या काळजांत एक धास्तीचे ल्हार उप्रासलें. ती गजाल तत्वचिंतनाची नाशिल्ली. पूण ते कितें काय समजुपाक अनेक खेप चिंतन करून लेगीत ताका जमलें ना. चित्रलेखाल्या मनांत कुमागिरीविशी एक ओडलायणीचो विकार उप्रासत आसा हाची ताका सुलूस जाणवताली. पूण त्या हयन्हयशा गजालीर विस्वास दवरूंक ताचे मन धजलें ना.

योगी कुमारगिरीन आज्ञा केली, ''शिश्य विशालदेव म्हज्या पर्णकुटींत न्हिदतलो; आनी तुमी सोयरे ताच्या खोंपींत विस्रांती घेवंक गेल्यार बरें जातलें.''

त्यासरशी बीजगुप्त उठून उबो रावलो आनी ताच्या सांगातीन चित्रलेखा बी. भायर सरतना चित्रलेखान म्हळें, ''योगिराज ह्या आमच्या जियेवपांत तपस्या ही एक चुकीची रीत आसा, हे तुमका सांगून दवरतां. तपस्येचे खरें रूप म्हळ्यार आत्म्याक मारून उडोवचें. बरें तर, योगीक चित्रलेखालो प्रणाम.'' इतले सांगून हांसत हांसत ती बीजगुप्ता साथीन दारवट्यादिकेन चलूंक लागली.

''चित्रलेखा, तुंवे सांगलें तें खरें आसा,'' कुमारगिरीन हांसून म्हळें, - ''तपश्चर्येचे दुसरे नाव आसा आत्म्याचे मरण. आनी आत्मो तर ब्रह्म अदीक माया हे एकमेकांत मेळिल्ल्याक म्हणटात. जेन्ना आत्मो मरता तेन्ना - मायेचे विकार नाश पावतात. आनी फकत सत्, चित्, आनंद हे ईश्वराले त्रिगुण बाकी उरतात. ताकाच सच्चिदानंद म्हणटात. पूण नर्तकी, तुका हांचो अणभव मेळटाशिल्लो जाल्यार तुजी परिस्थिती वेगळी उरची नाशिल्ली; घडये तू हे गुमानीत जाणा जाताशिल्लें. तुज्यांत गिन्यान आसा, पूण ताका लायक वाट दाखयतलो कोणूच ना. त्या कारणान म्हाका वायट दिसता.''

बीजगुप्त आनी चित्रलेखाक आपणाल्या खोंपीत पावोवन विशालदेव परथून गुरुल्या पांयासर येवन उबो रावलो. न्हिदचे आदी बीजगुप्तान उलो दिलो, ''चित्रलेखा''. आनी तिणेय रोखडीच ताका म्होव्या आवाजांत जाप दिली, ''म्हज्या मोगा.''

बीजगुप्तान एक व्हड उस्वास सोडलो, - ''म्हज्या हड्ड्यार एक तरेचो दबाव जाणवता चित्रलेखा, जशें कांय आमच्या दोगांयल्या जीवितार दुख्खाचे सावट पडला. कुमारगिरी योगी आसुनूय ताचेसर ओडलायणीची तांक आसा.''

एक खिणभर चित्रलेखाली मुद्रा बाविल्लीशीं जाली, परंत रोखडेंच चेऱ्यावेले भाव लिपोवन तिणे समजायलें - ''कुमारगिरी सन्यासी खरो पूण तितलोच अरवळ बी आसा; ताचो आत्मो मरून गेला.''

चित्रलेखान बीजगुप्ताक तशें आपणांकय फटोवपाचो यत्न केलो. तिणें परथून म्हळें, ''कुमारगिरीलो जनविरयत वाठारार राबितो आनी आमी दोगांय तरेकवार उणविकायेन भरिल्ल्या संवसारांत. कुमारगिरीन वासनांची हत्या केल्या आनी आमी वासनांचे भक्त. कुमारगिरील्या जिणेची मोख आसा कल्पना विश्वांतलें शून्य, आनी आमचे जिणे सामके ताच्या उरफाटें - म्हळ्यार मस्तीच्या पिशेपणांत. म्हज्या मोगा, ह्या जागांत आमचे दोगांयले अदींमदीं कोणूय हेर व्यक्ती येवपाची शक्यताय ना.''

बीजगुप्ताले मुखामळ प्रसन्नतायेन उजळलें. नकळत आपशीच ताच्या तोंडातल्यान उतर गेले, ''म्हज्या देवा, अशेंच घडूंदी'' चित्रलेखान बीजगुप्ताकडेन लबाडी केली खरी पूण तिका स्वताकूच फटोवंक जमले ना. तिणे मनांतल्या मनांत म्हळें, ''....खरेंच कुमारगिरी एक अजापाचो सुंदर पुरुष कसो....!!''

❊❊❊

..५..

मंत्रोच्चारान यज्ञांत आहुति- देवांक ओंपतात ते जिन्नस-घाल्ल्यान उप्रासिल्लो धुंवरचो पर्मळ मंडपभर पातळिल्लो. सम्राट चंद्रगुप्तान मुजरत आफयिल्ले सोयरे आपापल्या आसनार बशिल्ले. सोबीत रत्नान सजयिल्ल्या शिंवासनार म्हाराज उदेन्ती दिकेन तोंड करून दबाजान बशिल्ले. तांच्या दाव्या कुशीन क्रमवार तांचे विशाळ साम्राज्याचे भोवमानान निमंत्रित सामंतगण बशिल्ले आनी उजव्या कुशीन राजकारभारी, मंत्रीगण आनी हेर , सेवक वर्ग दिसतालो. सामकार नामनेचे 'यज्ञकर्म' जाणतले, गिन्यानी-तपस्वी ब्राह्मण आनी हेर नगरवासी दाटीवाटीन बशिल्ले.

ही सभा रीतिरिवाज प्रमाण म्हायज्ञा उपरान्त 'दर्शनविशयार'-(तत्वगिन्यानाचे स विशय- योग, सांख्य, न्याय, वैशेशिक, वेदांत, आनी मीमांसा) - तर्कवाद करूंक एकवट जाल्ली. म्हाराज चंद्रगुप्तान आपणालो म्हामंत्री चाणक्यांक संबोदून म्हळें, ''नीतिकुशळ म्हामंत्री, आमचे नीतिशास्त्र जायत्या वेळां धर्माचे मुळावी रीतरिवाजारं अन्याव करपी आनी भौसाक उपकारना अशे निर्णय दीत आयला. अशा वेळेर रयतेलो विरोध चड जाणवता. ताका कारण कितें आसा अशें समजूं? आनी ते नीतिनेम धर्माक धरून आसात काय नात? हे सांगचे कश्ट मात्शें घेतल्यार बरें जायत.''

आर्य चाणक्यान उठून सभेंतल्या सगळ्या विद्वान जनांक बागोवन प्रणाम केलो. निमाणे म्हाराज चंद्रगुप्ताक लीनजावन वंदन केल्ले उपरान्त परथें आपणाल्या आसनार बसलो. ताणें सोपें भाशेंत सांगले, ''म्हाराजालें म्हणणे सामकें बरोबर आसा. आमच्या नीतिशास्त्रांत हालीच्या नित्शीत धर्माच्या रीतरिवाजा उलटे नेम आसात खरें आनी ते म्हाका मान्य आसा. जाल्यार धर्म हो समाजानूच रचयिल्लो आसा हेंय सम्राटाल्या ध्यानांत हाडून दितां. धर्मान नीतिशास्त्राक जल्म दिलो ना; पूण सामके ताचे उरफाटे नीतिशास्त्राचे रचणुकीन धर्माक जल्म दिला. समाजाक जिवो दवरुंक समाजानूच थारायिल्ल्या नेमांक नीतिशास्त्र म्हणटात. आनी हाचो आधार 'तर्क'-म्हळ्यार 'शास्त्रसिद्ध अनुमान' जे न्यायाक धरून आसता. धर्माचो आधार विस्वास आनी विस्वासाचे बंधन वा पाश दरेक मनशान आपणावन, तशेंच त्या नेमांचे राखण करप हेच समाजाक उपकारता. केन्ना केन्ना सामके उरफाटे प्रसंग बी येवंक शकतात. जेन्ना धर्माच्या विरुद्ध चलचे पडटा- जें भोवजनांच्या भलायकीचे आसता - तेन्ना हळूहळू धर्माचे रूप, रीतरिवाज वयलेवेर कित्याक आसना पूण बदलून वतात.''

चाणक्यालें सांगणें सोंपतकूच जमिल्ले गिन्यानी जनांत एक तरेची किण्ण शांतताय पातळ्ळी. म्हाराज चंद्रगुप्तान अभिमानान एक फावट म्हामंत्रिक पळेंलें आनी उपरान्त विद्वान जनांकडेन. आर्यचाणक्यान धर्माविशी बरीच व्हडविकायेची गजाल विसकटावन सांगिल्ल्यान तांतूत भरपूर सत्यताय बी दिसताली. जाल्यारुय तो एक नवो विचार मांडिल्लो आनी तोय बुनियादी धर्मसिद्धांता विरूद्ध. उचित जाप कोण दितलो काय हाचेर लोक उत्सुकतायेन वाट पळेताले. तेन्नाच एक तरनाट्या योगीन स्पश्ट आवाजांत जाप दिली,- ''ईश्वर मनशालो जल्मदातो आनी मनीस समाजाचो. धर्म हे ईश्वरालें संवसारीक रूप ते दरेक मनशाक ईश्वराक मेळोवपाचे साधन. धर्माची कुचाळकी करप ही ईश्वराली कुचिश्टा समजा, आनी ते सत्यापसून पयस व्हरता. सत्य हे एकूच आनी ताचेंचे दुसरे नाव धर्म. तुमचे नीतिशास्त्र धर्माचे विपरीत नीतिनेम सांगत आसल्यार तो एक तरेचो गुन्यावच. उचित वा अनुचित-न्याय अथवा अन्याय - हांचे सगळ्यांचे सगळ्यातरेन जाणविकाय हाकाच धर्म म्हणयेत आनी धर्माभितर भौसांलें सगळें विश्व एकवटिल्लें आसता''.

जाणट्या म्हामंत्रीन आपणाल्या सामकार बशिल्ल्या तरणाट्या योगी कुमारगिरीक अशेतरेन नियाळ्ळे जशें कितें तो एक दैत्यच. तो मनांतल्या मनांत हांसलो. म्हामंत्रीन प्रस्न केलो, ''धर्माची व्हडविकाय गुणगान करपी आरे योगी, खबर आसा, धर्माक कोणे जल्माक घाले तें ?''

''ईश्वरान...मनशाल्या अतंरात्मान......'' योगी कुमारगिरीली जाप.

''आनी ईश्वराक....?,''

चाणक्यालो हो प्रश्न आयकून लोक चकीत जाले-"ईश्वराक कोणे जल्माक घाले- कितलो भयांकृत प्रश्न. जनसमुदायांत हलकोसो गोंदळ परगटलो. कुमारगिरीन त्याच शांत आवजांत जाप दिली, "ईश्वर अनादि आसा."

"योगिराज, खरें तेंच सांगलें, ईश्वराक आदी ना. ही गजाल कितें नवीन न्हय ईश्वर अनादि आसा अशें प्रत्येक मनीस म्हणटा, पूण तूं ईश्वराक जाणां? ईश्वराक जाणटा हे हांगा जमिल्यापयकी कोणी सांगत?" चाणक्यालो आवाज गंभीर जालो, आनी ताच्या दोळ्यांत आव्हानाची पर्जळ दिसताली. कोणालीय जापेची वाट पळयनासताना ताणे आपलें सांगप सुरूच दवरले, "हय, ईश्वर अनादि आसा आनी ताका कोणीच उमजून घेवंक पावलो ना हेंय तितलेंच नित्शितायेन हांव सांगूक शकता. तो मनशाल्या कल्पने भायर आसा; तो सत्य आसा, आनी इतलो प्रबळ पर्जळीचो की ताच्या मुखार मनशाले दोळे उकते रावंक पावनात. ते सत्य जाणून घेवपाविशी यत्न करात वा ताका प्रसन्न करूंक जायती तपस्या करात, ते सगळे निरर्थक जाता- म्हळ्यार ते कांयच उपकारना. जर तुमी ईश्वराक जाणटात, आनी तुमच्या कल्पनेंत - जो अखंड, अशीम, अनंत आसा-तो येवंक पावता तर तो ईश्वर कसलो? पूण योगिराज, तुजो ईश्वर आनी म्हजो ईश्वर - जाचो आमी पूजा करतात- तो जगनियन्ता ईश्वरापासून विगंड आसा. आमचो दोगालोंय ईश्वर हो कल्पनेन साकार केल्लो. आपणाल्यो खाशेल्यो गरजो भागोवपाखातीरूच समाजान अशा ईश्वराक जल्माक घाल्लो आसा."

आर्यचाणक्यान थांबून चोयवशीन पळेलें तेन्ना सरभोंवतणेंत शांतताय सामकी पातळिल्ली. योगी कुमारगिरीले दोळें धांपिल्लेशें दिसतालें जशेकांय तो खोल चिंतनांत बुडिल्लो. आर्य चाणक्य आपणाल्या आसनावेल्यान उठून उबो रावलो आनी परथून एक खेप भरसभेचेर ताणें दिश्टी घुंवडायली. ताच्या नदरेंत सुमाराभायर हांवकार दिसतालो आनी खाशेलो भरवंसो. ताचे ताठ उबे रावप थंयसर जमिल्ल्या भोवतेक पंडित जनांक एक तरेचे निर्णायक आव्हान दितालें. थोडो वेळ थांबून कोणाकडसून जाप मेळचीना असो अंदाज घेवन आर्यचाणक्यान आपणाले आदीच्या म्हणण्याक पालव धरलो, "अजून विशय अर्दकुटो रावला- हय, खरें आसा,- आमचो आनी तुमचो ईश्वर जाचेर आमी स्रद्धा दवरतात ताची भक्ती करतात तो कल्पनेंत उप्रासिल्लो आनी तोच समाजान आपणायिल्लो आसता अशें म्हणूंक येता. ताची विंगड विंगड रूपां दिसतात. अंतरात्मो हो ईश्वर निर्मित नासून ता समाजान तयार केल्लो आसा. समजा तो जर खऱ्यानीच ईश्वराली देणगी आसताशिल्ली तर वेगळ्या वेगळ्या समाजाच्या व्यक्तीलो अंतरात्मो एकूच उरताशिल्लो. ईश्वर एकूच आसा, ताणें धर्मांचे नेम केल्ले आसात जाल्यार दरेक व्यक्तीक एकूच नेम लागू पडपाक जाय. पूण तशें घडत आसा अशें कांय दिसना. एका समाजाच्या व्यक्तीलो अंतरात्मो भोवतेक करून दुसऱ्या हेर समाजाच्या व्यक्तीलो अंतरात्मो जुस्ताजुस्त जुळना. मनशालो अंतरात्मो ज्या गजालीक

वायट समजता ताच्या समाजान त्याच वायटाक जल्म दिल्लो आसता. एकांदरीत एक स्पश्ट दिसता- अंतरात्मो हो समजावरवी निर्माण जाल्लो आसा अशें नित्शितायेन सांगूक शकता. मनशाक नेमनियमाविशी आशिल्लो कुड्डो भरवंसो वा पूर्ण विस्वासाकूय अंतरात्मो म्हणयेत. समाजाचें वेगळें अशें ताचें अस्तित्व ना ''. इतलें सांगून आर्यचाणक्य आपणाल्या आसनार बसलो.

आर्यचाणक्यालें अशे तरेचें भेत्तूक पावनाशिल्लें अशा विचार सांखळीन भूल पडिल्ल्यान पंडित लोकांतल्या भोवजणानी तांचेमुखार मान तुकयली. योगीकुमारगिरीन तांचे म्हणणे आयकले वा ना आयकले हे सांगचे कठीण, पूण तेदेंवेळार तो आपणाल्याच चिंतनाच्या तनरीत आशिल्लो. ताचें दोळें धांपून आशिल्ले जाल्यार ताच्या शांत मुखामळार मात एक अजापाचो पर्जळ परगटिल्लो. चाणक्याले तर्काभायलें विचार वा तत्वांक तो काटछेद दिवंक पावचो ना अशीच लोकांली समजूत जाल्ली. आनी त्या वेळेपुरतें चाणक्यालें जैत जाल्ले.

सम्राट चंद्रगुप्त मुमुरखे हांसतालो. थोडी अदीक वाट पळोवन ताणे आपाणाल्या मंत्र्याक आज्ञा केली. बेगोबेग तो उठलो आनी राजसभेक संबोदून व्हड आवाजांत ताणे सगळ्यांक कळीत केले, ''वादविवादाचो आतां अखेर जाला, आतां नाच गाण्याक सुरवात जातली. म्हणटकीर थंयची हुसकेंत आस्पाविल्ली शांताताय एकाएक भंग पावली आनी थंय जमिल्ल्या सामंतजनांत आनंदभरीत सूर आयकूंक आयलो. त्याचवेळार शिणगार कुडांतल्यान नर्तकी चित्रलेखान पावल दवरले. तिच्या आंगार घाल्ल्या दागिन्यांत एक आकर्शक संगीत भरशिल्ले. वित्राग हाडपी रसहीण भासाभासेन उबगल्ली सरभोवंतण आतां आनंदजल्लोशान थरथरली. फांतेपाराचे धवटसर दाट धुंके कापून सूर्याली तेजाळ किरणां फाकतात तेच तरेन ती भरसभेंत आयली. हेमंताचो शियांरूतू आसुनूय राजदरबारांत वसंत रुतूतली उर्बा आनी खोशी पातळली. आनी खिणभरांत सगळी भोंवतण बदलून गेली.

सभेचे मदेकत रावन सुरवेक चित्रलेखान सम्राटाक कमरेत बागोवन प्रणाम केलो त्या वेळार तिच्या नाजुकतायेत एक वेगळीच ओडलायणी आसली. तिचें मुखामळ पुनवे चंद्रिम सारकें सोबतालें, आनी तिची लांब केसांफांती सळसळपी नागिणीवरी - जशें कांय विखारान त्रासून ती चंद्रिमालो गोडवाय लुचपाक मात्यर चिकटून राविल्ली. तिच्या काळ्या गच्च केसांत मोत्यासरीचे जाळें सोबीतायेन विणिल्ले आनी तो दिश्टावो चंद्रिमाक संकश्टांत पळोवन भोवतेक नखेत्रांनी आपणाक एकमेकांक वळेसरांत बांदून त्या काळ्या सोरोपाक रेवाडो घाल्लो अशें दिसताले, आनी तांचो सुंदर झ्येत तिच्या मुखामळार आस्पावन राविल्लो. तिणे छातीर तलम रसमी ओडणी ओडून घेतिल्ली पूण ती आसा ना आसा वरीच आशिल्ली. भांगरा जरीन विणिल्ली चोळी आनी तिच्यांत घट्ट बांदिल्ले तिचें उबार थानां सामके नदरेंत भरताले. नक्षीदार किनखाब ती न्हेशिल्ली आनी रातीच्या खर उजवाडांत तो खुबूच चकचकतालो. रत्नान खोविल्ले दागिने

तिणे आंगार घाल्ले. ह्या सगळ्यांचो घडितेक लागून तेदेंवेळार ती साक्षत देवी लक्ष्मीवरी दिसताली. म्हाराज चंद्रगुप्ताक प्रणाम केल्ल्या उपरान्त तिणें मंद हांसत, आपणाली म्होवीं नदर एक फावट थंयसर जमिल्लया सामंतजनाकडेन फिरयली. त्या सरशीं तांचो उल्लास उमाळून आयलो आनी तो सभोवांर घुंवत रावलो. तिची नदर जण एक सामंताले आभार घेत घेत निमाणे बीजगुप्त बशिल्लो थंय येवन अचकीत थीर जाली. तिच्या दोळ्यांचे म्होवे हांसपाचें बीजगुप्ताल्या मुखामळार पडबिंब दिसले. बीजगुप्त मुमुरखो हांसलो. ताका परथें चित्रलेखान मोन्यान दिल्ल्या सलामीक मोन्यानूच जाप दिली. उपरान्त चित्रलेखान गिन्यानी तशें तपस्वी जनांमुखार आपलें माथें बागोवन नमस्कार केलो. त्याच वेळार आपणाली तकली वयर करीत आसतना तरनाटो योगी कुमारगिरी तिच्या नदरे आवाठ्यांत आयलो. तिणे आपणाली दिश्टी कांय वेळ ताचेकडेन थीर केली. तो योगी आपणाकडेन एक खेप तरी पळेत काय म्हूण तिका जाणून घेवपाचे आसलें. जाल्यार ध्यानाच्या तनरीत तो योगी एक वेगळ्याच कल्पनेच्या जगांत रमिल्लो. खंती मनान तिणे आपणाली नदर ताचेवेल्यान कडसरायली.

मृदंगाचे घुंवघुंवपी तालासाथीन सारंगीन कल्याण रागाचे सूर भरले. चित्रलेखालो सभामंडपात रिगाव जायतसावन , थंय जमिल्या लोकांलो उल्हासभरीत गाज अकस्मात थांबलो, आनी खिणांत चोयवशीन शांतताय पातळली. चित्रलेखाल्या गोमट्या, नाजूक पायांतल्या पायंजणांनी समेचेर ताल धरली तशी नृत्याक सुरवात जाली. चित्रलेखा नाचतना गिरकी घेताली तेन्ना जोगलाचो झोत उप्रासतालो. मृदंगाचे ताल जशें काय पावसाच्या कुपांवरी गडगडाट करताले. तो गाज सोडल्यार सगळ्या सभेंत एक सवस्तकाय पातळिल्ली. जण एक व्यक्तीली तनरी लागिल्ली आनी वयल्या पावंड्यांवेल्या कलेचो थंयसर जमिल्ले सगळे सुवाद घेताले.

योगी कुमारगिरीन अकस्मात आपणाले दोळे उगडले. एक खासा दैवी पर्जळ ताच्या दोळ्यांत परगटिल्लो तो उठून उबो रावलो आनी धिटायेन गंभीर आवाजांत उलयलो,‘‘मंत्री चाणक्य, हांव ईश्वर जाणा. आनी तुमका सगळ्यांक हांगा, ह्याच सभेंत ईश्वराक दाखोंवक शकता.’’

राजसभेची शांतताय सामकी भंग पावली. कुमारगिरीलें म्हणणें थोड्या जणानीं आयकलें,परंत कांय जणांक आयकूंक बी आयलें ना, जांच्या कानांर पडलें ना ते भोवतेक करून तरणाटे सामंतगण आशिल्ले; जे नाच गाण्याच्या तनरेत रमिल्ले. ते किळांचत, हातवारे करीत एका फाटोफाट आड्डले, ‘‘त्या योगीक बसूंक सांगात.’’

चित्रलेखानूय योगीले सांगणे आयकलें नाशिल्लें. ती नृत्यात गुल्ल आशिल्ली. तिच्या पायांत एक खास जादू - कलेची एक कुशळताय आशिल्ली. म्हाराज चंद्रगुप्तान म्हामंत्री चाणक्याचेर

एक अर्थपूर्ण नदर घाली आनी चाणक्यान सम्राटादिकेन. योगी कुमारगिरी एक व्हडशी गजाल पोटतिडकेन सांगूक उबो राविल्लो. आर्य चाणक्यान मदेंच निवेदन केलें, ''सामंतजन आनी विद्वानमंडळी, योगी कुमारगिरीलें सांगणे आसा- तो ईश्वराक जाणा आनी आत्तां, ह्या भरसभेंत सगळ्यांक ईश्वराले दर्शन घडोवंक तयार आसा. ताचे सावन थोडें वेळापुरतें नाचगाणे बंद करचे अशें म्हाराजाली आज्ञा आसा.'' हे वेळा जाहीर केल्ले मात सगळ्या सामंत जनाल्ल्या कानार पडले. तशेंच चित्रलेखान लेगीत आयकले. तिणे नृत्य थांबोवन रागारागान चाणक्यासर पळेंले, आनी ताचे परस चड तिडकेन कुमारगिरीकडेन. उपरान्त ती एके बाजून वचून बसली. चाणक्यान परथून एक फावट कुमाररीक संबोदून म्हळें, ''योगी कुमारगिरी, आमी सगळें ईश्वराक पळोंवक उत्सुकतायेन सामके वाट पळयत आसात.''

योगी कुमारगिरी आपणाली चवाय सोडून उबो रावलो. सभेंत जमिल्ले सगळेजण शांत पूण भोव उमळशीकायेन घडणूक पळयताले. योगीराज आतां सभेचे मजगतीत येवन रावलो. मात्सो वेळ ताणें आपलें दोळे पुराय धापलें आनी वयल्या आवाचात एक चत्राय दिली, ''हांगासार जमिल्ल्या पंडित, म्हाजन, आनी सामंत लोकांनो मात्शें म्हजेकडेन बारीक साणेन नियाळात.''

तेदेंवेळार सभाजनांक एक खासा अणभर आयलो. योगीराज जय उबो राविल्लो थंयसरूच पांयासर आशिल्ल्या यज्ञकुडांतल्यान एक मोटो, खर उज्याचो झोत उठलो तो सामको सभामंडपाच्या पांखासर पावलो. त्या ज्वाळेची तेमकेची पर्जळ ग्रीष्म रुतूतंल्या दनपारच्या सूर्याल्या जबर उजवाडा परस अदीक खरसाणेचो आशिल्लो. तो झोत पांखे भेत्तून मळबादिकेन वयलेंवेर हुपून गेलो आनी उपरान्त ल्हव ल्हव सपूर एक शिवडी जायत गेलो. त्या तेंगशीचो आकार जसो जसो वाडतूच रावलो तशें तशें ताची पर्जळय भराभर सुमाराभायर वाडली आनी तो खर उजवाड दोळ्यांक सोसूंक जायना जावन प्रत्येकान आपापणाले दोळें धांपून घेतलें. अचर्येची गजाल म्हळ्यार त्या प्रकाश झोतांत धग नाशिल्ली आनी जें दिसतालें तो निखटो प्रकाशाचो भास आसलो. कुमारगिरीन सांगले, ''हेंच सत्य आसा,''

आचार्य, चाणक्य किंवाटून उठलो, ''योगी तू फटकिरो आसा. थंयसर कांयच दिसना,'' लोकांनी चाणक्याकडेन अजापान पळेले. योगीन ताका थोमणो मारलो,'' पिरायेन जाणट्या म्हामंत्रीक सत्याचो उजवाड दिसलो ना कितें काय म्हणटा ?''

'' कसलो उजवाड; आनी कसलें सत्य ? जें कायच दिसना ते सत्य कशें ?''आर्य चाणक्यान तिडकेन विचाल्लें.

'' अजून बरें करून नियाळात म्हळ्यार दिश्टीक पडटलें,'' कुमारगिरीन गंभीर जावन सुचयलें. तो मेरेन तो पर्जळ आपशीच धुंवरल्लोसो जालो आनी थंय एक उज्याखांब उप्रासलो.

तांतून सभेंत हजर आशिल्या सामान्य मनशानी जायते प्राणी पळेंले - ते एका वाटेन भितर येताले आनी दुसऱ्या वाटेन भायर सरताले. अजून फुडारा ताणी तांतून एकेक विशाळ नगर तयार जाल्ले आनी खिणभरांतूच नदरे आड जाल्ले तेंय पळेले. त्या आकांताच्या उज्यागुळ्यांत धर्तरी, उदक, वायुमंडळ, आनी मळब हे सुस्पश्ट दिसले. थोड्या वगता उपरान्त अचकित ताचे अवकाशांत भरवण जाले.

योगी कुमारगिरीन म्हळें ,“ आनी होच ईश्वर आसा,”.

आर्य चाणक्य आवाट्याभशेन भौन भौन सांगतालो,“ योगी, म्हाकाच कशें अजिबात दिसना, म्हजें म्हणणे इतलेंच तू कित्याय कितें सांगत आसा?

योगी कुमारगिरीन आपणाले दोळें बंद केले तशें ताणें निर्माण केल्लो दिश्टावो नाच्च जालो. सावकासयेन दोळें उगडून ताणे हांसत हांसत म्हळें,“म्हामंत्री, तूच लटके सांगत आसा अशें हांवूय सांगूक शकता. म्हज्या म्हणणेक फाटबळ दिवंक ही आखखी सभा साक्षी आसा. हांगा जमिल्ल्यापयकी भौसांतलो जाय तो तुमका जाप दितलो. त्या सरशी सभेंतल्या भोवतेक लोकांनी बोमलेपासून आड्डत एकच बोवाळ केलो. तांचे म्हणणे आसले,“म्हामंत्री लटके सांगता. आत्ताच आमी सत्य आनी ईश्वर दोगांकूय पळेंले.”

म्हामंत्रील्या अंतर्मनाक जिस्त घाव बशिल्लो. ताणे सम्राटाकडेन पळेलें. सम्राटान बी भौसाली कड उखलून धरली,“म्हामंत्री , कुमारगिरीन खरें तेंच सांगले. आमका सत्य आनी ईश्वरालें दर्शन घडलें.”

“ आज म्हज्या दोळ्यांनी पयले फावट म्हाका दगो दिलो. आरे, तरणाट्या योगी, हांव अपेशी थारलो; तू जिखलो, ” म्हणत आर्य चाणक्य आपणाल्या आसनार बसलो. योगी कुमारगिरीन आपणाल्या जाग्यार वचूंक पावल उखल्लें मात, नर्तकी चित्रलेखान ताका संबोदून म्हळळें आयकूंक आयलें,“ म्हामुनी, मात्शें थांबांत.म्हाका पडिल्ल्या दुबावांची अजून निरसणी जाली ना.”

लोकांली नदरां आतां तिचेर थीर जालीं. तांचे चवकसतायेक फांटे फुटले. योगी उबो राविल्लेकडेनूच थीर रावलो. चित्रलेखान धिटायेन विचाल्लें, “म्हामुनी तुमी जें काय हांगा हेत्वाभास निर्माण केलो तो म्हाकाय दिसलो ना. साबारजण म्हामंत्रीक फटकिरो म्हणूंक पावत जाल्यार म्हाका तशें म्हणपाक पावचे नात. हांव अशें विचारता, त्या सत्य आनी ईश्वरालो सपूत घेवन खरे सांगात, तुमी जेंकाय सत्य म्हणटात ते, आनी ईश्वराले रूप, रंग जें कितें हांगासार दाखयलें ते स्वता तुमी पळेलां ?”

नर्तकी आनी योगीली दिश्टादिश्ट जाली. योगील्या दोळ्यांत विस्वासाचें तेज आनी तपस्येची तांक दिसताली; जाल्यार चित्रलेखाल्या नदरेंत उल्लासाची झ्येत आनी भाव मात अविस्वासाचो दिसतालो. कुमारगीरील्या तोंडातल्यान अचकीत उतर फुटलें, “ना”

सभाजन आतां कुवाड्यांच पडले. म्हामंत्री धादोस भरीत जालो, आनी उठून उबो रावलो. परंत ताचे कडेन ध्यान दिनासतना तिणे योगीक आनीक प्रस्न केलो, ''म्हामुनी तुमी स्वताल्या आत्मबळान-खाशेल्या हटयोगान म्हणयेत-कल्पनावरवी उपजिल्ले सत्य आनी ईश्वरालें दर्शन घडोवन सभाजनांचेर छाप पाडली वा भासाचो परिणाम घडयलो हे खरें? आनी त्याच सत्य आनी ईश्वरालें बरें मागून हो प्रश्न तुमका केला. लटके सांगपाचे कांयच कारण ना ताचोय उगडास आसू दी. तुमी म्हायोगी आसात ''.

कुमारगिरीन मात्शें चिंतून सांगले, '' तुवें सांगले ते बरोबर आसा.'' अशे तरेचे प्रश्न आनी जापेची भासाभास आयकत सगळे सभाजन अविचळ आनी वग्गी बसून आसले. चित्रलेखान आपल्या आदीच्या सवालाक पालव धरीत म्हळें, ''आनी एक प्रश्न विचारतां, ध्यानांत घेयात म्हामुनी, जांगेली आत्मीक तांक चड शक्तिवंत आसा, ते तुमचे आत्मबळाच्या भकीक पडपाचे नात. ताचे सावन तुमचे कल्पनेन उप्रासिल्ली गजाल तांका दाखोवंक शकचे नात- हेय हांव योग्य समजूं?'' भरसभेंत एक सहज परंत अजाणटो बोवाळ दिसलो. योगी कुमारगिरीक आपणाली वायट दशा कळून चुकली. बरोच वेळ चिंतून ताणे संथ आवाजांत जाप दिली, ''जागेलो ईश्वराचेर भरवंसो आसा ताच्यांतूच आत्मशक्ती आसता; नास्तिक जनांत आत्मबळ नासता. जयं मनशांत कल्पना शक्तीचो राबीतो आसा थंयच कल्पनेचेर परिणाम घडटलो, पूण कल्पनाच जंय नश्ट पावल्या वा नास्तिकतेच्या काळ्या पांगरूणान कल्पनेचो गळो घट्ट दामटून धरला थंय ईश्वराक जाणून घेवपाची शक्यताय उणीच. जे जे लोक त्या वेळां सत्य आनी ईश्वराक देखूंक पावले नात तांची कल्पना शक्ती मरून गेल्या अशें म्हणयेत. आनी ते कारणान तांका नास्तिक म्हणटात. अशा जनांत आत्मबळकटाय अजिबात आसना''. योगी आतां थकिल्लो, गळसणिल्लोसो जावन तो आपणाल्या जागेर तसोच उबो राविल्लो.

आर्यचाणक्य आनी सम्राट चंद्रगुप्ताल्या दोळ्यांनीच कांय खूण गांठ बांदली. उपरान्त म्हामंत्री उठून मुखार सरकत, चित्रलेखा सामकार येवन उबो रावलो. ताणें विजयमुकूट तिच्या मस्तकार दवरलो. आनी सगळ्यांक कळीत केले,''नर्तकी चित्रलेखा आयची सभा तुवें जिखली. आत्मबळाचो चुकीचो उपेग करून तांतून खरेपणाचे रूप मुजरत लिपोवपाचो यत्न आज कुमारगिरीन केलो. तो तुवें आमचेंसारक्या लोकांलें नदरेक हाडून दिलो.'' तशेंच कुमारगिरीक संबोदून म्हळें, '' आनी म्हायोगी, तुमी वायट देखदिणी घडयली. ताचे सावन तुमकां दंड दिवपाक जाय. पूण तो अधिकार मात आयज चित्रलेखालो ''.

कुमारगिरीले दोळे तिडकेन तांबसार जाले. ताणे रागारागान म्हळें,'' ह्या सभेंत कोणूच म्हाका जिखूंक पावचे नात. तशेंच म्हाका दंड दिवपाची खंयच्याय व्यक्तींत तांक ना''. इतलें सांगून तो सामको ताठ जालो. योगीलो रूद्रावतार पळोवन सगळी सभा खिणभर

थरथरली जाल्यार चित्रलेखा मात मुमुरखे हांसताली. उपरान्त ती कुमारगिरीसरी पावली तेन्ना प्रत्येकाली उत्सुकताय तेंगशेर पाविल्ली. चित्रलेखान सारंगी वाजयतल्याक दोळ्यानीच चत्राय दिली आनी 'तशीच मुखार पावलां दवरत ती कुमारगिरी सामकार येवन उबी रावली. ताका संबोदून तिणे म्हळें," म्हामुनी, तुमका दंड दिवपाचो अधिकार म्हजो आनी तो पुराय करूंक हांव उतावीळ जालां. ताका पाळो कशेंतरेन दितात ते पळेयात, " अशें म्हणत तिणे हातातलो भांगरा मुकूट योगील्या मस्तकार दवरलो.

तेदेंवेळार सारंगीचेर राग यमनचो सूर हुमटलो आनी चित्रलेखा जोगलावरी चमचमत तालाच्या समेर येवन नृत्य करूंक लागली, लोकांनी आनंदभरीत जयजयकार केलो. कुमारगिरीली मुद्रा धवीफटफटीत पडिल्ली आनी ताची ताठ मान बागवल्ल्या अवस्तेंत. चित्रलेखा पयस गेल्ली उपरान्त तो सावध जालो. तेन्ना आख्खी सभा आनंद सुवाळ्यांत बुडिल्ली. " शिक्षा आनी हारजीत हाचेर विचार करचो पडटलो" अशें पुटपुटत कुमारगिरी ताकतिकेन सभागारांतून भायर सरलो.

❊❊❊

...६...

अपमानित आनी अपेशी योगीक आतां एक नवो अणभव मेळ्ळो. ताकालागून तो पुराय निर्शेल्लो. आपूण केन्नातरी कोणाकडसून हारतलो -आनी तोय एके सामान्य बायलेककडसून हाची कल्पनालेगीत ताणें करूंक नाशिल्ली. आनी ती बायल तरी कोण? एक सादी नर्तकी. कुमारगिरील्या मनांत एक तळमळो उप्रासलो. ताणे परिस्थितीची विसकटावणी केली.... जिखुनूय तो अपेशी थारिल्लो. सम्राट चंद्रगुप्ताल्या विशाळ साम्राज्यांतल्या मेजक्या तोलामोलाच्या गिन्यानी लोकांचेर ताणे जैत मेळयिल्ले जाल्यार हरलो मात एके बुद्धिहीण बायलेकडसून. तशें पळयल्यार एका नेणाऱ्यापसून अपेशी थारप हे सभावीक आसा. कांय बायलांनी तर व्हड नामनेच्या साधकांक जिखलेले जाल्यार ते सगळे बायलांले विशयांत- गिन्यानांत न्हय. कुमारगिरीली गत विचित्रशी जाल्ली. ताची तकली तिडकेन भिरभिरताली.

हार-जैतांत खंयचेय एक घडपाचे तशें सभावीक आसा. जाल्यार हे अपेश मात अजापाचें आसलें. एके सामान्य अस्तुरीन योगीक सकयल मान घालूंक लायली ते तिच्या बुद्धिमत्तेन न्हय. घडये तिणें आपल्या उदार वागणुकेन आसत. कुमारगिरील्या मस्तकार भांगरामुकूट अजून सोबीत दिसतालो. आनी आत्तांच ताका ताचो उगडास जालो. कुमारगिरीक तिडक भरली, आनी रागासरशी ताणें मुकूट उखलून धर्तरीर जोरांत आदळ्ळो. उपरान्त तो परथून

सवस्तकायेन चिंतूक लागलो.... 'हार' हे उतर ताच्या शब्दकोशांत नाशिल्लें. यश मेळोवपाखातीर ताणे संवसारीक सुखाचे पुराय त्याग केल्लो. जैत जोडूंक म्हूण तर भयंकर अशी तपस्या, साधना केल्ली. इतले करूनूया तो जिखूंक पावलोना, कित्याक अशें जालें? कुमारगिरी मनांतल्या मनांत पुटपुटलो, '' म्हजो पराभव घडप संभव ना, न्हय- हांव अपेशी जावप शक्यच ना. म्हज्या साधनांची अखेर अशीच पराजयाची आसा काय म्हणटा? केन्नाच ना. केन्नाच अशें घडपाचे ना''.

धुल्ल खायत पडिल्ल्या भांगरा मुकुटार आतां ताची नदर पडली. वग्गी, थीर रावन ताचेकडेन तो पळेत रावलो. तो मुकूट ताका कितें तरी सागंता असो ताका भास जालो.... ''योगी, तुजी हार जाली ना, तूर्ताक तूंच जिखिल्लो आसा.'' कुमारगिरील्या कुडींतल्यान एक अनवळखी ल्हार सणकून गेलें. तो सावकासयेन त्या मुकूटावटेन सरकलो. जाल्यार अकस्मात थांबलो.... '' जैतासयत पराजय !! कितली अचर्येची गजाल. ह्या जैताच्या नजराण्यार म्हजो अधिकार आसा ? सगळ्या सभाजनांच्या दिश्टीन हांव त्या नर्तकीकडसून जिखून गेल्लो आसा म्हूणतर तिच्या मस्तकार हो मुकूट दवरिल्लो.... आरे, हो मुकूट भश्टाविल्लो, पापाचो आसा !'', योगीन आपलें तोंड दुसरे कुशीक फिरयलें. थंयच्यान आतां रोखडोच पांय काडचो अशें ताणे मनांत थारायलें. जाल्यार पांय मात जड जावन थंयच रूतिल्ले; सामके मुकूटा लागसार. निर्मळ, चकचकीत, धव्याफुल्ल चान्न्याच्या उजवाडान त्या मुकूटाची गोमटाय आनी कितेकपटीन वाडिल्ली दिसताली. योगीली नदर परथून थंयच थिरावली. तो मनांतल्या मनांत घोळत रावलो,-''आरे, हो मुकूट तरी म्हाका कसो मेळ्ळो ? निमाणे जैत तरी कोणालें ? म्हजे की त्या नर्तकीलें ? तिणे म्हजेसावन हार कित्याक म्हूण पत्करली ? हे अशें कशें घडलें?''

''अशें कशें घडलें म्हळ्यार हांव तुमचे पसून पराजीत जालें,'' अशें म्हणत चित्रलेखा सामकें ताच्या लागसार येवन उबी रावली. त्या जापेन योगी अचानक ध्यानार आयलो. ताणे अचर्येन पळेलें - चित्रलेखा सामकी मुखार उबी. तिच्या मुखामळार मुमुरखे हांसप खेळटाले; तिचें दोळें फुलारिल्ले. तांतूत एक खुशीची पर्जळ आस्पाविल्ली. तिणे नमळायेन म्हळें ,''योगीराज कितली अजापाची गजाल! हार खाल्ली आनंदभरीत आसा जाल्यार जैतवंत चिंतीत आनी खंती.''

कुमारगिरी कायंच उलयलो ना. जभिनीर पडिल्ल्या मुकुटार ताची नदर रोखिल्ली. चित्रलेखाक ते ध्यानांत आयलें. कांयच खबरनाशिल्लेवरी तिणे विचाल्लें,'' हें आनी कितें ? मुकूट धूळ खायत पडला ? योगीराज , खाशेले जैत अजून तुमका मान्य जालेशें दिसना?'' चित्रलेखालें हांसप मात आतां शेणून गेल्लें. बरो व्हड प्रश्न आसलो. बडवाचारी योगी आपणालो पराभव मानून घेवचो संभव नाशिल्लो. ताणे चित्रलेखाल्या त्या प्रस्नाक जाप

दिली ना. चित्रलेखान मुकूट उखललो, ताचेवयली धूळ फापडून ताका लकलकींत केलो. ''हट्टी योगीराज , तुमचो पराजय करचो म्हज्यान केन्नाच शक्य जावपाचें ना इतलो भरवंसो दवरात''. म्हणत तिणे तो मुकूट कुमारगिरील्या मस्तकार दवरलो. जो मुकूट भिरकावन उडयिल्लो तोच परथून आपणाल्या माथ्यार दवरून घेंवक तो मात्सोय अनमनलो ना. ताचेविशी आडमेळेय घेतले नात. तेदेवेळार तो दोळे बंद करून कितेंतरी चिंतितालो.

''योगीराज कितें येवयजितांत ? ,'' चित्रलेखान विचाल्लें. हे वेळांमात कुमारगिरीन दोळे उकते केले, आनी ल्हव आवाजात जाप दिली,'' नर्तकी चित्रलेखा, स्वताक तूं कितें समजता? तुंवे म्हाका खऱ्यानी जिखला ? आनी त्याच कारणान तू म्हजो अपमान परत परत करीत आसा ? तुजें हे यत्न आनी समज दोनूय चुकीच्या समजुतीचेर आदारिल्ले आसात इतलें ध्यानांत दवर. योगीन संवसाराचो पुराय त्याग केला देखून तो निगुडो - (सत्व, रज, तम ह्या तीन गुणापेल्यान आशिल्लो) देखून मान अपमानाच्या भायर आसा. तांचो हांगा कांयच संबद ना. तरी पूण तूं हें सगळें कित्या खातीर करीत आसा हांव नकळो. ते सगळें व्यर्थ आसा हे ध्यानात दवर.''

चित्रलेखा गंभीर जाली. शांत आवाजांत तिणें समजायलें,''योगीराज, तुमचो समज चुकीचो आसा. हांव परथून नमळायेन सांगता-तुमका अपेशी करूंक खऱ्यांनी ना म्हजी योग्यताय आसा ना म्हजेकडेन तितली तांक.''

योगी कुमारगिरीन आपणाली नदर चित्रलेखार थीर केली. थोडो वेळ तो आपल्या म्हऱ्यांत आनी सामकी सामकार उबी राविल्लया अजपाच्या बायलेकडेन दोळ्यांपाती हालयनासतना थीर नदरेन पळेत रावलो. ताचें मुखामळ तांबसाणेन फुल्लें . ताची निश्चळ कुडी एक अजाप अशा अचकीत उठिल्लया ल्हारान शिरशिरलें. ताणे तिचो हात घट्ट धरून स्पश्टीकरण मागलें. ''खरे सांग तूं सावटा सारकें हांगासर कित्याक आयला? हे तरेन म्हाका लजोवंक वा म्हजी उणाय दाखोंवक तुजी कसली मोख आसा? '' हे सांगतना अस्तुरी स्पर्शान घडिल्ल्या उमळशीकायेन योगीले आंग एक सुखदिणी ल्हारान कांपले, चित्रलेखा साम्के म्हऱ्यांत राविल्यान तिचीय नदर योगील्या नदरेंत खोलायेन बुडिल्ली. तिच्या ओडलायणी नदरेंत, नकळ खंयची मदिरेची धुंदी चडिल्ली, तिणे मुमुरखे हांसत म्हळें , ''आयला खरें, म्हका जिखिल्लया योगी कडसून दीक्षा घेवंक.''

सगळी भोवंतण सुवासीक परमळान भरिल्लो. आनी ताच्या सांगातीक घुंवघुंवणारो वारो. चंद्रिम खुशींत दिसतालो, नखेत्रांय लजून खिदळटाली. त्या वाठारार रातीचे किण्ण शांततेत एक योगी आनी एक नर्तकी एकमेकाल्या स्वासोस्वासाच्या अंतरार उबे राविल्ले.

कुमारगिरीलो कड-हुनसाणीचो उमाळो - आतां उणो जालो. स्वताक सांबाळून घेत तो मात्सो फांटी सरकलो आनी, ल्हवू आवाजांत उलयलो ''बाय, म्हजेकडेन दीक्षा घेवप म्हळ्यार, ताचो अर्थ खबर आसा? ताचेर इल्लेतरी चिंतन केला काय म्हूण विचारतां?''

चित्रलेखा हांसली. तिचे म्होवें हांसप कोणाकूय कुवाडेंत घालचें सारखें आसलें. तांतूत अदीक ओडलायणीचे सुस्वर संगीत भरिल्लें. तिणें नित्शितायेन जाप दिली, '' एक फावट न्हय जाय ते फावटी.''

योगी कुमारगिरीन आतां आपणाली नदर चित्रलेखावेल्यान कडसरायली. ''भरवंसो कसो दवरूं? हांवे सांगिल्ले तुका ध्यानांत मातय आयले अशें दिसना. तुवें सन्यासी दीक्षा घेवप हाचो अर्थ म्हळ्यार एकांदर भोगविलास तशेंय वासनांक सदाखातीर सोडून दिवप. ज्या अकर्मण्यतायेचो तू दुस्वास करता ताकाच आपणावचे पडटले. ज्या वित्राग हाडपी साधनांची तू मस्करी करता त्याच साधनेंत तुजी खाशेली नाजूक कुडी तापोवन काडची पडटली.''

चित्रलेखा नुलयत वोग्गी राविल्ली. जाप कितें दिवप हे ती चिंतिताली. नर्तकी आसूनलेगीत दर्शन शास्त्राच्या विकाह्री तत्त्वांचेर तिची जाण आशिल्ली. जाल्यार लटकें उलोवपाचें मात तिका जमनाशिल्लें. तिच्या आत्म्याची जाप थारिल्ली 'ना'. परंत तिच्या मनाची तयारी मात आशिल्ली. मनांतल्या विचारांनी अंतरात्म्यार जैत केलें आनी ताणी नर्तकीक तिच्या पिरायेंतलें सगळ्यांत व्हड फटिंगपणा करूंक दबाव हाडलो, -''योगीराज, ह्या सगळ्यांचे अणभव घेवंक तर मनाची तयारी करून आयलां,'' तिणे धिटायेन सांगले !

''ह्या वावराक तयारी दवरून आयलां ? ''योगी कुमारगिरी पुटपुटलो. ताची मुद्रा कळाहीण जाली, आनी तो दुबावांत पडलो, 'तरी पूण अदीक ताणून धरीत ताणें समजावणीचो सूर धरलो, ''नर्तकी, तू खरेंच चूक करता. जें कितें तुवें थारायला ते सुमाराभायर कठीण काम आसा. दरके जणाक ते जमतलेंच अशें ना. तू जाणां, ममत्वाक विसरप चड दुखदिणें आसता. तुज्यांत ती शक्यताय दिसना.''

चित्रलेखा गंभीर जाली,'' खरें तेंच सांगले योगीराज , ते कठीण आसा खरें , मात शक्य ना अशें समजनाकात .'' कुमारगिरीन चित्रलेखाक तिच्या पांयांपसून माथ्यापर्यंत एक फावट नियाळलें. भरसभेंत नृत्य करचे वेळार न्हेशिल्ले वस्त्रालंकार तिच्या आंगार अजून सोबतालें जोडीक तिची सोबीतकाय आनी खाशेली मादकताय. ओडलायण्या दोळ्यांत उल्हास भरिल्लो. योगीन मनांतल्या मनांत म्हळें, - ही बायल हेर बायलांपरस चड सुंदर आसा. आयजमेरेन ताणें बायंलाल्या नाजुकतायेर केन्नाच ध्यान दिलें नाशिल्लें. मोग आनी हावेसाची जाण ताका इल्लीलेगीत नाशिल्ली. तिच्या सुंदरतायेन ताचे काळीज हलके अशें थरारलें. त्या थरथरपांत

लेगीत कुमारगिरीक संवसारीक सुखाचो एक अणभव पयले खेप जाणवलो. तें सुख कितले नवलायेचे आसलें. अनमनत ताणे सांगलें, ''चित्रलेखा, तुका दीक्षा दिवचे कितलें योग्य आसा हाचेर म्हाका विचार करचो पडटलो. आत्ता हांगा कायंच सांगूक पावचो ना.''

चित्रलेखान कुमारगिरीले वाक्य जशेंचें तशें उच्चारलें , ''आतांच सांगूक पावचोना ?'' मुखार ती सांगतच रावली, ''कित्याक, म्हजेर तुमचो भरवंसो ना वा तुमकां स्वतारूच विश्वास ना ? योगीराज, याद दवरात म्हाका दीक्षा दिवची वा ना दिवची हाचेर तुमचे मत कितेंय आसूं दी, पूण तो म्हजो जिणे मरणाचो मुखेल प्रस्न जाला. ताकालागून तुमचेर चड जापसालदारकी येवन पडल्या. समजा, कोणा एकालागी उदक आसा आनी तो एकाद्रो तानेल्ल्या मनशाक दिवंक नाकारता, आनी उपरान्त ताका तानेन तगमगत मरतना पळेता अशा दशेंत समजुचें तो एक व्हड-क्षमेक अपात्र अशें-पाप करता. ताच्या आत्म्याक सुख, शांती मेळची केन्नाच शक्यताय आसना.''

त्या सरशी कुमारगिरीक तिडक मारली, परंत राग गिळचो पडलो, ''तुका सगळी गजाल आता सामकी उकती करून सागंता'' ताणे सावचित्तान एकेक उतर उ़च्चारलें, ''नर्तकी, दर्शन शास्त्रांतल्या बदलिल्या म्हण वा वायटायिल्ल्या म्हण अशा विचारांनी तुका घट्ट आवळून धरला. म्हूण तुका दीक्षा दिवंक अनमानता. त्या विकारी सिद्धांतात एकतरेच्या विचारांची संगतवार आसा, आनी ताचेर विश्वास दवरपी व्यक्तीर एक दबाजो. तसल्या तत्त्वपरंपराच्या घुस्पागदळांतल्यान तुका भायर काडचे परस हांवूच खंय चुकून तांतूत फसून वचचो नामूं हाकालागून हांव भियेता. ना.. ना.. तुका दीक्षा दिवचें अजिबात शक्य ना, '' आनी कुमारगिरी उलोवंचो थांबलो. स्वताल्या मनाच्या दुबळिकायेचो ताणे आज पयले फावट अणभव घेतलो, आनी नकळत ते सांगुनूय मेकळो जालो. आपणाली उणविकाय उलोवन दाखयली आनी ती कोणांक तर एक साद्या नर्तकीक ! योगीक आपलीच तिडक मारली, ताचो शांत तोंडवळो त्या उबगणीन तांबसार जालो. ताणें म्हळें, ''सुंदरी, हांवे जे कांय समजावन सांगले ते कारणान तुजो हेत साध्य जावपाचो ना. हांगाथान पयलीं भायर सर इतलीच तुका नमळायेन विनंती करता. म्हाका थोडों वगत जाय कारण जें कांय घडत आसा ताचेर म्हाका मात्शें चिंतन करूं दी, इतलेंच मागतां .''

'' बरें आसा योगीराज. म्हजें हांगासार रावप तुमका जर दुखदिणें जाता जाल्यार जितलें बेगीन हांव भायर सरतलें तितले बऱ्याक पडटले अशें म्हाका दिसता. घडये ही त़रनाटी बायल अविचारी आसा, माया आसा, अशें तुमका दिसूंक फाव. वायट नेमांत बदलिल्लो धर्म आनी तत्त्व गिन्यानावेल्या म्हज्या विस्वासाचे तुमकां भंय दिसता. पूण ती सगळी समजूत मुळापासून चुकीची आसा. ज्या वेळार तुमचे लागी दीक्षा घेवंक म्हूण आयलें तेन्नाच हांवे म्हज्या खाशेल्या विस्वासाचो, भावनांचो तशेंच म्हजेर जाल्ल्या संस्कारांचो त्याग करूनूच

आयिल्लें. आतां रावली फकत ही बायल अजाण बुद्धीची आसा वा मायावी आसा ही गजाल. पूण थंयलेगीत तुमी विसरतात योगीराज, अस्तुरी हीय एक शक्ती आसा, ती सृश्टी आसा, मात तिका चालना दिवपी व्यक्ती योग्य मेळूंक जाय. आनी ती जाता आकांताची, सत्यानास करपी, जेन्ना तिका उपदेश करतलो आसता अकुशळ, वाकड्यांतलो. सोपें भाशेंत सांगपाचे म्हळ्यार जो मनीस बायलांपसून भियेता तो एकतर नालायक आसता ना तर भिजूड. आनी हे दोनूंय अवगूण आशिल्ली व्यक्ती अपूर्ण आसता,'' इतलें सांगून चित्रलेखान थंयसरच्यान पांय काडलो. ते वेळां कुमारगिरीली दिश्टी शून्यांत बुडिल्ली. चित्रलेखा मात्शी पयस वचून अकस्मात थांबली आनी तिणें वयल्या आवाजांत योगीक संबोदून म्हळें, '' एक सांगणे रावनूच गेलें. हय,ह्या आस्रमांत हांव फाल्यां परथून येतलें. तुमका विचार करूंक भरपूर वेळ दितां. म्हाका दीक्षा दिवपाचे नीतिक धरून आसा अशें ध्यानांत आयलें म्हणटकीर म्हाकां कळयल्यार उपकारतले. तशेंच घडूं दी, म्हायोगीक मनापासून नमस्कार करता.'' आनी जापेची वाट पळयनासतना ती ताकतिकेन चलूंक लागली. तेदेंवेळार कुमारगिरीक ताच्या ध्यान समाधीतल्यान जाग आयली.

चित्रलेखा वता आसतना कुमारगिरीन तिका फाटलेवटेन पळेलें. तिचें म्होवें उलोवप ताच्या कानांत घुंवताले. तिची गोमटाय दोळ्यामुखार नाचताली. अर्दवट पिल्ल्या सोरेकारा सारकी ताची दशा जाल्ली आनी फुडार सैराणाभायर गत जावची भंय पडिल्ले. घमघमीत पर्मळाचो सोरो विरकून धुळीत भरसून वतेर आसा असोय एक दिश्टावो ताच्या नदरेमुखार तयार जाल्लो. योगी आता भानार आयलो. ताका स्वताक सावरपाक कठीण जावंक लागले तशें ताणे चित्रलेखाक उलो दिलो, नर्तकी मात्शें राव.''

योगी कुमारगिरीली नदर आतां धर्तरीवटेन बागवल्ली. स्वताल्या काळजाचे घरबंद नाशिल्ल्या मस्तेपणाक ताच्या आत्म्यान जाय तशें आडमेळें घालूंक यत्न केले. मात निमाणे काळजाच्या विनंतीक मान दिवचो पडलो, ''म्हाका ह्या बायलेल्या प्रस्नाकं जाप दिवन म्हजी आवतिकाय निटायेन सागंपाची गरज आसा,'' अशें मनांतल्या मनांत म्हणत ताणें आपल्या अंर्तमनाचे सांत्वन केलें. आनी स्वआत्म्यापसून घडपी निंदानालस्ती चुकयली.

चित्रलेखा परथून आयली आनी ताच्या म्हऱ्यांत उबी रावली. तिच्या मुखामळार मुमुरखे हांसप पातळिल्ले आनी काळजांत एक नकळसो थरथर. तिणे शांतपणान म्हळें,''योगीराज, घडये तुमका स्वताली चूक उमजली आसूंक फाव. सांगात तर, जे कितें सांगपाचे आसा तें''.

कुमारगिरीन कांयच जाप दिली ना. तिची सोबीतकाय नियाळपातूच तो गुल्ल आसलो. ताणे चित्रलेखालो शिणगार ध्यान दिवन नियाळलो आनी ताच्या पोंदा लिपिल्ली तिची

नाजुकताय. मदिरा कितें आसता आनी मादकताय कशी दिसता तें तिच्यांत एकवट जाल्ले. ताणे इत्सा अणभवली आनी तिच्या ओडीन बदलिल्लें रूप. अकस्मात योगील्या मनांत प्रस्न उप्रासलो, ''स्त्री कितें आसा ? आनी सुदंरताय म्हळ्यार कशी आसता? ईश्वरान ह्या दोनूंयची कित्याक म्हूण रचणूक केल्या?'' प्रस्न मात कारणाशिवायच वयर हुपून अयिल्लो. कितल्याशा वरसांचे ताचें भितर आस्पाविल्लें विचार आनी विवेकाची मजत घेत ताणे स्वताक सांवरपाक यत्न केलो, ''आरे, हांव स्वताच्या जिणे वाटेवेल्यान विचळीत जायत आसा काय म्हणटा ? अशें विनाकारण नाकाशिल्ली जायत्या विचारांची ल्हारां ताणे मनांतल्या मनांत चेपून दवरली. निमाणे ताणे तोंड उगडलें, ''खंयच्या चुकीविशी तू सांगत आसा सुंदरी. म्हज्या जाणीवेप्रमाण म्हजेकडसून क्सलीच चूक घडली ना''.

परथी जाप दिवंक चित्रलेखाक बरे दिसले ना. तिणे नमळायेन म्हळें, ''योगीराज क्षमा मागता. ज्या व्यक्तीक गुरुस्थानी मानून आयला तो चूक कशी करूंक पावतलो. म्हज्या कांय उणीदुणी उलोवणेचेर मुजरत माफी मागता.''

'' जें काय सांगपाचे आसा ते सांगात - अशें तुवें म्हळे खरें , जाल्यार अजून विचार कर हांवे तुका आफयले तें कित्याक म्हूण ?,'' कुमारगिरीन शांतसूर धरलो,'' खरें सांगपाचे म्हळ्यार म्हाकाच ते खबर ना. हांवे हे सगळें कित्याक केलें. नित्शिातायेन म्हणयेत आत्ताच हांवे एक व्हड चूक केली. तरीपूण ज्या अर्थी तुका हांगासार आफोवन घेतला तेन्ना म्हजें एकूच सांगणे आसा- आनी तें म्हळ्यार हांव तुका दीक्षा दिवंक असमर्थ आसा. इतलेंच न्हय तशें म्हजेकडसून घडपाचेय ना. तुका दीक्षा दिवप हाचो अर्थच असो-म्हळ्यार. हांवेच तुजेलागी दीक्षा घेवपासारकें आनी त्याच कारणान हांव तयार ना.'' कुमारगिरीली नदर आतां सुदूर अस्तमतेक देंवपी चंद्रिमार थीर जाल्ली.

चित्रलेखा विचारांत पडली. तिची मुद्रा निर्शेणीन काळवंडली दोळ्यांत काकूळट भरून आयली. ल्हवूच तिणें विचाल्लें,''तुमी जी चूक केल्या ताचेसावन तुमचे परस म्हाका चड दुख्ख जाला. कितें करूं? तुमची दुबळिकाय म्हज्या जिणेर कशी परिणाम घडयतली तें आत्ताच हांव सांगूक पावचें ना. तरीय एक तरेचो दबाव मात येवन पडला इतलेंच नित्शितायेन सांगूक शकता. तुमी म्हाका दीक्षा दितले हीच एक आस्त बाळगून आयिल्ले आनी आयजमेरेन त्याच आदारार हांव भविश्याची कास धरून राविल्लें. आतां तीय आशा नश्ट पावल्या. तुमच्या मत्ताप्रमाण म्हजें जिणें एक काळोखान वा अज्ञानान भरलां तेंच खरें आसपाक फाव. म्हाका मात गिन्यानांतलो प्रकाशाचो अणभव घेवपाचो आसलो-जाल्यार कांय इत्सा हयातीत पुराय जावंक पावनात, आनी ती पुराय करची तुमची जापसालदारकी ना. ताकालागून तुमकां दोशी थारायना. उणविकाय आसा ती फकत म्हज्या नशिबांत''. अशें सांगत आसतनाच आपशींच ती कुमारगिरील्या सामकी म्हऱ्यांत म्हळ्यार खेवेंच्या अंतरार येवन रावली.

योगी अजून शांत, गंभीर मुद्रेन उबोच आसलो. चित्रलेखान ताचो हात धरलो. योगील्या कुडींत एक झिणझिणपी नवलायेचो थरकांप उप्रासलो. त्या थरथरपी ल्हारांत एक जाय जाय अशी सुखाची जाणविकाय आसली. तांतूत स्त्रीस्पर्शाची उमळशीक भरिल्ली. चित्रलेखा कळवळून सांगताली, ''खरें आसा, - म्हजें आनी तुमचें एकत्रित वा सांगतान रावप अजिबात शक्य ना-हांव बायल जाल्यार तुमी दादले; हांव नर्तकी आनी तुमी सन्यासी; म्हजें जिणे वासनांन भरिल्ले पूण तुमची जिणेदिश्ट साधनेंत. एकमेकांलें आचार-विचार सामके उरफाटे. म्हजें जिणेंत तुमी एक हुंवार जावन येतात किंतें आनी रोखडेच वतात किंतें- ह्या घटिचारांचो मेळ घालप म्हाकर्म कठीण जाला. बरें तर, हाचे फुडारा केन्नाच तुमका मेळचो यत्न करचें ना पूण ताचे आदी-म्हळ्यार आतां आमी विंगड जावपाचे पयलीं- योगीराज म्हाका तुमच्या पायांची धूळ तितली म्हज्या कपळाक लावं दी इतली इत्सा मान्य करात'' अशें म्हणत चित्रलेखान योगील्या पायांर साश्टांग नमस्कार घालो.

कुमारगिरील्या हड्यांत धडधडटाले. दोनी पांय धरिल्या अवस्तेंत चित्रलेखाक पळोवन योगी साप्प गोंदळलो. ओणवो जावन ताणे चित्रलेखाक उठून उबी रावंक म्हूण तिच्या बगलेंत दोनूंय हातांचो आदार दिलो. त्यावेळार योगीली तळटां चित्रलेखाल्या थानांक सांसपून गेले. चित्रलेखा अंतर्मनांत सुखावली पूण योगीक ताचें किंतें कायच नासलें. जो स्पर्श घडिल्लो तो नकळत आनी सहजसो. कारण ताचे चिंतूप वेगळेकडेन एकवटिल्ले. ताचेसावन त्या सांसपणीची जाणीव ताका नाशिल्ली. चित्रलेखान मात स्वतापुरतो वेगळो अर्थ काडलो. योगीन संथपणान विचाल्लें, ''नर्तकी कित्याक पांया पडटा ?'' त्यावेळार चित्रलेखा योगील्या गोपांत सामावन वचपी अशा अवस्तेंत उत्सुकतायेन ताका तेंकून उबी राविल्ली.

आपलें मुखामळ कुमारगिरील्या तोंडालागी वणखूनशें धरून ती फुतफुतली,'' तुमी म्हजें आराध्य दैवत आसात म्हामुनी''. लागशिल्यान दोगांलीय दिश्टादिश्ट जाली. नर्तकील्या दोळ्यांच्या ओडलायणीन योगील्या दोळ्यांतूय धुंदी चडली. चित्रलेखान आपणाले मुखामळ अजून मात्शें वयर केलें तिचे ओठांक योगीलो उस्वास जाणवतालो. कुमारगिरी ताठूच उबो राविल्लो आनी ताणें आपणाले तोंड मातय हालयले ना परंत ताच्या स्वासांत मात जबर हुनसाण आस्पावन राविल्ली, आनी कुडींत आतां कांपरे भरून आयलें. ताचे बऱ्या नशिबान जिस्त त्याच वेळार भायल्यान एक उलो आयकूंक आयलो,''गुरुदेव''.

कुमारगिरी ध्यानार आयलो. तो चित्रलेखाक इतलो काय तेंकून राविल्लो ताचेर आपुणूच अचर्ये पावलो. चित्रलेखापासून सटसटीत पयस सरकलो. ताची अशी कांय गत जाल्ली जशेंकाय एकाद्रो मनीस आपणाल्याच तंद्रीत नकळत एक फणा काडून राविल्ल्या सरोपासरी पावता आनी तो सरोप चावपाच्या तयारीत आसा. अशा वेळार तो मनीस भयांकृत जावन

फाटीं सरता. अकस्मात विशालदेवाक सामकार उबो पळोवन योगी कुमारगिरी लजेन सामको धुळींत मेळिल्ल्यावरी जालो. तो नर्तकी कडसून पराजीत जाल्लो आनी तेंय आपणाल्या शिश्यामुखार.

चित्रलेखाक विशालदेवार तिडक भरली. अशा वेळार थंय येवपाचो ताका अधिकार नाशिल्लो. ती ताच्या दिकान घुंवली आनी जशें कांय एकाकी नागीण अचानक सामकार आयिल्या व्यक्तील्या आंगार फूत्कारीत वता तशी धेंगशेली, ''आरे तरणाट्या, तू कोण आनी हांगा कित्याक आयला सांगाशी ?''तिच्या आवाजांत जरब अदीक तिखटसाण आशिल्ली.

''हावं, योगी कुमारगिरीलो शिश्य. चड रात जावनूय गुरुदेव परथून कित्याक आयलेनात . म्हूण सोदत आयलो.''

चित्रलेखाल्या तोंडातल्यान अस्फूटशीं उतरां आयली, ''म्हज्यारे अद्रुश्टा !'' उपरान्त तिणे कुमारगिरीक संबोदून म्हळें, ''बरेंतर, गुरुदेव, हांव भायर सरतां. मात याद दवरात तुमचेकडसून दीक्षा घेवपाची हांव आस्त बाळगितां; न्हय, तुमका मुजरत दीक्षा दिवचीच पडटली,'' चित्रलेखालो आवाज भोव खंती जावनूय तिणें आपणाले सांगणे म्होव्या स्वरांत मुखार व्हेलें,'' पाटलीपुत्र नगरीच्या कलकलाटातल्यान भायर सरून हांव एकांतात रावंक सोदतालें. माया सोडून ब्रह्मांत गुल्ल रावंक मन घेता. थोडी उसरपत मेळल्यार, गुरुदेव, म्हज्या सांगण्यार विचार करात. तुमी तर सादारण मनशापरस वयल्या पावंड्यार उबे आसात. म्हूण म्हजेपसून भियेवपाचे कांयच कारण ना. तुमी वासनांक जिखून आसात आचार्य, आनी त्याच कारणानं विनंती करीत आसा. गुरुदेवाक प्रणाम करतां आनी तुमजें बरे मागतां,''इतले सांगून चित्रलेखा बेगोबेग थंयसरच्यान भायर सरली.

कुमारगिरीन विशालदेवालो हात घट्ट धरून म्हळें,''आरे तूं इतलो आरवळ कसो ?'' त्या वेळार चंद्रिम अस्तमतेच्या दोगंरा फाटल्यान देंवतालो.



***

...७...

''श्वेतांक''

'' धनी ''

''आयज तुवें कितें पळेलें ते सांगमरे ?

''हय ! आयज योगी कुमारगिरीक मालकीण चित्रलेखान अपेशी थारायलें, ''म्हाका सामकी खोशी भोगली.''

"तुका खोशी भोगली ? " बीजगुप्त हांसुक लागलो, जाल्यार तांतून जीवसाण नाशिल्ली, "चित्रलेखान कुमारगिरीक पराजित केलें खरे पूण म्हाका ताचेंच वायट दिसता. घडये म्हजें सांगणे नवलायेचे आसत जाल्यार खरें तेंच सांगता. तुका हांसपाक घादोसकायेचें कारण पुरो. 'म्हकाय हांसूक येता पूण म्हजो आत्मो मात रडत आसा.

" धनी, म्हाका ह्या म्हणण्याचो अर्थ कळ्ळो ना." श्वेताकांन अजापान विचाल्लें.

"कळ्ळो ना? तरी कशेतरेन तुका कळचे फावो जातले म्हणा. संवसार कितें आसता हाचे तुका ना जाण आसा ना अणभव. ज्याका तू चित्रलेखालें जैत समजता तेंच एक तिचे चड पराभवाचे कारण घडेत. चित्रलेखा वा कुमारगिरी दोगांय ना विजयी जाल्यात ना अपेशी. परिस्थितीचें चक्र वेगान भोवंडी मारीत आसा आनी त्या फेऱ्यांतूच दोगांय जाण अडकल्यात."

बीजगुप्ताले सांगणे श्वेतांकाक एक घुस्तपागदळ जावन रावले. त्याचवेळार तांचो रथ बीजगुप्ताल्या महालादरवट्यार येवन थांबलो. दोगेंय रथांतल्यान देंवले. बीजगुप्तान श्वेतांकालो हात धरून म्हळें, "अजून तुजेंलागी बरेंच कांय उलोवचें आसा. श्वेतांक, म्हजें साथीक आतां तुका बसचे पडटले."

खरें म्हळ्यार बीजगुप्ताले सांगणे श्वेतांकाक कांय एक समजलें नाशिल्लें. मालक आनी सेवक, दोंगूयजण बीजगुप्ताल्या अभ्यासाच्या कुडांत पावले. श्वेतांकाक बसूक सांगून, बीजगुप्त आपूणय निटायेन बसलो आनी ताणे सांगूक सुरवात केली, " श्वेतांक, तू जाणा, कुमारगिरीलो पराभव कित्याक जालो ?"

श्वेतांकान चटकन जाप दिली, "ना, खबर ना".

" हाचे गुपीत म्हजेंकडसून आतां आयक. तूं चित्रलेखाक समजूंक पावचो ना जितलो हांव तिका जाणा. चित्रलेखालें व्यक्तिमत्त्व-तिचो सभाव आनी गुणदोश-सर्वसादारण मनशापरस वेगळे आसात. कुमारगिरी गिन्यानी तसो योगी आसा, वासनांपसून तो मुक्त आसा; जाल्यार चित्रलेखा शाणीसुरती बायल आनी ती साधनेच्या विरुध्द आसा. दोगांय हांवकारान उपाट भरिल्ले 'ममत्वाचे' गुलाम आसात. मजेची गजाल म्हळ्यार तांचो ममत्वाच्या खोशियेर भरवसो चड. दोगांयलो अभ्यास वा ते मेळोवपाचे मार्ग मात विंगड विंगड,-, एकान तपस्येची कास धरल्या तर दुसरेन आत्मविश्वासाचेर. जें कितें आज घडलें ताचेसावन हे दोंगायजण आपापणाल्या मार्गापसून पयस गेल्यात समज. आनी ताकालागून येवपी भविश्यांत आपणाले बळकटाय शेणून बशिल्ले आसतले."

बीजगुप्तान जें काय विसकावणी करून सांगले ताणे श्वेतांक चड कुवाड्यांत पडलो,- " धनी, तुमच्या विचारांची खोलाय अजून म्हज्या ध्यानांत येना." बीजगुप्तालो आवाज नकळत सकयल देंवलो-," हे सगळे अदीक उकते करचे आत्ता म्हज्या मनांत ना आनी

तुका ते सगळे सांगूनय उपकारचे ना, अशें म्हाका दिसता. बरें, तुका हे सगळें समजून घेवपाचे आसल्यार हांवे सांगिल्ल्या वाटेंन वचचे पडटले जायत ?''

'' धनील्या आज्ञेचीच वाट पळयत आसा.'' श्वेतांकान रोखडीच जाप दिली.

'' जाले तर, श्वेतांक आत्तां रोखडेच वचून चित्रलेखाक परबीं दी कशें. आनी उपरान्त तिच्या तोंडावयली बदलपी सया तितली नियाळत राव,'' बीजगुप्तान समजायले.

श्वेतांक सटसटीत उठलो आनी चित्रलेखाल्या महालार पावलो. थंय चौशीन दिव्यांचो उजवाड पर्जळिल्लो. चित्रलेखाक परबीं दिवंक आयिल्ले तरनाटे सामंतगण महालाच्या दरवट्यार दाटीवाटीन ताटकळत उबे राविल्ले. चित्रलेखाली कांय सेवेकान्नी तांका येवकार दितालीं आनी कांय जण आदरासयत सत्कार करताली. जाल्यार थंय चित्रलेखा नाशिल्ली. श्वेतांकान एके सेवेकान्नीक विचाल्लें, ''मालकीण खंय आसा सांगशी ?'' त्या सेवेकान्नीन ताका बेगोबेग महालाभितर सोबीततरेन सजयिल्या वेगळ्या कुडांत व्हरून बसयले. तिणे नमळायेन सांगलें, '' मालकीण येवपाचीच वेळ जाल्या.'' श्वेतांक वाट पळेत बसलो.

बरोच वगत चित्रलेखाली वाट पळेवन वाज आयिल्ले सामंत जन एकेक करून ल्हव पावलांनी आपापणाल्या घरां वचूंक गेले. एक पार सोंपपाक आयलो तरी चित्रलेखा घरां परतली ना. ती खंयसर गेल्या हे कोणाकूय खबर नासलें देखून श्वेतांक हुसकेंत पडलो, ताणे सेवेकान्नीक विचाल्लें, ''मालकीण केदोळमेरेन येवपाची शक्यताय आसा हे मात्शें कळत? '' तिणेंय परथीं जाप दिली, ''ते हांव कशें सांगू?''

चित्रलेखा बेगीन येवची वाट पळयत श्वेतांक वित्रागून गेल्लो. आतां अर्दी रात सरली आनी तिचो पत्तोच नाशिल्लो. आपूण परथून गेल्लयार बरें जातासलें असोय विचार खूब वेळां ताच्या मनांत येवन गेलो. जाल्यार दरेक वेळां तो विचार मनांतल्या मनांतूच ताणें चेपून दवरलो. आनी तेन्नाच देवळांत वाजता तशी घंटा महालांत घणघणली. श्वेतांक उठून उबो रावलो तशें लाग्गीच्या एके सेवेकान्नी कडेन ताणे निरोप दवरलो, '' मालकीण जेन्ना येतली तेन्ना सांग हांव तिका परबी दिवंक आयिल्लो म्हूण.'' इतलें सांगून तो बेगोबेग महालाभायर पावलो. जिस्त त्याच वेळार चित्रलेखालो रथ महाला दिकेन येता आसतना दिसलो. श्वेतांक थंयच थांबलो.

श्वेतांकान चित्रलेखाक रथातल्यान देंवपाक मदत केली. ताका पळेवन चित्रलेखा मुमुरखे हांसली, '' श्वेतांक सांग, कसलो त्रास, आनी कित्याक म्हूण अजून जागो रावला ?''

''मालकिणीक परबीं दिवंक आयिल्लो.'' तो निखळ हांसलो. उपरान्त ताणें तिचो हात आपणाल्या हांतात घेवन तिच्या शिणगार कुडामेरेन व्हरून पावयले. चित्रलेखान विनंती केली, '' श्वेतांक, मात्सो भायल्या वासरींत बसून घे. हांव रोखडेंच आंगावेलें नृत्य सुवाळ्या वेळचें न्हेसण बदलून येतां.'' थोड्या वेळान ती साद्या पोशाखांत श्वेतांक बशिल्लो थंय आयली. ''आरे तू म्हाका परबीं दिवंक आयला न्हय? पूण कित्याक ते सांगतलो काय ना?''

" मालकीण, आयज जैत मेळयिल्लयाचेर ! "

" म्हज्या जैताचेर ?," कांय खिणा पयली उल्लासान भरिल्लें तिचें मुखामळ आतां खंतीन सफेदकाय पडलें. सळसळत्या जुवानींत लिपिल्ली दुख्खाची एक झळक श्वेतांकान पयले फावट पळेली. ताचो अर्थ ताका कळ्ळोच ना. सुंदर मुखामळावेले प्रत्येक भावबदल गोमटो आसता. पिडेचो मुखवटो चडयिल्लो तिचो तोंडावळो ताका भावलो. कारण त्या गंवाळी रंगाच्या मुखड्यार शेकड्यांनी दिवल्यांच्या दिव्या उजवाडान एक खासा रंग भरिल्लो. तिणें भोवन म्हळें, " श्वेतांक ह्या परबींक हांव लायक ना. तें म्हजें जैत नाशिल्लें तो एक व्हड पराभव जाण !" चित्रलेखान तीच गजाल सांगली जी कांय वरा पयली बीजगुप्तान ताका सांगिल्ली. आनी तीय पुराय गंभीरपणान. श्वेतांकाक नवल दिसलें.

चित्रलेखान श्वेतांकाली बदलिल्ली भावमुद्रा नियाळ्ळी, "तुका हांवे सांगिल्लें अजापाचें दिसत पूण तसो समज जावप सहज शक्य आसा. खबर आसा इतलो वेळ हांव खंय आशिल्लें?"

" हांव तेच विचारूंक यत्न करतालो पूण धिटाय जाली ना."

" तर आयक. हांव आत्तांच योगी कुमारगिरील्या आश्रमांतल्यान येतां. योगीलो अपमान वा निंदा करपाचे कायंच कारण नाशिल्लें. ती म्हजी जापसालदारकी आसली. म्हज्या जिणेची मोख वेगळी आसा आनी गिन्यानाच्या विशयांत लुडबूड वा नाका जाल्ली तिरायत करप बरोबर नाशिल्लें. जें कितें हांवे केलें तें चुकीचें केलें म्हूण सांगपाक गेल्लें. आनी ताचे सावन म्हायोगीकडेन क्षमेची विनंती करूंक संद मेळटासली."

हे सगळे आयकून श्वेताकालें माथें गरगरूंक लागले. चित्रलेखाल्या असल्या बदलपी वागणुकीविशी ताका कांयच कळनाशें जाल्लें. मात्शा नेटान ताणे धीर दिलो, " पूण जें कितें खरें आसा तें सांगपाक मनशान अनमानूंक नजो. आनी जो कोण फटोवन हेरांक दुबावांत घालता त्या मनशाल्या खरेंपणाविशी उक्तावणी करप योग्य. मालकीण, तुवें जें कितें केलें ते योग्यच आसलें."

चित्रलेखा मात्शी गंभीर जाली, "ह्या गजालीचेरूच म्हाका दुख्ख जाता. जें कितें म्हजेकडसून घडलें तें उचित आसा हे सगळे जग जाणा, जाल्यार म्हाकाच ते मनाक पटलें ना, कुमारगिरी योगी आसा; तांच्यांत तपस्येची वयल्या पावंड्यावेली तांक आसा. ताणें दाखयिल्लें सत्य आनी ईश्वर हे दोनी कल्पनेन उप्रासिल्ले. सामान्य मनशांत इतली बळिश्ट तायेची कल्पनाशक्ती आसना तेंय तितलेंच खरे. कल्पनेचो झरो खयं आसा होच म्हाका एक व्हड प्रस्न पडला. कुमारगिरींत निर्मणेची बळकटाय आसा. तर हांवे जें केलें ते पुराय नाशाक कारण जावंक फावता. व्यक्तिमत्वाची व्हडविकाय खंयच्याय विशयाक काटछेद दिवपांत आसना जाल्यार ते प्रमाणीत वा कसाक लावन पळोवपाचें आसता तशेंच तें वायट वा नश्ट करपांत न्हय परंत तांचे जोडणीत आसता."

"पूण एकादलो मनीस अशेंय एक घर बांदता, जें तांतून रावतल्यांक जोखमीचें आसता. अशावेळार ते घर पुराय जमीनदोस्त करप योग्य आसता." श्वेतांकान आपणाली पुस्ती जोडली. चित्रलेखाक हांसू आयलें, " तर्कवाद आतां काय उपकारचो ना. हांव ह्या खिणाक इतलेंच जाणा- हांवें जे वायट केलें , आनी ते घडूनूय गेले म्हणा- ताच्या परिणामाचे भोग म्हाकाच भोगचे पडटले अशें दिसता."

"परिणाम ?" श्वेतांकाक आतां दुसरेंच कुवाडें पडलें, "आनी कसलो भोग?"

" ते तुका लागीच्या भविश्यांत दिसतलें, " इतलें सांगून चित्रलेखान जेवणाची दोन ताटां बेगीन घेवन येवंक सेवेकान्नीक आज्ञा केली.

सेवेकान्न भितर गेली तशें चित्रलेखान मदिरान भरिल्लो खुजो लागसार ओडलो आनी मदिरा पेल्यांत भरली. थोडे घोंट घेतकीर श्वेतांकाक बी मदिरा पिवंक आग्रो केलो. श्वेतांकाक मदिरा आतां संवकळीची जाल्ली. ताणे ती घटाघट पिवन पेलो मेकळो केलो. चित्रलेखान मुखार सांगलें , "श्वेतांक, तू सहज इश्टागत जोडपी सभावाचो कसो. अशा आपुलकायेन वागपी इश्टाकडसून खंयचीय गजाल लिपोवंपाक नजो."

चित्रलेखाल्या सांगण्यार आतां श्वेतांकाले मन उचांबळून आयलें. आयजमेरेन खरें म्हळ्यार तो चित्रलेखाक मालकीण म्हूण समजतालो आनी ताचें विशी तिची वागणूक सदां मायेस्त राविल्ली.

" मालकीण, भरवंसो दवर, खयंच्याय बाबतींत म्हजे कडसून अविस्वास घडपाचो ना."

"श्वेतांक , म्हजें गुपीत कोणाकूय उकते करचो ना मूं?" म्हणत चित्रलेखान ताचो तळहात आपणाल्या तळहातांत घेतलो.

"हांव सोपूत घेवन उतर दिता." श्वेतांकान भरवंसो दिलो.

" आनी म्हाका तुज्या मजतीची खुबूच गरज आसा." काकूळटीक येवन तिणे सांगलें.

"म्हजेर भरवंसो दवर," इतलें म्हणटकीर चित्रलेखान श्वेतांकालो हात सोडलो.

"श्वेतांक आयक, आयचें जैत खरें म्हळ्यार म्हजें नाशिल्लें. तो म्हजो पराजय समज. कुमारगिरीन म्हज्या जिणेर एक वायट तरेन दडपण हाडला."

श्वेतांकाक त्या भेश्टावपी सांवाराचो भास जालो. कालच बीजगुप्तान फुडारचे घटिचारांचे सांगून ताक सावचीत केल्ले. आपलो दुबाब पयस करूंक ताणे विचाल्लें, " कशे तरेन ?"

"कशे तरेन? आरे, इतले बी तुका कळना ? आयक, हांव योगी कुमारगिरील्या मोगांत पडला. म्हजो आनी कुमारगिरीलो संबंध युगानुयुगाचो अशी म्हाका जाणविकाय जावंक

लागल्या. आयच्या सभेंत ताणें समस्त भारतदेशांतल्या विद्वानांर जैत मेळयलें . आनी ताचे सावन सभेतल्या प्रत्येक व्यक्तीर परिणाम घडला, फकत हांव सोडून. आनी अशें जालें कित्याक? कुमारगिरीक हांव जाणा आनी तो म्हाका समजूंक शकता हेंच कारण. आमी दोगांय जल्मजल्मांतरी सांगातान रावल्यात, आतां ध्यानांत आयलें , श्वेतांक ?''

श्वेताकांलो पुनर्जल्मार विस्वास आशिल्लो. ताणे चित्रलेखाल्या सांगण्यार आडमेळें घेतले नात. ताणे इतलेंच म्हळें , ''हय, ध्यानांत आयलें !''

चित्रलेखा मुखार सांगत रावली, ''ज्या दिसां हांवे कुमारगिरीक पळयलें, तेन्नाचान हांव ताचेर भुल्लसलाशें जालां. जाणे कोणें स्वतालो आत्मानुभव घेतला तोच त्या आत्म्याची खोलाय अजमावपाक पावतलो. श्वेतांक , हाचे मुखार कुमारगिरी म्हजो जिणेचो म्हालगडो समज.''

'' समजलें, आगे तुवें सांगिल्ले ते कळ्ळें, पूण आतासांग कशेतरेन म्हजी मजत जाय?'' श्वेतांकान विचाल्लें. ताची उत्सुकताय वाडिल्ली.

तेद्या वेळार सेवेकान्न दोन जेवणाताटां घेवन आयली. चित्रलेखान श्वेतांकाक सांगून स्वताय जेवंक सुरवात केली. मोन्यानीच दोगांयनी आपापणाले जेवण सोंपयलें.

उपरान्त चित्रलेखान आपणाल्या जेवणापयलेच्या सांगणेचे पालव धरत म्हळें, ''बरोबर, तुवें विचाल्लें कशेतरेन मजत जाय.'' एकूच कर, बीजगुप्ताक म्हजें हें गुपीत सांगपाचें ना. इतलें केल्यारूय खूब जालें. बीजगुप्ताक जर संशय येत तर म्हजेवयलो ताचो भरवंसो नश्ट पावतलो. तेन्ना तुज्यान जाता तितलें ताचें निरसन करीत रावप. तेंच म्हत्वाचे. ''

श्वेतांक कांयतरी चिंतूक लागलो. जे कितें चित्रलेखान सांगिल्लें ते प्रमाण वागचे अथवा संबंद सांबाळचे श्वेतांकाक खुबूच कठीण आशिल्ले. कितेंय म्हळें तरी बीजगुप्त ताचो मालक.

बीजगुप्ताक फटोवप म्हळ्यार मालकालो विस्वासघात करपासारकें. चित्रलेखान श्वेतांकाले तोंडावयले बदलपी भाव नियाळले. तिणे अजून एक भरिल्लो मदिरा पेलो श्वेतांकाल्या ओठांक लायलो. आनी तेन्ना ती स्वताशीच हांसताली. श्वेतांकान रोखडोच तो रिकामो केलो. हांसत हांसत तिणे विचाल्लें, ''सांग श्वेतांक, म्हज्या विनंतीक पाळो दितलो मूं ?''

श्वेतांक वग्गी रावलो. हयन्हयशा दुबावांत तो पडिल्लो देखून खंयचेय उतर ताच्या तोंडातल्यान भायर पडले ना. चित्रलेखालें हांसप शेणलें. आनी ताच्या बदलांत फुलांच्या केसरानी सजयिल्ले तिचें पोले तांबडे गुंज जाले. तिका आतां राग अनावर जावंक फाव. कारण तिच्या मोवसार हांतात एक तरेची घटवाय उप्रासून आयली. तिणे श्वेतांकालो हात घट्ट आवळून धरलो आनी स्पश्ट सांगलें, ''श्वेतांक, म्हजी ताकीद समज. जें कितें तुका

हांवे सांगलें ते तुका मुजरत करचेंच पडटले.'' तिचो रागापारो पळोवन श्वेतांक नरम पडलो. तो पुटपुटलो , ''मालकिणीली जशी आज्ञा.''

''तुकां सोपूत घेवचो पडटलो'', चित्रलेखा मात्शी थामली, ''ना, नाका तशी गरज ना. तुवें म्हाका उतर दिला. आनी ताची पवित्रताय तू नित्शीत पाळटलो हाचेर म्हजो पुराय भरवंसो आसा,'' इतलें सागून तिणे श्वेतांकाल्या ओठांक मदिरेन भरिल्लो तिसरो पेलो लायलो.

तेन्ना श्वेतांकाले दोळे बंद आसलें. हाचें पयलें अणभवंक नाशिल्लें तें सुख ताणे भोगलें. मदिरा पेलो रिकामो करून ताणे आपणाले मन उकते केले, ''मालकीण, तुमचे विशी म्हजी वागणूक आदर, स्रद्धा आनी विस्वासाची रावल्या. म्हज्या जिणेचे आनी तुमच्या जिणेंचे अतूट, खोलायेचे संबंद आसात. तुमी मालकीण म्हणटकीर हांव सेवेकार- हूकुमाचो बंदो. तुमचे प्रत्येक सांगणे म्हाका वेदवाक्यावरी इतलो भरवंसो दवरात. आनी हांवे दिल्ल्या उतराविशी दुबाव धरचें कांयच कारण ना, हांव तितलो हीण ना.''

श्वेतांक उठून उबो रावलो. चित्रलेखान विचाल्लें, ''आयज म्हाका श्वेतांकाक घरां पावोवपाची वेवस्ता करची पडटली अशें दिसता.''

''खरेंच तशी गरज ना, मालकीण , सुमाराभायर मदिरा पिवनूय श्वेतांकाल्या उलोवणेंत अडखळप नासलें, ना तो स्वताक विसरिल्लो, ''हांव अजून शुद्धीर आसा आनी सैराणाभायर वचपाचो ना इतली खात्री बाळग,'' अशें सांगून तो ताकतिकेन महालाभायर सरलो.

बीजकुप्ताल्या महालासरी श्वेतांक पावलो, तेन्नां ताच्या अभ्यासिकेंत उजवाड फांकिल्लो दिसतालो. सेवेकान्नीन सांगलें, ''तुमचीच वाट पळेत धनी जागे आसात.'' श्वेतांक त्या कुडांत हजर जालो. बीजगुप्त विचारांच्या तनरीत बेठोच बसून आशिल्लो. आयजमेरेन ताणे बीजगुप्ताक अशा हुसकेच्या अवस्तेंत केन्नाच पळेंले नाशिल्लें. ताचे सामकार मदिरेचो रिकामो पेलो दिसतालो पूण बीजगुप्त मात्र चिंतेच्या म्हासागरांत बुडिल्लो. कल्पनेच्या जगांत भयाची तापिल्ली वावटळ उप्रासिल्ली आनी सुखाच्या साम्राज्यार दुख्खाची चळविचाळ आस्पाविल्ली. श्वेतांक आयिल्याची सुलूस मेळटकीर तो जशें काय गाढ न्हिदेंतल्यान उठिल्ल्यावरी ताका पळेत रावलो. '' आरे, तू आयलो ? पूण खुबूच उशीर केलो मरे ?''

श्वेतांकाक धाप लागिल्ली. ताणे पयली बसून घेतलें. सुरईतल्यान एक पेलोभर शीतळ उदक घेतलें आनी एका दमांत पियेवन पेलो रिकामो लेगीत केलो. थोडो वेळ जापेची वाट पळोवन बीजगुप्तान परथून प्रस्न केलो, ''श्वेतांक म्हज्या प्रस्नाची जाप दिली ना. कारण कितें तें सांगशी काय ना ?''

''क्षमा मागता धनी, चित्रलेखा घरां परथून येवपाची वाट पळोवपातूंच इतलो वेळ गेलो''. श्वेतकांन एकूच स्वासांत सांगले.

''चित्रलेखाक घरां येवपाक कळाव जालो ?'', बीजगुप्त आतां निटायेन बसलो, ''आरे कितें सांगता तू तिच्या घरां पाविल्लो तेन्ना ती थंय नाशिल्ली ?''

ह्या प्रस्नाक जाप दिवंक श्वेतांक मात्सो गणमणलो. ताका आपणाल्या सोपूताचो उगडास जालो, ''धनीलो अंदाज बरोबर आसा. हांव पावलो तेन्ना ती घरांत नाशिल्ली.'' आपणाल्या सांगण्यात श्वेतांक कच खाताशें बीजगुप्ताक दिसलें ताणें विचाल्लें,-

'' ती खंयसर गेल्ली हे तिणे खात्रीन सांगिल्लें आसूंक जाय ''.

श्वेतांकाल्या काळजांत सामको घुस्पागोंदळ माजलो. पूण निर्णय घेवंक ताचेकडेन जायतितलो वेळ नाशिल्लो. मन घट्ट करून धिटायेन ताणे जाप दिली, '' मालकिणीन कांयच सांगले ना. जाल्यार म्हामंत्री चाणक्यान तिका आमंत्रण दिल्लें आसपाक फावो अशें दिसता.''

बीजगुप्ताक आपणाल्या हड्ड्यावेलें एक वजें उणें जालें अशें जाणवलें. ताच्या मनांत तरेकतरेचे विचार येवन गेल्ले आनी घडये ती कुमारगिरील्या आश्रमांत वचूक गेल्ली आसत काय, अशाय एके विचारान तो वित्रागिल्लो. श्वेतांकाल्या आतांच्या सांगण्यान ताचें भंय मात्शें निवळलें खरें. जाल्यार श्वेतांकाक आनीकय प्रस्न विचारलो ''बरें सांग आतां, तुवें तिका परबीं दिली काय ना ?''

श्वेतांक पुटपुटलो, ''हय, परबीं दिली तर ! पूण धनी, त्या परबींक तिची योग्यताय ना अशी ती म्हणटाली. स्वताल्या जैतार ना तिका बडेजाव आसलो, ना ताचेसवान खोशी. म्हाका तर नवल दिसलें. आपणाले जैताक ती दुखदिणी मानताली.''

बीजगुप्त हांसलो. तांतूत जाय ती काकूळट भरिल्ली, '' हांवे तुका कितें सांगिल्लें, श्वेतांक. चित्रलेखाक स्वताले जैत मान्य ना हाचो सोपो अर्थ म्हळ्यार ती अपेशी थारल्या.''

'' धनी, इल्लें इल्लें ध्यानांत येत आसा'' श्वेतांकान जाणा जाल्लो अशी बतावणी केली.

'' अशें इल्लें इल्लें ध्यानांत येवपांत कांयच उपेगाचे ना श्वेतांक. शक्य आसल्यार एकतर पुराय समजून घेंवक जाय नाजाल्यार अजिबात कांयच कळसारकें ना,'' बीजगुप्तान सांगलें, आनी तो उठून उबो रावलो, '' एक याद दवर , मनीस स्वतंत्र विचार करपी प्राणी आसुनूय तो परिस्थितीचो गुलाम आसता. आनी परिस्थितीचें भोंवडप कशें आसता म्हूण विचारशीं तर ते आदल्याजल्माचें फळ समज. मनशाले जैत थयंच आसा जेन्ना तो काळचक्रांत घुस्पून वचना. उलट तो आपलें कर्तव्य आनी कर्माक सोबता अशा लायक विचारसरणीन ताचेर जैत मेळयता. चित्रलेखा आतां त्या परिस्थितीच्या भोवंड्यात सांपडल्या. अद्रुश्टान तांका दोगांकूय नकळत एकठांय हाडला, आनी ते आपापणालो अभ्यास, उपासना, तपश्चर्या, व्रतनेम सगळे सगळे वाटेक लायतले अशें दिसता. फकत देवच तांका मदत करूंक पावतलो.''



...८...

आकांताचे तुफान येवचें पयली म्हासागराचो वयलो स्तर चड शांत आसता. थोडे वेळान वायुमंडळ उबाळटा आनी असो कांय एक हुंवारो उप्रासता ताचे सावन सगळो भोंवतण फुडारा जावपी आकांतान कांयच कळनाशें जावन रावता. आनी ताचे उपरान्त एक भयांकृत वादळ -ल्हारांचो तांडवनाच आनी सांगातीन विनाशाचे गायन.

ज्वाळामुखी जागृत जावचें आदी ताच्या सरभोंवतण मळबांत एक तरेची दबिल्ली अशी शांतताय पातळिल्ली आसता. ताचो निळो रंग धुळेरीन आस्पविल्लो आसता, आनी ती चत्राय फुडारा येवपी पुराय नश्टचर्याचे भयाणतेन सगळें अंवतेभोंवते किण्ण जावन रावता. आनी ताचे उपरान्त ? उज्याचे हुपपी लोळ आनी सत्यानास अटळ आसता.

चित्रलेखालो रथ बीजगुप्ताल्या महाला दारखट्यार येवन थांबलो. तेदें वेळार तिनसांज जाल्ली. दनपाराचो सोसपाक नजो असो उकाडो उणोजावन भोंवतणेंत शीतळताय पातळिल्ली. ताकालागून नगराच्या रायरस्तार सामंत जनाले रथ उमेदीन धांवताले. फुलांचे वळेसर घेवन फुलकान्नी सामंताल्या गळ्यांत घालून सजयताल्यो. थंड सरबताच्या पेल्याचे कांठ धनीक -वणीकाल्या तरनाट्या चल्यालें आनी चलियालें बी ओठांचे उमाव घेतालें. चोयवशीन आनंद आनी उल्लास उपाट भरून राविल्लो.

हाली नगराचो रायमार्ग सुवाळ्यांची मदेवर्ती सुवात जावन राविल्ली. जवाहिराल्या दुकानानी जुवान चल्यो आपापसांत मौजमस्करी करताल्यो. जाल्यार पानपट्टी दुकाना सामकार तरनाटे चले खोड्याळे करताले. सामंत बीजगुप्त त्या सुवाळ्यांत सामील आशिल्लो.

श्वेतांक भायलेवटेन कामाची तयारी करतालो. ताचो रथ सजून तयार आसलो. तेन्नाच सेवेकारान लागसार येवन सुलूस दिली, “ मालकीण चित्रलेखालो रथ दरवट्यार उबो आसा आनी ती धनी बीजगुप्ताली वाट पळेत रावल्या.” श्वेतांकाक नवल दिसलें. बीजगुप्त जिस्त घरा नाशिल्या वेळार ती कशी काय आयली ते नकळ जावन तो खंती पावलो. ताणे एक पाप केल्लें आनी आनीक पाप करूंक तो धजावनासलो. ताणे निरोप धाडलो, “ हांव रोखडो आयलोच म्हूण सांग.”

श्वेतांक ताकतिकेन भायर येवन चित्रलेखासरी गेलो. तेन्ना तो एक सुंदर पुरूश दिसतालो. ताणे विचाल्लें, “ कसली आज्ञा मालकीण ?”

“ बीजगुप्ताक मेळचें आसा. तो आतां घरांत ना अशें दिसता.” चित्रलेखान सहजशें चवकशी केली.

“ मालकिणीलो अंदाजो बरोबर आसा,” श्वेतांकान हांसत सांगले.

“ तेन्ना विचार केलो तुकाच मेळून वचपाचें” चित्रलेखान स्पश्ट केलें.

“ म्हजेर खुबूच उपकार करन दवरल्यात, ”श्वेतांकान नमळायेन सांगले, “तुमचे मजतीक हांव सदाच तयार आसा.”

“ ताची कायंच गरज ना, श्वेतांक. आयज म्हंजें मन अस्वस्थतायेन पिडलां. देखून मात्शें नगरजनांत मिसळून मनाक थोडी उबारी दिल्यार उपकारत काय म्हूण पासय मारूंक भायर सरलें खरें पूण बीजगुप्त आतां साथीक मेळटलो अशें दिसना. आसूं दी. हुसक्याक कारण ना. तू म्हाका साथ दिवंक तयार आसल्यार म्हजें काम जालें म्हणपाचे.”

“जायत, मालकीण ” म्हणत तो स्वताल्या रथादिकेन चलूंक लागलो. पटकन चित्रलेखान ताचो हात धरलो, “श्वेतांक, तुका म्हजे बरोबर ह्याच रथांतल्यान येवचें पडटले.”

मंत्रबळान वाचा बशिल्लेवरी तो उलयनासतना चित्रलेखाल्या रथार वचून बसलो. तिणे घोड्याचें लगाम ताच्या हातांत दिवन रथ रायमार्गा दिकान घेवंक सांगले. परंत रथ जसो मुखेल मार्गार पावलो तेन्ना चित्रलेखान लगामाची वादी स्वताल्या हातांत घेतली. घोड्यांकूय ताची सुलूस लागली आसूंक फाव. ते अभिमानान माथे वयर करून तुरतुरीत धांवंक लागले. तांकाय जाणीव आसली आपली मुसकी ओडपाची वादी एक अस्तुरील्या हातांत आसा आनी ती पाटलीपुत्र नगरांतल्या जायत्या व्हड सामंताक निखटे दोळ्यां इशाऱ्याचेर नाचोवंपाक शकता. चित्रलेखालो रथ पळोवन रस्त्याच्या दोनीवशीनी उबे राविल्ले सामंत आनी हेर दरबारी लोक तिका नियाळटाले, परंत सामान्यजन प्रणाम करीत आसतनाच तिचें गुणगान एकमेकालांगीं करताले. श्वेतांक तिचें बगलेक बशिल्लो पळोवन कांय लोकांनी मात्सो कुचिंद्रीपणान शेरो मारलो पूण तिणे ते सगळें हांसपार व्हेलें. तांचेर ध्यान दिवपाची तिका कांयच गरज नाशिल्ली.

चित्रलेखा गळ्यांतल्या फुलांवळेसरांनी भारंभार जाल्ली. जण एक सामंत ती लागसार येवपाची वाट पळेतालो आनी तिच्या आंगार फुलांवळेसर मायेमोगान ओंपतालो. ते मुजरत गळ्यांत घालून ती सगल्यांक समाधान करचो यत्न करताली. भौस तिका आदरासयत मान दिताले; तिचे सामकार नमळायेन बागवताले, आनी तोंडभरून तिची तोखणाय करताले. रायरस्त्यार जामिल्ले भोवतेक जण तिका येवकार दिताले इतली ती लोकांली आवडीची आसली.

दुसरेवटेन आनीक रथ धडधडत आयलो आनी तिच्या रथालागसार येवन थांबलो. तेन्ना चित्रलेखा एके जुवान सामंतालागी उलयताली. म्हऱ्यांत येवन राविल्या रथादिकान तिणे पळेलें. थंय बीजगुप्त मुमुरखो हांसत उबो आशिल्लो. दिश्टादिश्ट जाली तशें बीजगुप्तान म्हळें, “ आयज चित्रलेखाक राजमार्गार भोंवतना पळोवन नवल दिसता.”

"आयज दनपारापसून बीजगुप्त घरांत नशिल्ल्याचें पळोवन अजाप पावलें," चित्रलेखान थोमणो मारलो. प्रस्नाक जाप आनी जापेक परथो प्रस्न. दोगांय भितर जाय ते गुपीत दडून आशिल्ले आनी ते फकत दोगांकूच समजताले. श्वेतांक रथांतल्यान देंवलो. बीजगुप्तान हांसत हांसत चुचकारले, " चित्रलेखाक आयज बीजगुप्ताल्या घरां आमंत्रण आसा. ते अमान्य जावचें ना अशी आस्त बाळगिता."

बीजगुप्ताल्या निमंत्रणाक चित्रलेखान खुशीन हयकार दिलो. चित्रलेखाली रोखडीच जाप मेळ्ळी. तेदें वेळार तिनसांज बालंटून गेल्ली आनी रावसस्त्यार दिवे पर्जळूंक लागिल्ले. बीजगुप्त स्वताल्या रथांतल्यान देंवन चित्रलेखाल्या रथार चडलो आनी घोड्यांल्या लगामाची वादी आपणाल्या हांतात घेवन चित्रलेखाल्या बगलेक हांसत हांसत बसलो. ताणे श्वेतांकाक आपणालो रथ सांबाळपाक सांगलें. दोनी रथ आतां बीजगुप्ताल्या महालादिकेन भरधांव मार्ग कातरूंक लागले. बीजगुप्तान सहज संवाद सुरू केलो, "तू ज्या वेळार म्हज्या घरां आयली तेन्ना हांव नाशिल्लो देखून म्हाका वायट दिसता."

"खंती जावपाक कायंच कारण ना," चित्रलेखा खळखळून हांसली, "चूक म्हजी आसली, कारण हाचे पयलीं अशा आडवेळार तुजेकडेन केन्नाच आयलें ना. तेन्ना तू घरां उरचो संभव उणोच आसलो, आनी ते सहज आशिल्लें."

उपरान्त दोगांय थोडो वेळ नुलयत रावली. बीजगुप्तान मौनभंग करीत म्हळें, " चित्रलेखा, आगो, बरेच दीस जालें म्हजें मन थाऱ्यार ना. कित्याक ते हांवय नकळ. एक विचारूं ? खूब दीस जाले तूं म्हज्या घरां आयलें ना हाका कसलें कारण जालें ? म्हाका कळल्यार बरें जातांसले."

चित्रलेखान आपलें मुखामळ मात्शें वयर केलें, आनी बीजगुप्तार नदर लावन लटक्या रागान ती फणफणली, "कारण विचारता ? येवपाची इत्सा जाली ना म्हूण आयलें ना इतलेंच."

बीजगुप्ताक अशातरेच्या जापेची अपेक्षा नाशिल्ली. ताचें अनुमान आशिल्लें ते म्हळ्यार ती खयंचीय फकाणां मुखार करून वेळ मारून व्हरतली. जाल्यार इतले उडवाउडवींचे सांगणे आयकून तो नवल पावलो. ताका मात्शें तिडकूय मारली. स्वतार तो रागार जाल्लोच आनी आतां चित्रलेखार लेगीत संतापलो, "येवपाची इत्सा जालीना काय म्हणटा ? हाचे कारण म्हाका समजून घेवपाचो अधिकार आसा काय ना ?"

चित्रलेखान बीजगुप्ताली बदलिल्ली भावमुद्रा नियाळली. ताचेर गंभीरताय सयत एक दृढताय बी दिसताली, अदीक अधिकाराची व्हडविकाय लेगीत पातळिल्ली. चित्रलेखालें मुखामळ आतां संतापान तांबसार जालें तरीय मनांतले भाव लिपोवन तिणें सांगलें,

“अधिकार आसा हे म्हाका खबरनाशिल्लें. एकादल्या मनशालो दुसऱ्या मनशार अधिकार आसता हे म्हाका कळलेच ना. पूण तुका कारण समजून घेवपाचें आसा जाल्यार सांगता बाबडें.. हाली कांय वेळापुरतें उबगणीन म्हजें चित्त थाऱ्यार रावनाशें जाला. ताकालागून स्वताक तशें इश्ट जनांकूय विसरूनशें गेला.”

जिस्ताजिस्त त्या वेळार दोनूय रथ बीजगुप्ताल्या महालार येवन थांबले. रथांतल्यान श्वेतांक सटसटीत देवंन मालक आनी मालकिणीक रथांतल्यान सकयल देंवपाक ताणें मजतीचो हात दिलो. तिगांय जण बीजगुप्ताल्या मुखेल वासरेंत येवन पावलें तशें श्वेतांकान थंयसरच्यान हळूच पाय काडलो इतल्यांत कूस मारपी श्वेतांकाक पळोवन बीजगुप्तान उलो दिलो, “श्वेतांक खंय चल्लो ? मात्सो राब. तुंवे हांगाथान वचपाची गरज ना.”

“ना, श्वेतांक, तुवें हांगा रावपाकूच जाय अशेंय ना,” चित्रलेखाल्या सांगणेंत खरसाण आसली.

“आनी श्वेतांक हांगासार रावल्यारूय कांयच लुकसान घडपाचें ना,“बीजगुप्त हांसलो, “ हांतूत तुजोच लाब आसा. अणभवांविरयत म्हज्या गुरूबंधूक घडये थोडो वास्तवतेचो अणभव मेळत.”

श्वेतांक राविल्लो थंयच उबो रावलो. मात्शें वेळान सरभोंवतण शांत जाल्ले उपरान्त बीजगुप्तान ताका मदिरा पेले भरून हाडूक आज्ञा केली. असली कामा ताका आतां संवकळीची जाल्ली. ताणे मदिरा पेले एकेक करून दोगांयल्या हातांत दिले आनी आपणांकूय एक दवरून घेतलों. आतां मात तो मात्शें पयस वचून बसलो.

बीजगुप्तान चित्रलेखाक संबोदून म्हळें, “आत्तां येता आसतना तुवें सांगलें तुजें मन थाऱ्यार ना आनी ताकालागून स्वताकूय विसरून बसल्या. सहज आसा, अशा तरेच्या पिडेक कारण बी अकल्पीत आसूंक जाय.”

चित्रलेखा हांसली, “म्हज्या मनांत आस्पविल्ल्या चळविचळविशी आनी ती उकती करून सांगपाक बीजगुप्त म्हजेर जबरदस्ती करता अशें समजूं !”

“आगो तशें न्हय. जबरदस्ती समजनाका. म्हज्या विनंतीक पाळो दिल्यार उपकारतले, इतलेच. आयिल्ले हांवळे म्हाका कळल्यार तांतूत वायट तें कितें,” बीजगुप्तान नमळायेन घेतले.

चित्रलेखा सुरवेक घुटमळली. उपरान्त अवसान एकवटावन हळूंच तिणें म्हळें, “बीजगुप्ताली विनंती मान्य करता. जाल्यार ताका आदीच सांगून दवरतां,- जो विराग म्हाका जडला तो चारचौगातलो ना. आनी त्या उबगणीक कारण सामके सोपें आसा अशेंय ना. म्हज्या वित्रागार अदीक कांय उकते करून सांगप आयज तरी शक्य ना.”

बीजगुप्तान श्वेतांकाकडेन पळेलें. तो वोग्गी रावन दोगांलीय भासाभास कान दिवन आयकतालो.

"अदीक उकते करून सांगप शक्य ना? " बीजगुप्तान समजावणीचो सूर लायलो, "चित्रलेखा, आमची दोगांली वळख जाली तांतूतल्यान इश्टागत घडली. उपरान्त आयज पयले फावट चित्रलेखा बीजगुप्तासावन कांय गजाली लिपोवन दवरत आसा अशें समजूं ? चित्रलेखाल्या मनांत जायते बदल घडून आयल्यात अशें बीजगुप्ताक थोडें-भोव भास जावंक लागल्यात."

मदिरेची धुंदी आताशी थंय आशिल्ल्या तिगांय जणाचेर चडूंक लागिल्ली. दुसरो मदिरेन भरिल्लो पेलो तोडांक लायत चित्रलेखान सफाय दिली, "ह्या सदांकाळ बदलपी संवसारात खंयच्याय वस्तूंत बदल घडप हे सभावीक आसा." हे आयकून बीजगुप्त वोग्गी रावलो. असल्या जापेक परथी जाप दिवंक तिचेकडेन तांक नाशिल्ली. तिचेंच सांगणे परतावन ताणें आपलें म्हणणे जोडले, "म्हळ्यार चित्रलेखालें मोगलेगीत बदलूंक पावता अशें समजूं ?"

चित्रलेखाक आपणाल्या म्हणण्याचो पच्छताप जालो. मातय विचार करिनासतना परिणामार इल्लेंय ध्यान न दितां कड मारून जें काय सांगलें, ताचो इतलो म्हत्वपूर्ण प्रस्न जावन सामाकार येतलो हे तिका ध्यानांत आयलें ना. जाल्यारूय तिणे धीर करून सांगलें, "बीजगुप्तालो अनुमान चुकीचो आसा. चित्रलेखालें मोग दरियाच्या खोलायवरी आसा. ते बदलप असंभव. त्याचवेळार हेंय सांगता- आनी ते योग्य समजतां - मोगलेगीत केन्ना केन्ना पुराय बदलपाकूय पावता. खळनास्तना बदलत रावप होच प्रकृतीचो नेम आनी मोग हो एक प्रकृतीचो भाव समजल्यार, सैमाचे नेमलेगीत मोगाक लागू पडटात."

जें कितें चित्रलेखान सांगलें ते कडवट आसुनूय ती बरेच कितें खरें सांगून गेली अशी बीजगुप्ताक जाणविकाय जाली. तिच्या सांगपांत सत्य आशिल्लें, सांगची वेळूय अचूक आशिल्ली आनी भासाभासेचे घटिचाराक धरून आशिल्लें. ताका अंतर्मनांत जाणीव जाली, चित्रलेखा ताचेपसून आतां पयस वचत आसा आनी तो तिचेपसून, एक अनवळखी शक्ती वा प्रेरणा म्हणा, दोगांयल्या मदें येवन आडखीळ जावन रावल्या.

"चित्रलेखा तूं विसरता, मोगाचो संबंद आत्माविशी आसा, कुडीक धरून न्हय- ज्या वस्तूचे संबंध शरीर प्रकृतीक धरून आसात त्यो वासना वा हावेस आसात कारण तांचे लागेबांदे भायलें वशीन आरातात. वासनाची मोख शरीर आसा जाका निसर्गान दयावान जावन सोबीत केलां. मोग अंतरात्मांतल्यान उपजता भायल्या दिसपी कुडींतून न्हय. कायमस्वरूपी बदलाचे नेम भायल्या शरीराक लागू पडटात आत्म्याक न्हय.आत्म्याचो संबंद अमर आसा....." बीजगुप्तान आपणाले सांगप पुराय करचे पयलीच चित्रलेखा हांसूक

लागली. तिची जाप तयार आसली-''आत्म्यालो संबंद अमर आसा ! कितली अजापाची गजाल आसा बीजगुप्त? जो जल्म घेता तो मरता, जें कायं अमर आसा तें जल्म कशें घेत ? जंय सृष्टी आसा थंय लय बी आसा; आत्मो अजल्मो म्हूण तो अमर पूण मोग हे अजल्मी म्हळ्यार जल्म घेनासतनाच रावता अशांतले ना. एकाद्रे व्यक्तींत मोग उप्रासता ताचोच अर्थ मोग थंय जल्म घेता. संबंद घडटात म्हणटकीर थंय संबंदाचो जल्म घडत आसा आनी तो संबंद निमाणो अंत नाशिल्लो असोय ना. केन्ना ना केन्ना तरी ताची अखेर जातलीच . मोग आनी वासना विगंड आसात. फरक इतलोच - वासना हें एक खुबळप समज जे खिणांती आसता. ताचे सावन ते खुबळप वा पिशेंपण म्हण जाय तर, आनी ते शांत जालें उपरान्त वासना पूण नश्ट पावता. आनी मोग? ते आसता गंभीरतायेत आनी खोलायेत; ताचेंतली जिवंतपणा बेगीन नश्ट पावनात. अत्म्याचो संबंद अनादि, जाका आदीच ना असो आसा, बीजगुप्त ?''

चित्रलेखाली विचारांची बळकटाय सुमाराभायर वाडल्या हे बीजगुप्त समजुन चुकलो. त्याणें जेजें फार केल्ले तें सगळें फुकट गेल्लें म्हणटकीर ताका तिडक मारली, रागाभरांत ताणे सांगलें, ''तू सांगता तें खरेंय आसत जाल्यार हांव ताका विरोध करीना. जागेलो तागेलो विस्वासाचो प्रस्न आसा इतले मात सांगूक शकतां आनी म्हज्या मत्तान ते चूक ना. कारण पिशेंपणाच्या झपाट्यांत आनी गिन्यानांत जे वेगळेपण आसा तोच भेद वासना आनी मोगांत आसा. पिशेपणांत थिरताय आसना परंत गिन्यान हे थीर आसता. थोडे वेळाखातीर गिन्यान विसरुंक पावता पूण ते केन्नाच नश्ट जायना. उचांबळपाचो जेन्ना झटको येता तेन्ना गिन्यान शेणून गेलाशें भास जाता. जाल्यार तो झपाटो उणो जालो म्हणटकीर निखटें गिन्यान स्पश्ट जाता - म्हळ्यार इंद्रियांक जाणविकाय जावपाक लागता. गिन्यान अमर ना अशें समजल्यार मोगय अमर ना. पूण म्हज्या मत्तान गिन्यान अमर आसा तो ईश्वरालो एक अंश आसा आनी ताच्या सांगातान प्रेम बी.''

त्या वेळार चित्रलेखा बसेकर तक्क्यांक वणखून बशिल्ली. तिचें दोळे न्हिदसुरी जाल्ले, पूण गोमट्या मुखामळार मात आडांगीपणा खेळटाली. ती आतां उठून निटायने बसली आनी बीजगुप्ताक उद्धेशून तिणें म्हळें, '' बीजगुप्त, तुवें खरें तेंच सांगलें, - हांव गोंदळिल्या अवस्तेंत पडिल्लें आनी ताच्या कोशांत हांव स्वताकूच शेणून बशिल्लें. क्षमा मागता, बीजगुप्त.'' इतलें सांगून तिणे आपणाले दोनी हात बीजगुप्ताल्या मानेभोंवती घाले आनी ताका गोपांत घेवंक कुशींत सरकली. श्वेतांकान तें पळेलें ना पळेंलेशें करून सटसटीत उठून तो आपणाल्या कुडांत वचूंक तयार जालो. बीजगुप्तान ताका आज्ञा केली, ''श्वेतांक हांगाथान तू गेल्लो बरो. रथाचे घोडे सोडोवं नाका. आमचे दोगांयले हिका आयज आमंत्रण आसा.''

❊ ❊ ❊

...१...

म्हालगडो सामंत मृत्युंजय जल्मान क्षत्रिय आसूनलेगीत तो कर्मान आतां ब्राह्मण जाल्लो. पाटलीपुत्र नगराचो अणभवान आनी वयान सगळ्यांत जाण्टो. ह्या सामंताल्या महालांत मौज-मजा, चैन-भोगाचे सामकें उरफाटे म्हळ्यार त्याग आनी वैराग्य आस्पावन राविल्ले. लोक तांची तोखणाय 'विदेह'- आत्म सुखांत गुल्ल आशिल्लो- अशें करताले, आनी तशें म्हणप खरेंपणाक धरून आशिल्लें. सगळें नगर ताका मृत्युंजय नावान वळखताले आनी मेजून थोडेच जण ताच्या व्यक्तिमत्त्वाचे वा गुणदोशाचे जाणकार आशिल्लें; ते लोक मात ताच्या लागसारचे, संबदीत. मृत्युंजयालो विशय खेळ अथवा लोकसमुदायान भरिल्ल्या बोवाळाचो नाशिल्लो. जाल्यार ताचो आवडीचो छंद मात योगाभ्यास आनी ध्यान- निरंतर एकांत आशिल्लो.

ह्या एकांतवासी क्षत्रियालागी भरपूर धन दौलत आशिल्ली. नगराच्या मुखेल सामंतजनांत ताचे नावं सामाविल्ले आनी राजसभेंत ताची ऊठबस वयल्या पंगडांत आशिल्ली. ताचे नांव आयकून लोक आदरासयत मान दिताले आनी ताच्या सामकार भोवतेक लोकांलो ताच्या विशी भक्तिभाव उमडून येतालो. नामनेच्या मृत्युंजयाली साधना-गिन्यान, तपस्या-भरपूर आशिल्ली, तांच्यातले आत्मिकबळ आनी आध्यात्मिक तेज वेळोवेळ दिसून येताली. मृत्युंजयाक चलो नाशिल्लो; वयांत आयिल्ली एक चली मात आशिल्ली. ताचें नांव यशोधरा. एकूच संतान आशिल्ल्यान यशोधरा बापायली अपुर्बायेची जाल्ली. तें अठरा एक वर्साचे आसूंक फाव . ताची जुवानी फुलपी वेळ तर मृत्युंजयाली निर्वाणीची वाटचाल आशिल्ली. अंतपार नाशिल्ली धनदौलतीची मालकीण यशोधरा सांगाती व्हड्डीक लावपाक जायते तरणाटें सामंत एका पायांर उबे आशिल्ले. ते सभाविक म्हणा-कारण यशोधरा सुदंर दिसतालें. निखटें सुंदरच न्हय- बऱ्या पयकी ओडळायणीची सोबाय ताच्या कुडींत आस्पाविल्ली. ताच्या शांत मुखामळार निरागसतायेन भर घाल्ली, आनी ताच्या हांसपांत म्होव्या झंकाराचे गाज आयकूंक येताले. ताच्या हरिणावरी सुंदर दोळ्यात भिडेस्तकाय भावताली आनी ताच्या गुलाबी पोल्यार लज लिपिल्ली दिसताली. यशोधराल्या जुवानीत बाबडेपण आनी उल्लासाचे मिस्रण आशिल्लें. तांतूत गर्वाचे उचांबळप इल्लेय नाशिल्लें जाल्यार नमळायेची थंडाय मात अदीकतायेन वावुरताली.

आपणाल्या उतारवयांत मृत्युंजय चली यशोधराक न्हवरो सोदतालो. अचानक ताची नदर सामंत बीजगुप्तार पडली. तो अजून आंकवार आसून, बऱ्या क्षत्रिय कुळांतलो आसा अशी म्हायती ताणे काडिल्ली. मृत्युंजयाल्या बरवेपणाविशी आपुलकाय दाखोवपी तांच्या वांगडांतले इश्टजन बीजगुप्त आनी चित्रलेखाल्या अनैतिक संबंदाविशी वयलेवयर नेमान ताचे कानार घालताले. कारण तांका यशोधरा सून म्हूण आपणाल्या घरां हाडपाचो सुवार्थ

लिपिल्लो आसलो. जाल्यार अणभवी आनी जाणट्या मृत्युंजयाली एकूच जाप मेळटाली, ''तशें बीजगुप्ताले वयच जुवानीचे. थोडे मनमानीचे आसा खरें. जाल्यार ताचो भविश्यकाळ व्हड उदरगतीचो आनी मोटो कर्तूपाचो आसा. बरो शिकिल्लो, गिन्यानी आसूनय हाली तो अणभवाच्या दर्यांत पोंवतेर आसा.''

यशोधराल्या जल्मदिसा निमित्तान सामंत बीजगुप्ताक मृत्युंजयाल्या घरां आमंत्रण आशिल्लें. त्या दिसाक थंय एक व्हड सुवाळो मांडिल्लो. बीजगुप्तान यशोधराक ताच्या नेण्टेपणांत एकदोन वेळां पळयिल्ले. जाल्यार जाण्ट्या मृत्युंजयालीय ताका चड वळख नाशिल्ली. आनी मृत्युजयाकडच्यान आमंत्रण पत्रिका मेळिल्ली पळोवन ताका नवल दिसले, आनी ती वाचली उपरान्त तर तो अपरिमित अजाप पावलो. तांतूत चित्रलेखाक सांगातान घेवन येवपा खातीर खासा विनंती केल्ली.

उलयता, उलयतां बीजगुप्तान चित्रलेखाक म्हळें, ''एक अजापाची गजाल सांगता. म्हालगडो सामंत मृत्युंजयाक तू वळखता काय ना ?''

''हय, वळखता''

''आनी ताची वयात आयिल्ली चली यशोधराक ?''

''हय तर ताकाय एकदोन खेप पळयिल्याचो उगडास आसा.''चित्रलेखान याद करून सांगले.

''यशोधराल्या जल्मदिसा निमित्तान आयज मृत्युंजयाल्या घरां आपोवणें आयला. ताचेंलागी म्हजी ना चड वळख ना संबंद. तरीय हे आपोवणे नवलायेचे म्हणपाचे. आनी ताचेय परस अजापाचे म्हळ्यार तुकाय म्हज्या सांगातीन घेवन येवपाक विनंती केल्या. आतां म्हजेवरवी तुका निमंत्रण पावलें अशें समजता,''बीजगुप्तान उचांबळून एकाच स्वासांत सांगलें.

''जाल्यार हांवे थंय वचपाचे योग्य दिसना''चित्रलेखान विचारपूर्वक आपणाले मत मांडले.

''तशें न्हंय चित्रलेखा, तुका आपोवणें धाडला ते म्हजेवरवी आनी तेंय म्हज्या सागांतान येवंक. एक बरें आसा-आमचो समाज अजून आमचे संबंद पवित्र मानता''.

चित्रलेखा थोडो वेळ नुलयत रावली,-''...हांव सामंत लोकाल्या सुवाळ्यांक फकत नर्तकीच म्हूण हजर रावलें. ह्या सुवाळ्यांत बऱ्याकुळांतली बायलां जमतली आनी ताचेसावन घडये म्हजो अपमान घडचे नाकारच्याक येना. अशें घडत तर कितें करचें हांव नकळ,'' तिणे अनमनत सांगले.

बीजगुप्त हांसलो,''म्हज्या सांगातान जोमेरेन तू थंय रावशी तंवसर कोणी कांय तुजें वायट करूंक धजचेनात हाचेर भरवंसो दवर '' इतले सांगून बीजगुप्तान श्वेतांकाक आफयलें. आतां तिगांय रथार बसून भायर सरली. बीजगुप्ताल्या रथाच्या घोड्याचे लगाम श्वेतांकान धरिल्ले.

थारायिल्ल्या वेळार आमंत्रण मेळिल्ले सगळे सामंतजन मृत्युंजयाल्या येवकार महाला दरवट्यार जमिल्ले. सेवेकारान वयल्या आवाजांत उलोदिलो, ''म्हासामंत बीजगुप्तालो रथ म्हाद्वारार येवन पावला.'' मृत्युंजया सांगातीन यशोधराबी बेगोबेग महाद्वारार आयली. मृत्युंजयान बीजगुप्तालो आनी यशोधरान चित्रलेखालो आदरासयत येवकार केलो. आनी श्वेतांक तांच्या फाटोफाट भितर आयलो. सावकासयेन जणेक नृत्यभवनांत एकठांय जाले. पाटलीपुत्रनगरीचे एकूण एक म्हालगडे सामंत थंय हजर आशिल्ले. सगळ्यांनी बीजगुप्त आनी चित्रलेखांक आनंदभरीत जाल्ल्याचो आवाज काडून येवकार दिलो. चित्रलेखा यशोधरा साथीन बायलांल्या पंगडांत मिसळली आनी बीजगुप्त मृत्युंजयाल्या सांगातान रावलो.

यशोधराक पळोवन चित्रलेखा चकित जाली. आयजमेरेन ती स्वताल्या सौंदर्याविशी घमेंड बाळगून आशिल्ली, आनी तसो आत्मविस्वासूय आशिल्लो. पूण एका खिणांत तिचो हांवकार गळून पडलो. तशेंच तिका आपणावेलो भरवंसोय डळमळीत जालासो भास जालो. यशोधरान नमळायेन विनंती करून तिका आसन दिलें आनी आपुणूय तिच्या बगलेक बसलें. यशेधरान अशेतरेन चित्रलेखाली खासा सरबराय केल्ली पळोवन हेर बायलां दुस्वास करतालीं.

आपूण ल्हान आसतना चित्रलेखाले नृत्य पळयिल्ले यशोधराक आतां उगडास जालो तेन्नाथावन चित्रलेखाविशी एक आदरासयत गूढताय तें मनांत बाळगून आशिल्लें. सुवाळो सोपेमेरेन चित्रलेखा साथीनच राव अशें ताका बापायकडच्यान सुचोवणी आशिल्ली आनी ते काम आयज तरी ताका मनापसून आवडिल्लें. चित्रलेखाल्या चोवशीन बायलां जमली. कांय जण हासंताली; कांय जण कुचाळकी करतालीं, पूण चित्रलेखान जास्त मनार घेतलें ना. आपूण खंयच्या भोंवतणेंत आसा हे ती नित्शितायेन जाणटाली. लागसार उबी राविल्ल्या एके दबाजाच्या सामंता बायलेन दुस्वासान म्हळें,- ''आमच्या बरोबरीचे जावन, आमच्या समाजाच्या सुवाळ्याक आयिल्ले खातीर चित्रलेखाक परबीं दितां.'' वाक्य जितलें वाकड्यांतलें आशिल्लें ताची जापूय खूब कडवट मेळ्ळी. चित्रलेखान फटकारले, ''म्हज्या येवकारा निमित्तान, स्वताले व्हडविकायेचो हांवकार बाळगुवपी बायलालीं, म्हाका अपमान करपी परबींची कसलीच गरज ना.''हे आयकून आजूबाजूची बायलां गोंदळांत पडली, आनी एकमेकांकडेन पळोंवक लागल्यो. त्या सांगण्याचे पडसाद थंय एकवटिल्ल्या सामंत आनी ताचे बायलांरूय दिसून आयलो. बीजगुप्तान चित्रलेखावटेन घुंवन पळयले. ताका भंय दिसताले

घडये हांगा तिचो अपमान जायत. त्या बोवाळ्यान ताचो हुसको अजून वाडलो, ''कितेंजालें, कितें जालें, म्हणत तो वाट काडून तिच्या लागसार येवन पावलो.

रागान तांबसार जाल्लो तिचो तोंडावळो आतां शांत जाल्लो. ''कितें कांयच ना,'' चित्रलेखान बीजगुप्ताकडेन पळोवन म्हळें, ''खरेंच कांयना, आमी एकमेकांली फकांणां करताली'' चित्रलेखा तेन्ना हांसताली. चित्रलेखान चतुरायेन वेळ मारून व्हेल्ली पळोवन यशोधरालो तिचे विशी आदर दुपटीन वाडलो. बीजगुप्त थंयच्यान वचू गेलो तशें तिणें चित्रलेखाक हळूच म्हळें,''आगे भयणी , तुमी लोकवावुरांत कितले कुशळ आसात!''

''तरीच हांव इतलो दबाजो दवरून आसा, यशोधरे !'' चित्रलेखा आनीकय हांसूक लागली. तिच्या हांसपाची म्होवी गाज त्या सभागारांत चोवशीन घुंवली. नव्या तरनाट्या सामंताली नदरां तिचे वटेन फिरली. हे वेळ मेरेन भोवजणानी अपुर्बायेन विनंती करून बीजगुप्ताक शास्त्रीय गायन गावपा भरशीक घाले.

वीणा घेवन बीजगुप्तान राग बागेश्वरीचो विलंबित आलाप भरलो. सभागारांत शांतता पातळ्ळी. सगळेजण मत्रांनं भूल पडिल्लेशे जावन बीजगुप्ताले गायन आयकताले. ताचें गायन सोंपले आनी मृत्युंजयान वीणा हातात घेवन यशोधराक खूण केली. ताणेय जागेर येवन बागेश्वरी रागूच आळायलो. थंय जमिल्यांक तिच्या गायनांत बीजगुप्ताल्या गायनापरस कांय उणविकायेचो अणभव आयलो. चित्रलेखान तांचो भाव वळखलो आनी तिणें सुचयलें,''यशोधराक म्हजी एक विनंती, तिची इत्सा आसल्यार तिणे एक खेप राग कल्याण गावन दाखोवचो''.

लोकालीं नदरां अकस्मात चित्रलेखा दिकान घुवली. मृत्युंजयान लेगीन नवालायेन चित्रलेखाकडेन पळेलें. ताका चित्रलेखाल्या सांगणेंचे म्हत्व कळ्ळे ना कारण ती विनंती एक निमंत्रीत व्यक्ती कडसून आयिल्ली. ताणे वीणेची तार कल्याण रागाक जुळोवन दिली तशें यशोधरान गायनाक सुरुवात केली. ह्या वेळार मात यशोधराले गायन सगळ्यांल्या पसंतीक पडलें, ताणी सदळ मनान तिची तोखणाय केली. गायन सोंपले तशें चित्रलेखान यशोधराक परबीं दिली,''यशोधरा, तुज्या सुरेल गायनाविशीं तुकां परबीं दितां'' निर्मळ मनाच्या चित्रलेखाल्या विनंतीचे म्हत्व आतां मृत्युंजय समजुन चुकलो, ताणें नमळायेन म्हळें, ''आनी चित्रलेखा, यशोधरावतीन हांव तुजें आभार मानतां.'' हें उलोवणें बीजगुप्त कान दिवन आयकतालो. हांसत हांसत ताणें एक संद घेतली,'' आतां हांव चित्रलेखाक तिची नृत्यकला दाखोंवक विनंती करतां''. चित्रलेखान लेगीत हांसत मान्यताय दिली, ''बीजगुप्ताल्या विनंतीक पाळो दिल्लेबगर हांव कशें रावूं ?''

मृत्युंजयान वीणा धरली. आनी बीजगुप्तान मृदंगार थाप घाली. चित्रलेखान समेचेर येवन गिरकी घेत नृत्याक सुरवात केली. रंगत चडली तशें सगळेजण चित्रलेखालें कवतीक करूंक

लागले. तशें चित्रलेखा तल्लीन जावन स्वताली नृत्यांतली कुशळता दाखोवंक लागली. त्याच वेळांर सेवेकारान उलो दिलो, '' योगी कुमारगिरी आपणाल्या शिश्या सयत म्हाद्वारार पावला.

मृत्युंजयान वीणा ताकतिकेन सकयल दवरली आनी तो उठून उबो रावलो. ताका कुमारगिरीलो येवकार करचो आशिल्लो. वीणावादन बंद जालें तशें चित्रलेखान आपणालें नृत्य बी थांबयलें . मृत्युंजय योगी कुमारगिरी आनी ताचो शिश्य विशालदेवाक आदरान उत्सवभवनांत घेवन आयलो. तांच्या येवकाराक सभागारांतले सगळेजण उबे रावले. त्याच वेळार बीजगुप्ताक संबोदून चित्रलेखान म्हळें,''आतां हांवे भायर सरिल्लें बरें. ह्या वेळेमेरेन म्हजे जायते अपमान घडून आयल्यात.''

''तें कशें ?'' बीजगुप्तान विचाल्लें.

''म्हजें बाबतीत कलेक सगळयांत वयले स्थान आसा. जो मनीस ताचो अपमान करता तो मनीस नासून पशु समजता. कुमारगिरील्या येवकाराक मृत्युंजयान म्हजें नृत्य बंद केलें हो अपमान न्ही तर कितें समजूं?''

''जशी तुजी मर्जी ,'' आनीं बीजगुप्तान हांसिल्लेंशें केले.

तो मेरेन कुमारगिरी राखून दवरिल्या बसकेर बसलो बी. मुखार वचून चित्रलेखान कुमारगिरीक मान बागोवन नमस्कार केलो. आनी फांटी सरकून मृत्युंजयाक विनंती केली, ''हांगाथान वचपाची आज्ञा मागता''. मृत्युंजयान जाप दिवची पयलीच कुमारगिरीन विचाल्लें, ''अशें कित्याक, चित्रलेखा, हांवे हांगासार येवप तुका आवडले ना अशें दिसता, आनी ते सभावीकय आसा.''

आनी तो मंद म्होवें हांसलो. एकाद्रे बाळकाल्या गोड आनी निष्पाप हांसपावरी सुरेल संगीत जावन थंय पडसाद उमटलो. थोडो विचार करून चित्रलेखान सांवरून घेतलें ''तशें न्हय योगीराज, तुमचे साक्षात हजर आसप कोणाकूय ना आवडपाचे कारण ना इतलो भरवंसो दवरात. हांव हांगाथावन भायर सरूंक दुसरेच कारण....''

''पूण तुवें आत्ताच भायर सरची वेळ चुकीची आसा''कुमारगिरीन सुचयलें.

''बरे तर हांव थामता.जशी तुमची आज्ञा'' चित्रलेखान पडते घेतलें.

मृत्युंजयान वीणा पर्थून हातांत घेतली. परंत चित्रलेखान परथून नृत्य करपाचें नाकारलें.

ह्या वेळार मात यशोधरान फुडाकार घेवन चित्रलेखाक विनंती केली, ''आगो भयणी, तुजें सांगणें आदी हांवे मान्य केल्लें, आतां म्हजी विनवणी फटकारनाका. तू नृत्य फुडें व्हरतली अशी म्हजी खात्री आसा.''आडमेळे घेनासतना यशोधराली विनंती चित्रलेखान मान्य केली आनी खासा रिंगणात वचून तिणें नृत्याक सुरवात केली.

योगी कुमारगिरीन यशोधराकडेन पळेलें आनी तसोच थोडोवेळ नियाळत रावलो. तो मनांतले मनांत चित्रलेखाली आनी यशोधराली तुळणा करुंक लागलो. ताका ध्यानांत आयले- दोगांय जण सामकी मनभुलायणी सुंदर आसात. एक मादकतायेन भरिल्ली आनी दुसरी भावार्थी आनी शांत. नर्तकीली ओडलायणी भेश्टावणीची आनी तिचें नृत्य एक सळसळते जिणे. आनी यशोधरा ? तें थाव नाशिल्लो खोल दर्या, आनी तांतून बुडिल्ल्या मनशाक स्वतालोच उगडास उरना अशा तरेचो. एकांत जिवंतपणाची निरंतर हालचाल जाल्यार दुसरेंत सवस्तकाय आनी अल्पसंतुश्टी. योगील्या मनांत संवसाराची ओडलायणी ताका वैराग्यांतल्यान सतत भायर सरूंक सांगत आसाशें जाणवू लागलें. मोगाची सजीवताय विरागाच्या अकर्मण्यतायेर ल्हवू ल्हवू जैत पावताली.

नाच सोंपलों तशें मृत्यूंजयान सेवेकान्नीक विचाल्लें, ''जेवणाक कितलो वगत आसा?'' ''धनी जेवण तयार आसा, फकत आज्ञेची वाट पळयतात''सेवेकान्नीन म्हायती दिली.

निमंत्रित सोयरे सगळे जेवणघरांत वचून बसले. वाडप्यानी पंगत वाडूंक सुरवात केली. बीजगुप्ताल्या बगलेक यशोधरा आनी तिच्या बाजून चित्रलेखा आनी उपरान्त श्वेतांक अशा क्रमान बशिल्ले आनी तांचेमदीं एकमेकांली खबरबात, फकाणां, भासाभास घडूंक लागली. हाचेपयली बीजगुप्तालागी यशोधरा उलयलें नाशिल्लें. बीजगुप्तान ताका विचाल्लें, ''यशोधरा, आयज पयले फावट आमची वळख जाली आनी ते विशी तुका आदी परबीं दिता.'' हरणावरी सोबीत दोळे एक परको असो दादल्याल्या दोळ्यांसर भिडूंक पावलें नात. यशोधराले काळीज धडधडलें तशें ते पुटपुटले, ''म्हजी वळख तितलीं काय म्हत्वाची न्हय.'' ही जाप आयकून चित्रलेखाक हांसू आयलें. तिणे यशोधराक संबोधून म्हळें, ''देव करूं आनी वळख अशीच वाडत वाडत आपुलकायेंत बदलू दी. आनी उपरान्त ते आपणावप जिणेंच्या पवित्र बंधनांत घट्ट जावं दी.''

यशोधरान कृतज्ञतायेन उपाट भरिल्ल्या नदरेन चित्रलेखाक पळेलें, आनी बीजगुप्तान उत्सुकतायेन. तेन्नाच यशोधरा आनी श्वेतांकाली अचानक नदरभेट जाली. ह्या वेळेमेरेन यशोधरान इतलें लागसारच्यान ताका पळेलें नासलें. आमंत्रित प्रत्येकाक तें वळखतालें. पूण श्वेतांकाक आजूच पयलेफावट पळेलें. यशोधरान बीजगुप्ताक विचाल्लें, ''तुमचे सांगातान आयिल्लो हो सोयरो कोण ?'' बीजगुप्ताली लगोलग जाप मेळ्ळी, ''तो म्हजो मजतनीस, आनी धाकटो भाव,'' आनी बीजगुप्त मनापासून हांसलो.

यशोधराली उत्सुकताय वाडली, ''मजतनीसबी आनी भाव बी,'' ती गणमणली, ''ते कशें शक्य आसा ?'' बीजगुप्तान ताचे समाधान करपाचे थारायलें, ''बरें, आता ताची विसकणी करून सांगता, -हाचे नाव श्वेतांक. तो क्षत्रीय आसून बऱ्या कुळांत नातें -गोत्यांतलो आसा. ताणे आतांच खयं जुवानीत पांय दवरला आनी खासा सांगपाचे म्हळ्यार अजून

आंकवार आसा. दर्शन शास्त्रांची, जप, तप, योग हांचे गिन्यान जोडपा खातीर हाली तो गुरुकुल आस्रमांत रावता. पाप कितें आसता हाचे अणभव घेवपाखातीर ताच्या गुरून ताका म्हज्या म्हऱ्यांत दवरला. म्हज्या वरवी तो आतांशें संवसारात पांय रोवंक लागला. म्हाका दिसता सद्यांक इतली वळख पुरो.''

यशोधराक अजून चड नवलायेचे दिसलें, '' पाप सोदूक तुमचें म्हऱ्यांत !'' वास्तवांत समाजांत जें तुमचें वयलें स्थान आसा वा तुमचे खासा व्यक्तिमत्त्व आसा अशांचे सहवासान पापाचे गिन्यान मेळत काय म्हणटा ? विस्वास बसना.''

बीजगुप्त मनांतले मनांत हांसलो. कितली भावार्थी ही चली आनी कितल्या भ्रमांत जगता. ताणे निराकरण केलें, ''चड करून एकादलो पापी मनीस आपुण पापी आसा म्हूण हेर पापीजनांक सांगूक पावना. दरेक जण स्वताक साव समजता आनी असो मनीस स्वताक मनाभितर तपासून स्वताक जाणून घेतासो संभव ना. देखीक दिवचेंच म्हळ्यार-समज, हांव पापी आसा अशें जर श्वेतांक आपणाल्या अणभवान सांगता तेन्ना खऱ्या अर्थान हांव पापी आसा हो समज हेर जनांत खात्रीचो जाता.''

यशोधराल्या हड्ड्यांत एक बारीकशी कळ उठली. एक अनवळखी जुवानाली मोगाबंदनाच्या कल्पनेन ताचें मनांत मात्शें खंय उमळशीक उपजल्ली, तोच आपणाल्या आचार्यावरवी पापाचो सोद लावपी साधन जावन सामकार आयला. ताणे श्वेतांकाक दोळ्या कोनशांतल्यान पळेंले. ताचो तोंडावळो कितलो गोमटो, मनभुलायणो दिसतालो जाल्यार अंतर्मन कसल्यान भरला ते देवच जाणां ! आनी बीजगुप्त ?

तेदें वेळार जेवणावळी उठली; सोयरे उठून उबे रावले. हाततोंड धुवन परथून सगळें सभागारांत जमले. बीजगुप्तान श्वेतांकालो हात धरून ताका मृत्युंजयासरी नेटान व्हेलें आनी वळख करून दिली. उपरान्त कांय वेळान जमिल्ले सगळे निमंत्रित आपापल्या घरां वंचूं गेले.

❊❊❊

...१०...

उजवाडान पातळिल्लो मृत्युंजयालो महाल अजून मेरेन तसोच पर्जळत आशिल्लो. परंत तांतून जीवसाण मात बरीच उणी दिसताली. आफयिल्ले सगळें सामंतगण आपापल्या परिवारासयत परथून वचूंक गेल्ले. उपरान्त थंयसर बसून आशिल्ले ते फकत योगी कुमारगिरी, विशालदेव, बीजगुप्त, श्वेतांक, यशोधरा आनी चित्रलेखा, जांका मृत्युंजयान विनंती करून मागशी थांबोवन घेतिल्लें. सगळेजण नुलयत, शांत गंभीर मुद्रा घेवन एकमेकांकडेन कितें उलोवपाचें तें नकळ जावन बशिल्ले. अकस्मात मृत्युंजयान बीजगुप्तालो हात धरलो आनी ताणे काकुळटीक येवन म्हळें, ''सामंत बीजगुप्त, ह्या सुवाळ्यांत एक व्हड गुपीत दडून

आसलें तें सांगता, आनी ताचो लागीचो संबंद तुजोच आसा, '' अशें म्हणत ताणे आपणाली चली यशोधराकडेन एक अर्थपूर्ण दिश्टीन पळेंले. बीजगुप्त गोंदळांत पडलो जाल्यार चित्रलेखा मात मुमुरखे हांसली.

''वडीलधारी मृत्युंजयाली विनवणी तूं मान्य करतलो अशी आस्त केन्नाचान बाळगून आसा.'' मृत्युंजयाली ती भावुकताय थंयसरच्या सगळयांक जाणवली. बीजगुप्तान चतुरायेन जाप दिली, ''म्हासामंत, पाळो दिवप वा ना दिवप हे ज्या त्या प्रस्तावाचो उपेग तशेंच ताचो बऱ्यार पडपी भरवश्यार आसता. तुमचे सांगणे जशें आसतलें ताका फावो अशीच जाप मेळटली.''

थोडो वेळ येवजणीत घाल्लो उपरांत मृत्युंजयान म्हळें, ''बीजगुप्त, अजून तुजें लग्न जालें ना अशें खरें धरून चलता.'' हे आयकून बीजगुप्तान चित्रलेखा दिकान पळयलें. कितें जाप दिवूं ते नकळ जावन तो वोग्गी रावलो. प्रस्न योग्य आशिल्लो पूण बीजगुप्ताल्या मत्तान चुकीचोय आशिल्लो. अनमनत तो पुटपुटलो, ''शास्त्राप्रमाण तरी ना''.

मदींच कुमारगिरीन गंभीरतायेन विचाल्लें, ''बीजगुप्त, शास्त्राभायर बी लग्न जावंक शकतात?'' बीजगुप्तान चटकन परथी जाप दिली, ''दादलो आनी बायलांल्या कायम स्वरूपी संबंदाकूच तर लग्न म्हणटात.'' कुमारगिरी हांसलो, ''पूण लग्न हे उतर समाजावरवी उपजल्ले आसा. स्त्री आनी पुरुषाले संबंद पवित्रतायेन बांदून ताका मान्यताय दिता. बीजगुप्त तू अर्दसत्याचो आदार घेत आसा.'' बीजगुप्तानूय त्याच विवेकतायेन सांगले, ''योगीराज, सत्य केन्ना अर्दकुटे आसना; ते पूर्णच आसता. पूण ही वेळ भासाभासाची न्हय म्हूण मनांत येता ती जाप दिवप उपकारचे ना,'' आनी मृत्युंजयाक समजावपाचो ताणे यत्न केलो, ''म्हासामंत, म्हजे लग्न जाले ना हे आत्तांच तुमकां सांगले, हाची फोडणिशी करून सांगता. लौकीक अर्थान हांव लग्न जावंक नाशिल्लो, पूण म्हजी व्हड्डीक खरी म्हळ्यार, केन्नाच जाल्ली आसा. चित्रलेखा म्हजी बायल आनी जरी हांवे रीतिरिवाजप्रमाण लग्न केल्लें नासलें तरी तशें करूंक म्हजें कांयच आडमेळे नात. नित्शितायेन सांगतां म्हजें आनी चित्रलेखालें संबंद घोवबायले वरीच आसात. हांव मोगाचेर विस्वास दवरता, आनी त्या परिस्थितीत हांवे आनी एक लग्न करप शक्यताय ना. कारण म्हजी मोगाची वाटेकान्न हेर आनी एक बायल जावंक पावची ना.''

हे सगळे सांगत आसतना बीजगुप्ताली नदर जमिनीर थीर राविल्ली. ''तुजें सांगणे घडये बरोबर आसत बीजगुप्त, पूण जोमेरेन समाजाच्या रीतरिवाजप्रमाण तू लग्नाशिवाय जगांत वावुरता तोमेरेन जाय तो समाज तू आंकवार आसा अशेंच समजतलो. लग्नाविशी स्पश्ट अर्थ सांगचो म्हळ्यार - तुज्या ध्यांनात इतलेंच हाडून दितां-ते एक बरें संतान घडोवपाखातीर वा फुडारची पिळगी निर्माण करचे खातीर गरजेंचे जाता. चित्रलेखा पासून जाल्ली संतान ना

बीजगुप्ताली आसतली आनी ताचे मरणा उपरान्त ना उरतले बापायले मालकी हक्कदार. केन्नाय हाचेर विचार केला?'' मृत्युंजयान आक्षेप घेतले.

खरें म्हळ्यार बीजगुप्तान ते दिश्टीन येवजणी केलीच नशिल्ली. ताणे त्या प्रस्नाक जाप दिली ना. हो एक नवो प्रस्न ताच्या मुखार नकळत उबो राविल्लो ताचेसावन तो गोंदाळिल्लो. मृत्युजयांन चित्रलेखासरी वळून म्हळें. ''चित्रलेखा तू गिन्यानी आसा''. तुका जास्त कितें सागंपाची गरच दिसना. तुका बीजगुप्ताली वास्तवतेची पुराय जाणीव आसा.''त्यावेळेमेरेन ती शांत बसून आशिल्ली. जाप दिवची तिचेर पाळी आयली तेन्ना तिणे स्पश्ट केलें. ''म्हासामंत, तुमी जे सांगले ते सगळे दिश्टीन बरोबर आसा. समाजान भायर काडिल्ली हांव एक नर्तकी. ते देखून बीजगुप्ताली बायल जावन रावचे म्हाका शक्य ना. अशावेळेर हांव एकूच करूंक शकता. ताचेसावन साबारजणाले खंयच्याय रीतीन बऱ्याक पडटले. परन्त अशें करपांत म्हाका बरोच त्याग करचो पडटलो हाचीय तुमका जाणीव आसतली अशें समजता''.

''तांतून इल्लोय दुबाव ना, चित्रलेखा, ''कुमारगिरी तिरसट हांसलो. ''पूण नवलायेची गजाल म्हळ्यार तू स्वताल्या बदलिल्ल्या मनाक विसरून गेलाशें दिसता. वैराग्याचे जिणें आपणावचें आसा हें तुवें मागशी एक खेप नित्शितायेन सांगिल्ले म्हाका याद आसा.''

ह्या सांगण्यार बीजगुप्त अजाप पावलो. ताणे भराभर सांगले, ''योगीराज, जर तुमचो विरक्ततायेर पुराय विस्वास आसा आनी तशें एकादल्या व्यक्तीक तुमी वैराग्याचे उपदेश करूंक शकतात तेन्ना म्हाका बंधनात बांदून दवरपाचें कश्ट कित्याक घेतात ?''

''ते इतल्याकूच ,'' कुमारगिरीली जाप तयार आसली, ''तू वैराग्य घेवंक लायक ना, इतलोच ताचो अर्थ. ना तरी तू समाजाच्या उरफाटें दिशेन व्हांवतेर आसा. शक्य जाता तितलें समाजाचे नीतीनेम वा रीतरिवाज तुवें पाळल्यारूय खूब जालें.'' कुमारगिरील्या त्या सांगण्यार चित्रलेखान मात्सो विचार करून ताकाच प्रस्न केलो, ''योगीराज, आनी एक प्रस्न करता. म्हाका दीक्षा दिवंक तुमी तयार आसात? मान्य करीत आसल्यार सांगात. आत्ता ह्या खिणापसून हांव तुमची शिश्या जाली म्हूण समजात.''

कुमारगिरीली नदर आपशी विशालदेवार पडली. तोय गुरू जें कायं सागंतालो ते ध्यान दिवन आयकतालो. ताची नदर गुरूक नियाळटाली.काय वेळ चिंतून योगीन स्पश्ट केलें, ''नर्तकी, तुका दीक्षा दिवंक म्हाका अजिबात शक्य ना.'' ते आयकून चित्रलेखा व्यंगात हांसली, ''योगीराज तोंडान सांगचे सोपें जाल्यार सांगिल्ले तशें स्वता करचे अती पिडेचे आसता. विरक्तताय तुमच्या सारक्यांक सामकी सोपी आनी सरळ आसूंक फाव . जाल्यार म्हज्या सारक्यांक कितली त्रासदायक. एकट्या बायलेक वैराग्याच्या वाठारांत वावुरचे अशक्यच दिसता. आताचो म्हजो वावर मायमोगांत आनी लोकसमुदायांत आसून - लोक

जायते नांव दवरू दीत वा अपवित्र मानूं दीत - तरीय देवामुखार आनी म्हाका स्वताक तो पवित्र आसा. त्या भायर पांय दवरपाचे म्हळ्यार म्हज्या मत्तान वायटांत रिगप अशी म्हजी समज आनी ते फुकटचे पाप करूंक हांव तयार ना.''

घटिचार घडत गेले तशें ते इबाडलें लेगीत. मृत्युंजयाक ताचो अणभव मेळ्ळो. ताची सुचोवणी फिसकटली, पूण उलोवणी आपणाक जाय तशी घडत गेल्ली पळोवन बीजगुप्ताल्या मनाक भावले.

योगी कुमारगिरी चित्रलेखाक जाणटालो. तशेंच चित्रलेखा कुमारगिरीक वळखताली. श्वेतांक आनी विशालदेव दोगांकूय जे समजूंक कठीण अशें भासाभासांतले गुमानीत तांका हळू हळू ध्यांनात येवंक लागले. यशोधराक मात हातूतलें तिळमात कळनाशें जाल्ले कारण ताका कसलोच अणभव नासलो. ताणे बापायकडेन म्हंळे, ''रात बरीच जाल्या, विस्रांतीची गरज आसा.'' उतारवयातल्या जाणट्या मृत्युंजयांन आदी यशोधराकडेन आनी उपरान्त चित्रलेखाकडेन पळेंलें. दोगांतलो फरक ताका विशेशतायेन जाणवले. एक सात्विक वृत्तीची तर दुसरी घमेंडी. एक शांत सबावाची आनी दुसरी तुतनायकी, सुमाराभायर मस्तीन भरिल्ली. आनी बीजगुप्त ? तोतर परिस्थितीन मारिल्लो, एकअद्रुश्टान पिडिल्लो आसुनूय मनशासारको देखदिणो मनीस. मृत्युंजयान चित्रलेखाली समजूत घालूंक यत्न केलो, ''तुमच्या वावुराक अंपिवित्र कोण म्हणटा? जें कितें तू करता तें तुज्या मनाच्या प्रवृत्तीक धरून आसता. आनी तुजो सगळो वावर मोगावाठारांतलो अशें समजता. मोगाच्या सोबीत वाठारांत अपवित्रतायेक मातय सुवात ना, पूण जाचेर तू मोग करता तो जर जिणेंत वाटचाल शेणून बसला ताका बऱ्या वाटेर हाडपाचें तुगेलें कर्तव्य आसा काय ना ? मोगांत त्यागाची गरज आसता आनी बीजगुप्ताकडसून फारकत घेवपाचो तुजो निर्णय मात चड परिणाम करपी आसतलो.''

ज्यातरेन मृत्युंजयान समजावणीच्या सुरांत सांगलें ताणे चित्रिलेखालें विचार बदलपाक कारण जातासलें. पूण मदेंच बीजगुप्तान आडखीळ घाली,-''म्हासामंत, चित्रलेखाक असलें कितें सांगप व्यर्थ आसा. घडोवपाचे वा इबाडपाचे ती जापसालदारकी म्हजी. चित्रलेखा ना म्हाका घडोंवक शकता अथवा वायटार व्हरूंक पावता. हे घडेक इतलेंच सांगता म्हजें आनी चित्रलेखालें मोगासंबंद मातय उणे जावपाचे नात. तें जशें आसात तशेंच अमर रावतले,'' इतलें सांगून बीजगुप्त उठून उबो रावलो. जाल्यार चित्रलेखा बसून राविल्ली. तिणेय नित्शितायेन सांगलें, ''म्हासामंत, जें कितें तुमी सांगले तें बरोबर आसूंदी वा नासूंदी पूण म्हजेपासत न्हय तर बीजगुप्ताल्या भलायकी खातीरूच म्हाका त्याग करचो पडटलो इतलें खरें. आनी म्हजेर भरवंसो दवरात,'' तिणे यशोधराकडेन पळोवन म्हळें,'' आनी एक म्हासामत, तुमच्या चलियेक बीजगुप्त एक अपरूपसो न्हवरो आसा.'' निमाणे तिणें बीजगुप्ताक सांगले, ''बीजगुप्त,

म्हज्या मत्तान तुका यशोधरा सारकी योग्य सांगाती मेळची फुडारांत संभव ना. आयजपसून तुजें आनी यशोधरालें संबंद नित्शीत जालें अशें समजा.''

तोमेरेन बीजगुप्त मुखेल बसके कुडां दरवट्यार पाविल्लो. चित्रलेखान निमाणें ताचे संबंदान परगटायिल्ले मत आयकून तो गणमणलो. तरीय ताणें उबो राविल्लयाकडच्यानच कळीत केलें, ''चित्रलेखा, हे तुजे सांगणे बरोबर ना. तुवें सांगिल्लेवरी वागप म्हाका शक्य ना हे आदीच सांगून दवरतां. म्हासामंत परथून मेळ्यां.'' आनी तो ताकतिकेन महालाभायर सरलो. चित्रलेखा लेगीत उठून भायर आयली आनी तिणें बीजगुप्ताल्या कानार पडपी अशा व्हड आवाजांत म्हळें, ''बीजगुप्ताल्या सांगणेर वचूं नाकात, म्हासामंत. रागाभरांत मनशाक बरें वायटाचे भान उरना. अशा वेळार हेर कोणेय ताचेर आपणाल्या विचारांची सक्ती करूं नजो. सद्याक हांव इतलोच भरवंसो दिवंक शकता- तो म्हळ्यार- बीजगुप्ताले आनी यशोधराले संबंद साबारजणांक सगळेतरेन उपकारतले. आनी तसो संबंद घडप सामकें गरजेंचें आसा.''

बीजगुप्ता फाटल्यान श्वेतांक आनी ताच्या सांगातीन चित्रलेखा अशें भराभर महाला भायर सरले. मृत्युंजयाक घटिचाराची आतां पुराय जाणीव जाली. तो नुलयत अविचल थोडो वेळ बसून रावलो, ताचें मन कासावीस जाल्लें, ''योगीराज, म्हाका कांयच कळनाशें जाला. ह्या चर्चेतल्यान एक गजाल मात नित्शीत दिसून आयली,- ह्या नर्तकीलो बीजगुप्तार आमी समजतात ताचें परस खुबूच दबाव आसा.''

योगी कुमारगिरीन हयकार दिलो,'' तुमचें अनुमान सारकें दिसता.'' ''आनी अदीक सांगपाचे म्हळ्यार चित्रलेखालें मन निर्मळ आसा.'' मृत्युंजयान सांगलें. त्या सांगण्यार योगी कुमारगिरी वोग्गी रावलो. आशी आपशीच ताची दिश्टी विशाळदेवार पडली. तो मुमुरखो हांसलो. मृत्युंजय मुखार सांगत रावलो, ''योगीराज, बीजगुप्तार चड दबाव घालप कशें बरें दिसतलें ? चित्रलेखा सांगून गेली खरें, आनी जें कितें ती सांगता ते ती पुराय करता हाचेर दुबाव ना. हो विशय हांगाच सोडून दिल्लो बरो अशें दिसता. नाजाल्यार चित्रलेखालें मन खंती जावपाचे भंय आसा.''

आतां मात योगीक आपणाल्या मनांतली येवजणी सांगले बगर रावंक जालेना. ''चित्रलेखालें मन दुख्खी पावतले हाचेर म्हजो विस्वास बसना, म्हासामंत. एक घडपा सारकें आसा. घडये चित्रलेखा स्वताजावनूच बीजगुप्ताक सोडून दितली आनी त्या अवस्तेत बीजगुप्तालें जिणें परथून सांबाळून वतलें. म्हजें मत विचारशांत जाल्यार चित्रलेखा आनी बीजगुप्तालें संबंद तुटलें म्हणटकीर तुमकां उपकारतले.'' इतलें सांगून योगी उठून उबो रावलो आनी निमाणे ताणें चत्राय दिली, ''मृत्युंजय, यशोधराक बीजगुप्ता परस हेर कोणी बरो न्हवरों तुमकां मेळचो ना इतलो उगडास दवरात.''



...११...

चित्रलेखान जाय त्या वेळार मोगाची फोडणिशी केल्ली, आनी प्रत्येक वेळार तिका आपणालो आदीचो निर्णय चुकीचो आशिल्ल्याचो अणभव आयलो.

सुरवेक तिचो मोग देवावयल्या भक्तीवरी आशिल्ले.तिणे आपणाल्या घोवाचेर तसो मोग केल्लो. तांतून पवित्रताय आशिल्ली. अतोनात भक्ती आशिल्ली. त्या मोगांत तिचें खाशेलें जियेवप घोवाल्या जिणेंत भरसून गेल्लें. ती हांसताली घोवाक खूश दवरूंक. ती उलयताली घोवाक धादोसकायेंत पळोंवक. आनी इतलेंच न्हय तर तिचो राबीतो आसलो तिच्या घोवाखातीर आनी दरेक खीण घोवाक ओंपिल्लो. घोवच तिचे विश्व, तिचो भगवंत आनी तिचो स्वासोस्वास. तांतूत कितलें समाधान आशिल्लें. घोवार प्रीत करप तिची आत्मसमर्पणाची सफळताय जावन राविल्ली. त्या सगळ्या अर्थान दिल्ल्या ओंपणीत कितले सुख आस्पविल्ले आसता ते फकत आत्मबलिदान करतलेच जाणूंक फावो.

घोवाल्या मरणा उपरान्त तिचो संवसार काळोखान भरलो. तिची घोवाविशीची भक्ती, ताचेंविशी घेतिल्ले कश्ट सगळें फुकट गेल्लें. एकेक यादीची बोंचणी लागली म्हणटकीर केन्ना केन्ना तिका जीव दिवचोसो दिसतालो. पूण तशेंकरप पाप हे ती जाणटाली. धर्ममार्तंडानी तिका स्पश्टतायेन सांगिल्ले-'स्वतार ताबोदवरून उपासना करत रावप हे तिचें आदी कर्तव्य आनी जपतप हे तिच्या फुडाराच्या जिणेतलें मुखेल कर्म आसपाक जाय.' चित्रलेखान तेंय केलें. परंत ते सगळे त्या वयांत सामकें कठीण जातालें. घोव जिवंत आसामेरेन तिका पूजा, उपासना करूंक फावतालें कारण तांची मोख घोव आशिल्लो; ताचो एक आदार तिका मेळटालो. पूण जयं कोणूच नाजालीं तेन्ना एकाग्रताय चळविचळ पावली; आनी विस्वासाक खाशेलो आदार ना मेळिल्लयान तो गळून पडलो.

उपरान्त तिणें कृष्णादित्यार प्रेम केलें. ह्या वेळार तिची प्रीत दैवी नाशिल्ली. ती एक सभावीक भावना आशिल्ली. तांतून भक्ति नाशिल्ली पूण स्वताक विसरपी भावना मात थंय मिरयताली. ह्या वेळार मात मोगांत करगून वचपाचें नाशिल्ले. मात स्वताल्या आनी आतांच्या घोवाल्या जिणेंत बराबरीन जुळोवन व्हरपाचें आशिल्लें. कृष्णादित्याल्या मोगांत तिका पयलें फावट जिणेंत उमळशीकेन येवपी व्हरसेचो अणभव मेळ्ळो. तिका अजापान आस्पविल्लें.

असो भोवन भोवन येवपी तळमळो आनी ताचें म्हत्व तिका कळलेच ना. तो मेरेन तिणें स्वताक घोवाल्या मोगांत सहजतायेन भरसून घेतिल्लें. अशें आसुनूय ही वसवस कसली? आनी त्या वेळार तिका आपणाली भितल्ली इत्सेची जाणीव जावंक लागली. नकळत आपशींच

तोंडात आयिल्ले हुंकाराचे खर रूप पळोवन सुरवेक ती भयान कांचावेल्ली अशी जाल्ली. उपरान्त ल्हवू ल्हवू तिका धादोसकायेचो अणभव मेळ्ळो. आता तर तिका आपणाल्या जिणेविशीचो अर्थ समजलो. मोग म्हळ्यार एक तरेची भक्ती आनी ती एकतर्फी आसना; मोग म्हळ्यार एकमेकांले न तुटपी बंधन वा ते एकमेकाल्या मेळींत सोस आसता. मोग हे आत्म्यांच्या पवित्र संबंदाक उद्देशून आसा. तातूंत उतसुकतायेचो थरथर, एकमेकांक मेळपाचो सोस आसता. स्वताक विसरून वचपाचें पिशेंपण बी आसता. थंय तृप्ती, समाधानाक सुवात ना. मोगांत आत्म्याची जी ओंपणी आसता ती एकावटेन न्हय- दोगांयनी मेळून करपाची आसता.

कृष्णादित्यय हे जग सोडून गेलो तेन्ना प्रेम हे अमर ना हाचेय गिन्यान तिका उमजलें. एक पवित्र याद दर दिसाक उणी जावन, धुरकट जायत, ती पुराय नाच्च जावन वचूंक फावता हेय तिच्या ध्यानंत आयलें

चित्रलेखाल्या हालीच्या जिणेंत आतां सामंत बीजगुप्त आयलो. ह्या खेपेक मात चित्रलेखान मोगांत फकत उमळशिकायेन आयिल्ली इत्सा आनी केन्ना स्वताक विसरून वचपाचो अणभव घेतलो. जाल्यार थंय ओंपणीक मातय सुवात नाशिल्ली. आजकाल तिका मोगांत मस्तीची धुंदी दिसून आयली. आनी उपरान्त मोगाच्या वावुरांत पयसो-आडको तशेंच भोगविलासांत खर ओडलायणीचे रूप दिलें. चित्रलेखाक आनी एक नवी गजाल ध्यानांत आयली-आनी ती म्हळ्यार, जिणेंत फकत मोगच किंतें म्हत्वाचें आसना आनी ताका मोगाजिणेची एक मात आदाराची बी गरज ना. मोगासांगातान आनीकूय कांय बऱ्यो गजाली आसतात; खासा मोग कांय वेळेकूच खुशीक कारण जाता आनी ताच्या थारावणीक स्वताक विसरून वचप गरजेंचे आसता हेय ध्यानांत आयलें. पूण वास्तवांत तशें घडना देखून ताचेर उतारो म्हूण तिणे मदिरेचो आदार घेवप पसंत केले.

आतां हालीं चित्रलेखा योगी कुमारगिरीचेर भुलिल्ली. कुमारगिरी जुवान, तांतुतूय 'सुंदर पुरुश' आसलो. तसो भोव गिन्यानी लेगीत....चित्रलेखाक कांयच सुचनाशें जातालें. स्वताल्या इत्सेखेरीत तिचें मन कुमारगिरीलागी आपशीच व्हांवतालें. मनाभितल्ल्या इत्सेविशी तिका पुराय जाणविकाय आशिल्ली. चित्रलेखा नकळत कुमारगिरील्या मोगांत फशिल्ली तेंय बीजगुप्ताल्या उदार मनाचो आदार घेवन. त्याच कारणान ती कुमारगिरीकडेन थेट वचूंक पावली ना. मृत्युंजयाल्या महालांत सुवाळ्याच्या निमित्तान जमिल्ले तेन्नाचान तिका एक तरेची धिटाय आयली. आनी ताचेसावन तिका अंतर्मनांतल्या माणसुकीक फटोवंक एक निमित्तय मेळ्ळें. तिणें चिंतिलें, ''बीजगुप्ताक सुखांत राविल्ले पळोवपाचें म्हजें कर्तव्य. ताच्या जिणेंत ताका सार्थकताय मेळोवन दिवपाखातीर म्हाका व्हड त्यागाक तोंड दिवचे पडटले. तेन्ना बीजगुप्ताक म्हज्या बंधनांतल्यान मेकळे केल्ले बरें. आनी ते म्हत्वाचें जालां. हांवेच ताका सोडून दिल्यार दोगांकूय उपकारतलें.'' त्या रातीन तिका न्हीद अशी पडलीना. तशा येवजणीत

ती रातभर गुल्ल रावली. फांतेपारा तिचो दोळो लागलो. उठली तेन्ना दनपार उलटून गेल्ली. सामकार आयिल्ल्या सेवेकान्नीक तिणें विचाल्लें, “ बीजगुप्ताकडसून कांय समाचार ?” सेवेकान्नीन रोखडी जाप दिली, “ना मालकीण”.

चित्रलेखान न्हावन घेतलें. जेवणाक तिणे न्हयकार दिलो. रथ तयार दवरूंक सांगून ती वस्त्रां अळंकार दवरपी कुडांत गेली. आंगावेले एकूण एक दागिने काडून दवरले. आता ती एक भगवी रंगाची साडी न्हेसली, आनी केस मेकळे सोडले. तो मेरेन घोड्यांसयत सजयिल्लो रथ महाला दरवट्यार येवन उबो रावलो.तिणें एकचीट बीजगुप्ताक उद्देशून बरयली, आनी सेवेकान्नीक समजावून सांगले, “हांव तिनसाना दिवेलावणी मेरेन घरां परथें आयलें नाजाल्यार ही चीट बीजगुप्तासरी लगोलग व्हरून पावोवपाची .” उपरान्त तिणें घराचो सगळो भार आपणाल्या खासा सेवेकान्नीकडेन सोंपयली. ती तर पुराय काचाबूल जाल्ली. तिका संबोदून चित्रलेखान इतलेंच म्हळे, “भियेवनाका, सुनयना, आता हें वैभव सोडला तें म्हजें पुरतें. हांव परथून येवंमेरेन तूच हांगाची मालकीण.” ती महालाभायर सरली, आनी रथांत बसून योगी कुमारगिरील्या आस्रमादिकान भरधांव गेली.

राजमार्गार रथ थांबोवन चित्रलेखान सारथीक सांगले, “तू हांगाच थांब. सूर्य अस्तमतेक धारेर पावमेरेन हांव परतें आयलें ना जाल्यार हो रथ परथून घेवन वच.” जेन्ना ती कुमारगिरील्या पर्णकुटींत पावली तेन्ना योगी ध्यान धारणेंत तल्लीन आसलो. चित्रलेखान थंयच बसकण मारली. एक पार उपरान्त तो ध्यान समाधीतल्यान भायर आयलो. ताणे दोळे उगडले आनी नदरे सामकार चित्रलेखा बशिल्ली पळेली. तिचें दोळें धाापिल्लेशें दिसतालें. कसल्याशा चिंतनात गुल्ल आसपाक फाव. तिच्या आंगार निखटें एक वस्त्र दिसतालें. आतां मेरेन कुमारगिरीन फकत तिचो शिणगारान आनी धनदौलतीच्या बडेजावान उपाट तेजाळिल्ले मुखामळ पळयिल्ले. ह्या खेपेक ताका चित्रलेखालो तोंडावळो सामको शांत, निश्पाप सयेन आस्पाविल्लो दिसलो. अगांवेले सादा न्हेसण आनी नमळायेन तिच्या पयलेच्या मादकतायेक धांपून घाल्लें. मंत्राविल्लोसो जावन तिच्या नव्या रूपाक तो बरोच वेळ नियाळत रावलो. उपरान्त ताणें ल्हवूच उलो दिलो, “नर्तकी !”

आपल्यच तनरीत गुल्ल आशिल्लया चित्रलेखाक जाग आयली, तिणें जाप दिली, “गुरुदेवाली ध्यानसमाधी पुराय जाली म्हणपाचे?”

“हय ते खरें, पूण चित्रलेखा, तू हांगा कित्याक आयल्या?”

“गुरुदेवाकडसून दीक्षा घेवंक !”

“हांवे तुका न्हयकार दिल्लो ताचो विसर पडलो काय विचारतां”

“हय, याद आसा गुरुदेव, तरीपूण हांव परथून आयलां. आयज हांव म्हजी पुराय धनदौलत, तशेंच माया-ममता, मागशी सोडून आयलां. मालकीची एकूण एक वस्तू-भौतिक अर्थान संवसारात गुरफटिल्लें तन,मन,धन,सत्ता,वायटाचे गूण पुरतेपणान त्याग करून आयलां. बाकी उरलां ते निखटें ममत्व. आनी तेंच तुमच्या सामकार दवरला. तांतूतल्यान म्हाका मेकळीक दिवन तुमच्या नीति-नेमांत बसोवपाचें काम तुमचें आनी तो तुमचो धर्म समजतां.”

“ना, तशें घडपाचें केन्नाच संभव ना,” अशें म्हणटना, चित्रलेखाल्या हरिणावरी व्हड सोबीत दोळ्यांदेखत कुमारगिरीक शिरशिरें भरलें. तो किळांचून उठलो, “नर्तकी तुका दीक्षा दिवप अजिबात शक्य ना.” तेद्यावेळार तो स्वताकूय विसरिल्लो. ताणे नित्शितायेन सांगले, “तुका दीक्षा दिवपाचे म्हळ्यार म्हज्यां नीतिनेमांतल्यान कडसरावप, साधनेंतल्यान सकयल देंवप; सकयल खंय जाणा? खोल अजून खोलायेत जाका पोंदच ना. हांव तुका पुराय वळखता नर्तकी, आनी म्हजी स्वतालीय मर्यादा जाणून आसा. तुका वयर काडप म्हाकर्म कठीण; आनी हांव मात सहज सरळ मातयेंत भरवण जातलो.”

कुमारगिरी आतां उठून उबो रावलो. आवाट्यावरी ताची नदर खोंपींत चोयवशीन भिरांतीन भिरभिरत रावली. चित्रलेखा फातरा मूरतीवरी अचळ आनी शांत बसून आशिल्ली. मात्शें वेळान स्वताक सांवरून योगीन गंभीरतायेन निमागिलें, “नर्तकी खरें तेच सांग. म्हजेर भरवंसो दवर. तू हांगाच कित्याक आयला? तुका खऱ्यानीच गिन्यान मेळोवचे आसा ? भोगविलासाक तिळांजली दिवंक तुका हेर कांयच सुचलें ना? ही सगळी कळाशी तुजीच काय आनी कोणाली? सांग नर्तकी, खरेपणान सांग. म्हाका खबर आसा तुका फट उलोंवक जमना. तू इतलो वेळ नुलयत रावला तेच म्हाका सांगता, मोन्यान रावप हेंच न्हयकाराचे चिन्न आसा.”

चित्रलेखालें मौन भंग पावलें. तिणे कुमारगिरीकडेन एक फावट पळेलें. दोगांयली नदरभेट जाली. तिणे शांतपणान जाप दिली, “ योगिराज, स्वताले जैत आनी अपेश हांची निंदा करत तुमी म्हाका एक सत्य सांगिल्लें. हांवय खरें तेंच सांगता, “तुमचेर म्हजो मोग जडला!

“म्हजो अदमास चुकीचो नाशिल्लो म्हणपाचें ! तुजें उपकार मानतां, नर्तकी. तू म्हजेर मोग करूंक आयल्या न्हय ? ज्याणे केन्नाय, कोणारूय मोग केलो ना, मोग कित्याक म्हणटात तेंय जाका खबर ना ताचेकडेन आयला ? आनी एक प्रस्न विचारता,- मोग कशेतरेंन करतात? मनशांत मोगाचों उपज आपशीच घडटा अशें आयकलां. परंत मोग करूंक एकादली व्यक्ती आदी थारायता आनी ते उकते करूंक म्हूण भायर सरता हे म्हाका आयज नवेंच आसा.” कुमारगिरी हांसूक लागलो. पूण ते हांसप कितलें वयलेवयर आशिल्ले ! तांतून कितली कुत्सिताय भरिल्ली. चित्रलेखा नवलायेन पळेयत रावली.

चित्रलेखान नमळायेन घेतलें, “योगिराज, म्हज्या सांगणेत तो अर्थ नाशिल्लो. म्हज्या मनांतले भाव फावोशा तरेन सांगूक जमले ना. तुमचेवयल्या मोगान हांव पिडला हेतर तुमी

जाणात आनी बऱ्याच तेंपासावन तुमकाय ते खबर आसा. तुमी म्हाका आपणावन घेवंचे म्हूण हांव हांगासर आयलां इतलेंच. आता मात जें काय मनांत आशिल्लें ते खरें खरें सांगून जालें.''

''तू म्हजेर मोग करता, इतलेंच सांगिल्ले पुरो. मोग करचेविशी हांवे ना तुका थांबयले आनी ना तुका थांबोवपाक शकता. मोगाबदलात मोगाची आस्त बाळगप रास्त आसा, पूण ते फळदायी घडपा विशी मुजरत यत्न करप कोणाल्याय अधिकारांत बसना, वा तशी जबरदस्ती करप लेगीत उपकारना.'' कुमारगिरीन स्पश्ट केलें.

चित्रलेखालें मुखामळ निर्शेल्लेशें जालें, पूण खिणभरांत ती सांवरली. तिच्या खोल आवाजांत गंभीरताय पातळिल्ली, '' बरोबर आसा योगिराज, दुसऱ्या खेपेक बी चुकीचे सांगलेशें दिसता. सोपें करून सांगपाचे म्हळ्यार- जिची म्हाका सोस लागल्या ती तान भागोवंक हांव हांगा हजर जालां. जाचेर मोग करता ताच्या पायांची धूळ सदांकाळ म्हज्या मात्यार केसांतल्या मागेंत दवरून घेंवक मेळटले म्हूण तुमच्या पांयासरी आयलां. सेवा आनी भक्ती , स्वतालें विस्मरण, खाशेलो सोस पुराय करून घेवपाची आस्त-ज्यो मोगाच्यो खाणाखुणो आसात-तांच्या आदारान मोगांत बुडून वचपाक हांगा आयलां. हांवे हे सगळें सत्य, विस्वास आनी कर्तव्याचे पांगरुणाभितर अस्पाविल्ले तें म्हजें पयलें लग्नावेळार अणभविल्ले. आनी तांच्या भोंवतणेंत रावन बी त्यावेळार म्हाका तांचे म्हत्व कळलेंच नाशिल्लें. आतां तांचे खरेपण उकते जाल्यात म्हूण तर तुमच्या म्हऱ्यांत आयला.''

ते सगळें आयकून कुमारगिरी हुसकेंत पडलो. ताच्या मनांत प्रस्न पडलो,-''वासनांक विगंड करून मोग करप कशें शक्य आसा?'' ताची साधना आनी विस्वास हाणी जाप दिली,-''ना ते शक्य ना. ताच्या मनान सांगले,-''आरे बुदवंता, निखट्या निर्मळ प्रेमांत कामवासनेक आनी वसवसाक सुवात ना- घडिभर चिंतून ताणें समाधान केलें,- ''थारावणी करूंक मात्सो वगत दी नर्तकी. हो प्रस्न दिसता तितलो सोपों ना.''

चित्रलेखान चटकन योगीले दोनी पांय धरले, ''थारावणीक आतां वेळ ना योगिराज. जे घडूंक जाय आसलें, तें केन्नाच घडून गेला. म्हजें पावल आतां खुबूच मुखार पडला आनी फाटीं सरप आतां तरी शक्य ना. हांव ह्या आश्रमांत रावंक आयलां; परथून वचपाखातीर न्हय.''

कुमारगिरीन जाप दिली ना. तो उबोच राविल्लो. ताणे विशय बदलत विचाल्लें,- ''हांगासार तू चलत आयलें काय कितें ?''

''ना. रथार बसून आयलें ''.

''पूण रथ खंय आसा ? दिसना तो?

“रायरस्त्यार उबो केला. ह्या वेळेमेरेन सारथी परथून वचू गेल्लो आसूंक फाव.”

योगी कुमारगिरीन मळबादिकेन पळेलें आनी स्वताशीच पुटपुटलो, “हे भगवंता, ह्या घडणूकींत कसलें कसलें लिपून आसा तूंच जाणा. तुज्याच इत्सेप्रमाण घडटलें, न्हय, तशेंच घडपाक जाय.”

ह्या वेळार ताणे आपणाल्या पांयार पडिल्ल्या चित्रलेखाक हाताक धरून उठयलें.आनी म्होव्या स्वरांत म्हळें, “बरें तर, तुका दीक्षा दीन. देवालीच इत्सा दिसता. हांव संवसारांत सामाविल्ल्या कामवासनांच्या सांगातीन झुजत रावपाचें अद्रुश्टाल्या मनांत दिसता, तशेंच घडूंदी, ”इतलें सांगून ताणे विशालदेवाक उलो दिवन आफयलें.

विशालदेव म्हन्यांत आयलो तशें योगीन ताका आज्ञा केली, “आरे विशालदेव ह्या नर्तकीक हांगाच रावपा खातीर एक खोंप रोखडीच तयार करची पडटली.” विशालदेवाल्या तोंडार अचर्ये दिसून आयलें. ताचे मर्म तो जाणटालो. ताणे चित्रलेखाक प्रणाम केलो आनी म्हळें, “तुमका मनापासून येवकार दिता,” आनी भोवन एक फावठ गुरुदेवाक आपणाल्या अर्थपूर्ण दिश्टीन पळेलें. कुमारगिरीक त्या नदरेचो अर्थ उमगलो. ताणे लगोलग स्पश्ट केलें, “तुका नवल दिसता उरत विशालदेव. मागशीं एक फावट म्हजी दुबळीकाय दिसून आयिल्ली आनी आतांलेगीत तशेंच घडूंक शकतलें म्हूण तुका अजापाचें दिसता अशेंच न्हय ? आनी ते सभावीक आसा. जाल्यार एक याद दवर- मनशाले पयले कर्तव्य- स्वतल्या उणविकायेर जैत मेळवप. देवान म्हजेर एक कठीण प्रसंग मुखार दवरला. जिणेची व्हडविकाय कामवासना सागांती झुजपांत आसता आनी ते करपाक म्हाकाच फुडाकार घेवचें पडला. ताचेसावन चित्रलेखाक दीक्षा दिवपाचें थारायला.”

विशालदेव मुमुरखो हांसलो,“गुरुदेवाले म्हणणें उचित आसा. आतां रोखड्या रोखडें मदेंराती पयलीं खोंप तयार करची पडटली.” विशालदेवाले कुच्छितायेचो वास मारपी हांसप आनी सांगणे आयकून कुमारगिरील्या कुडींत तिडकेची एक जोगलझोत सरसरीत पार जाली. तो थरथरत रागाच्या पारांत उलोवन गेलो, “नाका, म्हाका दुसऱ्या खोंपींची कांयच गरज ना, चित्रलेखा म्हज्या पर्णकुटींतच रावतली विशालदेव ! म्हज्या दुबळीकायेर विटंबणा करतां अशें म्हणपाचें जालें शिश्यवर. हांव तुजो गुरु आनी पिरायेन अदीक गिन्यांनान लेगीत वयल्या पांवड्यावेलो आसा हाची मात याद दवर. साधना आनी तपश्चर्येन तापून आयिल्लया योगींत कितली बळकटाय आसता हे आतां नित्शितायेन दाखोवन दितां.”

योगी कुमारगिरीलो रुद्रावतार पळोवन विशालदेव ना म्हळें तरी मात्शें भियेलो. ताणे गुरुदेवाल्या पांयार सामको दंडवत घालो. “ म्हज्या आडांगीपणाविशी माफी मागतां, गुरूदेव हांव खोंप उबारूंक रोखडोच भायर सरता.”

“नाका”, कुमारगिरी ताचेर व्हडान आड्डलो, “आता खोंपींची कायंच गरज ना, विशालदेव. फांटी एक खेप भ्रमांत रावन तुज्या आचार्य रत्नांबराली हांवे कुचिंद्रिपणा केल्ली. ताचो दंड वा सजा आतां म्हाका मेळत आसा. आचार्यान तुका पाप कितें आसता हे सोदून काडूंक हांगासर धाडून दिलां. आनी ताची सदं आपसूक चलून आयल्या. आतां पाप कितें आसता ते पळय आनी ताचेर जैत कशें मेळटा तेंय ध्यानांत घे. म्हजी संध्यावंदनाची वेळ जाल्या तेन्ना तू हांगाथान गेल्यार उपकारतलें.”

विशालदेव थंयच्यान पसार जालो. कुमारगिरीन चित्रलेखाक सांगलें, “नर्तकी, जें कितें हांगा घडलें तें सपन म्हूण समज. ताचेर म्हजोय विस्वास बसना. परंत जे घटिचार घडूंक जाय आशिल्ले ते घडून गेल्यात. केन्ना केन्ना अशाचें भंय दिसता. आनी हांव उज्या लागी खेळ खेळत आसाशी मनांत सारकी टोंचणी लागून रावता.”

चित्रलेखाल्या मुखामळार मंद हांसपाची सया पातळली, “योगीराज म्हजेसावन तुमका इल्लेंसुदीक भंय ना. तुमच्या साधना आनीक तपश्चर्येंत म्हजें केन्नाच आडमेळे येवपाचे नात. इतलो भरवंसो दवरात. आनी तुमच्या खुशींत म्हजें सुख आस्पाविल्लें आसतलें.”

“तथास्तु!-तशेंच घडूं दी,” म्हणत कुमारगिरी आपणाल्या बसकेर निटायेन बसलो,- “तुजेंखातीर दुर्वातणाचे आसन तयार करून घेंवचें पडटले. विशालदेवालागी मागल्यार तो सगळी वेवस्ता करतालो. म्हजी तिनसांजवेळची संध्येची वेळ जाल्या,” इतले सांगून कुमारगिरीन आपणाले दोळें ध्यान धारणेखातीर बंद केलें.

❇❇❇

.. १२ ..

मृत्युंजयालो विनाकारण अपमान केल्लो ताची बीजगुत्पाक जाणविकाय जाली. दुसऱ्या दिसा फांतेपाऱ्याक जेन्ना श्वेतांक बीजगुप्ताकडेन हजर जालो तेन्ना बीजगुप्तान ताका उद्देशून म्हळें, “श्वेतांक, मृत्युंजयागेर जेवणावळी उपरान्त घडये हांवे कोणाकूय मनाक लागसारकें उलोवन गेलो काय म्हूण विचारतां. कारण अजुनूय म्हाका ताचो उगडास जायना. तूं थंयसर हाजीर आशिल्लो न्हय? आनी त्या वेळच्या सगळ्या घडणुकेची तुका याद आसतलीच.”

श्वेतांकान मात्शीं याद केल्लीवरी केलें, “धनी, तुमी जें कितें उलयलें तें फावोशेंच आसलें. आतां उरल्यो मानापमानाच्यो गजाली. थंय जमिल्ले सगळे जण मन मेकळेपणान उलयताले. त्या कारणान म्हालगड्यान आपणालो अपमान जालो म्हूण गैर समजूत करून घेवची शक्यताय नाकारूंक येना. पूण ते खातीर तुमी हुसको कित्याक काय करप? खरें तें खरेंच आसता आनी एकमेकालीं विचारसरणी कांय वेळा सामकी उरफाटी आसूंक शकतात.”

“तशें न्हय श्वेतांक. तू एक विसरता. सत्य हे सत्य आसता हातूंत दुबाव ना. पूण सत्य हे मन दुखोवपी जावंक नजो. जें कितें हांव उलयलो तेंच हेर तरेन म्हळ्यार म्होव्या भाशेंत सांगपाचें शक्य आसलें. हे तरी मान्य करता काय ना?”

मृत्युंजयालो योग्य आदर राखलो वा ना राखलो हाचेर बीजगुप्ताक खंत नाशिल्ली. जाल्यार यशोधराल्या मनाक विनाकारण दुखयिल्यान ताचे मन खंती जाल्लें. ताच्या नदरेमुखार यशोधराली आकृताय सारकी नाचताली - यशोधरा मोग करपा लायकीचें आसलें अशें ताचे मत्त जाल्लें. ताचें बाबडेपण; ताचें शांत, ओडलायणे दोळें, ताचे म्होवें लजप तसो सदा हांसकुरो सुंदर तोंडावळो, हे सगळें भौन भौन बीजगुप्ताल्या दोळ्यांमुखार आपालिपा खेळटालें. अशें आसुनूय ताका यशोधराचेर प्रीत करप शक्य जायनासलें कारण ताचो मोग पुरायतरेन चित्रलेखार जडिल्लो. चित्रलेखाली एक तरेची धुंदी हाडपी मन भुलायणो खास गूण यशोधरांत नाशिल्लो. यशोधराकडेन चित्रलेखासारकें काळीज आसा काय ना हे तो नकळ जाल्लो. ताकालागून थारावणी करूंक पावनाशिल्लो. चित्रलेखा ताची लग्नाची बायल नासुनूय, ती ताची घरकान्नोवरीच वावुरताली. नृत्यांगना आसुनूय ती मोग दिवंक पावताली - पयशा खातीर न्हय - कारण पयसो आडको, वैभव जायतितलो तिचें लागी आशिल्लो - ती म्हज्या सांगातीन रावताली फकत म्हजेंवेल्या प्रेमाखातीर. ताका आतां उगडास जालो - पयले फावट चित्रलेखा सांगाती वळख जाल्ली त्या रातीची. चित्रलेखाली आनी यशोधराली खंयचेच बाबतीत तुळणा बराबरींत जुळनाशिल्ली. चित्रलेखाले वागणे, मोगाची रीत हे भोव वयल्या पावंड्यावेले आशिल्ले... आतांच आपूण यशोधराविशीं कित्याक काय विचार करीत बसला हाचें ताकाच नवल दिसलें. ताणे श्वेतांकाक संबोदून म्हळें, “श्वेतांक, म्हज्या अनादर करपी उलोवण्याखातीर तरी मृत्युंजयाकडेन वचून क्षमेची मागणी केल्यार बऱ्याक पडटले.”

“जशी धनयाली इत्सा.”

‘परंत म्हाका थंयसर वचपाचे ना; हांव एक चीट दिता ती मृत्युंजयाकडेन रोखडीच व्हरून पावय. बीजगुप्तान यशोधराक चुकोवची कळाशी केली.

“जशी धनयाली आज्ञा”

बीजगुप्तान मृत्युंजयाक एक चीट बरोवन श्वेतांकाल्या हातांत दिली. ती घेवन श्वेतांक मृत्युंजयाल्या घरां पावलो. म्हालगडो मृत्युंजय घरांत आसा काय म्हूण सेवेकान्नीकडेन ताणें चवकशी केली.

“सामंत मृत्युंजय घरांत नात- कामानिमित्तान भायर सरल्यात. बरें, कसलें काम आसा?”

“तांचे खातीर ही चीट घेवन आयला”

‘‘म्हजेकडेन दिल्यारूय जाता धनयाक पावोवपाची वेवस्ता करता’’

‘‘ते शक्य ना. म्हाका स्वताच ही चीट तांच्या सुवादीन करची आसा’’, श्वेतांक मात्सो गणमणलो , ‘‘तांची चली यशोधरा घरांत आसा?’’ अचकीत ताका एक विचार सुचलो.

सेवेकान्नीन यशोधराक श्वेतांक आयिल्ल्याची सुलूस दिवपा आदी ताका येवकार वासरेंत व्हरुन बसयलो. कांय वेळान यशोधरा भायर आयलें. तेन्ना श्वेतांकान उठून आदरासयत ताका प्रणाम केलो. बसता, बसता यशोधरान विचाल्लें, ‘‘सांग, हांगासर येवपाचो त्रास कित्याक घेतलो?’’

‘‘सामंत बीजगुप्तान म्हालगड्या मृत्युंजयाक चीट दिल्या. ती सरळ तांच्या हातांत दिवपाची सक्त ताकीद आसा, देखून येवचें पडले’’. त्या वेळार बीजगुप्त आपलो धनी म्हूण सांगपाचे ताणे हुशारीन चुकयलें.

‘‘इतल्यांत तो येवपाचो जाला. तूर्ताक वाट पळोवपाशिवाय दुसरो पर्याय ना. वेळ घालोवपाक बेश्टेच बसून रावचें पडटलें.’’ यशोधरान सांगले. ताचे मोटे मोटे दोळे श्वेतांकाल्या दोळ्यांक भिडले. तांतूत कसलेच परकेपण नाशिल्लें. श्वेतांकान आदरासयत नमळायेन म्हळें, ‘‘पाटलीपुत्र नगरीतल्या सगळ्यांत सुंदर अशी चली म्हऱ्यांत आसताना कोणाक अशें बेठोच बसून रावपाक आवडटले?’’.

यशोधरा असलें तरेचे भाशेविशी पुराय अजाण आसलें आनी तेलेगीत अशा अनवळखी दादल्याकडसून. जाल्यारूय ताका ती भाषा भोव आवडली. रोखडेंच ताचें दोळे धादोसभरीत जावन लजेन बागवले, आनी पोल्यावयली तांबडी सया दुपेटीन वाडली. श्वेतांक तिचो सोयरो, ताची आदरान सरबराय करप तिचे काम. आनी ते खातीर ताणे श्वेतांकाक विचाल्लें, ‘‘सामंत बीजगुप्ताक तुंवे संपूर्णतायेन जाणून घेतला असे हांव समजता’’.

‘‘व्हय. संवसारांत सगळ्यांत वयल्या पावंड्यावेल्या लोकांत ताची ऊठबस आसा, हे कोणूय नाकारचो ना.’’

‘‘आनी चित्रलेखाविशी तुजें मत कितें?’’

‘‘ ती तर सामकी शीलवंत बायलांमदली आसा, नीति आनी धर्मान वागपी, सद्गुणी अशी एक अस्तुरी, म्हळ्यार देंवीवरीच आसाशें समज. जाणे कोणे तिका समजून घेतला ताणे खरें सौंदर्य म्हळ्यार कितें आनी तांतूतल्यान उप्रसिल्ल्यो हेर गजाली कितें आसतात हाचे गिन्यान मेळयलां म्हूण समज.’’

यशोधरा हांसूक लागलें, ‘‘म्हजी कल्पना वा समजूत ती काय आदारा शिवाय वेगळी नाशिल्ली म्हणा. आपणाले नाव श्वेतांक असो म्हजो समज. तो खरो काय म्हूणं विचारतां.’’

‘‘तुजो समज सामको बरोबर आसा’’.

‘‘श्वेतांक, आनी एक प्रस्न विचारता. खरें सांग, तुज्या गुरुन तुका पापाचो सोद घेवंक सामंत बीजगुप्ताकडेन धाडला? त्या व्यक्तीलें जिणें आनी ताचें खाशेलपण पापाचो सोद घेवंक लायक आसा?’’ यशोधरान एकाच स्वरांत वाक्य पुराय केलें.

श्वेतांक आतां मात्सो मुमुरखो हांसलो, ‘‘तुवें सांगले तें खरें म्हणपाचें. म्हाकाय तोच प्रश्न सतायता - बीजगुप्तासारक्या मनशालागी रावन पापाचो कसो काय सोद घेवपाचो हेच म्हाका कळनाशें जालां. बऱ्या घुस्पागदळांत सांपडला खरों. आनी एक गजाल सांगता, आयकतकच तू अचर्ये पावतलें. म्हजो एक गुरूबंधू विशालदेव हो योगी कुमारगिरीकडेन ह्याच पापाचो सोद घेवपाखातीर तांच्या सांगातान वावुरता. तो काल हांगासर जेवणावळीत गुरु सांगातान हजर आशिल्लो, हे तुका खबर आसूंक फाव.’’

खऱ्यानीच यशोधराक नवल दिसलें. श्वेतांकान आपलें सांगप चालू दरवले, ‘‘अशें नवल पावचे कांयच गरज ना. जांचेकडेन आमी राबीत केला ते पापी आसात असो मात गैरसमज करून घेवंनाका. घडये तांका संबदींत अशा इतर जणांत कोणी पाप करतले आसूंक शकतात... बरें, दुसरी गजाल म्हळ्यार- मुदलात पाप म्हळ्यार कितें आनी ते कोणाकोणाक खबर आसा? जे हांव पाप समजता तेच दुसरो कोणूय पाप मानत नासल्यार? अशोच कांय गजाली प्रस्न जावन मुखार येतात तांचेकडेन आमी मातय ध्यान दिनात.’’

हे आयकून यशोधराले समाधान जाले ना. ताणें परथो प्रश्न केलो, ‘‘श्वेतांक तुका फकत मनशाले बरें गूण तितलेच दिसतात आनी तांचेर तुजो भोव भरवसों, ते विशी. तुजीं तोखणाय करतां.’’

तेद्यावेळार मृत्युंजयान वासरेंत पांय दवरलो. श्वेतांकान उठून तांका आदरान प्रणाम केलो. यशोधरा भितल्लें कुडींत सटकलें. मृत्युंजयान श्वेतांकाक बसूंक सांगले आनी वासपूस केली, ‘‘काल बीजगुप्त सांगातान हांगा आयिल्लो ताचो सेवेकरी तूच न्हय?’’

‘‘हय, तुमचो तर्क बरोबर आसा, धनयान तुमच्या नावान एक चीट धाडल्या’’, अशें म्हणत श्वेतांकान चीट मुखार केली.

मृत्युंजयान चीट वाचली आनी तांच्या मुखामळार खोस भोगिल्ल्याचे भाव वयर उप्रासून आयले. ताणे सांगले, ‘‘सामंत बीजगुप्ताक सांग, जें कितें धडला ताचेविशीं क्षमा मागची कांयच गरज नाशिल्ली. तांचेविशी म्हजी भावना सामकी निर्मळ आनी आपुलकायेची आसा,- जशीं पयली आशिल्ली तशीच. आनी एक आमंत्रण दितां,- ताका सांग जर कांयच काम नासल्यार आयज तिळसानां बेठोच वेळ घालोवपाक ताणे आमगेर येवचे. आनी याद दवर

रातीचे जेवण आमी हांगाच करतले'', मात्शें चिंतून ताणे परथून म्हळें, ''आनी श्वेतांक, बीजगुप्ता वांगडा तुकाय आमंत्रण आसा, बरें!

श्वेतांकालो तोंडावळो खुशीन पर्जळून उठलो, ''आर्य, आमंत्रणाविशी उपकारी आसा. धनयाले हांगा येवपाचे घडत तर हांवूय तांच्या सांगातान मुजरत येन. तांच्या आज्ञेशिवाय हांवे हांगा एकट्यानूच येवप बरें दिसचें ना.''

मृत्युंजयाक हांसू आयले ''आरे श्वेतांक, तूं खरोच शांत, विचारशील आनी आज्ञाधारक चलो आसा, तुवें सांगिल्ले आयकून धादोसकाय पावलो. तुजें घराणे खंयचे, तुजो बापूय कोण आनी मूळगांव खंय ते सांगतलो काय ना?''

''हांव सूर्यवंशीय, म्हज्या बापायलें नांव विश्वपति, आनी आमी कौशलदेशाचे.''

''आरे, तू विश्वपतिलो चलो आनी कौशलांत स्थायीक?'', मृत्युंजयान श्वेतांकान म्हळ्ळें तेंच परथून म्हळें,'' कितली अजापाची गजाल! विश्वपति म्हजो गुरुबंधु. श्वेतांक तुजो येवकार आसा. तू म्हज्या चल्यावरीच समज.''

आपणालो बापूय आनी मृत्युंजयाली इश्टागत आयकून श्वेतांक आनंदभरीत जालो. तो मनांतल्या मनांत येवजणी करतालो - 'यशोधराकडेन लग्न जावपाची शक्यताय नाकारूंक जायना'-सांगचे सारखें नासलें तरी ताच्या मनांत एक ल्हान आशेचें ल्हार वयर उप्रासलें.

-'ते घडपाचें ना'- ताची विचाराची सांखळी एकदम तुटली. तो चिंतितालो- ताच्या वाडवडिलांचे वैभव सगळे नश्ट जाल्ले आनी ताचो बापूय आडगावांत रावन जिणें जगतालो. तो वयल्या कुळांतलो आसुनूय ताचो हांगा कांयच उपेग जावपाचो ना. सामंत मृत्युंजय भोव धनवान. श्रीमंती ताच्या पांयासर लोळण घेता. राज दरबारांत तांचो सुमाराभायर दबाजो. खंयच्याय लग्नाक हे सगळे बराबरीचे आसूंक जाय - 'ते घडपाचें ना'- तो स्वताल्याच विचारांत गुल्ल जालो. ताची आशा आयज तरी उणी जावंक नाशिल्ली.

श्वेतांक वोग्गी राविल्लो पळोवन मृत्युंजयान विचाल्लें, ''श्वेतांक, तू आमचो घरचोच अशें समज. विश्वपति म्हजो इश्ट आसुनूय आपणालो पूत हांगासर येवन रावला म्हूण कित्याक कळयले ना हे मात्शें विचित्र दिसता.''

''म्हजो बापूय हालीं 'वानप्रस्थ' जिणें जगता. घडये तेच कारण आसूंक जाय. बरें, आर्यश्रेष्ट, म्हाका परथो वचूंक आज्ञा दियात.'' श्वेतांकान नमळायेन सांगले मृत्युंजयान आग्रो केलो, ''जेवणाची वेळ जाल्ली आसा. जेवनच वच, - भिडेवनाका.''

मुमुरखे हांसत श्वेतांकान जाप दिली, ''भिडेक कारण ना खरें, पूण आर्यश्रेष्ट, हांव पडलो बीजगुप्तालो सेवेकार आनी ताच्या सांगणेभायर हांव कसलेंय काम करीना. म्हाका परवानगी दियात; कळाव खूब जाला आनी धनी म्हगेली वाट पळयत आसतलो.''

"आरे, मानेस्त, खरेंच तुका आपणाल्या वावुराची पुराय जाणवीक आसा. हांव तुजेर खऱ्यानीच खूश जाला. तू वचूंक शकता. परंत याद दवर. बीजगुप्ताक म्हजो निरोप दिवंक अजिबात विसरनाका."

श्वेतांक परथून आयलो. महालांत पावलो ना पावलो ताणे मृत्युंयजयान दिल्ल्या आमंत्रणाचे बीजगुप्ताल्या कानार पयलीं घालें. ते आयकून बीजगुप्तान गणमणत म्हळें, "आमंत्रण मेळ्ळें खरें. पूण हांवे तागेर वचप कितपत बरें दिसतले?" आनी ताचेरच तो दनपार हुपून गेली तरी विचार करीत रावलो.

मृत्युंजयागेर वचप बराबर कित्याक न्हय होच विचार चड हुसक्याचे जालें. ताणे बीजगुप्ताले मन भितल्लें भितर कांतरूंक लागले; तांतूतच तो घुस्पून रावलो. ताचे कारण तो सहज सांगूक शकतालो पूण ते स्वता थंयसर वचून सांगूक पावचोना अशी अवस्ता जाल्ली. खूब तर्कवितर्क केल्ल्या उपरान्न मृत्युंजयाल्या घरां वचपाचो ताणे नित्शय केलो. सांजेवेळार ताणे श्वेतांकाक आफयले, "आरे, खंयच्च्याय घरगिरेस्तालें आमंत्रण योग्य कारणाशिवाय नाकारप बरें दिसना." खरें म्हळ्यार ताच्या खोल मनकप्यांत यशोधराक एक खेप पळोंवक जाय आसलें. ताचें लागी उलोंवक जाय अशी कळत नकळत भावना जोर धरूंक लागिल्ली.

रातीवेळार बीजगुप्त श्वेतांकासयत मृत्युंजयाल्या घरां पावलो. ताच्या महालांत पयलेवरी रातीचे आनंद सुवाळे तशेंच बराबरीच्या लोकांलो बोवाळ नाशिल्लो. सभोंवतण किण्ण शांत जाणवतालो. मृत्युंजयान दोगांकूय येवकार दिलो. विस्त्रामघरांत तांका व्हरून बसयले. तांची वाट पळयत यशोधरा थंय आदीच येवन बशिल्लें.

"आर्य बीजगुप्त, त्या चिटयेची कांयच गरज नाशिल्ली." मृत्युंजयान भासाभासेक सुरुवात केली.

"आर्यश्रेष्ठ, स्वताली चूक पत्करून घेवप प्रत्येक व्यक्तीलें कर्तव्य आसा."

मृत्युंजय हांसलो, "तुजो सेवेकार श्वेतांकालो बापूय विश्वपति म्हजो गुरुबंधू. हे आजूच म्हाका कळ्ळें", हे सांगत आसतना ताणे श्वेतांकाकडेन मोगाळ नदरेन पळेंले.

"परंत आर्यश्रेष्ठ, श्वेतांक म्हजो सेवेकार न्हय - तोय म्हजो गुरुबंधू आसा."

"आर्य बीजगुप्त, आज आमका मात्सो कळाव जालो."

"हय, आयज म्हजेकडेन काशींतल्यान कांय सोयरे आयल्यात." त्या वेळार यशोधरान मदेंच म्हळें, "काशीनगरी भोव सोबीत आनी पुराणकाळांतलीं आसा."

बीजगुप्तान सरळपणान हांसत म्हळें, "म्हज्या जिणेंतलो सगळ्यांत आनंदाचो काळ काशीनगरींतूच गेलो. म्हजो गुरू म्हाप्रभु रत्नांबर काशींतूच रावतालो. यशोधरा, काशी हांगाथावन सामकी लाग्गी आसा. हांवे तर पुराय उत्तरभारताची भोवंडी केल्या.

''म्हळ्यार तुमी हिमालय पर्वताचे दर्शनबी घेतलें आसतलें!''

''हय, हिमालय तशेंच हिंदुकुश पर्वतांच्यो दोंगराफाटल्यान दोंगरावळ्यो हांवें पळेल्यात. सैमाची जायती सोबिताय पुरायतरेन अशा दोंगरावाठारांतूच मेळटा.'' उपरान्त ताणे मृत्युंजयाक उद्देशून म्हणें, ''आर्यश्रेष्ठ कितल्योशो अजापाच्यो गजाल्यो हांवे थंय अणभवल्यात. एक घडणूक मात हांव केन्नाच विसरूंक पावचोना. ते आयकूनच आंगार कांटे उबे रावतात.''

यशोधरान उत्सुकतायेन विचाल्लें, ''तो घटिचार सांगल्यार खोशी पावता आसलें.''

''मुजरत सांगता'', म्हणत बीजगुप्तान सुरवातूय केली, - ''धा एक वर्सां पयलीची गजाल . त्या वेळार हांव विद्यार्थी आशिल्लो. म्हाप्रभु रत्नांबरा सांगतान देशविदेशांत भोवंडी मारूंक भायर सरलो. लहान व्हड गांव, नगरी, बागबगीचे वलांटून आमी दोगेंय गंगा नदीच्या देगेन चलत हरिद्वारा येवन पावले. थंय सम धरती सोंपता. चोयवशीन पर्वतांचे ऊंचच-ऊंच तेमकां आपापणाल्या माथ्यार मळबाक धरून राविल्ले अशें दिसतात. हांवे गुरुदेव रत्नांबराक विचाल्लें, ''आतां मुखार कितें? ताणी म्हळें -''अनवळखो वाठार''. थंयच गंगान्हंयी देगेर एक मुनी बशिल्लो. घडये ताणे म्हप्रभुलें म्हणणे आयकलें आसत. ताणें मदेंच जाप दिली, - ''कितें म्हळे, अनवळखो वाठार? तशें बरोबर आसा म्हणा. पूण इतलेंच सांगता, आनी ते म्हजें कर्तव्य समजता,- हो सगळो वाठार देवदेवतांच्या वस्तीचो आसा. हाचे बरेच मुखार कैलास पर्वत आसा आनी ह्या दोंगराळ वाठारांत गंधर्व-किन्नरी लोक नाचगाणी करत आसतात. तांच्या सांगातान अप्सरांलेगीत जायतो खेळखेळत आसतात.''

हे सगळें आयकून म्हाप्रभुल्या मुखामळार मुमुरखें हांसप उदेंलें. अणभवविरयत तरणाट्याल्या कल्पनेक म्हप्रभून दाखयिल्लो अविस्वास पसंत पडलो ना, ''म्हाप्रभु, तें खरें आसत जाल्यार ह्या दोंगराचेर चडून दुसरेवटेन वचूंक कसलीच अडचण दिसना.''

''चल तर, तुका थंयमेरेन वचपाचेच आसा जाल्यार म्हजीय तुका साथ-संगत मेळटली,'' म्हप्रभून खोशयेन म्हळें, आनी थंयसरच्यान ताणे पांय उखलले. चलत चलत आमी भोवबरें भितर पावले. कल्पना लेगीत नाशिल्ली इतलें सैम सोबितायेन नटिल्लें. रानांतली तरेकवार रंगांची फुलां फुलिल्लीं आनी तांच्या सांगातान वारो बरी मस्ती करतालो. चोयवशीन शांततायेचे साम्राज्य पातळिल्लें. सवणी सामकी किलबिलाट करतालीं. थय ना कसलो बोवाळ आसलो आनी ना लोकांलो गजबज. फकत एका वयर एक चडपी निखटीं पर्वतांवळीं नदर पावमेरेन दिसतालीं. लहान-सान वस्ती, आस्रमांची भेट घडटाली. थंयचे दोंगरवस्तीतलें सगळें जन रंगीबेरंगी वस्त्रां न्हेसून मिरयताले. तातूंतले गोऱ्या गोऱ्या पोल्यांची बायलां भोव सुंदर दिसताली. तांचे हांसप, बेठेच गावप आनी मेकळेपणान उलोवप मनभुलायणी आसलें.

तांतूत लज, भीड मातय दिसून येनाशिल्ली. ते लोक पंगड-पंगडान वग्गीच हांगाथंय पासय मारताले. हांव तर तेन्ना तरुणवयांत, आनी त्या वयाप्रमाण थंयसरच्या बायलांल्या गोमटायेर पुराय भुल्लसल्लोसो जाल्लो. तांची भाशा म्हाका कळनाशिल्ली तरीय अनुमानान जाणून घेतालो. तांची म्होवी गीतां कितली सुरांनी भरल्यात म्हूण सांगू! त्या सगळ्यांचो विशय एकूच म्हळ्यार 'मोग' होच आसलो. म्हजें मन चिंतूक लागले - 'अप्सरांलो वाठार म्हणटात तो होच काय कितें?''

आमी मुखार, अजून मुखार चलतूच रावले. आतां गांव, वस्ती सगळे फाटल्यान पडले. हवेत शीतळताय चड भासूंक लागली. फळांफुलां दिश्टीक उणी पडूंक लागलीं, ऊंच झाडा पसून दोंगर मेकळे मेकळे दिसूंक लागले. एके फांतेपारार अचानक पयस अंतरार एक भांगराचो दोंगर सामकार नदरेक पडलो. हांवे पिशावरी किळांच मारली, ''गुरुदेव, आमचे सामकार देव कुबेरालो सुमेर पर्वत उबोसो दिसता.'' म्हाप्रभु हांसलो, ''आरे, तो तर हिमालय आसा; बर्फाचेर सूर्याली उदेंतीची किरणां पडली म्हणटकीर ताचो रंग भांगरावरी पर्जळून येता'' म्हाका मात भितल्लें भितर लज दिसली.''

दोंगरार अजून वयर, आनीक वयर आमी चडून गेले. आतां तर चोयवशीन- जंय नदर पडता थंय- सगळ्या दोंगरा वाठारार बर्फ पातळिल्लो. आमी शिंयान कुडकुडटाले. म्हाप्रभु रत्नांबर थकिल्ले, ''चल आतां परथून वचूंया,'' ताणीं म्हळें. पूण हांवेच धिटायेन विनंती केली, ''म्हाप्रभु, हो दोंगर तितलो उतरुन वचूंया आनी थंयसर कितें काय आसा ते पळोवयां!''

उतरणीवाटेर एक खोंप लागली. त्या वेळार थंय एक बायल खोंपी दरवट्यांत एकटीच विचारांत गुल्ल जावन बशिल्ली दिसली. आमका पळोवन ती उठून उबी रावली, तिणे म्हळें, ''अतिथीलो येवकार आसा.''

म्हाप्रभुन तिका पुराय नियाळ्ळे. हळूंच ते म्हज्या कानांत पुटपुटलें, ''आरे, ही जागा संकश्टां मुक्त ना. हांगाथावन बेगोबेग परथें गेल्यारुच उपकारतलें.''

ती अस्तुरी हांसली, गुरुदेवालें सांगणे तिका कळ्ळे आसूंक फाव, ''जाणट्या सोयऱ्याल्या सांगणेंत फट कांयच ना. पूण ज्या अर्थी हांगासर आयल्यात तेन्ना एक गजाल समजून घेवनूच वचात. ते तुमच्या हयातभर विसरुंक पावचे नात.'' हे आयकून म्हाप्रभुक नवल दिसलें. मुखार अनर्थ दिसत आसुनूय तिच्या विनंतीक मान दिनासतना रावचेंय जिवार आयले. थोडे अंतर आमी चलून गेले. उपरान्त एके बर्फा शिळेचेर एक संन्यासी बशिल्लो दिसलो. ताची लांब सडक जटा ताच्या धोंपरापर्यंत पाविल्ली, ताची नाखटां शिंवाल्या पंजानाखटांवरी दिसताली. आमच्या वाटेर तो दोळे लावन बसलासो दिसलो. तें आमच्या लक्षांत तेन्नाच आयलें. लागसार वचून आमी ताका प्रणाम केलो. आशीर्वाद दिवन ताणे आपल्या कुशीन

आमका बसोवन घेतलें. ताणें म्हळें, ''खबर ना, पूण कितल्याशा वर्सानी हांव दादल्या मनशांक आयज पळयत आसा.'' ताणे एक लांब स्वास घेतलो. ताच्या तोंडार कळवळो तशेंच खंतीचे भाव उकते जाल्ले.

''म्हामुनी तुमी खंती दिसतात'' म्हाप्रभुन हळूच विचाल्लें.

''हय'', ताची जाप मेळ्ळी, ''खंती आनी खासा पिडिल्लो बी आसा.'' तशें म्हणत आसतना ताणे आमका ताचे फाटल्यान पळोंवक मानेनच सुचयलें.

आमी उठून आमचे फाटलेवटेन पळयले, आनी आमच्या पायांत थरथरो भरलो. थंयसर कुंडातल्यान एक अळशीक दर्बटाण वयर उफेताली. म्हप्रभून विचाल्लें, ''योगी, ही जागा सोडून पयस रावंक कित्याक वचनात? त्या संन्याशान रोखडेच जाप दिली, ''सोडपाक पळयतां, परंत तें कांय अजून शक्य जाले ना. जायते फावटीं थारायता. पूण सगळेच निरर्थक जाता; भौन भौन ह्या जागेक चिकटून आसता.''

उपरान्त दोगांयमदीं गिन्यानाविशी बरीच भासाभास जाली, साधना आनी उपासने विशी. तांचे म्हत्त्व विसकणीकरून ताणे सांगले आनी अदीक बरेंच काय. त्या सन्याशालें गिन्यान नित्शीत वयले पावंड्यावेलें आशिल्लें. खूब वेळेमेरेन थंयसरची खर उबसाण सोसत आमी ताणे मेळयिल्ले गिन्यान, तांचेवयले युक्तिवाद आनी ताचे स्वताले मत आयकतूच रावले. तेदेवेळार सांज उतरणीक लागिल्ली. अचकीत त्या सन्याशान एक आकांताची किळांच मारली, आनी ''वगत जालो, वगत जालो,'' म्हणत त्या कुंडासर तो एकाएक जोरान धांवलो. आमी बी ताच्या फाटोफाट धांवले ते फकत उत्सुकतायेक लागून. संन्याशान पिशावरी त्या कुंडांत उडी मारली. अजापाची गजाल म्हळ्यार थंय आतां रगता जाग्यार निर्मळ उदक दिसून आयलें. नरकांतले अशें दिसपी किड्याचें आतां सोबीत कमळ पाकळ्यांत रूपांतर जाल्ले. आमची दोगांयली वाचाच बसली. मात्शें वेळांन नियाळून पळेंलें तेन्ना त्या कुंडांत संन्यासी सांगातान एक अस्तुरी दिश्टीक पडली. तेन्ना मात ध्यानांत आयलें ते म्हळ्यार खोंपीत आमका पयली मेळिल्ली बायल ती हीच. तीदोगांय त्या कुंडांतल्या उदकांत मौजमस्करी करतालीं. तेन्ना ती बायल सतत हांसताली. तो सन्यासी आमका व्हडव्हडान किळांचून आफयतालो, ''आरे, भंगले तुमी, आनी तुमचें जप, तप. भायर रावन उब्या उब्यान गमजो पळयतात? हांगा अशें कुंडांत देंवन येयात आनी जिणेचे सुख भोगात!''

म्हज्या मनांत आयलें हाचोय अणभव कित्याक घेवनयो? असों विचार करून ताकतिकेन आंगावेली वस्त्रां एकेक कांडूंक लागलो. म्हाप्रभून बेगोबेग म्हज्या हाताक धरून जोरांत हिसडो दिलो आनी म्हाका न्हयकाराची कुरू केली. त्या हिसक्यांत एक जबरदस्त बळ आशिल्लें. वायटाच्या धास्तीन तांका विरोध करपाक म्हज्यांत शक्तीच ना जाल्ली. गुरुदेवान

राविल्लेकडेन गर्रकन फाट फिरयली आनी थंयसरच्यान लगोलग पांय काडलो. हांवूय तांच्या फाटोफाट परथें आयिल्ल्या वाटेन. थोडें चलत तर बरेंच धांवत पयस अंतरार येवन पावलो. वाटेवयली खोंपं वलांडून गेले उपरान्त, म्हाप्रभून थकिल्ल्या आवाजांत म्हळें, ''बीजगुप्त अशा भेश्टावणीच्या दशेंतल्यान वाचोवन आमका सुखरूप दवरिल्ल्याक परमेश्वरालें उपकार मान.'' त्या उपरान्त खूब वर्सामेरेन त्या अस्तुरिली आकृताय म्हज्या नदरेमुखार सारकी सारकी येत रावताली.''

यशोधरान विचाल्लें, ''हाचें गुपीत फुडार केन्नातरी म्हाप्रभून सांगिल्लें आसतलें !''

''ना, यशोधरा, म्हाप्रभून फकत इतलेंच सांगले, संवसरात अशो कांय थोडी गजाली आसतात त्यो सामान्य लोकांल्या मत्तींत येवंक पावनात. तांतूतली हीय एक समज.''

सगळेजण जेवणघरांत जमले. आज यशोधराक मनांत एक म्हत्त्वाची गजाल जाणवली. एकावटेन जाण्टो बीजगुप्त आनी दुसरेवटेन नेण्टो श्वेतांक. जेवतना बीजगुप्ताक ताणें विचाल्लें, ''आर्य, तुमी सांगिल्ली घडणूक हाचेपयली केन्नाच आयकूंक नाशिल्ली. ते कारणान म्हज्या काळजांत कसलो कलकल उप्रासून आयलो म्हूण सांगू? इत्सा जाता असली अजापाची गजाल म्हाकाय पळोंवक मेळत तर...''

बीजगुप्तान हांसत सांगले, ''आगो, मनीस अणभव मेळयना. परिस्थितीच मनशाक अणभव मेळोवन दिता.''

श्वेतांक यशोधरा वांगडा उलोंवक वेळ सादून आशिल्लो. ताणे म्हळें, ''यशोधरा, अणभव मेळोंवक अजून उबी हयात उकती पडल्या.''

यशोधरा सामके बावचळलें. ताणें लगबगीन जाप दिली, ''कोणालीय आसूं दी, एके लहानशा जिणेंत प्रत्येक खीण कितलो, मोलाचो आसता. अशांत ते बेठेच हुपून वचप तें कांय बरेपणाचे लक्षण न्हय.''

बीजगुप्त हांसलो, ''आमच्या दरेक वावरांत एक दिश्टीक ना पडपी शक्तीचो हात आसता. ताची इत्सा हीच त्या वावरांतलो सगळो घडीचार. सवंसारांत हाचेर दोन मत आसात. एक जिणेंत पुराय उलटेपालटे करून उडयता आणि दुसरे जिणेंत शांतीची केण जावन रावता. दोनीवटेचें तर्क भोव सुंदर आसात. हातूंतले खंयचे खरें आनी खंयचे लटकें हाचो निवाडो वा थारावणी करप भोव कठीण काम आसा.''

एक वेगळे तरेन आनी विशय सोपो करून भासाभास करतना यशोधराचेर बीजगुप्ताली सुंदर छाप पडटा ती आपणाक कशी जमना हाचो श्वेतांकाक प्रस्न पडलो. ताणें जायती खेप धिटायेन यत्न केल्लो. संवाद जुळयत ताणें म्हळें, ''यशोधरा, मनशाक सुखी आनी सवस्तकायेच्या जिणेची गरज आसुनूय तांतूत इल्लोसो पिडेचो पदर आसल्यार तें उदरगतीचे थारता. मोग हे मनशाल्या जिणेंत एक सोबीत, कायमची अशी बुनयाद आसा. कुडी आनी

मन शिरशिरप आनी तांतूतल्यान अणभविल्ले एक तरेचे जाय जायशें सुख आनी समाधान होच भोगाचो आवाठो आसा; जिणेंत मोगच म्हत्त्वाचें. तांतूत गरज आसा ती एकान दुसऱ्यालो आत्मो बरें तरेन समजून घेवपाची - एकमेकांविशी अपरंपार कळकळ आनी एकमेकालें अस्तित्व घट धरून रावप हाकाच मोग म्हणटात. आनी ती जियेवपींतली सगळ्यांत सोबीत अशी मोख आसा.''

यशोधरान श्वेतांकाकडेन पळेंले. दोगांयली नदरभेट जाली. तेन्ना श्वेतांकालें सगळें आंग शिरशिरून उठलें. कितलोसो वेळ यशोधरा श्वेतांकाकडेन दोळ्यापातीं लायनासतना एकटक पळेत रावलें. हे ओडलायणे पळोवप इल्लेशा वेळाखातीर जरी आसलें तरी ते श्वेतांकाल्या मनांत तिची स्वामीत्त्वाची इत्सा घर करून रावलें. बीजगुप्त दोगांयकडेन पळोवन मात्सो व्हाडन हांसलो. पूण रोखडेंच ते हांसप मुजरत लिपोवन दोगांकूय आयकुवपाक येवपी अशा उच्चारांत ताणे म्हळें, ''आनी ताकाच जीवन म्हणटात.''

यशोधरान श्वेतांकावेल्यान आपणाली नदर कडसरायली. ताचे मुखामळ लजेन तांबसार जाल्लें. श्वेतांक बी मात्सो गणमणलो असो जालो आनी ताणे आपणाली नदर धर्तरीवटेन बागयली.



...१३...

यशोधरांत एक खासा ओडलायणो गुण आशिल्लो. तें कितलें सोबीत, म्होवें आसलें. ताच्यांत थिल्लरपणा मातय नाशिल्ली. ताच्या सहवासांत आयिल्ली एकाद्री व्यक्ती पवित्रताय म्हळ्यार कितें तें पळोवंक शकताली, पवित्रताय जोडूंक शकताली, तशीच स्वता बी पवित्र जावंक पावताली. इतलें आसुनूय बीजगुप्ताक सुख, सुख म्हणटात तें मेळनासलें. यशोधराल्या सरळ, साद्या, पवित्र वागणुकीत तो अस्वस्थ-उचांबळिल्ल्या मनाचो - असो जातालो. कारण ताका तशा तरेचो अणभव नवीन आशिल्लो. ताच्या जिखूंक कठीण अशा गंभीरतायेत जिणेंचें एक गुपीत लिपून आसलें. ताच्या स्पश्ट, भावविरयत, सरळ उलोवणेंत ताच्या साधनेचो प्रभाव दिसून येतालो. ते देखून ताचो आदरासयत मान राखतालो. एकांदर ताचेर मोग करूंक तो अनमानतालों; न्हय, ताका ते मात्शें कठीण वतालें.

जुवानीत जिवसाणेच्या हालचालीची गरज आसता. पावला कणकणी सामकार आयिल्ल्या आडमेळ्यांक धिटायेन तोंड दिवन जगप ही जुवानीची मोख आसता, जुवानी आपणाली जिवसाण सांबाळपाचे बाबतींत सामकी पक्षपाती आसता. ती आपणाली खासीयत तशी सहजतायेन सोंपोवपाक दिना आनी फाटल्यान शेणोवन लेगीत दवरूंक पावना. त्याच वेळार ती आपणावांगडा फकत अशा व्यक्तीक आपणायता जाचेकडेन धिटाय अदीक दबाजो

भरभरून आसता. काय वेळां तरेकवार शक्ती एकठांय जाल्ल्यो दिसतात. पूण त्यो वेगळ्यो वेगळ्यो कडसरिल्ल्योवरीच आसतात. तांच्या विसकावणीचे अणभव जाचेताचे विंगड विंगड आसतात. ताकालागून बीजगुप्ताल्या मनकप्यांत यशोधराल्यो याद्यो एकेतरेन भरसल्ल्योशो - भयासयत सुख आनी भिडेस्ततायेत मिसळिल्लें मोग अशा दोट्टी दुबावांत पडिल्लेवरी, - दुबळ्योशों जावन एकमेकांत घुस्पून राविल्यो.

यशोधरा एक मूर्तीवरी आसलें आनी ताका काळजांत आस्पाव दिवन पूजा करूंक फावो अशेंच ताचें रुपणें आशिल्लें. ताच्यांत मर्यादाशील अस्तुरेल्या गुणांसकट आदर्शवादासयत पवित्रतायचे गुण बी भरिल्ले. धर्मावयलो विस्वास हो ताचो सदांकाळचो थीरभाव... ताच्या म्होंव्या नदरेंत शांती थिराविल्ली - एकतरेची शीतळताय पातळिल्ली. परंत बीजगुप्ताक तूर्ताक जाय आसली ती जिणेतली उर्बा. मौजमजेच्या, हुसके शिवायच्च्या जिणेचो तो भोक्तो. आपल्या कुडींत, शिरांशिरांत ताका हुनसाणेची गरज भासताली. त्या कारणान यशोधराक आपल्या भविश्यांतल्या जिणेंत सुवात दिवंक तो तयार नाशिल्लो.

जाणे कोणे एक फावट सोऱ्याची चव घेतल्या. न्हय, सोऱ्याच्या मस्तीची जाणविकाय जाका जाल्या तो सोरो पिवपाचे केन्नाच सोडना. बीजगुप्त चित्रलेखार मनापसून प्रेम करतालो; तिका पयस करप ताच्या जिवार येतालें.

बीजगुप्त घरां येवन पावलो आनी ताच्या हातांत चित्रलेखाली चीट पडली. चीट सादीच पूण तांतूतय एके जिणेच्या घडिचाराचो वळेसर गुंथिल्लो. मनांत आकांत घडोवपी मोटो ग्रंथूच म्हणयेत. तांतूत आशिल्लें तरी कितें? बीजगुप्तान चीट वाचूंक घेतली,.... 'भौमानेस्त बीजगुप्त, म्हजेकडसून आस्त बाळगिल्ली नाशिल्ली असो वावर आयज घडत आसा. तुजेर मनापसून मोग केलें. न्हय - अजुनूय करता. खऱ्या मोगांत त्याग हो अती गरजेचो, आनी तोच हांव करीत आसा. हांवे तुजें जिणें निरूपेगी, अर्थनाशिल्लेशें करून दवरलाशें म्हजें मत. एक बळिश्ट सामंताक म्हज्या मोगांत घुस्पावन ताका ताच्या कर्तव्यापसून पयस व्हेलें हाची खंत जाणवता. देखून आतां भोगविलासांक तिलांजली दिवन संयमान रावचें हे बऱ्याक पडटलें अशा नित्शयासर येवन पावला. आनी ताचेच खातीर योगी कुमारगिरीकडसून दीक्षा घेवपाचें थारायला. तुका लग्न हे करचेंच पडटलें. स्वताखातीर न्हय; पूण म्हज्या मोगाक पाळो दिवन. म्हजो राबितो हांगासरूच - तुज्या दिश्टीमुखार आसल्यार तू लग्न करचोना हेंय निखटें सत्य. म्हूण तुज्या जिणेपसून खुबूच पयस म्हळ्यार - सन्यासी जिणेचे व्रत घेवपाचे थारायला. ना म्हळें तरी येवनवचून हांव एक विधवा - मोगाखातीर म्हज्या कर्तव्यांतल्यान आडवाट काडपी हांव . आतां परथून विधवेन पाळपाचो संयम, तांका घालून दिल्ले नितनेम आनी हेर कर्तव्यांक पाळो दिवंक, तांका सदांकाळ दिसवडींत हाडूंक येत्न करप हे सगळे गरजेचे जालां, आनी तूर्ताक ती योग्य वेळ आयल्या अशें समजता.... तुजें मोगाचें - चित्रलेखा.

बीजगुप्तान चीट वाचली. वाचतां वाचतां ताच्या हातांक कांपरें भरले आनी मन थतरवितर जालें, ताचेसावन मुखामळ कळाहीण जालें. काळजांत एक बारीक कळ उप्रासली तशें तो खासावीस जालो. ताणे ती चीट श्वेतांकाल्या हातांत दवरली आनी ताकतिकेन आपणाल्या न्हिदेकुडांत गेलो.

वायटाची सुलूस आदी मेळिल्ल्या बीजगुप्ताक जें भंय दिसतालें तेंच आतां सामकार घडत आशिल्लें. चित्रलेखा आनी योगी कुमारगिरी !! कितलो अजापाचो योग जुळून आयिल्लो. बीजगुप्तान मनांतल्या मनांत म्हळे - ''ही दोगांय अदीक दीस एकठांय रावत अशें दिसना; न्हय, ते शक्यच ना.'' मनांतल्या मनांत तरेकतरेचे विचार धुमशेण घालूंक लागले. तो चिंतितालो,- पूण ह्या गजालीर उलगडो तरी कितें आसूंक शकता? घडलें वा ना घडले - ताकालागून बीजगुप्ताक कितें उपकारतलें. प्रस्न तो नासून चित्रलेखा कुमारगिरीसरी कशें भुल्लसल्लेशें जालें होच मुखेल विचार सतायता. अशा गजालीकच मोग म्हणटात अशें समजुचें? आत्म्याचो संबंद बी तात्पुरतो आसता किते काय म्हणटा? फांटी केन्नातरी चित्रलेखा उलोवन गेल्ली खरी ताचो ताका आतां उगडास जालो, ''आत्म्याचो संबंध अनादि आसूंक पावना, बीजगुप्त!''

- बीजगुप्ताली विचारसांखळी तुटूंक आयिल्ली ती खिणांत परथीं जुळली, - चित्रलेखान आपणाचेर मोग करचे सोडून दिल्लें हे केन्ना नित्शित जालें? चिटयेंत तिणे तेविशी कांयच बरयिल्ले ना. तांतूतय हेर अनेक गजाली परगटायल्यात जाल्यार सत्य मात एकूच सांगला - तिच्या म्हणणे प्रमाण - त्याग आनी आत्मार्पण हे वयले पावंड्यावेले मोगाचे आदर्श. हेच तिणें आपणायलां. म्हाका ती सोडून गेली ती हांवे सुखी, आनंदी रावपाखातीर - बीजगुप्तालें काळीज आतां ताच्या मनांतल्या दुबावाक लागून कुवाड्यांत पडलें. चित्रलेखा निर्मळ मनाची बायल - तिणें ही चूक केली - एक आकांताची चूक. बीजगुप्ताल्या सुखाचे सोडून दी. पूण तिच्या अशा नित्शयान बीजगुप्ताक दुख्खाच्या म्हासागरांत धुकळून दिल्ले. ताका लग्न करपाचे वा तशें घडपाचो संभव उणोच आसलो. तो फकत एकूच अस्तुरेचेर मोग करतालो आनी ती म्हळ्यार चित्रलेखा. लग्न आनी मोगांत एक अतूट असो संबंद जोडिल्लो आसता.

रातभर बीजगुप्ताक न्हीदच पडली ना. त्या वेळार मद्यानरात उलटली. आपणाल्या महालांतल्यान तो भायर सरलो आनी कुमारगिरील्या आस्रमादिकान पायवाटेन चलूंक लागलो. कुमारगिरील्या खोंपीत दिव्याचो उजवाड मिणमिणटालो. योगी चवायेर ध्यानावस्थेंत बशिल्लो. आनी चित्रलेखा? ती एका कोनशांत पातळायिल्ल्या दुर्वातणाचेर न्हिदिल्ली. सामकें वैभवांत लोळपी चित्रलेखाक ताणें पळयिल्ले. परंत ते शांतीच्या सावळींत न्हय. ह्या वेळार ताणे नर्तकीक सामके शांत स्वरूपांत पळयलें. ना तिच्या आंगार दागदागिने आशिल्लें, ना केसराचे उटणे लायिल्लें. उठवळपणा मातय दिसनाशिल्लो. तिच्या मुखामळार शांतीची, धादोसकायेची एक रसणाय परगटिल्ली दिसताली. घडये ती आपणाल्या सपनलोकांत शांतीदेवील्या

पांयासकल लीन जावन पडिल्ली. बीजगुप्त ताच्या तकलेकुशीन बसलो आनी नदर थीर करून चित्रलेखाक नियाळत रावलो.

फांतोड जाली तशें योगी कुमारगिरी आपणाल्या ध्यान समाधीतल्यान जागो जालो. चित्रलेखाक लेगीत जाग आयली. दोगांनीय एकाच वेळार बीजगुप्ताक पळयलें. आनी आपशी तांच्या तोंडातल्यान उतर भायर सरले, ''आरे बीजगुप्त!'' कुमारगिरील्या आवाजांत अचर्येचो भाव आसलो जाल्यार चित्रलेखाली मुद्रा भयान आक्रसिल्ली.

बीजगुप्तान योगीक प्रणाम केलो. उपरान्त चित्रलेखाक बी. योगीन आशीर्वाद दिलो. जाल्यार चित्रलेखान आपलें तोंड पोशांत धापून घेतलें. बीजगुप्तान हळूंच उलो दिलो. ''चित्रलेखा.''

''बीजगुप्त'', चित्रलेखाल्या आवाजांत थरथरप जाणवतालें.

बीजगुप्त बरेच कितें सांगूक म्हूण आयिल्लो. पूण आतां तें सगळेच विसरून गेलो. धिटाय करून ताणें विचाल्लें, ''तुंवें पुराय विचारांती असो निर्णय घेतला काय म्हूण विचारतां?'' चित्रलेखाली तकली एके गुन्यावगारावरी बागवली. तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकांची धार लागली... तिणे स्पश्टतायेन हळुवारपणान सांगले, ''तूं जें कितें आतां पळयता तोच म्हजो निमाणेचो नित्शय समज.''

''पूण हाचेर परथून विचार करप तुज्याच अधिकारांत बसता. थारावणी करचेपयली म्हाका सुलूस दिवपाची गरज नासली हे तुवेंच थारायले न्हय. आपणाल्या मनांतली खाशेली पिडेची गजाल सांगपा सारको विस्वासांतलो ना इतलो तुजें जिणेतल्यान म्हाका कडसरावन दवरचें पडलें?'' बीजगुप्त आकूळपिकूळ जावन तिका समजावपाक यत्न करतालो, ''आनी ध्यानांत घे आगो चित्रलेखा, मोग एकामेकालें उणेंदुणें पळयना. मोग हे दोन काळजांची एकठांय जावपाची कुरू आसा. तुज्या अशा वागपान हांव लग्नबंधनात पडटलो अशें तुका दिसलें तरी कशें? तो विचारूच मुळापसून चुकीचो समज. तेदेकून तुज्या अशा निर्णयान हांव सुखी जावपाचो ना हे मात खात्रीचे. म्हज्या पिरायेत हांवे फकत तुजेर मोग केलें, आनी हाचेफुडार हेर कोणारूय मोग करूंक पावचोना. म्हजें लग्न एक न घडपी गजाल समज.''

चित्रलेखा बीजगुप्ताल्या पांयार साश्टांग पडली. एक वेळ तिच्या मनांत आयलें आपूण अशेंच सटसटीत उठून बीजगुप्ता सांगातान भायर चलूंक लागचे. पण तो बेत ठामपणान तिणें कडसरायलो. जाचेपसून इतलें पयसाविल्ले आपूण आतां ताचो पालव धरून ताच्या फाटोफाट वचप योग्य जायनाशिल्ले. पांयासर पडिल्ले थंयच ती होळमून रडूंक लागली.

बीजगुप्तान तिका आधार दिवन उठयले. शांत जाली उपरान्त चित्रलेखा संथ सुरांत उलयली, ''बीजगुप्त, तू पूजेलायक, मनीस नासून एक देवतासारको. तुजें सगळें सभावगूण हांव जाणा आनी तशांत तुजयेर प्रीत करून सगळ्या पिरायेची वाट लावन उडयल्या. ताकाय

हांवच जबाबदार आसा. बीजगुप्त, तुजें लग्न जावूंकच जाय, म्हजेर प्रेम करता त्या कारणान तरी म्हजेय जिणे सुखाचे करप तुजें कर्तव्य आसा. जोमेरेन तू गृहस्थाश्रमी जायना तो मेरेन म्हाका खोस भोगची ना तेंय तितलेंच खरें; तुजी पिळगी म्हाका आवय म्हूण आपयतली ही इत्सा. परथून विनवणी करता मुजरत लग्न कर, परंत याद दवर हाचे फुडारा हांव तुजेर सदांकाळ मोग करतूच आसतलें. म्हाका सांग, मोगाची बुनयाद फकत भोगविलासांतच आसता काय आनीक ताचेशिवाय भोगाक दुसरो अर्थूच ना काय म्हूण विचारतां? सद्यांक हांव शारीरिक संबंधापसून पयस रावला. जाल्यार आमची दोगांयली आत्मिक जोडणी अजुनूय घट जातली हाची आस्त बाळगितां.''

बीजगुप्तान निमाणें इतलेंच सांगलें, ''चित्रलेखा, अजून विचार कर. तूं जें कितें म्हाका करूंक सांगता तें घडपाचें ना!''

बीजगुप्ताल्या गळ्यांत हात घालून चित्रलेखान म्हळें, ''थोडे दिसाखातीर आमी वेगळे वेगळे रावन एक अणभव घेवंया; घडये ते उपरान्त तुका लग्न करचेशें दिसत. पूण, हांव अशें विचारतां, मोगांत वियोग घडतात काय नात? त्या पयसावणीचे दुख्ख सोसपाचें यत्न करूक कसली अडचण आसा सांग पळोवंया?''

बीजगुप्त उठून उबो रावलो, ''जें कितें म्हाका सांगचे आशिल्लें तें सांगून जालें. हाचें उपरान्त मानचे वा ना मानचे हे तुज्या मनार सोडटा. तुका जशें आवडटा तशेंच घडूं दी. पूण कांय दिसा उपरान्त तुज्या चुकीविशी तुकाच समजून येतले'', इतले सांगून तो तसोच भायर सरलो. चित्रलेखा ताच्या सांगातान रायरस्त्या मेरेन चलत गेली. थोडो वेळ एकमेकालीं समजूत घालपांत गेली आनी अचानक तिणें बीजगुप्तालो एक उमो घेतलो. बीजगुप्ताक तांतूत एक तरेची उमळशिकाय जाणवली - तिची चड प्रीतीची ती कुरू आसली आनी ती ताका कितल्याशा दिसापसून मेळली नाशिल्ली. विंगड जावपाच्या अखेरच्या खिणाक चित्रलेखान बीजगुप्ताले पांय घट्ट धरले आनी माफी मागली, ''बीजगुप्त, ह्या वेळार हांवे रीतिभायली वाट आपणायल्या. घडये म्हजेकडसून चूक घडत आसत, म्हूण क्षमा मागता.'' बीजगुप्ताक निरोप दिवन चित्रलेखा आपणाल्या खोंपीत आयली. त्या वेळार कुमारगिरी कसल्यातरी चिंतनाच्या तनरीत आशिल्लो. ती भितर सरतकीच ताणे तिका चवायेर बसूंक कुरू केली, आनी विचाल्लें, ''चित्रलेखा, म्हजेर मोग करता म्हूण तुंवें सांगिल्लें तें खरें आसा काय म्हूण परथें विचारतां?''

चित्रलेखा त्या प्रश्नान मात्शी काचाबूल जाली. तिणें स्वताक सांवरून म्हळें, ''हय, तें खरें, पूण ताचे कितेशें मनाक लावन घेवप?''

''आनी कांय वेळा पयली तुवें बीजगुप्ताक सांगलें - तू ताचेरूय मोग करता. आनी भविश्यांतूय मोग करतलें म्हूण!''

“हय तेंय खरें आसा,” चित्रलेखान फटकारून म्हळें.

“दोन दादल्यांचेर एकाच वेळार मोग करप योग्य आसा?” कुमारगिरील्या संयमित तोंडावळ्याचेर अविस्वासाची रेग परगटून गेली.

“असलें काय घडीत चमत्कारिक अशें कित्याक समजुचें, गुरुदेव? एकादलो दादलो दोन लग्नां करूंक शकता आनी दोनूय बायलांक तितलेंच प्रेम दिवंक पावता जाल्यार एक बायल दोन घोवांर मोग कित्याक करूंक पावची ना? एकादली अस्तुरी घोवाचेर जितलें मोग करता तितलेंच मोग आपणाल्या चल्याचेर करता. आत्मिक मोगासंबंध एकापरस अदीक व्यक्ती सांगातान घडूंक शकता काय ना?”

“चित्रलेखा, तू म्हाका धोको दितेर आसाच आनी बीजगुप्ताली तशेंच स्वतालीय फटवणूक करून घेत आसा, सांग आतां हांव कितें समजूं?” कुमारगिरीन मात्शें रागानच म्हळें.

“हांव कोणाकूय धोको दिना इतलो भरवंसो दवरात, गुरुदेव. एक शक्यताय नाकारना. घडये हांव बीजगुप्ताली फटवणूक करीत आसा अथवा स्वतालीय; पूण तुमची केन्नाच करचे ना.”

“तशें न्हय, चित्रलेखा, एक फावट अजून बरे तरेन विचार कर. म्हज्या सांगाती रावन तू बीजगुप्तार प्रेम करूंक शकचें ना इतलें खात्रीन समज. तुका संवसार सुखाचो त्याग करचो पडटलो हे हांवे खूब फावटी सांगून जाला. म्हजेलागीं तपस्या आनी साधना, आस्रमांतल्या कठीण रीत, रिवाज आनी नेमांक धरून करपाचो वावर हाचेबगर हेर कायच ना. म्हूण आदीच सांगता हांगा मनाची दुबळीकाय उपेगाक पडपाची ना. सगळेतरेन विचार करूंक जाय तितलो वेळ घे, ताकतिकेची कायच गरज ना.”

“विचार केन्नाच नित्शीत जाल्यात, गुरुदेव. सगळेतरेन येवजणी करूनच हांगासर आयलां. तुमच्या आज्ञेभायर रावचे ना. तुमी सांगिल्लेवरी ‘ममत्व’ लेगीत सोडून दिवंक तयार आसा. तेन्नाच म्हजें जियेवप अजून सरळ, सादें आनी सोपें जातलेशें समजता.”

चित्रलेखालें मन कुमारगिरी उमजूंक पावलो ना. तिच्यांत एक खाशेले व्यक्तित्व सामाविल्लें, आनी तेय भोव भेश्टावणेचे. कुमारगिरील्या मनांत परथून दुबावान मूळ धरलें. आतां चित्रलेखाक दीक्षा दिवपाची काय न्हयकारचे? ताणे चित्रलेखा मुखार आपले विचार न्हयकारचे ? मांडले, “चित्रलेखा, तुका पुरायतरेन समजून घेवप म्हज्या शक्तीभायलें आसा. तुजें व्यक्तिमत्त्व म्हज्या व्यक्तीमत्त्वापरस उणे ना. ताकालागून तुका दीक्षा दिवप कितपत योग्य आसा हे पयली थारावंक जाय. जोमेरेन हांव त्या निर्णयालागी येवन पावचो ना---!”

कुमारगिरीले म्हणणे पुराय जावचें पयलीच विशालदेव खोंपीभितर सरलो. ताका पळोवन योगीन आपलें सांगणे अर्द्यारच सोडून दिलें. विशालदेवान गुरुदेवाल्या पांयाक आफडून प्रणाम केलो. उपरान्त ताणे चित्रलेखाकूय नमस्कार केलो, आनी तो भायर सरलो.

विशालदेव वतकीर कुमारगिरी हांसलो, ताणे म्हळें, ''तुका दीक्षा दिवन म्हज्या म्हऱ्यांत दवरून घेवप म्हळ्यार म्हजीच परीक्षा दिवपाची वेळ आयल्या अशें समज. ही भगवंतालीच करणी वा आज्ञा मानप. नर्तकी, हाचेपयली हांवे जें कितें सांगलें तें मनार घेवनाका इतलेंच अगत्यान सांगप.!''

❇❇❇

...१४...

दिसा फाटल्यान दीस मागशी पडत गेले. सुखा फाटल्यान दुख्ख आनी दुख्खा उपरान्त सुख. रातीशिवाय दिसाक कसलेंच म्हत्त्व ना, आनी दिसाशिवाय रातीक व्हडपण ना. विनादुख्ख सुखाचें मोल कळना तशेंच सुखाशिवाय दुख्खाचें बादप कळना. हाकाच 'जीवनचक्र' वा बदलाचो नेम म्हणटात.

संवसार हो सारको बदलत आसता. मनीस त्या संवसाराचो एक भाग आनी बीजगुप्त तर एक मनीस - ताणे सुख भोगिल्लें. आतां ताणे दुख्ख भोगप सहज बदल आशिल्लो. पूण त्या दुख्खाच्या जाणविकायेनच ताच्या मनांत घालमेल झडूंक लागिल्ली. ज्या वाठाराची ताणे कल्पना लेगीत केली नाशिल्ली तेच घडिचार घडत आशिल्ले. आपूण कित्याक जिवंत आसा होच प्रस्न ताका सतायतालो. ताचे जिणे ताकाच एक भोव वजें जावन राविल्लें.

मनशाली पिराय ही सुख आनी दुख्ख भोगपाकूच तयार केल्या. तेन्ना खयंचेय एकातल्यान फाट फिरोवप भिजूडपणाचे जाता. बीजगुप्त तेच अणभवतालो. चित्रलेखाल्या ताटातुटेची पिडा धिटायेन सोसपाची हेच ताणें नित्शीत केले. तांतूत एक खंत आसली. ह्याच नगरींत तिचो रावतिका आसल्यार चित्रलेखाली अदीमदीं भेट घेवंक संद मेळटासली. जाल्यार विरहाच्या कडक तपस्येचे मोल ते कितें आसतलें? हाचे परस दुसरे एक व्हड हुसकेचे कारण आसलें - आनी, ते म्हळ्यार, चित्रलेखान आपणाक कायमचे सोडून कुमारगिरील्या आस्रमांत जप, तप,साधना ह्या वावरांत लोटून घेतला हे जेन्ना हेर सामंत जनांक कळटले तेन्ना तांका कशेतरेन तोंड दितलो? तिसरी गजाल मात सामकी स्पश्ट आसली - यशोधरा ताच्या मोगाक साद नाकारनासलें.

दनपारभर ह्या आनी अशा तरेच्या आकांताच्या प्रस्नांचे उखलासप बीजगुप्त करीत रावलो. जितलो सोडवणूक करतालो तितलोच त्या घुस्पागदळांत घुस्पून पडटालो. निमाणे तो उठून बसलो. अशेतरेन आदिकादिक चिंतप करून ताच्या प्रकृतीची सवस्तकाय इबाडिल्ली अशी जावंक लागली. ताच्या काळजांतल्यान नकळशी वेदनेची कळ किळांचून उठ्ठाली; ते ताका नाका आसलें. तिनसांजेक ताणे श्वेतांकाक उलो दिलो, ''श्वेतांक, म्हज्या मनांत कांय विचार आयल्यात.''

''कसले विचार ?'' श्वेतांकान अजाणटो प्रस्न केलो.

''आमी आतां काशीक वचून रावंया. थोडे दीस भोवंडी मारची इत्सा जाल्या.''

''इतलें बेगीन?'' श्वेतांकान अजापान विचाल्लें. यशोधराविशी आपणांल्या मोगाक बळकटाय हाडूंक तूर्ताक तो संद सोदतालो. ते कारणान पाटलीपुत्र नगरीतच रावतीक आसप ताका गरजेचे आशिल्लें. ताणे मात्शें हुशारीन घेवचें थारायलें, ''धनी, अजून आठ धा दिसा उपरान्त गेल्यार उपकारतसलें. सगळी तयारी करूंक वगत खुबूच उणो आसा.''

बीजगुप्तान वित्रागान जाप दिली, ''ना, परा हांगाथावन भायर सरूंक जाय. आरे, बांदाबांद करूंक हरसो कितलो वेळ लागतलो? फकत म्हजें आनी तुजें एकट्यालें कितें तें सामान घेवपाचें इतलेंच.''

''जशी धनयाली आज्ञा'' श्वेतांकान नमळायेन घेतले.

श्वेतांक रातभर जागोच रावलो. बीजगुप्ताली येवजण ताका आवडली ना. पूण तो तरी कितें करतलो? बीजगुप्ता सांगातान वचपाविशी न्हयकार दिवचो विचार ताच्या मनांत घोळटालो परंत ते सांगूक तो धजलो ना. तशें कितें करप म्हळ्यार अविस्वासाचे थारतले, अशे ताचें भितल्लें मन निक्षून सांगताले. फांतेपारा उठून लगबगीन ताणे बीजगुप्ताक विनंती केली, ''म्हालगड्या मृत्युंजयाक मेळून येवपाची म्हाका परवानगी जाय.''

खबर आसुनूय बीजगुप्तान मस्करी करपाच्या हेतून विचाल्लें, ''कित्याक ते सांगतलो काय ना?''

''आमी भोंवडीक भायर सरत आसात. कितले दीस अशें नगराभायर आसतले ते खबर ना. देखून तांचेकडेन निरोप घेवन येता.''

''बरें, बरें, वचून यो,'' बीजगुप्त मुमुरखे हांसलो. एकटो मोगांत पडून पच्छताप पाविल्लो; आतां दुसरो प्रेम करूंक उत्सुकतायेन भरिल्लो.

श्वेतांक मृत्युंजयाल्या घरा पावलो. तो आपल्या कामानिमित्त भायर खंय गेल्लो. श्वेतांकान आपूण आयिल्ल्याचे यशोधराक घराभितर कळोवंक सांगले.

विस्रांती कुडांत यशोधरान श्वेतांकाली भेट घेतली. दोगांयनी एकमेकांक प्रणाम केलो.

थोडो वेळ दोगांय नुलयत बसून रावली. उपरान्त श्वेतांकानच सुरुवात केली, ''फाल्या आर्य बीजगुप्तासांगातान पाटलीपुत्रनगर सोडून भोवंडीर वचपाचे थारायला. घडये खूब दिसांची आखणी केल्ली आसूंक जाय. देखून तुमचो निरोप मागूंक आयला.''

श्वेतांक यशोधराले मुखामळ नियाळटालो. पूण अपेक्षेप्रमाण तिच्या मुखामळार कसलेच भाव परगटलेनात, ''आरे, पूण कालच्या भेटींत ताणी हे नगर सोडून वचपाविशी आमका कांयच सुलूस दिली ना?''

यशोधरान आपणाकडेन दुर्लक्ष केल्ले श्वेतांकाक आवडले ना. तो कळवळलो ''हय, चित्रलेखान सामंत बीजगुप्ताली सांगात सोडून योगी कुमारगिरी कडसून दीक्षा घेतली हे मात खरें.''

ते आयकून यशोधराक धक्को बसलो, ''कितें सांगता, आरे, चित्रलेखान वैराग्य आपणायलें? खरेंच अजापाची गजाल म्हणयेत. खरेंच आर्य बीजगुप्तांक अनावर दुख्ख जाल्ले जावंक जाय.'' मातशे वोग्गी रावन ताणें म्हळें, ''हांव चित्रलेखाक जेन्ना मेळिल्लें तेन्नाच इल्लेंइल्लें म्हज्या ध्यानांत आयिल्लें. ती एक देवकळेची बायल आसा आनी बीजगुप्ताखातीर व्हडांतव्हड त्याग करूंक खंयच्या थराचेर पावत हे सांगप कठीण.''

श्वेतांक आपण्याल्याच सांगणेचेर स्वताच दुखावलो. भितल्ले भितर ताका तिडक मारली, आनी संतापाभरांत ताणें सांगले, ''आनी चित्रलेखा बगर सामंत बीजगुप्त हेर कोणीय अस्तुरेचेर मोग करूंक पावचो ना, हेय तितलेंच खरें. हांव दोगांकूय बरो वळखतां आनी ते निमित्तान आपणाले मन प्रसन्न दवरपाखातीर बीजगुप्तान हे नगर सोडून भोवंडीर वचपाचे थारायला. तांचेर आपशी येवन पडिल्ली पिडा आनी तांचे भोगप हांव जाणा. अशा परिस्थितीत जर बीजगुप्त नगराभायर वचनासतना हांगासरच रावले तर ते आत्महत्त्या करूंक फाटींफुडें पळोवचें नात, तीय शक्यताय नाकारूंक येना.''

यशोधराल्या मुखामळार सामकी निर्शेणी पातळली, ''खरें तेच सांगलें श्वेतांक. सामंत बीजगुप्ताक आतांच खंय हांव वळखूंक लागला. ते जितले वयले पावंड्यावेले आसात ते पळोवन तांका दुशणां दिवंक बरें दिसना. आनी आतां तर तांचेविशी म्हजी स्रद्धा आनीकूय वाडल्या.''

श्वेतांक रागान तिरमिरलो. त्या संतापासरशी तो उलोवन गेलो, ''यशोधरा, एकादल्या नर्तकील्या मोगांत पडून इतलो पिसो जावंक बीजगुप्ताकच कित्याक हेर कोणाकूय योग्य जातांसलें काय हे हांव नकळो. आनी एक गजाल सांगता - इतले दुख्ख आंगार येवन पडले म्हणटकीर अशेतरेन उतावळो जावप हे मनशाल्या दुबळिकायेचे एक लक्षण समजूंचे.''

कांयच कारणनासतना श्वेतांकाक तिडक मरिल्ली यशोधरा उमजूंक पावलें ना. ताणे गंभीरतायेन विचाल्लें, ''आर्य श्वेतांक, घडये तू जें काय सांगता ते बराबर आसूयें. तुवें जें सांगलें ते अमान्य करिना, पूण इतलें मात खरें हांतूत बीजगुप्तालो कांयच दोश ना. चित्रलेखा आर्य बीजगुप्ताल्या दिश्टीन ती फकत नर्तकी नाशिल्ली जाल्यार ताच्या जिणेंत ताच्या बायलेवरीच आशिल्ली. हे जशें तुका खबर आसा तशे म्हाकाय खबर आसा, आनी सगळो भौस बी मान्य करता. मनीस हो केन्नाच सगळ्या बऱ्या गुणांनी भरिल्लो आसना. ताच्यांतूय उणविकाय आसतात. ताकालागून त्या व्यक्तीक वायट म्हणप वा ताका शत्रू समजप हे मात चुकीचे. हे तरेन खंयचोय मनीस बरोबरीच्या हेर लोकांलागी इश्टागत जमवूंक पावचो ना. अशें घडत तर संवसारातल्या दरेक व्यक्तीक तो दुस्मान मानतलो. निमाणे ताचे ताकाच जिणे

जड जावन रावतले. दुसऱ्याली उणविकाय सोदून ताचेर कळवळो आनी आपूलकाय परगटावप हे खूब गरजेचे आसता न्हय ते कर्तव्यूच आसता.''

आतां मात श्वेतांकाल्या मनांत फकत विरोधाचेच विचार भरून आयले. आपलें सारासार विचार कडसरावन ताणें म्हळें, ''इतरांविशी आस्था बाळगप वा दया दाखवप हांका कर्तव्याच्या वाठारांत सुवात ना. दुबळिकायेची कुच्छितताय करीत व्यक्तीली उणविकाय पयस करप योग्य जाता.''

यशोधराक हांसू आयले. ते लिपयत ताणे आपणाले विचार मांडले, ''मनशाक आपणाली उणाय पयस दवरूंक पयली यत्न करूंक जाय. भौमानेस्त श्वेतांक, हेर लोकांल्या चुकांचेर बोट दवरप सामके सरळ आनी सोपें आसता. तशें करतना स्वताली उणविकाय धांपून दवरप ही एक रीतच पडल्या. आनी एक सत्य ध्यानांत दवर, - जो आपणाले गुणावगुण जाणून घेता आनी अवगुणांक पयस करूंक सदांकाळ उपाय करीत आसता, तोच मनीस आदराक वा व्हडपणाक योग्य असो जाता.''

यशोधराले निमाणे वाक्य श्वेतांकाल्या हड्ड्यांत बाणासारकें तोंपून रावले. ताणे आपणाचेरूच मुजरत तिरसुवाद केलो काय हे तो थारांवक शकलो ना. पूण यशोधरान जे कांय सांगलें ते खरें आसलें आनी ते सामंत बीजुगुप्ताक थेट लागू पडटाले. बीजगुप्त समजूतदार आसून ताका आपणालें बरेंवायट नित्शितायेन कळटाले आनी वायटाचे सुदारून घेवंक तो सदाच यत्नशील रावतालो. तोच शेरो श्वेतांकाकूय जिस्ताजिस्त लागू पडटालो. कारण जाय तागेल्यो चुको दाखोवन तांची विसकणी आनी कुच्छित्रीपणा करपातूंच तो धन्यताय मानतालो. मानसिक हिंसा करतना ताका इल्लेंय वायट दिसनासलें.

श्वेतांकालो तोंडावळो सामको फिको पडलो. ताणे एक आवंडो गिळलो आनी म्हळें ''सामंत बीजगुप्ताल्या उणविकायेविशी तुजें मुखार उलोवप खरें म्हळ्यार म्हजी चूक जाली. म्हाका क्षमा कर. आनी हाचे फुडार म्हज्यांतली अवचिन्ना पयस करूंक यत्न करीन अशें उतर दितां,'' ताच्या उलोवणेंत कांपरे भरिल्लें.

यशोधरा रागान तांबडे गुंज जालें. ताणे श्वेतांक उलयिल्लो तीच वाक्यां परथून म्हळीं, ''.... सामंत बीजगुप्ताविशी म्हजेंमुखार उलोवप चुकीचें... अशें तू म्हणटा, जाल्यार आरे श्वेतांक, तू खरोच भ्रमांत आसा. हांव अजून बीजगुप्ताल्या मोगांत पडले ना हे आताच स्पष्ट करून सांगता...'' ताणे आपणाले सांगणे अर्दवट दवरले ताका आपणाली चूक कळून आयली, आनी दुसऱ्याच खिणांक ते निर्शेल्लेशें जालें. दोळ्यांत दुकांची धार लागली तशें बेगोबेग ताणे आपलें तोंड ओडणींत लिपयलें.

आपणालो धनी बीजगुप्ताविशी वायटाचे उलयलो ताकालागून श्वेतांक मनांतले मनांत खंती पावलो.जाल्यार एक खेप गेल्ली उतरां परथीं थोडीच येतली? काकूळटीक येवन ताणे

हात जोडून यशोधराकडेन दया मागपी नदरेन पळेलें, ''यशोधरा म्हाका माफ कर. हांवे व्हड गुन्याव केलो. भासाभास करतना म्हजें चित्त थाऱ्यार नाशिल्लें. हांव इतलो कडवट कित्याक जालो ते तुका कशें कळटले?''

''कित्याक असो वागलो ते तरी सांगशी काय ना?'' कारणाचो अंदाज आसुनूय ताचेकडसून आयकूंक तें आशेभरीत जाल्लें.

''कारण हांव तुजयेर मोग करता.''

यशोधरान श्वेतांकाकडेन पळेलें. तिची भीड चेपिल्ली नदर ताचे नदरेक थेट मेळली. उपरान्त तिणे सहजतायेन म्हळें, ''व्हड अजापाची गजाल म्हणपाची!''

ते आयकून श्वेतांकाले तोंड पुराय काळवंडले. तांतून कितलें गुमानीत भरून आसा अथवा कितलें भयानक सत्य त्या उतरांनी लिपून आसा हे ताका जाणवले. खरें म्हळ्यार यशोधरा श्वेतांकाचेर प्रेम करताशिल्ले. हे ताकाय खबर आशिल्ले.

श्वेतांकान आपले म्हणणे मुखार व्हेले, ''हांव जाणा तू म्हजेर मोग करना ते; पूण हांव मात एकतर्फी तुजयेर प्रेम करीत आसा. हे हांव अजिबात सांगनाशिल्लो. जाल्यार हांव तरी कितें करूं? ह्या वेळार प्रसंगच तसो आयलो. हाव जाणा मोग हे करचे आसता; सांगचे उरना. हांवे दाखयिल्ल्या, नश्टेपणाविशी आनी नाकाशिल्ल्या धिटायखातीर आनी एक खेप माफी मागता.'

यशोधरा उठून उबें रावलें. ''श्वेतांक, माफी मागची कांयच गरज ना. तुका हांव गुन्यावगार समजना. जियेवपीत असल्यो गजाली सदाच घडत आसतात. खंयंमेरेन क्षमेची भीक मागत फिरतलो. बरे तर; हांव आतां घरां भितर सरता - पळयता म्हजो बापूय परथून घरां आयलो काय ना ते!''

यशोधरा उठून गेले. रागाभरांत आपल्याच उलोवण्यान कितली व्हड चूक करून दवरली ते आतां श्वेतांकाल्या ध्यानांत आयले - तो यशोधराक मेळूंक आयिल्लो. उलोवणेय घडलें ते एकांतात. आनी ते जाले गरजेपरस चड. अजुनूय उलोवप लांबवपाक जाता आसलें. - घडये स्वताल्याच पिशेपणान तिका रागार करनाशिल्लो जाल्यार. आतां थंयसर बसून रावपाचे अरवळपणाचे जातासलें. ज्या कामाखातीर आयिल्लो ते घडचे परस चड इबाडून गेल्लें - तो उठलो आनी दारावटेन भायर सरूंक ताणे पाय उखललो मात मृत्युंजयान यशोधरासयत विस्रांत कुडांत प्रवेश केलो. श्वेतांकान प्रणाम केलो.

मृत्युंजयान श्वेतांकाक बसूंक आज्ञा केली. ताणे म्हळें, ''श्वेतांक तू आनी सामंत बीजगुप्त दोगेंय तीर्थक्षेत्रांच्या भोवंडीक रोखडेच भायर सरतात म्हूण आत्ताच कळलें. अशें करप म्हाका तरी योग्य दिसना.''

मुमुरखें हासत श्वेतांकान जाप दिली, ''आर्य, आमी फाल्याच भायर सरतले.''

“खंय मेरेन वचपाचे थारायला?”

“काशी”

“आनी केन्ना परथें येवपाची येवजण केल्या?”

“तें कांय हांव सांगूक फावना. ते सगळे सामंत बीजगुप्तार निंबून आसा.’

यशोधरान बापायकडेन पळेत म्हळें, “आमकाय यात्रेक वचूंक कित्याक जमचे ना? अजून हांवे काशीनगरी पळयली ना. ही वेळ सादून आर्य बीजगुप्तासाथीन काशीयात्रेक वचून येवयां अशें सुचयता.”

“विचार तसो काय वायट ना. काशी तर पाटलीपुत्र नगराचे लागसार आसा,” मृत्युंजयान दुबावांत पडून म्हळें, “आगो, इतल्या ताकतिकेन तयारी कशी शक्य जातली?”

“जाय ते शक्य करूंक फावता; फकत आमका हुकूम दियात आनी पळेयात. आयज सांजमेरेन फाल्याच भायर सरपाची तयारी पुराय जाल्ली आसतली.”

मृत्युंजय हांसलो, “यशोधरा, तुजी पयलेंच खेपेची आग्रोवाची विनंती कशी न्हयकारू? बरें, सगळी तयारी तुज्यान जमता जाल्यार कर. पूण एक मात ध्यानांत आसूं दी म्हाका कसलोय त्रास जावचो ना इतलें कर.”

श्वेतांकालें खंती मन आनीकय पिडेन भरले. यशोधरालो मोग खरेंच बीजगुप्तार आसा असो दिसता. तेदेकून ते काशीक वचपाक इतले उतावीळ जाला. ताणे आपणाले मन जाणीवपूर्वक शांत केले. कारण बीजगुप्त ताचेर प्रेम करना हे तो खात्रीन जाणा जाल्लो. आता फुडारा जेन्ना सांगातान रावतले तेन्नाच ताका कळटले यशोधराचेर कोण, कितलो मोग करता.

यशोधरा आनंदभरीत जाल्लें, “श्वेतांक, आमीय तुमच्या वांगडा येतात. हाचो उगडास दवर, आनी तशें आर्य बीजगुप्ताक बी मुजरत कळय.”

मृत्युंजयान अनमनत म्हळें, “आगो यशोधरा, पयली तयारी तर करून घे. फाल्यामेरेन तुमची तयारीच जाली ना जाल्यार विनाकारण बीजगुप्तालो आनी एक दीस बेठोच वतलो.”

“तयारी जावची ना कशी? कसले तरेची उलोवणी ही म्हण्टा. ते काय ना श्वेतांक, आमी खात्रीन तुमच्या वांगडा येतली,” यशोधरान उमळशीकेन म्हळे.

श्वेतांक उठून उबो रावलो, “आतां निरोप मागता आर्य श्रेष्ठ,” आनी यशोधराकडेन वळून ताणे म्हळें, “हांव बीजगुप्ताक ह्या येवजणेविशी सांगता. आनी एक विनंती, तुमच्या तयारीत कांय अडचण आयल्यार हांव तुमच्या सेवेक हजर आसा. सांजवेळेर हांव मेकळो आसता; गरज लागल्यार कळयात.”

यशोधरा हांसलें, “आभारी रावता श्वेतांक. तिनसाना हांगासर लाग्गी आसल्यार एकादलो फावोसो वावर मुजरत सांगीन.”

श्वेतांक सटसटीत उठून गेलो. बीजगुप्ताली भेट घेवन ताणे निरोप दिलो, ''धनी, आर्य मृत्युंजय आपणाली चली यशोधरा सांगातान काशीयात्रा करूंक पळेतात. तुमचे साथीन आयल्यार जायत काय म्हूण विचाल्ला.''

बीजगुप्त हे येवजणेक तयार नासलो. ज्या कारणांक लागून ताणे भोवंडीची येवजण केल्ली ताका आतां ताच्या मत्ताप्रमाण अर्थूच रावलो ना. तांतूत अजून बदल कसो घडोंवक शक्य जातलो हे नकळसो जावन ताणें तोंडातल्या तोंडात पुटपुटत म्हळें, ''जे घडटा ते बऱ्याखातीर म्हणप.''

❋❋❋

...१५...

यशोधरान यात्रा सामानाची बांदाबांद पुराय केली आनी उपरान्त बेगोबेग आपणाल्या भोवंडीचीय तयारी केली. दुसऱ्या दिसा सगळेजाण काशीनगरीक रवाना जाले.

त्या वेळार सूर्य अस्तमतेक देंवतालो. ग्रीश्म रुतूंतली रात सुखदिणी आसता पूण ती बीजगुप्ताक उपकारनाशिल्ली. चतुर्दशीचो चंद्रिम उदेंती दिकेन धारेर आयिल्लो जाल्यार बीजगुप्ताल्या काळजांत एक जाळ भगभगतालो. सेवेकार आनी सेवेकान्नी दिवट्यो घेवन पंगडा, पंगडान एकमेकांल्या सांगातीन वताले. आनी त्या दिवटी उज्या जाळेंत बीजगुप्ताक आपणाल्या काळजांत जळपी जाळाचे पडबिंब दिसलें. तो नुलयत धांवत्या रथांत बसून आशिल्लो. तेन्ना बीजगुप्ता सांगातान श्वेतांक आनी मृत्युंजयासाथीन यशोधरा आपापल्या रथांत बसून मार्गेस्त जाल्ले.

आतां अर्दी रात सरून गेल्ली. चोयवशीन चान्नें चमचमतालें. वाटेर दोनी बगलेच्या बागांतल्यान रातराणी फुलांचो घमघमीत परमळ पातळिल्लो. श्वेतांकान शांतता भंग करीत म्हळें, ''रातीक आतां खंय तरी विस्रांती घेवप योग्य दिसता.''

तेदेवेळार बीजगुप्त कसल्यातरी येवजणेंत गुल्ल आसलो. तो कसलें चिंतूप करतालो ताचें ताकाच खबर नासलें. एका फाटोफाट एक अशा जायत्या विचारांची ल्हारां थंय उप्रासतालीं आनी त्याच वेगांत शेणून वताली. त्या मानसिक अवस्तेंत ताका कसल्याचेंच भान नाशिल्ले. तेन्नाच मृत्युंजयालो रथ ताच्या रथाबरोबरीन लागसार पावलो. यशोधरान मात्शा व्हड आवाजांत विचाल्लें, ''आर्य बीजगुप्त, थोडो विसव घेतल्यार साबार जणांक उपकारतासलें'' बीजगुप्त अवचीत अचर्ये पावलो. ताणे मळबावटेन दिश्टी लायली. ताच्या ध्यानांत आयलें चंद्रिम अस्तमतेकडेन देंवक लागला. ताणे श्वेतांकाक रोखडेच आज्ञा केली, ''श्वेतांक रथ थांबय. सकयल देंव आनी लागशी एकादल्या बागेंत रातभर रावतिकेची वेवस्ता जाता काय पळय.''

बीजगुप्तालो रथ थांबिल्लो पळोवन पंगडांतलें सगळे रथ एका फाटोफाट थांबले. श्वेतांक पांयउतार जालो आनी जाय तशी बाग सोदूंक पायवाटेन चलत गेलो. बीजगुप्तान मृत्युंजयासर

नमळायेन म्हळें, ''आर्यश्रेष्ठ, म्हाका वेळेचे भानच रावले ना. तुमची परवड जाल्ली आसपाक फाव. आतां अर्दी रात सरूनूय गेल्या. सगळ्यांक बऱ्याक पडटा जाल्यार आमी अजून मुखाल्लो थोडो प्रवास करूंया काय म्हणटा. फांतोडेपारार एकादल्या गांवांत पावले म्हणटकीर थंयच दीसभर सुसेग करूंया. कारण दनपाराच्या धगीपसून सगळ्यांक आलाशिरो दिवंक आमी कसलीच वेवस्ता केल्ली ना. अशा अवस्तेंत दुसऱ्या दिसा परथून मुखाल्लो प्रवास कठीण जायत हाचेर विचार करात.''

मृत्युंजयान मात्सो विचार करून सांगले, ''तुजें सांगणें योग्य दिसता.''

श्वेतांक परथून आयलो, ताणे म्हायती दिली, ''हांगासर एक सुंदर बाग आसा आनी तांतूत एक अयसपयस महालबी आसा. तो खंयच्या सामंतालो आसा ते मात खबर ना. रातभरची वस्ती मांडूक एक उत्तम सुवात आसा.''

''अरे, ती तर सामंत.... ली बाग!'' मृत्युंजयान वळख मेळिल्ल्यावरी दाखयलें, ''बीजगुप्त, हांगा कसल्याय तरेची उणविकाय उरची ना. आर्य बीजगुप्त, मागशी केन्नातरी हांवे हांगा वस्ती केल्या. सांगचे म्हळ्यार ताचो एक सुंदर राजवाडो आसा.''

सगळ्याजणांनी ते वटेन मोडणी घेतली. बागकाम कामतीन तांचो उत्तम तरेन येवकार केलो. बागेंत भोवंडेकाराखातीर खाटयो लायिल्ल्यो. थाकिल्ले सगळेजण गाढ न्हिदून पडले. पूण बीजगुप्त मात न्हिदेशिवाय तळमळत जागोच आशिल्लो.

बीजगुप्ताक आपूण खंय वता, कित्याक वता - हे आनी अशेतरेचे प्रस्न ताचेच तकलेंत परत परत घुंवताले. ताणे उमेद केल्ली ती काशीक वचून मनाची शांती मेळोवपाची; आपणालें मन परथें थाऱ्यार हाडून उपरान्त राजकाजकारणांत पुराय लक्ष घालून समाधानान रावप. तो पाटलीपुत्र नगर सोडून आयिल्लो यशोधरापसून पयस रांवक; चित्रलेखावेल्या आत्यंतिक मोगासावन तिच्यांत गुंतिल्ले मन कडसरावपाचें यत्न करूंक. पूण घडतालें तें सामके उरफाटें- यशोधराच ताच्या वांगडा आयलें, घडये अजुनूय ते लागशी येवूंक फाव कोणाक खबर?' -

''तशें घडून उपकारचे ना.'' बीजगुप्त व्हडान पुटपुटलो. ताका यशोधराचेर मोग करप शक्य नाशिल्लें. ताच्या नदरेमुखाल्यान ती आतां शेणून गेली आनी थंय चित्रलेखाली आकृताय उबी रावली. चित्रलेखा कोण? ताच्या जिणेंत तिचो संबंध कितें? चित्रलेखा जशी ताची मोगिका आसली; तेच तरेन ताची लग्नाच्या बायलेवरी आसली. तिचेर तो जिवापाड प्रेम करतालो आनी तिचोय मोग खर आसलो - अजुनूय ताचेर मोग करताली काय हाका आदार नाशिल्लो - घडये हय. न्हयबी आसूंक फावता. 'हय' इतल्याच खातीर तिणेंच ताचेपसून फारकत घेतिल्ली फकत ताच्या बऱ्याखातीर. 'हय' म्हणपाक आनीक कारण- तशें तिणें कुमारगिरीसामकार स्वता कबूली दिल्ली. न्हयकाराची कारणां सोदची म्हळ्यार तिणें ताच्या इत्सेक बगल दिवन ताचें जिणें एक वजें मात करून दवरिल्लें.

फांत्यापारार सवण्यालें किलबिलप बीजगुप्ताल्या कानार पडले तशे ताचे चिंतूप थांबले. उदेन्तीक सूर्यप्रकाशाचे पयले किरण आपणाली भांगरासारकी पांखा पसरावन सकाळच्या शीतळ वाऱ्यासांगातान खेळ खेळटाले. आनी नखेत्रां फिकट पडत एकेक करून मळबांतल्यान शेणून वताली. तेद्यावेळार यशोधरा वालीवयल्या अर्द फुलिल्ल्या कळ्यांचेर पडिल्ल्या दंवाकणासाथीन मन रिजयताली. बीजगुप्त उठून बसलो. सकाळचो नित्याचो वावर आटपून तो बागेंत आयलो. शीतळ, आनी पर्मळान उपाट भरिल्लो सुखदिणो वारो ताच्या तापिल्ल्या काळजाक शांत करतालो. ताणे पळेंले. यशोधराल्या पोशांत फुलां भरिल्ली दिसताली. ताणें बीजगुप्ताक, म्होव्या आवाजांत उलो दिलो, ''आर्य बीजगुप्त, पळययात तर खरें, हे सैमाचें सोबीत रूप. हांगासर कितलो उल्हास भरिल्लो आसा; शांतताय पातळिल्ली आसा. सगळो भोंवतण मन भुलायणो आनी अजापाच्या रसायणान भरिल्लो आसा. आख्ख्या जगांतली चिंता, इत्सा, हवस आनी ताकालागून घडपी हेर घडिचारापसून पयस. हांगाचे जिणें फुलां पाकळ्यांवरी तरेकवार रंग घेवन उमळशिकेन भरिल्लें आसा.''

बीजगुप्त लागशी पावलो तो सामको यशोधराल्या फाटम्हऱ्यांत. एक फावट चोयवशीन पळोवन तो तिच्या कानांत फुतफुतलो, ''म्हाका हांगासरच्या सैमांत मातय सोबितकाय दिसना.''

''सोबितकाय दिसना?'' यशोधरान बीजगुप्ताल्या वाक्याची कास धरत म्हळे, ''आर्य, तुमी खरें सांगतात काय म्हजी फकाणा करतात?''

''खरेंच फकाणा करना, यशोधरा, म्हाका सगळी भोंवतण अजापाची विद्रूप दिसता.''

यशोधरा बीजगुप्ताले सांगणे मानपाक तयार जालें ना. आपण्यालेंच म्हणणें मुखार व्हरत ताणें परथून तेंच सांगलें, ''आर्य, जरा बरें करून नियाळात. ही दुर्वा कितली मोव आनी सोबीत दिसतात. म्हाका तर ह्या दुर्वांकुरार बसून विसव घेवपाची उमळशीक आयल्या.''

बीजगुप्त मात्सो हांसलो, ''ना यशोधरा, तशें करूनजो. तुका दुर्वा मोव आनी सोबीत आसातशें दिसता उरत. जाल्यार तांच्या पोंदानी कितलें किडे, सान जीवजंतू आसतात हाचेर केन्नाय ध्यान दिलां? दुर्वा मोवसार आसात म्हूण ताचेर अदीक वेळ पडून रावल्यार तुका नित्शयान थंडीचो त्रास जातलो हाचो विचार केला? उकत्यार जियेवप तुका केन्नाच घडले ना आनी तुजेर वखदी उपाय करूंक हांगासर कोणी वैद्य बी ना. यशोधरा, मनशान प्रकृती सांबाळून रावंक जाय. ती अपूर्ण आसता.''

यशोधरान आज एक नवीन गजाल आयकली, आनी तीय भोव सोपें करून सांगिल्ली. बीजगुप्तान सांगिल्ले अनुमान योग्य आसुनूय यशोधराक समजून घेवंक मात्शें जड गेलें. परथें ताणे विचाल्लें, ''प्रकृती अपूर्ण आसता म्हळ्यार कितें?''

“मनशाली प्रकृती अपूर्ण खरे. ते निमित्तान ताणे कृत्रिम वस्तू तयार केल्यात. दूर्वा मोव, कंवळी आसुनूय तांतूत वायटाळे जीवजंतू राबीतो करून आसतात म्हूण मनशान चार वणटी भितर रावंक, विसव घेवंक मखमलीचें कुलचांव तयार केले. ते मोव आसता, आनी किडे, जंतू विरयत बी आसता. शियांदिसानी हांगा येवन पळय. भोंवतणचो सगळो सैम आकांताचो जाल्लो नदरेक पडटलो - ते वेळा हांगा शियां वारे व्हांवतात आनी ते आंगाक झोमले म्हण्टकीर कुडींत कांपरे भरता. ताचे अगदी उरफाटे गिमाळ्या दिसानी दनपारावेळार हुनहुनीत वारें वेगान धांवत आसतात. ताचेसावन मनशाली कुडी हुलपून वता. अशेतरेचे प्रकृतीक बादा हाडपी सैमाच्या नेमांक लागुनूच मनीस तांचेपसून पयस सुवातेर घर बांदून रावता. अशेतरेन तो उत्तरेकडल्या हून वाऱ्यापसून आलाशिरो घेता आनी शियांत घरांत धग तयार करून शियापसून आपणाल्या भलायकीची राखण करता. धगधगतो गिमाळो सोसनासो जाता तेन्ना तो घरां दरवट्यानी तशेंच जनेलानी खसाची शेंदरी हुमकळायता आनी ताचेर उदक शिंवरता. ताचे सावन कितलीय धग भायर आसूंदी घरांत मात एक तरेची शीतळता पातळिल्ली आसता, तेन्ना सुखाचो ‘मधुमास’ जाणवता. एक ध्यानांत दवर, सैम केन्नाच मनशाल्या सुख सवलत वा सोपे जिणेक बांदिल्लो ना.”

यशोधरान हुशारीन विशय बदललो, “ही फुलां कितली सोबीत आनी दरेकांत कितलो पर्मळ भरला. सरभोंवतणी सवण्यांली किलबिल कितली म्होवी भासता; तांतूत कितलें मनाक ओडलायणी संगीत भरला. कोगळेल्या “कुहू, कुहूं” त भोव मधुराय तशीच काकुळटाय आस्पाविल्ली ध्यानांत येता काय ना?”

बीजगुप्तान भासाभास मुखार व्हेली तीय आपणाले तरेन. “यशोधरा, तुजे नियाळप खरेंच तोखणायेचे. परंत तुका जें ध्यानांत आयलें ना तेच आतां सांगता. फुलां सोबीत खरीं जाल्यार तांच्या भोंवतणी कांटेय आसतात. शिवाय फुलांभितर कोणाखबर कितले ल्हानसान जीवजंतू आनी पिसोळी सुसेग बसल्यात. परमळ तशेंच तांची कवळिकाय हे तात्पुरतेच आसतात, ते कित्याक वा कोणाक उपकारतले. मात्शें वेळांपुरतेच तांचे खाशेलें वैभव. उपरान्त ते शेणोवन बसतात. आतां सवण्यालों म्होवो आवाज म्हणशी तर तूं जाका सुरेल म्हणटा तो म्हजे मत्तान एक कलकलाटच. तांचेर नियमन नाशिल्ल्यान वा योग्य तरेच्या शिस्तीत ना बसयिल्ल्यान तो सगळो भावविरयत संगीत जाणवता. तांचेत सुरांचे उतार-चडाव दिसचे नात, कारण त्या किलबिलाटांत, सात सुरांची एकूच गाज पुंजावन वयर येत आसता. ताचेपरस मनशाल्या कंठांतल्यान आयिल्ले आनी नेमांक धरून गायिल्ले संगीत भोव अदीक मनभुलोवपी आसता. कोगळेल्या आवाजात फकत पंचमस्वर आसता आनी खूब वेळां तोच तोच सूर आयकून वाज येता. कोगळेक कितें सांगचे आसता कोणूच नकळो. घडये तिका कांयच सांगचे आसना अशेंय आसत.”

गोंदळिल्ल्यावरी जावन यशोधरा वोग्गी रावली. ताच्या घरांभोंवतणी एक बाग वशिल्ली. तांतूत ताणें पळयिल्लो निसर्ग तो वेगळो आनी सुखदिणो आसलो. त्या सोबितकायेचेर ते भोव खूश आसलें. बीजगुप्तान सांगिल्ले आयकून तें चिंतीत जालें आनी ताका भास जालो आपूण कितलें अरवळ आसा तें.

बागकामतीन तयार केल्लो एक ल्हानसो धबधबो सामकार दिसतालो. ताचेपसून मात्शां अंतरार एक सान उदकाकुंडांत पारवे पंगडा पंगडानी आपणालीं पाखां फडफडावन आंग धुवून घेताले. थंय वचूंक यशोधरा मुखार सरकलें आनी बीजगुप्तय ताच्या फाटोफाट चलूंक लागलो. मंत्राविल्लेशें जावन तो देखावो ते पळयत रावलें. ताणें ल्हव आवाजांत म्हळें, ''हे पारवे कितले सुखी आसात. आपल्यांतच कितले खुशाल खेळटात. मनशांत दिसपी मत्सर, हावेस, दुश्टताय आनी अशेच तरेचे वायटाचे गुण हांच्यात इल्लेय नात. मनांत येता म्हाकाय पांखा आसची आनी भुर्रकन हांवूय पारवो जावपाचें.''

यशोधराले नेणटेपणाचे विचार आयकून बीजगुप्त व्हडान हांसलो, ''यशोधरा, हांव खात्रीन सांगता, तू पारवो आसतासलें तर मनीसपणाची इत्सा करताशिल्ले. तुका दिसता हे पारवे सुखी आसात; भंय चिंतेपसून मेकळे आसात. हो तुजो भ्रम समज. तांकाय दुस्मान आसात. इत्सा पुराय जाली म्हणटकीर ताका सुख म्हणटात आनी ती अपूर्ण रावली जायत जाल्यार दुख्ख उपजता. ह्या पारव्यांल्यो इत्सा पूर्ण जातात अशे तुका दिसता? प्रस्न हाचेपरस वेगळोच आसा - तांका इत्सेची भावना आसतात काय ना. पशू आनी सुकणी परस मनीस वयल्या पांवड्यावेलो आसा कारण ताका भावना आसात. तांच्या मनांत इत्सा मूळ धरतात आनी त्यो पुराय जाल्यो म्हणटकीर ताका खोस भोगता. मनीस हो कर्तो - क्रियाशील आसता. जल्म घेवन अकर्मण्यता म्हळ्यार कांयच काम न करपी जिणे जगून मरन वचूंक ताची पैदास वा घडवण केल्ली ना. ताचे मुखेल काम कर्म करत रावप. पशू आनी सुकणी आपपणाले पोटार्थी. दीसभर कितले वायटतरेन संकश्टा वांगडा झुजत आसतात. मनशाकूय पोटाखातीर स्रम करचे पडटात हाचीय याद दवर. तो शेतांत नांगर चलयता शेतकामाचो सगळो वावर वेळेवेळेर करता आनी आपणाले अन्न मेळयता. पशू आनी सवणी निसर्गात भोंवतणी जे काय मेळटा ताचेर गुजराण करतात. धरतीवयले जंतू, किडे खावन सवणीं पोट भरतात; निरुपद्रवी दुबळ्या प्राण्यांक खावन दुश्ट, हिंसक प्राणी जगत आसतात. तो सैमाचो एक बुनियादी खर नेम आसा. ह्या पारव्यांचेर तांचेपरस चड बळगें आशिल्लें दुश्ट शेवणें झोंपय मारता तेन्ना हांची तारांबळ पळोवपासारकी आसता - तांची दशा पळोवन मनांत कळवळो उप्रासता - तांचे भय, चिंता कितले आकांताचे आसतले तांची आमका जाण ना इतलेंच.''

यशोधरा नवलायेन बीजगुप्ताकडेन पळयत रावली. बीजगुप्त आपलें म्हणणे सांगत रावलो,

''यशोधरा, निसर्गा मदीं रावतलो मनीस सुखी आसपाक फाव अशी तुजी कल्पना. पूण उगडास दवर, मनीस कोणूय आसूं दी तो आपणाल्या आसा त्या परिस्थितींत केन्नाच समाधानी आसना. तू राजमहालांत वाडिल्ली, आतां तुका थंयसरचें कसलेंच आवडना, थंयच्या सोबितकायेचे आनी ताच्या सार्थकतायेचे तुका कसलेंच देणें घेणें ना. ताचेविशी एक तर तुका कळकळ वा आपुलकाय ना अथवा त्या भोंवतणेतल्यान भायर सरूंक तू भोव आशेभरीत जाला आसूंक जाय. ताकालागून निसर्गामदीं वशिल्ल्या खोंपीत सुख भरून आसाशें दिसता उरत. गांवच्या उकत्या वाठारांनी, माणसाळिल्या प्राण्यासांगातान खेळ खेळपाच्या कल्पनेतच तूं गुल्ल जावन आसता तें खुशालीचें चित्र खरें आनी ते सभावीकय आसा म्हणा. जाल्यार हे गांवकारांक विचारून पळय. ते खात्रीन सांगतलें - सुख हे महालातुनूच मेळटा जंय भोंवतणी सेवेकार आनी सेवेकान्नी पावलां कणकणी सेवेक हाजीर आसतात. पुर्विल्ले आमचे आजे-पणजे जांणी आमचे महाल बांदले ते केन्नातरी गांवकरी आशिल्ले हे नित्शीत. ना जाल्यार ताणी गांव घर सोडून नगर, महाल कित्याक वसयली आसत हाचोय विचार कर. सैमाच्या विद्रूप आनी बदलपी अवस्तेक तोंड दिवंक कठीण जावन काळांतरान ते मनशानच कृत्रिमतेन तयार केल्ल्या महालांतून राबीतो करूक तांका फावोशे दिसले हेच कारण आसूंक फाव. ही बाग जिचेर तू इतलें भुल्लसला ती खरें म्हळ्यार कोणे एके मनशान तयार केल्या. जर खरो निसर्ग पळोंवक जायं तर तुका अटंग्या रानावनांतल्यान भोवंडी मारची पडटली. थंय तुका दिसतले ते हिंसाळ वाग, शिंव जे रगताक सदाच संवकळिल्ले आसतात. उब्या गच्च वाडिल्ल्या तणांत, झुडपां झाडांनी वावुरपी विखारी नाग जे कारण नासतना हेर जिवांक डूंक मारूंक उतावळे आसतात, मात्शी पाणथळांत नदर फिरय आनी दिसतली तुका थंय भयांकृत धडाची मानगीं आपणाली शिकार मेळोंवक आ वासून लिपून राविल्ली. सारासार विचार केल्यार तुज्या ध्यानांत येतले ते सोबिताय म्हणटात ते खर सैमांत आसा की मनशाल्या कृत्रिमतेंत.''

बीजगुप्त सांगत गेलो आनी चित्रलेखा एकचित्तान आयकत गेलें, बीजगुप्ताकडेन सारकें दोळ्यापाती लायनासतना दोळे व्हड करून पळयतूच रावलें. आयजमेरेन तें बीजगुप्ताक एक चारित्र्यवान दादलो म्हूणच समजतालें. तो भोव गिन्यानी आसा हेय ताका आतां उमगलें. ताची विद्वत्ता, खोलायेन केल्लो अभ्यास आनी युक्तिवाद हांच्या आदारान भासाभास करपी सबाव जाणून तें नवल पावलें. ताचेविशी पयलेचो आदरभाव आतां भक्ति आनी स्रध्देंत बदलिल्ल्याचें तिका मनोमन जाणवूंक लागले. मात्सो वेळ वोग्गी रावन ताणे विचाल्लें, ''आर्य, धिटायेक क्षमा मागता. एक प्रस्न विचारतां, तुमी हाचो अभ्यास खंय आनी केन्ना केलो?'' खरे म्हळ्यार हो प्रस्न निरर्थक आशिल्लो. बीजगुप्तान ताची जाप कडसरायली.

''यशोधरा, संवसाराच्या पाठशाळेंत परिस्थिती प्रमाण अणभवान शिकत हे गिन्यान

मेळयलें,'' ताणे विशय बदलत म्हळें, ''चला आतां सकाळच्या फळाराची वेळ जाल्या, वेळेर पावल्यार उपकारतलें,'' आनी तो महालादिकेन चलूंक लागलो. यशोधरा बी चटकन फाटल्यान फिरले. आनी ताकतिकेन बीजगुप्ता सांगातान ताणे परतीची वाट धरली.

बीजगुप्त खंतीच आशिल्लो, तें ताच्या तोंडार स्पश्ट दिसतालें. यशोधरान निमगिलें, ''आर्य आज मनाच्या गोंदळिल्ल्या अवस्तेंत दिसतात. तुमका दुख्ख कसल्याचें ताचें कारण आमकाय कळताशिल्लें तर....?

थंडपणान एक मोटो स्वास घेवन बीजगुप्तान सांगलें, ''यशोधरा, हांव खरेंच खंती आसा, पूण ताचें कारण जाणून तू कितें करतलें? ते तुका न कळिल्लेंच बरें!''

''ते कारण भोव गुमानीत आसा काय म्हूण विचारतां''

''न्हय, तशें कांय ना. म्हज्या ज़िणेची खंयचीय बाब लिपोवंसारकी ना. जांका जी गजाल वायट वा वाकड्यांतली आसता, तांकाच ती गुमानीत दवरची पडटा. तशें करप म्हळ्यार एकतरेन ती भंयाची कुरू आसा. तशें भिजूडपणान रावप हे मनशाल्या गुन्यावकारीचे एक चिन्न आसा. हांव जे कांय करता ते योग्य समजतां. ताकालागून खंयचोय वावर लिपोवन दवरिना. हांव म्हजें दुख्ख इतल्याचखातीर सांगना कारण ताकालागून हेरांक पिडा दिवप म्हज्या मनाक बरें दिसना''

यशोधरा सामके गप्प जालें. अशा विशयार नाकाशिल्ले प्रस्न विचारून आपूण बीजगुप्ताक चड त्रास दीत आसा हाची ताका जाणविकाय जाली. तोपर्यंत दोगांयजण महाला दरवटेर येवन पावली. आर्य मृत्युंजय आनी श्वेतांक तांचीच वाट पळयत राविल्ले. सकाळच्या उपाहाराची सगळी तयारी जाल्ली. यशोधरा धावंत वचून बापायल्या म्हन्यांत घुसलें. आनी तोखणायेच्या सुरांत ताणें म्हळें, 'आयज बीजगुप्तान म्हाका जें कितें शिकयलें ताकालागून म्हजें दोळें उगडले. म्हजी पयलीची अडेची विचारसरणी विनाआदाराची थारली. तो भोव गिन्यानी आसा हे म्हाका आयज कळलें.'' जाल्यार हे सांगतसतना तिची नदर मात बीजगुप्तार तोपिल्ली.

यशोधरान आपणाली दिश्टी आतां श्वेतांकाकडेन फिरयली. ताच्या मुखामळार निर्शेणीची सया पातळिल्ली. तो मनांतल्या मनांत खंती पावलाशें दिसतालो. ताचो हात हातांत घेवन ताणें विचाल्लें, ''आर्य श्वेतांक, तूंय अस्वस्थ जाला कितें काय म्हणटा.'' अशें म्हणत आसतना ते ताची नाडीपरीक्षा करूंक लागलें ''आरे तुज्या आंगात हुलपताप भरलोसो दिसता. तुजें मुखामळ अशें फिकें कित्याक पडला?''

''घडये ताका विसव घेवंक फावोसो वेळ मेळ्ळो ना आसत. ताकालागून तो मात्सो थकिल्लोसो दिसता.'' बीजगुप्तान ताका थातारले, ''श्वेतांक आयज दनपारा जाय तितली न्हीद काड कितें?''

यशोधरा श्वेतांकाली नाडी अजुनूय धरून आसली. तोमेरेन ताच्या कुडींतली गळसाण

आतां ल्हव ल्हव अवसरिल्ली. बेग्याबेग ताणे सांगले, ''ना, ना, हांव प्रकृतीन धडधाकट आसा. भोवंडेक लागून पुरोशें जाला इतलेंच. दनपारा सुसेग न्हीद मेळली म्हणटकीर सामको बरो जातलो.''

तानेचे खावन पिवन जाले. बीजगुप्तान श्वेतांकाक सुलूस दिली, ''ह्या वेळार हांव खुबूच थकला, आतां हांव न्हिदूंक चल्लो. जेवणाची पुराय तयारी जातली तेन्नाच म्हाका जागय. आनी तू स्वता आर्य मृत्युंजयाल्या सांगातीन राव कसो? आमी ताची कांयच पर्वा करिनात अशें ताणीं समजूंक जायना?''

मृत्युंजय आनी यशोधरा बरोबर श्वेतांक फकाणा मारत वेळ घालयतालो. यशोधरान सकाळी सैमाविशी घडिल्ली भासाभास सांगली. बीजगुप्ताले ते तर्क आयकून मृत्युंजयाक नवल दिसलें. श्वेतांकाक उद्देशून ताणे विचाल्लें, ''श्वेतांक, आर्य बीजगुप्त मनान थाऱ्यार नासो दिसता.'' श्वेतांकान जाप दिवपा आदीच यशोधरान मदींच म्हळें, ''हय म्हजेय तेच अनुमान आसा. हांवे तशें विचाल्लें लेगीत. आपूण खरेंच खंती आसा म्हूण बीजगुप्तान स्वताजावन सांगलें. हावें कारण विचाल्लें तर आपूण कांयच सांगचो ना अशेंय निक्षून सांगलें.'' त्यावेळार ताची नदर श्वेतांकाक नियाळटाली. मृत्युंजय पुटपुटलो, ''कांय अशो गजाली बी आसतात त्यो गुमानीत दवरच्यो पडटात'' -

''एक मात संभव आसा'' यशोधरा मदींच उलयलें, ''हेरजनांक सांगपाचे न्हय अशें गुपीत कोणेय अंतरमनांत दवरून घेवप हें एक नश्टेपणाचे चिन्न आसा. ताका तांचेपसून भंय आसता म्हूण तो ती खबर गुमानीत दवरता. समजा जर ते गुपीत समाजांतल्या साबार जणांक कळलें म्हणटकीर निंदा-नालस्तीक कारण जावंक शकता, आनी उपरान्त लोक ताकाच वायट मनीस म्हूण वळखतात. तूर्ताक तरी हांव इतलेंच सांगूक शकता आनी ते म्हळ्यार बीजगुप्ताल्या आंतरिक पिडेचीं कारणां अजिबात गुपितशीं नात आनी तशेंच ताणें आपलें मन म्हजेकडेन उक्तायिल्लें.''

''आनी ताणे अशेंय सांगिल्ले आसूंक जाय,'' श्वेतांकान तिचेर बकच्छायो करत हांसत हांसत म्हळें, ''मनशान आपणाल्या मनांतलीं गुपितां आपणाभितरूच लिपोवन दवरप म्हळ्यार एक वायट प्रवृत्तीचे लक्षण म्हूण ताणेच सांगलें.''

तिडक मारिल्लोसो जावन तो आनीकूय बडबडत रावलो, ''तशें ना तें. जे मखलाशी करूंक पावतात तांचेखातीर हे चुकीचे ना. जी व्यक्ती समाजाक खोटावन जगूंक शकता तांचे खातीर खंयचीय गजाल लिपोवची गरज भासना. पूण ह्या जगांत कोण खंय बरेंपण समजून घेवंक तयार आसता? आतां म्हजेंच उदारण घे - हांव बीजगुप्तालो सेवेकार. ताची आज्ञा हीच म्हजी इत्सा समजता. ती म्हजी इतिकर्तव्यता आसता. म्हज्यांतय एक अस्मिताय

आसा, पूण ती कित्याक काय उपकारना? हांव तर परसुवादीन. केन्ना केन्ना विरोधाचो उजो म्हज्यांत उप्रासून येता. तेन्ना तो परगटावप योग्य जायत वा तो भितर दाबून कर्तव्यांत दंग रावप योग्य जायत हाची जाप स्पश्ट आसा.''

मृत्युंजयान मदींच ताका आडोवन म्हळें,'' आरे श्वेतांक, तुजो हो विरोध बरोबर ना; ताचेसावन तो मनकप्यांत गुमानीत दवरपांतूच शाणेपण आसा.''

यशोधरान हळूच बापायल्या म्हणणेत आपणालेय सांगणे भरसलें, ''तुजो विरोध फावोसो ना अशें कशें म्हणू येत? तुज्या ह्या दशेचें म्हाका खरेंच वायट दिसता.''

श्वेतांकाक यशोधराल्या दोळ्यांत कळकळीची न्हय, पूण एक आपुलकायेची सया दिसली.

❈❈❈

...१६...

अशें काय थोडें दबाजाचे लोक आसतात जे हेर लोकांक आपणाकडेन ओडून घेतात; आनी उपरान्त ताकाच दाबून आपणाले सेवेकारी वा दास करून घेतात. चित्रलेखालें व्यक्तिमत्त्व कांय वेगळें नाशिल्लें. जरी तिका स्वताली खासा गुणाची वळख नाशिल्ली तरी लेगीत नकळत ताचो वापर ती लोकांचेर करताली आनी ताकालागून योगी कुमारगिरी स्वताक सांवरूक शकलो ना.

कुमारगिरील्या पर्णकुटींत ताची आनी चित्रलेखाली साथ जुळिल्ली. जितलो तो चित्रलेखापसून पयस रावंक पळयतालो तितलोच सदा आपणांक तिच्या म्हऱ्यांत आशिल्लोसो पळयतालो. आनी तेविशी ताका स्वता भितरच नवल दिसताले. चित्रलेखा योगील्या सहवासांत ताच्याच खोंपीत रावूंक लागली हे खरें पूण जेन्ना केन्ना कुमारगिरी ध्यानेस्त बसतालो तेन्नाच ती खोंपींभितर सरताली, आनी एक घरकान्नीवरी पर्णकुटीतली पुराय वेवस्था सांबाळटाली. सामक्या त्याचवेळार कुमारगिरीले ध्यान भंग पावताले. ताची अर्दवट धांपिल्ली बकध्यानाची नदर हळूच चित्रलेखाक खोंपींभितर शेकानशेक नियाळटाली. कांय वेळान तो दोळे बंद करून आपणाल्या ध्यानांत तल्लीन जावंक यत्न करतालो. परंत निमाणे तें व्यर्थ जातालें.

आनी चित्रलेखा! ती आयिल्ली कुमारगिरीचेर मोग करूंक. ती आस्रमांत पावली उपरान्त ताची भावना पुराय बदल्ली; ती साधना आनी तपस्या शिकूंक आयिल्ली. परंत योगील्या कर्ममार्गात तिका अडचण जावपाचें नाशिल्लें..

त्या रातीक दिवो पुराय जळून वाडवल्लो, आनी तेन्ना रातीचे दोन प्रहर सरिल्ले आसूंक

फाव. कुमारगिरीली ध्यानसमाधीची वेळ - तो आपणाल्या चवायेर मांडी घालून बसलो; दोळे बंद केले परन्त ध्यानधारणेंत ताका मातय लक्ष लागनाशें जाले. तो ध्यानमग्नसो दिसतकीर चित्रलेखा खोंपीत आयली आनी आपणाल्या आसनादिकेन गेली. तिच्या पावलांचो आवाज आयकून योगीन दोळे पुराय उगडलें आनी ल्हव उलों दिलो, ''चित्रलेखा'' चित्रलेखा अचकीत दचकली. योगी ध्यानसमाधीत आसासो तिचो समज. ती बेगोबेग वळली आनी तिणें नमळायेन म्हळें, 'क्षमा मागता गुरुदेव, म्हजी चूक जाली. तुमी ध्यान धारणेंत पुरायतरेन गुल्ल जावचें पयलीच हांव खोंपीभितर आयलें. रोखडें खोंपी भायर वता. तुमका म्हजेपसून कसलोच त्रास जावपाचो ना.''

कुमारगिरी मुमुरखो हांसलो, ''ना. नाका. परथून वचपाची कांयच गरज ना. तू हांगाच म्हजेंसामकार बस. आज ध्यान समाधी लावपाची इत्सा जायना. जाल्यार तुजेकडेन कांय विशयांचेर चर्चा करीन म्हणटां.''

चित्रलेखा मटकन उबी राविल्लीकडेनूच बसली. तिच्या कानांत खोल गंभीर उतरांचे गाज आयकूंक आयले. ''चित्रलेखा, मनीस कर्ममार्ग आनी धर्ममार्ग दोनूय एकाच वेळार आपणावंक शकना हेच खरें दिसता. हाचेर हांवे खुबूच चिंतन केले''

''तुमी विचारतात ताचो कसलोच अर्थबोध जायना, गुरुदेव''

''तू दीक्षा घेवंक आयिल्ली. तेन्ना म्हाका सांगिल्ले, तू म्हजेर मोग करता म्हूण''

''हय, आनी तें हावें खरें तेंच सांगिल्ले.''

''आनी मोगाचो अर्थ कितें आसता?''

''मोगाचो अर्थ दोन आत्म्यांचो संबंद जोडप इतलोच.''

थोडो वेळ कुमारगिरी वोग्गी रावलो, ''म्हळ्यार तुजें मताप्रमाण मोग हे फकत दोन आत्म्यांतूच घडूंक पावता. दोन व्यक्तींत मोग जमूंक शकता. मनीस आनी ब्रह्मांत प्रेम जुळूंक पावना कितें काय म्हूण विचारता?'' कुमारगिरीन परथो प्रस्न केलो.

''पूण तुमच्या मतानुसार आत्मो हो ब्रह्माचो एक अंश आसता. देखून ब्रह्माकडेनूय मोग घडूंक शकता.'' चित्रलेखान जाप दिली.

''आयज हांवे एक नवीन येवजण केल्या, चित्रलेखा. निरिच्छ रावप मनशाक शक्य ना खरेंच, कारण कित्याचीच ओड नासप हें न्हयकाराचें लक्षण, विरागाचो आधार आसता शून्य, म्हळ्यार कांयच ना. अशा अवस्तेंत आपूण संन्यासी आसा अशें जो कोण म्हणत तर तो चुकीचे सांगता. कारण आपणे संवसारापसून फारकत घेतल्या अशें ताका म्हणपाचें आसता. परंत ताचो मोग मात दुसरेवटेन परगट्टा आनी ताच्या मदेवर्ती आसता ब्रह्म. जिणेची कार्यावळ आसता रचणुकेविशींची - नश्ट करपी न्हय. मनशाले बुनियादी कर्तव्य आसता चराचराचेर प्रेम करप. विरक्ततायेर न्हय. ब्रह्माचेर मोग करप हाचो अर्थ ब्रह्म सोडून हेर विशयांचेर दुर्लक्ष करप, वा तांचे

विशीं निरिच्छताय दाखोवप पूण वास्तवांत संन्यासी म्हणोवन घेवपी व्यक्ती विरागी नासून ईश्वराचेर प्रेम करपी मोगी आसता. तेन्ना हांतूतले म्हत्त्वाचे कितें? भौतिक संवसारापसून वैराग्य वा आधिभौतीक ब्रह्माचेर प्रीत; अथवा दोनी एकूच तत्त्वाचे आसा.''

योगीले अपरूपशें विचार आयकून चित्रलेखा भंयान गुळी जाली. ती योगील्या मनाची उचंबळाय जाणां जाल्ली - घडये ताच्यो उणायो लेगीत तिका खबर आशिल्ल्यो. तिणे नमळायेन सांगले, ''योगिराज, हाची जाप दिवंक म्हाका शक्य ना. गुरुदेवाकडसून गिन्यान मेळंवक तर हांव हांगासर आयला आनी तुमचे वरवी जिणेंची मोख कितें आसता तें शिकूंक तशेंच ब्रह्माविशीं जाणून घेवंक आयला.''

कुमारगिरीली मान सकयल बागवली. ताच्या साधनेन ताच्या गुन्यावकारी मनाक दामून दवरलें, ''बरोबर तेंच सांगलें चित्रलेखा. खरें गिन्यान हे अनुमाना भरवंश्यार आसना. ताची बुनियाद, अणभव आसता. हे तर्कट म्हज्यांत कशें उप्रासलें म्हाकाच खबर ना. पूण तसलेच चुकीचे अनुमान म्हज्यांत आताशें बळकटाय धरत आसा. एका प्रस्नाची जाप मुजरत सोदचीच पडटली आनी ती म्हळ्यार - संवसाराचेर आस्त बाळगिनासतना फकत ईश्वराचेर प्रेम करत रांवचे शक्य जाता? जो मेरेन हाका फावोशी जाप मेळची ना तो मेरेन म्हज्या मनाक शांती मेळपाची ना.''

चित्रलेखान स्वताक सांसपून पळेलें. आपणाभितर एक तरेचो विचित्रसो बदल घडतासो तिच्या ध्यानांत आयलें. कुमारगिरीचेर मोग करूंक म्हूण आदी थारावन ती आयली. पूण योगील्या हालीच्या वागणुकेन तिका जाणवूंक लागले. ते म्हळ्यार ती मोग करूंक पावची ना. इतलेंच न्हय ताची पूजा, भक्ती, करूंक इत्सा जावची ना. आतां तर ताचेकडसून कांयच शिकपासारके नासलें. नगरांतलें सदाच उचांबळिल्लें अशांतीचे जिणें उपभोगताना अदींमदीं भौसाची राबीत नाशिल्ल्या अशा वाठाराच्या शांतीत, सात्त्विकतेच्या भोंवतणेंत आनी भरवंशाच्या फाटभूंयेर आपणाले रावतिकेचे ती एक सपनाळें चित्र रंगयताली. सदा मेळपी मौजमजेंतलो सुखोपभोगांतलो आनंद आता तिका नाकासो जाल्लो - अती सुख तिका पिडा दिवन राविल्लें ताचोय तिका वाज आयिल्लो. कुमारगिरील्या आस्रमांत आनी भोंवतणेच्या शांततायेत तिका सुख मेळटालें आनी मनाची संतुश्टी बी.

कुमारगिरीन मात्सो वेळ चिंतनात घालयलो. उपरान्त ताणें म्हळें, ''चित्रलेखा, अजुनूय तुका हांव समजून घेवंक पावलो ना हाची खंत आसा. म्हाका दिसता आमची साथसंगत खूब काळामेरेनची आसतली आनी तशी आस्त बाळगितां.''

कुमारगिरीकडेन येवचें पयली चित्रलेखानूय अशीच समजूत करून घेतिल्ली. तिणें जाप दिली, ''तशेंच घडपाची शक्यताय चड दिसता; परंतु पुर्विल्ल्या जल्मांतल्या जिणेविशी

भावना सामक्यो अस्पश्ट जाल्यात देखून त्यो नदरेमुखार येनात.''

कुमारगिरी हांसलो, ''घडये म्हजी धारणा चुकीची आसूंक जाय. पूण चित्रलेखा तुजेंत एक अजापाचें अशें ओडलायणीचें बळगें आसा ते तुवें खंयच्यान मेळयलें?''

चित्रलेखालें मुखामळ तांबडे गुंज जालें. कितेक वर्सां उपरान्त पयले फावट तिका लजेची जाणीव जाली. तिची मान भिडेस्ततायेन बागवली, ''गुरुदेव, म्हजेकडेन इतरांक भुल्लसपी बळगें आसा काय ना तें हाव नकळ.''

कुमारगिरी उठून उबोरावलो आनी ताणे चोयवशीन नदर फिरयली. भंयान ताचे मन ताकाच खातालें, ''आयज ध्यान साधनेत अजिबात लक्ष लागना. निराकाराचो आदार घेवन मनाक निश्चळ दवरूंक जड कित्याक काय जाला तें कळना'', योगीलो आवाज भितल्ले भितर धारदार जालो, - ध्यानाचे सोडून मन सामके उचंबळत आसा. जाला तरी कितें ह्या हड्ड्यांत. आरे, ते काकूळटीन सांगत आसा साकार, साकाराचो आदार घे''. अशे आपणाकडेनूच उलयतां उलयतां तो चित्रलेखाल्या म्हऱ्यांत सामको येवन पावलोय. ताणे आपणाली दिश्टी चित्रलेखाल्या मुखामळार नेट लावन धरली आनी म्हळें, ''आजमेरेन हांवे निराकाराची उपासना केली खरी जाल्यार आज सगुण साकार रूपाची पूजा करची म्हणटां. ताचो प्रयोग म्हूण वास्तवांत करून पळोवपाची खर इत्सा जाल्या. तेविशी तुजी मदत लागतली. चल ऊठ आता.''

चित्रलेखाक भंयान कापरें भरलें. तिणें योगिल्या तोंडार एका आकांताच्या फुसलायणी धुंदीचे सावट पातळिल्ले पळेलें. ताचें शांत आनी ओजस्वी रुपडे आतां विकारांत बदलिल्लें. आपणावरवी योगील्या कुडींत उप्रासिल्लो उजो आतां भयांकृत भगभगपी जाळ जाल्लो पळोवन ती थर्त भियेली. ती उठून उबी रावली खरी परंत आपणालेय सगळे अवसान हळू हळू अवसरत आसा अशें तिच्या ध्यानांत आयलें.

कुमारगिरीन चित्रलेखालो हात धरलो. चित्रलेखा तकलेपसून पावलांमेरेन मुखार जावपी आगळिकेच्या भंयान थरथरली. तिका जाणवलें ते जशेंकांय जळजळीत लोखणां कड्यो तिच्या हातात घाल्यात. योगीली पुराय कूड हुनसाणीन जळटाली, ''साकार रूपाची पूजा करपाची आसा नर्तकी!! तुवेंच म्हज्यांत अशी भावना जागयली. त्या कारणान अशा घटिचारांत तुजी साथ मेळप हे गरजेचें - न्हय तूच ताची मोख आसा.''

चित्रलेखा आतां सावचीत जाली. कसली कसली येवजणी घेवन ती थंयसर आयिल्ली. जाल्यार उमथ्या कळशार उदक पडिल्लें. शांत, मंद वाऱ्यासांगातान उरिल्लें जिणे घालोवंक म्हूण आस्रमांत आयिल्ली. वासनेच्या उज्यांत लासून वचूंक न्हय. खर आवाजांत तिणे योगीक एक फावट सावध केलें, ''गुरुदेव''.

कुमारगिरीन चित्रलेखाक आपणाल्या गोपांत घेवन घट्ट विळखो घालो. तिच्या ओठार आपणाले ओंठ तेंकयत जबरीन उमो घेतलो. उपरान्त त्याच उमळशिकेंत ल्हव आवाजांत

ताणें म्हळें, ''नर्तकी हाव तुजयेर मोग करता.''

चित्रलेखा योगील्या हुनहुनीत उस्वासान हुलपून वताली. तिणे मातशी धिटाय करून जाताततिलें बळ एकवटावन आपणालें मुखामळ योगील्या ओठापसून कडसरायलें, ''गुरुदेव तुमी चुकीची वाट धरल्या. आपणाल्या साधनेपसून तुमी पयस वचत आसात.'' ते आयकून योगीले हात वेगेतल्यान आपशीच सैल पडले. तो सटकन फाटल्यान सरलो. ताच्या दोळ्यांतले अरवळपण खंयचे खंय नाच्च जाले, ''आरे देवा, हे हांवे कितें केलें?'', योगी अपराधी सुरांत पुटपुटलो, ''म्हाका क्षमा कर, नर्तकी, म्हाका क्षमा कर.'' आनी तो ताकतिकेन खोंपींभायर सरलो.

चित्रलेखान उबे आशिल्ले थंयसरूच बसकण मारली. आतांच्या घटिचारार तिचें मन थतरवितर जालें, योगिल्या आश्रमांत काय इत्सा बाळगून आयिल्ली आनी आतां थंयसरच्यान पयस वचपाचें येवजिताली. थोडो वगत गेल्लो उपरान्त ती जमिनीर आडवी जाली आनी हुंडकेवन रडूंक लागली. ती स्वताच आपणाल्या पावंड्यावेल्यान निसरिल्ली. आनी दुसऱ्याकूय देंवयिल्ले - अशे तरेन चिंतेस्त आनी अपेशी जाल्ली ती घुंवळ येवन थंयच पडून रावली.

खोंपीतल्यान भायर सरिल्लो तो योगी सामक्या उकत्या वाठारार येवन पावलो आनी थंयसर पासय मारीत रावलो. कांय वेळां पयली ताची कूड वासनेच्या हुनसाणींत जळटाली. जाल्यार आतां ताच्या तकलेंत गुन्यावाचो जाळ भगभगतालो. कुडीच्या हुलपतापांत एक तरेचे सूख मेळटा जाल्यार दुसऱ्या जळपांत केल्ल्या गुन्यावांच्या खंतीचे दुख्ख आस्पाविल्ले आसता. आपणाल्या संन्यासी वाठारांतल्यान आनी जप, तप, योग साधनेंतल्यान तो वायट तरेन वयल्या पावंड्यावेल्यान निसरिल्लो. ''आतां हाचेमुखार आपणाल्या उणविकायांचेर जैत मेळवप इतलेंच म्हत्वाचें काम आसतलें,'' ताणें मनांतल्या मनांत थारायलें.

सामकार पुराय काळोख आनी काळोखूच पातळिल्लो. पयस पाटलीपुत्र नगरीचे दिवे लिकलिकताले. योगीली पावलां सामकी काळोखावटेन पडिल्ली, ''ना, ना, म्हाका आतां स्वताक सांबाळप शक्य जावपाचें ना. सकयल, अजून सकयल निसरून वचप हेच नित्शीत - कशेंय करून हाचे मुखार हांवे म्हजें म्हाकाच सावरूंक जाय.'' तो आप उलोवणे करतालो. तेद्दा वेळार तो आश्रमापसून खुबूच पयस पाविल्लो. अचानक ताका मनकप्प्यांतलो आवाज आयकूंक आयलो, ''आरे तू खिणाभितर कसो काय भिजूड जालो?'' त्याच आवाजान दुसरो प्रश्न केलो, ''तू आतां खंयसर चल्लो?'' योगीन ताचें समाधान करूंक यत्न केलो, आपणाल्या उणविकायेर येस मेळवप हीच सगळ्यांत व्हड साधना आसा. आनी जोमेरेन आपुण आपणाचेरूच जैत मेळयना तो मेरेन तू अपूर्ण आसा. चित्रलेखा तुज्या सामकार आयिल्ली ती त्याच कारणान. आनी स्वतार संयम राखून दवरपाखातीर तुका आवाहन करताली. तू तपस्वी, त्या नर्तकीपसून भियेवन रावचे पडटा काय म्हूण विचारतां? तिणे तुका केन्नाच

फुर्ती दिली ना, तुजो संयम घालोंवक केन्नाच फुडाकार घेतलो ना. तू मात स्वताच वायट विचारांत भियेवन आसा. मनाची दुबळिकाय ती तुजीच आसा, ती पयली पयस कर. साधनेचो मार्ग तुजेलागी आसा मात खंयच्या वाटेन वचपाचे ते तूच थाराय.'' कुमारगिरी चिंतूपाचो थांबलो.

कुमारगिरी आपणाल्या आम्रमादिकेन परथें फिरलो, ''तू सांगता तशेंच घडटलें,'' ताणे स्वताकूच समजायलें. तो खोंपीत रिगलो तेन्ना चित्रलेखा न्हिदिल्ली ताका दिसली. ताणें लागी येवन पळेलें. तिच्या पोल्यांचेर व्हावंत्या दुकांच्यो रेगो सुकिल्ल्यो दिसताल्यो. कांय वेळ ताणे तिचे मुखामळ नियाळ्ळे आनी तो बागवलो. तेन्ना तिचें ओंठ मुमुरखे हांसतात असो ताका भास जालो. लगबगीन ताणे आपणाले ओंठं तिच्या ओठार परथून एक खेप उमो घेवंक म्हूण तेंकयले. जाल्यार त्या सांसपणीसरशी तो उमो घेवंक म्हूण जितलो उतावळो जाल्लो तितलोच धसक्यान फांटी सरलो. चित्रलेखालें ओंठ कितलें थिजिल्ले; कितलें निर्जीव जाल्ले.

खूब वेळ विचार करून तो निमाणे आपणाल्या चवायेर येवन बसलो. ध्यानसमाधी लावंक ताणे परथून यत्न केलो. पूण तशें घडलें ना. मनांत एकतरेची निर्शेणी आस्पाविल्ली. थंयसरच्यान उठून तो चौफाळार बेठोच आडवो जालो; आनी भविश्यांत आपणे आपणाचेरूच संयमाच्या आदारान विजय मेळोवपाचो असो मनांतल्या मनांत बेत करतासतनाच ताका आपशी न्हीद लागली.

❇❇❇

...१७...

फांतोडेक जाग आयली तशें चित्रलेखान न्हिदिल्लेकडच्यान खोंपीत नियाळ्ळें. सदाचो नेम सोडून कुमारगिरी अजून मेरेन न्हिदून आशिल्लो तिच्या दिश्टीक पडलो. उठून ताकतिकेन ती खोंपींभायर आयली तेन्ना आपलें माथें खुबूच कणकणता अशी तिका जाणीव जाली. अदीक तिची कुडी हुलपतापान भगभगताली. रातभर तिका नाकाशिल्ली अळशीक सपनां पडटाली. ताकालागून तिच्या हड्ड्यांत धडधडटाले.

आतां सूर्योदयाचो झिळमिळपी वेळ जालो. सवण्यांली किलबिल त्या सकाळच्या मंद वाऱ्यांत भरसून गेल्ली. तांतूत कवळ्या फुलांच्या परमळान ती सकाळ आनंदभरीत आसली. तिणे चोयवशीन पळेलें तेन्ना विशालदेव आंगणांतल्या वडारुका पोंदा ध्यानेस्त बशिल्लो दिसलो. राविल्लेकडेनूच ती कांय वेळ चिंतूपाक लागली. कुमारगिरी सांगातान आपणाले रावप कितलें बरेबर आसा वा ना हाचेर तिची पारखण चलिल्ली. जाल्यार आतां ती खंय म्हूण वचूंक पावतली? खंयचे तोंड घेवन ती बीजगुप्तासर परथें वतली. आनी बीजगुप्तान म्हजो

स्वीकार करनासतना सरळ धुडकावन उडयले तर? अशे तरेकवार प्रस्नांचेर प्रस्न भेश्टायतेर रावले. ती ल्हवू ल्हवू मुखार सरली आनी विशालदेवालागसार येवन थांबली. तेद्या वेळार विशालदेव आपणाल्या ध्यान समाधीतल्यान सादूर जाल्लो. आपणाल्या म्हऱ्यांत चित्रलेखाक पळोवन ताका नवल दिसलें, ताणे हात जोडून हांसत आदरासयत म्हळें, ''आर्ये, प्रणाम.''

चित्रलेखाल्या मनांत एक वेगळोच विचार अचकीत उप्रासिल्लो. ''प्रणाम विशालदेव'' आनी ती थंयच कांय वेळ तिश्टून रावली.

''आर्ये, म्हाका कितें सांगपाचे आसा काय म्हण्टा,'' विशालदेवान नमळायेन विचाल्लें.

''हय'', चित्रलेखान जाप दिली, ''हांव जे कितें सांगतले ते खूब म्हत्वाचे आनी गरजेचें आसा. जाल्यार ते सांगपाचे पयली तुजे कडसून म्हाका सोपूत जाय - जें कितें हांव सांगतलें ते हेर कोणाकूय सांगपाचे ना. तशें उतर दिल्या उपरांतूच म्हजें सांगणे कितें तें सांगीन.''

''जायत, हांव वचन दितां,'' विशालदेवान भरवंसो दिलो.

''तर आयक विशालदेव, हांगासर येवन हांवे बरीच व्हडली चूक केली हातूंत इल्लोय दुबाव ना. हांव जिणेंच्या वयल्या पावंड्यार चडूक आयिल्लें, जाल्यार ते रावलें कुशीक, आनी आतां सदांकाळ निसरणीचेर धांवत आसां.''

विशालदेव मुमुरखो हांसलो, ''आर्ये, ध्यानांत आयलें.''

विशालदेवाल्या हांसपा फाटल्यान एक विकृताय लिपिल्ल्याचो तिका भास जालो. तिका तिडक मारली आनी धेंगसो घालत तिणें म्हळें, ''तुका हांसूक येता, कारण म्हज्या सांगणेर तुजो विस्वास ना. बरें आतां खरें तेच सांगता. एके रातीक योगी कुमारगिरी सांगात तुवें म्हाका पळयिल्ले तेविशीं, स्पश्ट करता. जी इत्सा, आस्त बाळगून हांव जे हांगा आयले ताचो हेतू पुराय जावपाचो ना. आस्रमांत पाविल्ल्या वेळार तुका पयली पळेलें तेन्नाच लक्षांत आयिल्लें. आनी हांवे हांगासर येवन चूक केली, आयज मेरेन स्वताकूच सकयले पावंड्यार दवरत गेले. सांगातान योगीले शीळ बी इबाडीत आसा. ते आनीक म्हापाप. हाचे मुखार ह्याच वाटेर अजून सकयल पडपाची शक्यताय नाकारूंक येना. म्हजें मन कशें सुन्न जाला. सांग वायटातंल्यान सोडवणूक करूंक म्हाका मजत करशी काय म्हूण विचारता?''

''कसलीय मजत करूंक हांव तयार आसा.'' विशालदेवान पाळो दिलो.

''विशालदेव, तुका बीजगुप्तालो महाल खंय आसा ते खबर आसा?''

''हय''

''ताचे सांगातान श्वेतांक नावाचो ताचो तरणाटो सेवेकार आसता.''

''हय आसा, मुखार सांग.''

तेद्यावेळार कुमारगिरी खोंपितल्यान भायर सरतना दोगांकूय दिसलो. ताणी उलोवप थांबयले. कुमारगिरी मान सकयल घालून पातक्यावरी थंयसर आयलो आनी दोगांयच्या

मदीं येवन उबो रावलो. कांय वेळ सगळे वोग्गी आसले. उपरान्त कुमारगिरीनूच मौनभंग केलो, ''आयज मात्सो चड वेळ न्हिदून रावलो'', तो वयलेवयर हांसलो, ''आनी तेविशी म्हाकाच लज दिसता''. इतलें सांगून थंयसरच्यान तो मुखार सटकलो. गुरुदेवान आयज आपणाल्या तोंडावळ्यार एक विचित्र मुखवटो चडयिल्लोसो विशालदेवाक भास जालो. अजापान ताणे चित्रलेखाकडेन पळेंले.

''आर्ये, आज गुरुदेव थोडे उचांबळीत मनाचे दिसतात.''

''हय, गुरुदेव मात्शें अस्वस्थ दिसतात खरें. घडये हांव तुज्या म्हऱ्यांत उबे रावला हेंय कारण आसूंक फाव. विशालदेव, आतां तुजी मजत सामकी गरजेची जाल्या. म्हजेखातीर न्हय, पूण गुरुदेवापासत समज.''

''हांव मजत करतां म्हूण उतर दिलें न्हय? आजूच बीजगुप्ताल्या घरां वचून येता.''

कुमारगिरी आस्रमापसून खूब दूर गेल्ले दिसले. मात्र दीसभर ते आस्रमाकडेन परतले नात. विशालदेव सांजवेळार पाटलीपुत्र नगरीत भोवंडी मारून आयलो. चित्रलेखाली भेट घेवन ताणे म्हळे, ''आर्ये, बीजगुप्त तीर्थयात्रेक म्हूण काशीक गेल्यात.''

ते आयकून चित्रलेखा पुराय गळसणली - तिची उमेद साप्प मेली. कासावीस जावन तिणें विशालदेवाक निमगिलें, ''आरे, आतां दुसरो उपाय कितें?''

''आर्ये, म्हाका कसलोच उमज पडनासो जाला !''

''तुका कांयच समजनाशें जाला आनी म्हाकाय काय कळनाशें जाला.'' वित्रागान चित्रलेखा आपशीच बडबडली. काय वेळ वोग्गी रावली. उपरान्त ती सांगत रावली, ''अद्रुश्टाची विटंबणा चालू आसा. आरे, ही विटवणी नशिबाची आसा काय आपणे केल्ल्या पापांचे भोग...'' ''तिच्या काळजांत एक खंतीची कड उप्रासून आयली. ''.... एक मात आदार आशिल्लो आनी तोवय म्हाका सोडून गेला. बीजगुप्तालो हांवें त्याग केलो... खरोच त्याग केल्लो? कित्याक म्हूण ... ना, ना. तशें कांयच ना. हांव हांगा निखटें गिन्यान मेळोवंक आयिल्लें, - आरे हाकाच गिन्यान म्हणटात? भगवंताकडसून जर गिन्यान मेळटा, तर हे सगळे कित्याक आडावन घेवप? विशालदेव, तू कांयच मदत करूंक शकना, गुरुदेव कांयच करूंक पावनात, म्हज्यानूय कांयच घडपाचे ना आनी आतां भगवंत लेगीत हाताघडी घालून पळेत आसा... जें घडूंक जाय ते घडतूच आसा, आनी फुडारा घडतूच रावतले.'' चित्रलेखाले दोळे भ्रमिश्टावरी गरगरूंक लागले. तिच्या शांत मुखामळार विकृताय पातळली, तिची कूड थरथरूंक लागली.

चित्रलेखाले आकांताचे रूप पळोवन विशालदेव मात्सो भियेलो. ताणे ल्हव आवाजांत विचाल्लें, ''तुजी पयलेची जीण परथून आपणावंक जमची ना?''

चित्रलेखा व्हडान हांसली, ''फाटले जिणें परथे जियेवपाक सांगता, आरे विशालदेव,

कितली पिशेपणाची गजाल सांगता तू म्हाका. हाव हांगा आयलें तें म्हजें जियेवप सुदारूंक. परथें फाटल्यान वचूंक न्हय. फाटीं सरप हे भिजूडपणाचें जातलें - प्रकृतीच्या नेमाच्या उरफाटें जातलें. सवसारांत कोण फाटल्यान सरतलो आनी कोणाक तें जाय आसता? एक एक खीण जगून मनीस मुखार, अजून मुखार सुदारणेच्या मार्गार वाट चलत आसता आनी निमाणें मरणाच्या दारांत येवन थांबता. समज तो फाटल्यान फिरूंक शकता तर तो अमर जायनाशिल्लो? सारखें मुखार वचप हो नियतीचो नेम आसता. पापांत आसूं दी वा पुण्यायेंत आसू दी - जियेवप मुखार सरकत आसता.''इतले सांगून तिणें थंयसरच्यान पाय काडलो. विशालदेव आपणाल्या मुखाल्ल्यान पयस पयस वचपी आकृतीकडेन आ वासून पळेतूच रावलो.

चित्रलेखा मुखार सरली. वालींच्या माटवात अदेंमदें बशिल्ल्या कुमारगिरीक तिणे पळेंले. आनी ती ताच्या लागसार गेली. आपणादिकान येवपी चित्रलेखाक पळोवन कुमारगिरी उठून उबो रावलो. तिणे विचाल्लें, ''आज पुराय दीस योगी आपणाल्या आस्रमांत परथून आयलेनात. कारण कितें आसत गुरुदेव?''

''ना गेलो ना, नर्तकी तुवें बरोबर वळखलें, थय वचप आकांताचें, भंयाचे!''

''हय, खरें आसूये, परंत ताचेर कसलो उपाय आसा काय ना?''

''उपाय? फकत एक इलाज आसा आनी तो तू जाणा नर्तकी. हांव तूर्ताक साकाराची उपासना करूंक लागला आनी तुज्याशिवाय - तुज्या मजतीबगर - ते हांव दोळ्यांदेखत प्रचीत घेवंक पावचो ना''

''साकाराची उपासना एक भ्रमं आसा.'' चित्रलेखान मदींच तुच्छतायेन म्हळें.

''साकाराची पूजा योग्य आसा काय ना हाचो निर्णय करप तुजे काम न्हय नर्तकी. तू म्हजी विद्यार्थिनी. ताका लागून हावें सांगिल्लें तेच ध्यानांत घेवप हे तुजें पयलें कर्तव्य'', अशें म्हणत योगी ताठ उबो रावलो.

ह्या खेपेंक मात चित्रलेखा ना अनमनलें, ना भियेलें. नित्शितायेन तिणें सागंले, ''योगी, स्वताक विसरूनाकात आनी सामकार जी अस्तुरी उबी आसा ती इतली कांय दुबळी ना - तिचेर सत्ता गाजोवंक तुमी पावचें नात. म्हाका दीक्षा दिल्या म्हूण तुमचो समज आसत जाल्यार ते अरवळपणाचें समजुचें. खरें म्हळ्यार हाली तुमी स्वताकूच फटयत आसात. तुमी कोणाक आज्ञा करत आसात खबर आसा? जिचेर अधिकार सांगूक पळयतात, तिचोच तुमी तूर्ताक गुलाम जावन आसात. योगी, इतलेंय तुमच्या ध्यानांत कशें येना?''

कुमारगिरी निर्शेल्लोसो जावन थंयचे थंयच पटकन बसलो. बसतांबसतां ताणें काकुळटीन ल्हव सुरांत म्हळें, ''नर्तकी, हांव तुजेर खरेंच मोग करता.''

चित्रलेखा व्हडान हांसली, ''म्हाका ते केन्नाच्यान खबर आसा. जाल्यार हांव तुमचेर प्रेम करना ताचें कितें? तुमचेर अधिकार जमोवपाची इत्सा एक खेप जाल्ली खरी, आनी तेदिकान हांवे जायते यत्न केल्ले. तांतूत येसय मेळन गेल्ले. जाल्यार ताचे कसले घेवन बसचें?

दादल्यार अधिकार मेळोवपाची अस्तुरीली इत्सा ही काय दादल्यावयल्या मोगाची कुरू ना. निसर्गान तिका दादल्यार अधिकार गाजोवंक घडयलें ना. सृश्टींत बायलेली निर्मणी जाल्या ती तिका दादल्यान आपणाल्या जापसालदारकीन सांबाळपाक आनी बायलेन पुराय तरेन दादल्याक ओंपून दिवपाक. आपणापरस दुबळ्या दादल्यार खंयचीय बायल केन्नाच मोग करिना. दादल्यार एकादली बायल दबाजो दवरता तो मोगालायक आसना हे खरें आसा. अस्तुरीलें जिणें हे आत्मसमर्पणाचें, निरपेक्ष बुद्धिन आपलें तनमन दिवप, स्वतालें अस्तित्व आपल्या मोगाच्या जिणेंत भरसून घालप. ताचेसावन बायल त्याच दादल्यार मोग करूंक पावता जो तिचेर जैत मेळयता. आपली मालकी दाखयता. दादल्यालो मोग अधिकार लायकीचो जाता तर बायलेलो मोग स्वताक दादल्याल्या हातांत ओंपून दिवपाचो आसता. योगी, हांगा तर उरफाटो प्रकार दिसता. कितलें नवलायेचें घडत आसा, हांव हांगा मालकीण जाला आनी तुमी म्हजें दास. हांवे तुमचेर जैत मेळयला आनी तुमी म्हाका ओंपून दिला. खंयच्या बळग्यार तुमी म्हजें मोग मागतात तें मात्शें कळत म्हाका?''

योगी वोग्गी रावन तिचें म्हणणें आयकतालो. कितलेय कडवट आसले तरी तिच्या सांगण्यात सत्य आशिल्लें. ताका स्वताली उणविकाय भासूंक लागली. ताकालागून भविश्यांत अपेशान बादा जाल्ल्या आकांताचे घटिचार दिसूंक लागले. मात्सो वेळ चिंतून तो धिटायेन उठून उबो रावलो. ताच्या तोंडावयली धवसाणेची सया शेणली आनी दोळ्यांत एक तरेचो पर्जळ उप्रासलो, ''खरें आसा तुवें जे सांगलें ते, नर्तकी. हांवे तुजेर आत्मसमर्पण केले ताकालागून हांव दुबळो हाची खात्री जाली. तुजेंवरवी ईश्वरान म्हज्यांतलो अंधकार निवळायलो आनी ताणे म्हाका नेणटेपणाची जाणीव करून दिली. हाचे मुखार म्हज्या जिणेचो वावर कसो आसूंक जाय हाचो नित्शय केला. हांव तुजेर खात्रीन जैत मेळयतलो. मोगाखातीर न्हय, जाल्यार निखटें अस्तुरीवयल्या भावनांचेर तांबो मेळोंवक म्हज्या स्वताल्या नश्टेपणांतल्यान वयर उठून येवंक. भरवंसो दवर, नर्तकी, भविंश्यांत कुमारगिरी आयचो इतलो दुबळो तुज्या नदरेक पडपाचो ना.''

चित्रलेखान गंभीरतायेन ताच्या सांगण्याक पाळो दिलो, ''तशे खात्रीचें आसल्यार गुरुदेवाली मजत करूंक हांव हातभार लायन, तशी तुमी आस्त बाळगूंक कांयच हरकत ना.''

''कशेतरेन म्हणटा, नर्तकी.''

''हाव गुरुदेवालो आश्रम कायमचो सोडून वता. गुरुदेवाल्या जिणेवटेर हांव एक आडखीळ जावन रावलां तें हांव जाणा आनी तेंय एक तरेचे पाप समजता.''

''अशें घडपाचें ना नर्तकी, तू हो आश्रम सोडून वचपाची गरज ना. तूच वचूं गेली उपरान्त हांवे कसल्यार जैत मेळोवपाचें? तुका म्हज्या सहवासांतूच रावचे पडटलें, समजलें?''

''योगी तुमकां म्हजेर जैत मेळोवपाचे नासून स्वता आपणाचेरच येस मेळोवपाचे आसा.

जो मेरेन हांव हांगासर रावतलें तो मेरेन तुमका स्वतार संयमाचों ताबो मेळवप भोव कठीण जातलें, इतलें हांव बरें तरेन जाणा. हावें हांगाच्यान पयस वचप हेच तुमका बऱ्याक पडटलें.''

कुमारगिरील्या मुखामळार रागाची तांबडी सया पातळ्ळी, ''तें काय ना नर्तकी, तुका हांगाच कायम रावचें पडटलें. तू म्हाका सामको दुबळो समजता. तुज्या गैरहाजिरींत म्हज्यांत विरोधाची भावना रावंची ना आनी ताकालागून म्हजें भितर संयमाचेर पकड हांव कशी हाडूंक पावतलो? म्हाका वयल्या पावंड्यार चडूंक एक साधन जाय, ईश्वरान म्हजेखातीरूच तुका हांगा आपसूक धाडून दिला. हांव अपेशी जालो खरो ते कांय खिणापुरतो, परंत पराजय केन्नाच मानतल्यापयकी हांव न्हय. जो मेरेन हांव म्हजेर जैत मेळोवंक पावचो ना तो मेरेन तू हो आश्रम सोडूंक आज्ञा मेळची ना इतली घट्ट याद दवर.''

''वचूंक दिवचें नात म्हणटात, जाल्यार म्हाका थांबवपाक तुमका कशें शक्य जातलें?''

''हांव तुका थांबवपाक पावचो ना आनी अख्ख्या संवसारांत कोणीच तुका आडावंक शकचे नात. दुबळ्यानी बळकटी आशिल्ल्यांक थांबोवपाचे तशें संभव ना. अशें आसुनूय एक काकूळटीन विनवणी करूंक शकता; प्रार्थना करूंक शकता, न्हय, नमळायेचो आग्रह धरूंक शकता. तुकालागूनच तर हांव इतलो पातकी जालो, इतलें जरी मानलें तरी ते खूब समजता.''

''हांवे तुमका पाप करूंक केन्नाच सांगलें नासलें. तुमच्या पापाच्या वागणुकेक तुमी स्वताच जापसालदार आसात. तांतूत म्हजोय इल्लो हातभार लागला तेंय खरें''

''बरें आसा; हांवेच म्हाका पापाच्या वावरांत धुकलून घेतलें. तरीय लेगीत हांवच स्वताक वयर हुपून येवंक शकतलो. तू जशें पापांत वाटेकरी जाल्ले तेच प्रमाण पापांतल्यान हुपून वयर सरपाक मजतीचो हात दिवप तुजे कर्तव्य ना काय म्हूण विचारतां''

चित्रलेखाली मान बागवली. तिची नदर योगीक कडसरावन आतां धर्तरेर थीर जाली.

''हय, तुमी सांगतात तांतूत सगळीच न्हय, पूण थोडी सत्यताय आसाशी दिसता.''

''म्हज्या विनवणीक पाळो दितले अशी आस्त बाळगूं? आनी कांय दीस म्हज्या सांगातान म्हज्या साधनेंत मजत करूंक रावतलें अशे समजूं?''

चित्रलेखा वोग्गी रावली. उपरान्त तिणें ल्हवूच विचाल्लें, ''योगी कितली मुजत?''

''कितली मुजत? म्हाका स्वतार जैत मेळोवंक येस मेळळे म्हणटकीर फुडारा म्हज्या साथीन रावंक कसली अडचण येतली सांग. जेन्ना हांवें संयमाचेर ताबो मेळयलो तेन्ना हांव जियेवपीच्या योग्य वाटेन चलत आसा असो अनुमान करूंक हरकत ना. आनी त्या वेळार तू योग्य अशाच जिणेची वाट चलत आसतली.''

''ना. तें जमचें ना, हांव तुमच्या मार्गान वचूंक पावचें ना. पूण तूर्ताक हांव कांय अदीक दीस थांबता. जेन्ना भायर सरची इत्सा जातली तेन्ना हांव सांगीन. त्या वेळार तुमी म्हाका आडोवंक पावचे नात.''

❊❊❊

...१८...

चित्रलेखा बीजगुप्ताल्या जिणेंतल्यान ताच्या इत्सेबगर भायर सरिल्ली आनी त्याच वेळार ताच्या जिणेंत ताका आवडनासताना यशोधरान रिगाव केल्लो. बीजगुप्त मनांतल्या मनांत हांसलो. ताचे जियेवप एक कठीण कुवाडें जाल्लें.

काशीच्या लोकांघोळक्यांत बीजगुप्त आपणालो काळजाचो तळमळो बुडोवंक सोदतालो. पूण तें घडलेच ना. ताचे सामके विरुद्ध बीजगुप्ताल्या मनांतल्या विवळपान मात वेगळें रूप घेतले. छायाचित्रावरी ताच्या नदरेमुखार चित्रलेखा बदलाक यशोधरालें रुपणें ठाण मांडून बशिल्ले. दुख्खाची हालचाल हालीसरांत सुखांत फुलून आयिल्ली. बीजगुप्त आनी ताच्या वांगडा आयिल्लो पंगड हांका काशींत येवन आयज एक सप्तक जाल्लें. ते दिसा तिनसांज जाल्ली. सगळे एकठांय बसून काशीनगरीच्या सोबीत देखाव्याचेर भासाभास करताले. मृत्युंजयान म्हळें "काशीतूच कायम राबीतो करपाची इत्सा जाता. पूण कितें करूं? पराधीन तर आसा. अजुनूय घर गिरेस्तीच्या जंवजाळांतून सुटका कांय जायना." इतलें सांगून ताणे बीजगुप्ताकडेन एक अर्थपूर्ण नदरेन पळेलें.

बीजगुप्तान लेगीत मृत्युंजयाल्या उलोवण्याचो आपणाक कांयच बोध जालोनाशें दाखयत म्हळें, "आर्य, रत आनी विरत, प्रेमी आनी वैरागी तशेंच गिरेस्तकाय आनी संन्यासी हांतूतलो फरक जास्त ना. आनी जो कांय इल्लो दिसता तो नाशिल्ल्यावरीच", इतलें सांगून मदींच तो खो खो हांसूक लागलो, "म्हज्या सांगण्यार घडये आर्यांक अजापाचें तशेंच अविस्वासाचेय दिसत पूण जें कितें हांवे सांगले ते खरें आसा."

श्वेतांकाक एक बरी संद मेळली. मृत्युंजयाली बाजू घेवन मखलाशी करत ताणें म्हळें, "धनी खरें कितें आसता तें तरी आमका कळत? भोंवतणेच्या परिस्थितींत हिताचे जें कांय आसता ताकाच दुसऱ्या नावान 'सत्य' म्हूण वळखतात. आनी वास्तवांत परिस्थिती सदाच एक सारखी आसना."

मृत्युंजयाली मुद्रा मुमुरख्या हांसपान पर्जळली, "श्वेतांक, तुवें जें सांगलें तें सत्याक धरून आसा. जाल्यार त्या प्रस्नाचेर - जे आमच्या सामकार धडधडीत उबे आसात - तांचेर कांयच चड उजवाड पडतलोशें दिसना. आर्य बीजगुप्त, आपणाले सांगणें मात्शें विसकणी करून सांगल्यार उपकारताशिल्लें."

श्वेतांकाल्या मदींच अडचणीच्या उलोवण्यान बीजगुप्ताल्या मनाक लागले. ताणे वित्राग हाडपी भासाभास मुखार व्हेली, "म्हजें सांगणे सामके स्पश्ट आसा. खरें म्हळयार प्रपंचात रावन मनीस विरागी जांवक शकना. विराग हो एक तरेचो मरणावरीच समजा. जाका सामान्यतायेत विराग म्हणटात तो फकत प्रेमाचो बदलपी केणाचो एक प्रकार. मोग ही मनांतली

इत्सा आनी विराग ही तृप्ती - मनाचें समाधान.'' अवचीत बीजगुप्ताली नदर यशोधराचेर पडली. दोगांयली अचूक दिश्टीभेट घडली.

कांय वेळ मेरेन थंय मौनाचें राज्य पातळलें. तेन्ना थंयसर निर्जीवतेची शून्यताय आस्पाविल्ली अदीक तांतूत दुख्खाची सया भरसल्ली. श्वेतांक सोडून हेर कोणाकूय चर्चेंत रूच नाशिल्ली. श्वेतांक नाकाशिल्लें उलोवन गेल्लो आनी ताणे बीजगुप्ताले विचार विपरीत केल्ल्यान सामकी चूक केल्ली. श्वेतांकाक मनांत वायट दिसताले.

यशोधरान श्वेतांकासर पळेलें. ताच्या मुखमळार फिकट सया परगटिल्ली. ताणे श्वेतांकाल्या मनांतलें भाव वळखले आनी किण्णताय मोडपाक म्हूण हरशेंच विचाल्लें, ''आर्य, काशींत अजून कितलें दीस रावपाचे थारायला?''

''कांय सांगूक शकना. पाटलीपुत्रनगरींत परथून वचूंया अशें मनांत केन्ना केन्ना विचार येतात. परंत ताचे सामके विरुद्ध काशींतूच चड दीस रावतीक करूंया अशेंय दुसरे विचार रोखडेच मनांत उप्रासतात.''

ह्या वेळा मृत्युंजयाकडेन पळयत ताणे म्हळें, ''आर्य, तुमी कितले दीस हांगा रावपाचे थारायला?''

मृत्युंजयान यशोधराकडेन पळोवन सांगले, ''म्हज्या इत्सेची दखल कोण घेता. यशोधराल्या इत्सेप्रमाण हांगा आयलो; आनी तिच्या मनांत आयले म्हण्टकीर परथून वचप इतलेंच.''

बीजगुप्तान यशोधराकडेन पळेलें तर ते मुमुरखें हांसताले. त्यावेळेच्या हांसपात एक तरेची जादूची रसणाय दिसताली. आयज पयलें फावट ताणे यशोधराले सोबितकायेचे खरे रूप पळेलें, आनी खूब वेळमेरेन तो ते नियाळत रावलो. तेद्या वेळार यशोधराय ताचेकडेन एकटक पळेतालें. तेन्ना मृत्युंजयान आपणाली नदर भायलेदिकेन कडसरायली.

ही घडणूक श्वेतांकाक रुचली ना. तो मदींच उलयलो, ''धनी, आज नगरांत भोवंडी मारची आसा काय ना?'' बीजगुप्त सटकन भानार आयलो. ताणे आपणाली नदर यशोधरापसून कुशीक व्हेली. तशेंच यशोधरान लेगीत आपणाली दिश्टी पयस केली. बीजगुप्तान मृत्युंजयाक म्हळें, 'आर्य, नगरांत भोवंडी मारपाचो विचार आसल्यार तशे सांगात.''

''क्षमा कर बीजगुप्त, आयज इत्सा ना.''

श्वेतांकान विचाल्लें, ''यशोधरा, तू म्हज्या साथीन येवशी काय म्हूण विचारतां?''

व्हडान हांसत हांसत यशोधरान म्हळें, ''हांगा बसून तरी हांव किते करतलें?''

बीजगुप्तान मृत्युंजयाल्या न्हयकारांत आपणालोय न्हयकार मेळयलो, ''भोवंडीचे आयज म्हाकाय जमतलेशें दिसना.''

''आर्य, श्वेतांकाबरोबर म्हाका नगरांत वचूक मान्यता मेळटली?'' यशोधरान बीजगुप्ता दिकेन पळेत विचाल्लें.

‘‘मुजरत वच.’’ बीजगुप्ताक आपणाल्या मनाविरुद्ध सांगचे पडले.

यशोधरा श्वेतांका सांगातान नगरादिकेन भायर सरली.

बीजगुप्तान मृत्युंजयाक उद्देशून म्हळें ‘‘आर्य, तुमी काशींत यज्ञ करपाचे थारायिल्ले. ताचो विचार बदललो काय म्हूण विचारता.’’

मृत्युंजय हांसलो, ‘‘कांय दिसाखातीर मुखार धुकल्ला इतलेंच. बीजगुप्त, म्हाका एक कळनाशें जालां, हे यज्ञांतले बळी दिवपी धार्मिक उपचार काडून उडोवपाक जायना?’’

‘‘कित्याखातीर?’’ बीजगुप्तान विचाल्लें, ‘‘आर्य, तुमी बौद्ध भिक्कूल्या शिकवणीत सांपडल्यात अशें दिसता.’’

‘‘हातूंत अजापाचे कितें आसा बीजगुप्त’’, मृत्युंजय सांगत गेलो, ‘‘इतलें रगत सांडून स्वताचो लाब करून घेवपी रूढीनच तर धर्माची हीणताय जाल्ली जाणवता. तथागतान जो किते उपदेश केलो तांतूत तथ्य जरूर आसा’’

‘‘तें खरे आसा. तातूंत दुबाव ना,’’ बीजगुप्तान साथ दिली.

कांय वेळ दोगेंय वोग्गी रावले. उपरान्त बीजगुप्त आळसाय दीत उठून उबो रावलो, ‘‘आर्य, म्हकाय वीट आयला. आमी पूण नगरांत एक भोवंडी मारून आयल्यार कशें? तुमची काय अडचण?’’ ‘‘फकत पायपीट करूंक लायनाका म्हळ्यार जालें. दुसरी आडकाटी कांयच ना. तुजी इत्सा आसल्यार हांव बी तयार आसा. चल तर.’’ मृत्युंजयान हयकार दिलो.

नगरभौसालो त्रास चुकोवंक ताणी आपणालो रथ गंगान्हंय वटेन वळयलो, त्या विशाळ न्हंयेच्या अल्तड - पल्तडी देगेन बांदिल्ल्या घाटांचेर खूब व्हडीं लागिल्ल्यो दिसतालीं. एके व्हडेचेर श्वेतांक आनी यशोधरान पांय दवरलो मात तेद्यावेळार बीजगुप्तालो रथ धडधडत कांय अंतरार येवन उबो रावलो.

‘‘श्वेतांक’’, बीजगुप्तान व्हडान दिल्लो उलो श्वेतांकाल्या कानार पडलो. जाल्यार श्वेतांक गंगाल्हारार नाचपी तारवां नियाळपांत गुल्ल जालासो दिसतालो - ताणें उलो आयकलो ना अशें दाखयले. यशोधरान श्वेतांकाक सादूर केलें, ‘‘हांगा पळय, म्हजो बापूय आनी ताच्या सांगातान बीजगुप्तय हांगासर येवन पावला.’’

श्वेतांकान आपणाली तकली आतां दुसरेवटेन घुंवडायली, तो मेरेन बीजगुप्त आनी मृत्युंजय दोगेंय रथांतल्यान देंवले. बीजगुप्तान थंयसर येवप श्वेतांकाक अजिबात आवडले ना. ताच्या तोंडावळ्यार तरेक तरेच्यो बदलिल्ल्यो विकृताय स्पश्ट दिसून आयल्यो. मोगापिडेंत घुस्पल्ल्यान तो करवदलो, ‘‘सर्वनाश जावं दी.’’ आनी अचूक तीच उतरां यशोधरान आयकली. ‘‘आर्य श्वेतांक, जिणेंत मनाचेर संयम दवरप गरजेचें आसता’’ तिणे नमळायेन सांगले.

ताचे सांगणे आयकून श्वेतांक मात्सो सांवरलो, ''आर्ये, प्रेम आनी संयम हे सामके एकमेकां विरुद्ध आसात.'' तो मेरेन मृत्युंजय आनी बीजगुप्त तांच्या म्हऱ्यांत येवन रावलेय.

श्वेतांकालो तोंडावळो राग आनी एक तरेच्या निर्शेणीन आस्पाविल्लो. ताचो बीजगुप्तान बरोबर अनुमान बांदलो, ''श्वेतांक, तुमी भायर सरले उपरान्त आमकाय बेठेच बसून वगत घालोवपाचो कंठाळो आयलो. देखून गंगान्हयदेगेर भोवंडी मारूक म्हणून हे वटेन येवन पावले.'' श्वेतांकान हांसलेशें केलें पूण कुच्छितायेन ताणे जाप दिली, ''हांवें तुमका हे विशी आदीच विचारिल्लें.''

सगळेजण आतां व्हड्यांत बसले. व्हडेकारान गंगेच्या सकयल धांवपी लोटांत तें व्हडें भोवंडी मारूंक लोटून दिलें. गंगेच्या धारेंत जायते व्हडेकार आपापसांत व्हडी व्हलवपी सर्त लायतना दिसताले. पयस खंयतरी गाण्याची लकेर तशेंच आनीक कडेन वाद्यांचो गाज आयकूंक येतालो. हेवटेन तेवटेन जमिल्ल्या लोकसमुदायाले व्हडान उलोवप, हांसप-खिदळप, अदींमदीं कानार पडटालें.

''आर्य श्वेतांक, तुका काशी आवडटा काय पाटलीपुत्र'' यशोधरान विचाल्लें. ''म्हाका पाटलीपुत्र नगरी खुबूच आवडटा. कारण थंयसरचे वैभव, दबाजो काशींत ना. मात ही नगरी विद्येचे कुळार आसा.'' श्वेतांकाली जाप.

''आनी बीजगुप्त तुमका?''

''तूर्ताक तरी म्हजें मन काशींत चड रमला.''

''तूर्ताक कित्याक म्हूण?''

''यशोधरा, खंयचीय सुवात म्होवी लागूंक ते ते परिस्थितीचेर निंबून आसता. आमचेसारखे एकूच रावतीक पसंद करीनात. आमका तीच भोंवतण आवडटा जी संवकळीची आसा. दरेक मनीस आपणाल्या जल्मथळार भोव मोग करता ताका कारण थंय तो ल्हानाचो व्हड जाल्लो आसता. ताच्या नात्याचे, वळखीचे लोक एकमेकांक मेळत आसतात. आमचें जिणें हालचाल नाशिल्ल्या थंड, जड वस्तुतूंन उपजल्ले नासून तांतूत चैतन्य, उर्बा, मोग, उमळशीक सदांकाळ आस्पाविल्ली आसता. तरेक तरेच्यो व्यक्ती तांची वळख, साथ, इश्टागत जशी आमका जियेवपींत मेळटात तांच्या आदारान ते फुलता. अशा अवस्तेंत पाटलीपुत्र नगर म्हज्या मनाक भुलयता ते सबावीक आसा. जाल्यार ही गजाल थंयच सोंपना. एकच भोंवतण सगळ्यांच्या पथ्यार पडटा अशेंय ना. आमची मनस्थिती केन्ना केन्ना वेगळेपण मागता. ताचे सावन दुसरे भोंवतणेंत कांय काळ वचून रावप गरजेचें जाता. ही नवी भोंवतण आमका ओड लायता, भलायकी दिता, जोमेरेन आमचे मन त्या बदलाक धरून धादोसकाय पावता. म्हजी प्रकृती अजून काशींत रमून आसा ताकालागून अजून अदीक काळ हांगाच रावपाचें थारायला.''

यशोधराक हांसो आवरपाक जालें ना, ''आर्य, तुमच्यांत एक मोलादीक गुण आसा. तुमचे तर्क, तुमचे विचार सहजतायेन कळप मात्शें कठीण जाता.'' आनी श्वेतांकाकडेन पळेंत ताणें म्हळें, ''आर्य श्वेतांक, गिन्यानी मत तर्काक धरूनूच आसता अशें ना बरें. तेन्ना तू आर्य बीजगुप्तापसून मात्सो सादूर राव इतलेंच सांगता.'' श्वेतांकानूय हांसत म्हळें, ''हांव सामंत बीजगुप्तालो गुरुबंधु. ते देखून आमचो गुरू म्हाप्रभु रत्नांबरापसून बी हुशारीन रावचे पडटले अशें दिसता.'' आता मात यशोधरा उलोवंक गणमणले. तरीय ताणें जाप दिली, ''ते हांव कशें सांगू?'' बीजगुप्तान मदींच म्हळें, ''कित्याक ना यशोधरा, तेय तू सांगूक शकता. जी गजाल तू खरी समजता ते सांगूक अनमनता कित्याक?''

''तशें न्हय आर्य, भिडेचें काय दिसना, आपणाविशी हांव सगळें कांय उकतेपणान सांगूक शकता कारण आमचे संबंध आपुलकायेचे आसात. तशेंच आमचेंमदलें आपपर भाव अदीक दिसून येतात. परंतु म्हाप्रभु रत्नांबर - ते भोव आदर आनी पुजेलायक आसात.''

बीजगुप्तान यशोधराकडेन पळयले. तांची दिश्टादिश्ट जाली. कांय वेळ ती दोगांय एकमेकांकडेन थीर नदरेन पळेयत रावली. यशोधराल्या नदरेंत ना लज दिसताली ना भीडमुर्वत. तरीय तांतूत सात्त्विकताय, निर्मळताय अदीक नित्शयीभाव परगटिल्ले दिसताले. बीजगुप्ताल्यो शिरो मारपाक लागल्यो तशे ताच्या काळजांत धडधडूंक लागले. एक जोगूल झोत ताच्या कुडींतल्यान आरपार झळकून गेलो. बीजगुप्तान आपणाली नदर ल्हवूच कडसरायली आनी श्वेतांकाचेर थारायली. दोगांनी एकमेकांकडेन पळयलें. आनी श्वेतांकान दोळ्यांनीच बीजगुप्ताक सुलूस दिली. ते सांगताले बीजगुप्ताली भावना ताणे समजून घेतल्यात म्हूण. जाल्यार बीजगुप्ताक तिडक मारली. स्वताविशी आनी श्वेतांकाविशी बी.

''श्वेतांक!''

''धनी''

बीजगुप्त सांवरलो, ''कांय ना, आरे हांगा येवन कितले दीस जाले?'' बीजगुप्ताक जें काय सांगपाचे आसलें ते कांय सांगूक पावलो ना हे श्वेतांक समजलो. ताणे कांय गणीत मांडिल्लेवरी भासोवन सांगले. ''धनी, आठ दीस जाले.''

''आतां मात पाटलीपुत्र नगरीत परतप योग्य जातलें.'' हे वेळा ताणे ल्हवू - म्हळ्यार फकत श्वेतांकांकूच आयकूक येवपी आवाजांत म्हळें, ''चित्रलेखाक विसरप म्हका शक्य ना'' आनी उपरान्त मात्शें व्हडान म्हळें, ''पाटलीपुत्र नगरींत वचपाच्या तयारीक लाग कसो''

बीजगुप्ताल्या अशा तरेच्या अकस्मात जाल्ल्या विचारांच्या बदलान श्वेतांक धादोसकाय पावलो. मृत्युंजय आनी यशोधराक नवल दिसलें, ''आर्य बीजगुप्त खरेंच परथून वचपाचें नित्शीत केला काय म्हूण विचारतां.'' मृत्युंजयान विचाल्लें.

बीजगुप्ताली मान बागवली. नमळायेन ताणे सांगलें, ''आर्य क्षमा मागता. म्हज्या सभावांत एक उणाय आसा. मनकप्यांतलें विचार जेन्ना उचांबळून येतात तेन्ना हांव, हांव उरना. आनी एक पार उपरान्त हांव कितें करतलो म्हाकाच खबर आसना. ह्या वेळा म्हाका अवचीत म्हज्या राजकाजाची याद आयली आनी ह्या घटकेक हांगसर रावन वगत घालोवप जिवार आयला.''

यशोधरान धिटाय करून विचाल्लें, ''परथें केन्ना वचपाचो निर्णय घेतला? आमकाय तयारी करची पडटली. आर्य बीजगुप्त, वेळ अवेळीची उसतपी विचारांचेर भरवंसो दवरून वावर करचे वेळार सांगातान आयिल्ल्या लोकांविशी आपणें ध्यान दवरप मनशाले कर्तव्य समजता.''

बीजगुप्ताली मुद्रा शरमेन आस्पाल्ली, ''तुंवे बरोबर सांगलें, यशोधरा, म्हाका माफ कर. तुमच्या सोय, सवलतीरूच हांव निंबून आसा हान्चेर भरवंसो दवर. जेन्ना तुमका सोयिस्कर पडटा ते दिसां भायर सरूंया कितें?''

''तशें न्हय, आर्य बीजगुप्त. म्हाका कसलीच अडचण ना. जाल्यार हांवे तुमका एक सर्वसादारण गजाल सांगली. तुमचे आडमेळे नासल्यार फाल्या सांजेर आमी काशी नगर सोडूं या. कांय जिनसां खरेदी करपाचें उरल्यात देखून श्वेतांकाक सांगातीक घेवन बाजारांतल्यान फाल्या विकत घेन म्हणटा''

❃❃❃

...१९...

बीजगुप्त आपणाल्याच वागणुकेर नवल पावलो. अजाणटेपणान वा आपणाल्या इत्सेविरुद्ध तो यशोधराकडेन आपशीच आकर्शित जाल्लो. तरी बरें, कांय काळ उपरान्त भविश्यांत ताका आपणावन घेवचेंय ताका शक्य नासलें. हालींसर तर तो श्वेतांकार बारीक नदर दवरून आशिल्लो. कारण जेन्ना केन्ना ते तिगेंय सहवासांत येताले तेन्ना श्वेतांकाली तोंडावयली भावना वेगळेच कितें सांगून वताली. ताचेपसून तो सादूरताय बाळगून आशिल्लो.

खरेंतर तो काशींत आयिल्लो ते स्वताली पिडा विसरुंक. आपल्या नित्याच्या राजकाज धामातल्या धांवपळीच्या वावरातल्यान मेकळेपण मेळोवंक. पाटलीपुत्र नगरीत रावन, चित्रलेखालो लागशिलो जावन रावपांत तशेंच आपलें वैभव, संपत्ती, दबाजो हांच्या भोंवतणेंत रावन ताचें काळजांतले घायटें बरें जावपाचें नाशिल्लें. अशेंच जायत्या मनस्तापी येवजणीन वाज येवन अचानक ताणे पाटलीपुत्र सोडिल्ले. अदीक भरांत भर म्हूण विरागाच्या भावनेन ताका पुराय कवटाळून घेतिल्लें आनी तिणेंच काशीक्षेत्रांत ताका ओडून हाडिल्लें - तेन्ना मोखनाशिल्ल्या भोवंडेकारावरी ताची दशा जाल्ली.

“लक्ष्यहीण भोवंडेकार!”, बीजगुप्ताल्या विचारांत फरक पडलो, “आरे, कोणी असो मोख नाशिल्ले आसता? ‘लक्ष्यहीण’ जावंक मनशाक फावो जाता? घडये हयकार आसत. बीजगुप्त भितल्लें भितर विचार करीत रावलो. त्या घुस्पागदळांतल्यान मेकळो जावचे आदीच दुसरे अनेक प्रश्न सामकार उप्रासताले - मनशाक कसले ध्येय आसतात? कोणीय ताका सांगूक पावत तो हांगासर कित्याक आयला? कसली इत्सा धरून आयला आनी ताचो फुडार कितें? मनीस हो दुसऱ्याच्या ताब्यांत आसता-तो परिस्थितीचो गुलाम आसता-देखून लक्षहीण जाता. एक अनवळखी शक्ती दरेक व्यक्तीक चलयत आसता-खेळयत आसता. तेन्ना मनशाल्या स्वताच्या इत्सेक थंय कसलीय सुवात ना. तो स्वताले सुवादीन रावना. तो लोकांल्या आदारान जगता-तो आसता एक साधन मात. तांच्या मनाप्रमाण घडप संभव उणो हातूंत दुबाव ना.

बीजगुप्तान कूस बदलली. अर्दी रात सरली तरी ताका न्हीद अशी पडली ना. चोयवशीन आकांताची किण्ण शांतताय पातळिल्ली. बीजगुप्त भौन भौन सारको विचारांत घुस्पतालो.... फाल्या हांव पाटलीपुत्र नगरीत वतां खरो पूण कित्याक? चित्रलेखाक मेळूंक? ताका आपणाकडेन ओडून हाडूंक? ताका स्वतार चड भरवंसो आसलो आनी मात्सो आग्रो धरल्यार चित्रलेखा तसो कांय विरोध करची ना हेंय तो पुराय जाणटालो....आतां हांव चित्रलेखाकडेन अजिबात वचचो ना....कित्याक वचूं? हांवे जावन तिका सोडले ना. उलट तीच म्हाका न सांगता सोडून गेली....तिणें अशें कित्याक म्हूण केलें? घडये हेच आमच्या अद्रुश्टांत आशिल्लें. आनी अशेंच जर घडिचार घडचे आशिल्ले तेन्ना तांतूतल्यान मेकळीक कशी मेळटली. हांवे आतां खंती जावपाचे तरी कित्याक? चित्रलेखा म्हजेपसून खुबूच पयस गेली....वचूं दी. कित्याक म्हूण म्हजें जिणे नश्ट करूं?

बीजगुप्तान दोळे बंद केले. तो न्हिदूंक यत्न करुंक लागलो. ताचे चिंतूप सरलें ना. त्याग आनी पिडेन कितें जिणें थोडेच इबाडटा? दुःख हो जिणेचोच एक भाग न्हय? दरेक जण आपणाल्या भाग्यांत सुख आनी सुखच घेवन येतां कितें काय म्हणटा....अशें कांयच ना.... जिणेंत दुख्खाचे म्हत्व जितलें आसा तितलेंच सुखाचें....तेन्ना दुख्ख सोंसूक जाय. तेच तरेन त्यागाचो मार्गूय आपणांवक जाय....म्हजें कर्तव्य पयली पार पाडूंक जाय....पूण म्हजे कर्तव्य? तें आसा तरी किते?

बीजगुप्त आतां उठून उबो रावलो. घसघशीत तोंड धुयलें आनी एक पेलो शीतळ उदक घटाघट पिलो. उपरान्त परथून हांतूळार आडवो जालो....ताच्या चिंतनाक पुन्ना सुरुवात जाली.... म्हजें कर्तव्य तें कसले? हांव जल्माक आयला फकत कर्म करूंक. म्हजे आताचें कर्तव्य आसा गिरेस्तकायेत जियेवप आनी वंशाची वाड करप. ताचे खातीर लग्न करप हे गरजेचें. आरे, हांव म्हणटा निसर्गाक हीच कामां आसात? घडये, ह्याच कारणाक लागून

चित्रलेखा म्हज्या जिणेंतल्यान पयस गेल्ली आसूंक फाव. लग्न करुन एक वेळ गिरेस्ताश्रमाचो अणभव घेवूं? लग्नाक लायक अशी व्हकलबी नदरेमुखार आसा....आनी ती म्हळ्यार यशोधरा. यशोधरा!! ताचें सौंदर्य चित्रलेखापरस इल्लेय उणे ना. ते एक रत्न आसा-एक पवित्र रुपडें ! कितें यशोधरालागीच लग्न करचें पडटले? अस्तुरीक सोबतात अशेंच सगळे गुण ताच्यांत सामाविल्ले आसात....जाले तर....यशोधराकच व्हकल म्हूण पसंत करची-पूण हे घडटलें कशे? एक फावट हांवे ताका नकार दिलो खरो; खंयच्या तोंडान यशोधराखातीर ताच्या बापाय कडेन मागणी घालूं? यशोधरालो हात म्हज्या हातांत दिवंक आर्य मृत्युंजय नाकारतलो हाचीच शक्यताय चड. अशा तरेच्या विचारान बीजगुप्त स्वताशीच हांसूंक लागलो.... न्हय, ते अशक्य आसा.... यशोधराविशी लग्नाची गजाल मनांत हाडूंकच शकना. कारण ताका आतां बरो कळाव जाला, न्हय....खात्रीन ती संद केन्नाच हुपून गेल्या. बरें चित्रलेखा? हय, तीच तर म्हज्या जिणेची आदार जावन आसा.

बीजगुप्त सटकन उठून उबो रावलो. आतां न्हिदेचे कांय खरे न्ही, हें ताका समजलें. तेद्या वेळार चंद्रीम मळबांत वयर सरतालो मात. बीजगुप्त घराभायर सरलो तो थेट गंगा न्हंय देगेसर येवन पावलो. दिशाहीण जावन मुखार चलतूच रावलो. दीस उजाडूंक अजून दोन पार बाकी आशिल्ले. तेन्ना बीजगुप्त गंगाघाटार येवन पावलो. थंय कांय लोक बसून आपसांत भासाभास करताले. बीजगुप्त एका कोनशांत हय न्हयशा उजवाडांत बेठोच बसून रावलो.

ताच्या लागसार थंय तीग जाण बाशिल्ले ताणें पळेलें. जो उलयतालो ताची पिराय सत्तरेक वर्साची आसत. तो म्हालगडो दिसतालो. ताच्या तोंडार शिरकुट्यो पडिल्ल्यो. उलोवण्यावेल्यान तो संन्याशी आसाशें कळटाले. बाकी दोगांयजण ताच्या परस वयान सान दिसताले. तांचेत एक मध्यम बांध्याचो, सडसडीत पूण दुबळोसो जुवान आसलो. घडये पिरायेन पंचवीस वर्सा आसपास आसत. ताच्या कपलार चितेच्यो मिरयो पडिल्ल्यो. संन्याशाल्या दावे बगलेक एक धोलयो, मध्यम पिरायेचो सादारण पन्नासेक वर्साचो दादलो बशिल्लो. ताचें खाड वाडिल्लें. माथ्यावेले केस लांबसार आनी दाट आशिल्ले. परंत तांचेर धवसाण पातळिल्ली.

सन्याशी सांगतालो, ''संन्यास घेवपी हें तुजें वय न्हय. वच आनी आपलें कर्तव्य कर-म्हळयार, धर्माक, नीतीक, माणसुकेक पाळो दिवन रावपाचे; आनी हय, वडीलधाऱ्यांली आज्ञा मानपाक शीक.''

तरनाट्यान तांचे पांय धरले, ''हांव तुमच्या आलाशिऱ्याक आयलां. म्हाका संन्यासव्रताची दीक्षा दियात. आतां म्हज्या जिणेंत मोगाचें अशें कांय रावलें ना. संवसारांत रावंक खंयचो तरी हेतू वा मोख आसूंक जाय काय नाका. एक फावट मनांत जबर निरिच्छताय आयली.म्हणटकीर संवसारांत रावुनूय हांव म्हज्या आत्म्याक मारूनच उडयतलो, तेन्ना थंयसर म्हाका शांती कशी मेळटली? तुमी म्हज्या बापायक विचारल्यार कळटले.....गेल्ली दोन वर्सा हांवे कितली त्रासांत घालयली''

त्या जाण्ट्या दादल्यान म्हळें, ‘‘हय, पूण तू तरी खंय हांवे सांगिल्लें आयकता? जेन्ना केन्ना सांगत आसता आतां दुसरे लग्न कर म्हूण. अजून तुजी पिराय तरी कितली? जीण आनी मरण सदांच एका फाटोफाट येतच आसतात. तुका भुरगींबाळां नात हे कारण मुखार करुन आत्तांच संन्यास घेवप फावो जाताशें ना. लग्न केल्ल्यान तुजें जियेवप परथून मोग, प्रीतीन उपाट भरतलें.’’

संन्याशान त्या तरनाट्याक उपदेश केलो, ‘‘तुजो बापूय तुका बरें तेंच सांगता. आरे, मोग हे एक माया आसा-जशें दिसता तशें आसताच अशेंना. बायल आनी दादल्यालें संबंद निखटें संवस्नारातूंच;-तांतूतल्यान वेगळे काडले तर ते दोनी वेगदेगळे आत्मो जातात. संवसारांत लेगीत दोगांल्या आत्म्यांचो एकवट जाता अशेंय ना. मोग हो दोन आत्म्यांचो चड लागशीचो गांठभेट आसता. पूण ती गांठभेट खासा म्हत्वाची नासून ती केन्नाय तुटुंकूय पावता. आनी तशें घडले म्हणटकीर जिणेंक दुखेस्त करपांत कांयच शाणेपण ना. जिणेदिश्ट बदलून तुवें लग्न करपांतूच तुजी भलायकी आसा. आनी सद्यांक तें तुजें कर्तव्य समज. लग्नाशिवाय रावल्यार तुज्या कर्तव्याक तूच आडखीळ घालताशें समज.’’

‘‘ते कशेतरेन? मात हे विसकणी करुन सांगात, म्हाराज!’’

‘‘आयक तर. अस्तुरी दुबळी आसता. दरेक दादल्यालें कर्तव्य आसता ते ताणे बायलेक आसरो दिवप. लग्नावरवी तो ते कर्तव्य पार पाडटा. अशेतरेन दादल्यानी पाळो दिलो ना जाल्यार बायलांली दशा दुख्खी जाता. ताकालागून दुसरेवटेन दादल्यालें सामकार जायती संकश्टां येत रावतात. तू परथें लग्नाचे नाकारून संन्यासी जावंक पळयता ते भिजूडपणाचे समज. एके बायलेक आपणालो आसरो दिवन तिची जापसालदारकी घेवप हे तुजें ह्या वयांतले कर्तव्य आसा आनी ताचेपसूनच तर तू तोंड लिपयत आसा.’’

तरुणान परथो प्रस्न केलो, ‘‘म्हाराज, जर हांव भोगविलासांचो त्याग करून तपाच्या, साधनेच्या उज्यांत हुलपावन घेवपाक तयार आसल्यार ते भिजूडपणाचें कशें जाता?’’

संन्यासी हांसलो, ‘‘तुका जप-तप साधनेच्या उज्याधगींत भाजून घेवचें आसा? पूण ते आतांच कित्याक काय म्हूण विचारतां? जिचेर मोग केलो ती तुका सोडून गेली, हेच कारण न्हय. जाल्यार संन्यासी जावन तपस्येत मन गुंतवप हे व्यर्थ जातलें-ती एक तरेची आत्महत्याच घडटली. तुज्या ह्या बदलत्या विचारांक कांयच ध्येय ना; वोग्गीच कित्याक म्हूण मन मारून उडयता?’’

त्या तरनाट्यान संन्यासील्या पांयार सरपटून नमस्कार केलो, ‘‘जे तुमी सांगले ते मान्य आसा, म्हाराज.’’ उपरान्त तो आपणांल्या बापायल्या साथीन थंयसरच्यान वचूं गेलो. इतलो वेळ तांचे सगळे उलोवणे आयकत बशिल्लो बीजगुप्त मुखार सरलो. ताणें संन्यासी सामकार वचून प्रणाम केलो. संन्यासीन मुमुरखे हांसत विचाल्ले, ‘‘आरे तू बी संन्यासी दीक्षा घेवंक आयला?’’

''ना, तशें काय ना, म्हाराज. तूर्ताक तरी तसो विचार ना. तुमचो उपदेश आयकून म्हाका खुबूच आनंद मेळ्ळो. ताचेसावन तुमची तिगांयलीं भासाभास आयकत बसून रावलो.''

संन्यासील्या तोंडार हासूं परगटले, ''जो मनीस रातीवेळा ह्या गंगाघाटार येवंक शकता-जो दरिद्री ना आनी सन्यासी बी ना-ती व्यक्ती खासा मनाच्या पिडेन उबगल्ली आसा हे नित्शीत.''

''तुमचो अनुमान खरो आसा, म्हाराज.'' आपणाले मन उकते करूंक अनमनत बीजगुप्तान सांगले, ''ती एक खाशेली गजाल आसा. तुमच्या उलोवण्यांत त्या तरेच्या पिडेक सबंदीत अशें कुवाडें सोपें तरेन उक्तायतना आयकलें. ते विशी एकादलो प्रश्न विचारूं?''

''जायत. आनंदान.''

''आतांच तुमी सांगलें-कोण एक आपणाल्या असफळ प्रेमाचेर सगळें कांय त्याग करता ते खासा आत्महत्येवरीच आसा. जाल्यार मोगायाद्यो सदांकाळ मनांत तोंपत रावतात हे मनीस जिणेंत सभावीक आसा काय ना? अशा पिडेक दाबून दवरप अथवा तांका अडेच्या उपायांनी विसरूंक लावप हे स्वताल्या आत्म्याची हत्या जाता काय ना?''

संन्यासी कांय वेळ चिंतूक लागलो, उपरान्त ताणें सांगले, ''जें कितें तू सांगतां ते बरोबर आसा. दुख्ख हे काळा सांगातान वतना आपाप शेणून वता. वेगळ्यावेगळ्या प्रकृतीच्या अथवा सबावाच्या व्यक्तील्या मनातलें दुख्ख पयस जावपाच्या काळवेळांत बी फरक आसता. ताचें पयलीं अडेचे इलाजावरवी नश्ट करूंक यत्न करप हे मात निसर्गाक धरुन ना. तरीय निजाचो न्हयसो वेव्हार केल्यार तो आत्म्याचो हत्या करपी जाता हेय तितलें खरें न्हय. ताचीय याद दवर. कृत्रिमतेक आमी साबार आपणायला आनी तेंच हालींसर संवकळीचें जावन रावला. आमचो आंगावयलो पोशाक, न्हेसण हे मनशानूच तयार केल्ले. आयज जेवणकरपाची रीत-रिवाजलेगीत मनशानूच उदरगतीक हाडिल्ल्यो....

.... हालींचे भोगविलास, मौजमजा ताणेच आपणायिल्ले. पयसो-आडको, वैभव-संपत्ती ताणेच निर्माण केल्ले आसात. प्राकृतिक जिणें हें एक वजें समजून, त्या जिणेंत हालचाल वा वेगळेपण हाडूंक म्हूण मन रिजोवपी खेळ, नाच-गाणी, समारंभ-सुवाळे अशें तरेकवार मनशानच तयार केल्यात. आनी ताचोच आदार घेवन आमी तेच सभावीक जिणे म्हूण समजतात. कृत्रिम उपायानी दुख्खांक पयस करप ती आत्म्याची हत्या जायना. कारण ते मनशाक गरजेचे आनी सभावीक म्हूण पाळो दितात.''

''तुमचे उपकार मानता, आर्य,'' अशें म्हणत बीजगुप्त उठून उबो रावलो, तुमी म्हज्या तकलेतलें एक वजें हगूर केलें. तुमच्या उपदेशान म्हाका म्हजें कर्तव्य नित्शित करुंक फावतलें-तशें बळगे मेळ्ळां अशे समजतां. तुमचे बरें मागतां,'' इतले सांगून बीजगुप्त परथो घरावटेन ताकतिकेन चलूंक लागलो.

तेद्यावेळार फांत्यापारार पारार शीतळ वारो व्हांवतालो. उदेन्तीक ल्हवल्हव उजवाड फांकतालो. सवणी आपणाल्या घोटेरांतल्यान भायर सरन भंवतणेंत भिरभिरताली. बीजगुप्त घरांत पावलो तो थेट न्हिदे कुडांत घुसलो आनी रोखडोच न्हिदे सुवादीन जालो.

बीजगुप्ताक जाग आयली तेन्ना दनपार जाल्ली. श्वेतांकासाथीन यशोधरा गरजेची जिनसां खरेदीक वेपारपेठेंत भोवंडी मारूंक गेल्ले.

सदाच्या कामांतल्यान मेकळीक काडून, उपरान्त बीजगुप्त मृत्युंजयाल्या घरां गेलो. अचानक ताका पळोवन मृत्युंजयान विचाल्लें, ''आर्य, आयज तुमी चड उशीरान उठले. राती न्हीद बरे भशेन पडली ना अशें दिसता.''

''हय आर्य, हांव रातभर येवजणेंतच घुस्पुन उरलो.''

''असलो कसलो हुसको लागलो तुमका?''

''भविश्यांतल्या जिणें विशीं असोच कितें कितें विचार करत जागलो.''

मृत्युंजय मात्सो मुमुरखो हांसलो, ''जिणेंतल्यान चित्रलेखा उठून गेल्या. उपरान्त मुखारच्या जिणेविशी विचार करप सभावीक आसा. आर्य, कांय निर्णय घेतलो काय ना?''

मृत्युंजयाल्या हांसपा मागशी एके तरेची कुचिंद्रिपणा आसाशें ताका दिसले. ताचेसावन ताका तिडक मारली. उलयता उलयता तो थांबलो, ''अजून कसल्याचीच थारावणी केली ना. बेगीन नित्शय करूंक जाय हेयं खरें.''

''म्हाका खबर आसा तुजो निर्णय कितें आसतलो, बीजगुप्त. म्हाका मनशाल्या सभावाविशी थोडेंभोव आताशें कळूंक लागला.''

बीजगुप्तान विशय बदलायत म्हळें, ''आर्य, आपणाल्या सेवेकारांक हांगाथान भायर सरची आज्ञा दिल्याशें दिसता.''

''हय, आनी श्वेतांकावरवी तुमच्या सेवेकारांकूय तशी तयारी करूंक सांगलें.''

''बरें केलें.''

त्या वेळार यशोधरालो व्हडान उलोवणेचो आवाज भायल्यान आयकूंक आयलो, ''आर्य श्वेतांक, मण्यांचो गळसर बापायन पसंत केलो ना जाल्यार, आनी एक खेप सोनाराल्या दुकानार भोवंडी मारची पडटली. तुंवें सांगलें म्हूणच ती विकत घेतली.'' ह्या वाक्यागणिक दोगांय घराभितर पावली. यशोधरान हांसत विचाल्लें, ''आर्य बीजगुप्त तुमी न्हिदून रावले, आनी आमी पेठेंत वचून बेस बऱ्यो वस्तू विकत घेतल्यो. तुमी स्वताखातीर कांयच घेतले ना.''

बीजगुप्तान हांसत म्हळें, ''यशोधरा, म्हाका आज कसल्याय वस्तूची गरज भासना.''
''गरज तर म्हाकाय ना, काशीसाकून परथून वतना यादस्तीक म्हूण कांय भेटवस्तू घेवन वचूंक जाय इतलेंच.'' अशें म्हणत ताणें हाडिल्ले सामान मेकळें करून उकत्यार दवरलें.

''ही कशी आसा ?'' एक मण्यांची गळसरी बीजगुप्ताल्या हातार दवरत यशोधरान विचाल्लें.

‘‘सुंदर आसा, भोव मोल दिल्लें आसूंक फाव.’’

‘‘हय अजून विकत घेतली ना. तुमका दाखोवंक म्हूण हांगा घेवन आयलें.’’ मृत्युंजयान ती गळसरी नियाळली. ताणे म्हळें, ‘‘तुका आवडली जाल्यार घे.’’

यशोधरान हेर वस्तू बी दाखयल्यो. सगळे पसंत केले उपरान्त बीजगुप्तान उत्सुकताय दाखयली ‘‘आरे, श्वेतांक तुवें कांयच खरेदी केली ना.’’

‘‘ते विशी तुमचेकडसून परवानगी घेवंक नाशिल्ली. आनी तशें म्हाका कांयच गरजेचे दिसले ना.’’

‘‘तशे न्हय श्वेतांक, तुका स्वताखातीर किते तरी घेवंक जाय. चल हांव येता. यशोधरा, तुका आडमेळे नासल्यार तूंय आमच्या सांगातान वेपार पेठेंत चल. म्हाका जाय आशिल्ली भेट वस्तु विकत घेवंक तुजी मदत लागतली,’’ बीजगुप्तान यशोधराकडेन पळेलें.

‘‘म्हजी तयारी आसा-पूण जेवणा उपरान्त, आतां हांव भोव थकला.’’

जेवण जाले आनी बीजगुप्तान मृत्युंजयाक विचाल्लें, ‘‘आर्य, तुमी पूण आमच्या साथीक यात.’’

‘‘ना, हांव आतां म्हातारो जाला. वेपार पेठेच्या बोवाळ्यांत आतांशे मन रमना.’’

तिगेंय जाण खरेदीक भायर सरले. सगळ्या आदी ते जवाहिऱ्याल्या आंगडी मुखार येवन थांबले. बीजगुप्त आनी श्वेतांकान हिऱ्याच्यो मुद्यो विकत घेतल्यो. सामकार मोत्यांचो भोव मोलाचो एक वळेसर यशोधरा नियाळत राविल्लें. बीजगुप्तान दुकानदाराक तो पेटीतल्यांन काडून दाखोवंक लायले, ‘‘यशोधरा, हो वळेसर कसो दिसता?’’

‘‘भोव सुंदर आसा, आर्य! पयलेफावट तो म्हज्या नदरेक आयलो ना, नातर मण्यांची ती गळसरी हांव घेयनाशिल्लें,’’ इतले सांगतना ताणें श्वेतांकाक म्हळें, ‘‘हे सगळे तुका लागून जालें.’’

जवाहिऱ्याक मोल दिवन बीजगुप्तान तो हार घेतलो आनी यशोधराल्या गळ्या भोंवती धरलो, ‘‘यशोधरा, ही म्हजी भेट, तिचो स्वीकार कर.’’

बीजगुप्ताल्या मायेच्या सांसपणीन यशोधराक ताच्या माथ्यापसून पांयतळये मेरेन एक सुखदिणी थरथर जाणवून गेली. बेगोबेग हार गळ्यांतल्यान देंवयत ताणे म्हळें,‘‘आर्य, बापायली मान्यताय आसले बगर ही भेट हांव पत्करूंक शकना.’’

बीजगुप्तान तो हार यशोधराल्या हातांतल्यान घेवन आपणाल्या हातांत दवरून घेतलो. ‘‘हो वळेसर पत्करूंक तुका कसलीच अडचण येवपाची ना. तरीय तुज्या बापायलें मान्यतायेचे सांगलें ते बेस बरें केलें.’’



...२०...

योगी कुमारगिरीक चित्रलेखाल्या वागण्याचे अजाप दिसलें. तिणें आपणालागी येवचें अशें ताका दिसताले. चित्रलेखाकडेन ताचे मन आदी भुल्लेनाशिल्ले जाल्यार तीच ताच्या ओडलायणीन थंयसर पाविल्ली. अशें आसुनूय हो बदल कित्याक घडलो?

चित्रलेखाल्या आस्रमांतल्या वावरापरस ताका स्वतालेच वेव्हार तोंपूक लागले. तिचेंपसून स्वताक पयस दवरूंक ताणे जाय तो यत्न केल्लो पूण आपणेच त्या जिणेक पसंत केल्ले. स्वतावेलोच अविस्वास पयस करूंक केल्ल्या धडपडीचो हो परिणाम आसूंये. योगीले एकूच ध्येय आशिल्लें. सदां जिखप. अपेसाची भावना ताचेलागी मातय नाशिल्ली. घडये ताका स्वताली दुबळिकायेची जाणीव आसली आनी तीच कडसरावपाक ताणें चित्रलेखाक आपणाल्या खोंपीत रावंक मान्यताय दिल्ली. एक सत्यताय पडटाळून पळोवपाक म्हूण ताणे समक्ष घटिचार करून दाखोवपाचें केल्लें. जाल्यार ते असफळ रावलें. आनी तीच असफळताय कितली आकांताची जावन आसली. तो स्वता अपेशी थारलोच. ते लेगीत एके नाचणारीकडसून. हीच खंत ताका मनांत चड खाताली. ती अपेशी भावना एक संतापाच्या भरते ल्हारावरी जावन उचांबळटाली. तो स्वताकूच उद्देशून उलयलो, ‘‘ना, हे कांय खरें न्हय,-नर्तकी चित्रलेखाक वश करून घेवंकूच जाय. ताका आनीक पर्याय ना. जाल्यार हे घडटले कशेतरेन?’’

‘‘चित्रलेखा म्हजेर मोग कित्याक करूंक शकना?’’ योगील्या मनांत प्रस्न उप्रासलो. ‘‘घडये ती हाचे पयली एका दादल्यार प्रेम करताली, आनी अजुनूय करीत आसा काय म्हणटा. तिणें बीजगुप्तावेलें मोग सोडून दिलें म्हणटकीर, संभव आसा, न्हय, नित्शितायेन ती स्वताच म्हाका पुराय ओंपून दिवंक शकतली. तिच्या मार्गातंल्यान बीजगुप्ताक कसोय करुन कुशीक करूंक जाय.’’

कुमारगिरील्या आस्रमांत येवन चित्रलेखाक आतां सुमार दोनेक म्हयने जाल्ले आसत. चूक घडिल्ल्याचे घटिचार बी आतां एका म्हयन्यान पोन्ने जाले. ह्या काळांत ताणे संयमान स्वतार खुबूच ताबो मेळयिल्लो. इल्लीलेगीत उणविकाय दिसूंक दिली नासली. कांय दिसाखातीर तरी ताचो समज जाल्लो आनी तो म्हळयार-चित्रलेखा आपणाल्या सांगाताक आसुनूय तो शारीरिक सुखोपभोगाच्या हावेसापसून खरोच पयस आसा काय म्हूण! जाल्यार ते खरें नासलें. एक खेप हावेसाचो उजो आंगात पेटलो म्हणटकीर तो आहुती मागत रावता. आनी योगीक स्वताल्या निर्णयाचेर घट रावंक जमले ना.

त्या रातीक कुमारगिरीन चित्रलेखाक आपणालागसार बसोवन घेतले; ‘‘चित्रलेखा, हांव स्वताक वयल्या पावंड्यार परथें व्हरून दवरूंक यत्न करीत आसा. ताका आतां एक

म्हयनो जालो. म्हज्यांतली दुबळिकाय निस्तरून गेल्या अशें हांव समजता, न्हय, म्हाका खात्री आसा.''

''खात्री उणी, शक्यताय चड,'' चित्रलेखान हांसत थोमणो मारलो. कुमारगिरीन स्वताले ओंठ दाबत परथें हळूच म्हळें, ''बीजगुप्त काशीयात्रेक गेला खंय? ताचें वांगडा मृत्युंजय आनी ताची धूव यशोधराय गेल्यात अशें कानार आयला?''

''कितें, यशोधरा बीजगुप्ता बरोबर गेला?'' चित्रलेखा सावचीत जाली. ह्या वेळार कुमारगिरी हांसलो, ''हांतूत अजापाची गजाल ती कितें? चित्रलेखा, यशोधरालागी लग्न करून गिरेस्ततायेंत थीर जावंक तुवेंच तर बीजगुप्ताक उपदेश केल्लो. तुवें योग्य तेंच केलें म्हणपाचे. बीजगुप्तान यशोधराकडेन लग्न लावप हे तुका अजुनूय मान्य ना काय म्हूण खात्री करूंक विचारता.''

''म्हाका तें खबर ना; हांव तें नकळ,'' चित्रलेखाल्या आवाजाक धार चडली, ''कृपा करून बीजगुप्ताविशी म्हाका कांयच विचारू नाकात.''

''बीजगुप्ताविशी विचारू नाका ते कित्याक म्हणटा तूं? ताचेर मोग करता इतलेंच न्ही? कोणेक दुसऱ्या बायलेचेर बीजगुप्त प्रेम करता हेंच तुका सोसना जाला. अशें आसा तर तुवें बीजगुप्ताक सोडलोच कित्याक? तुका दिसता बायलांकूच सगळे कांय करपाचे अधिकार मेळल्यात आनी दादल्यानी मात हातार हात दवरून वोग्गी बसून रावपाचें? आनी तू समजता कितें? बीजगुप्तान तुजो बायलबोदो जावन रावपाचे? पूण तें कशें शक्य आसा?''

कुमारगिरील्या उलोवण्यांत एक जबरदस्त बदलो घेवपी, कडवट, वर्मार घाव घालपी, तिडकीन उपाट भरिल्लीं उतरां आशिल्लीं. ज्या बायलमनशेकडसून तो अपेशी थारिल्लो तिकाच पराजीत करप हीच मोख तांतूत दिसताली.

चित्रलेखा सामकी खुबळ्ळी. तिचें आंग थरथरलें आनी त्या भरांत तिणें स्पश्ट केले, ''जे हांवे केलें ते बीजगुप्ताल्या बरेपणाखातीरूच केलें. भौसाचे नदरेन हांव ताका चरित्रहीण घडयतालें. ताचो त्याग करून हांवे ताका समाजात ताठ मानेन चलूंक मदत केली इतलेंच.''
''हे कशेतरेन कबूल करूं, चित्रलेखा? तूं स्वताकूच फटयत आसा. जेन्ना तुवें ताका सोडले तेन्नाच तुवें म्हाका सांगिल्लें तूं म्हजयेर मोग करता म्हूण'', आतां मात कुमारगिरील्या आवाजांत धार चडली. ताणे आपणांत तीच पयलेची फुर्ति, फाटलो दबाजो आनी पूर्विल्ल्या धिटायेचो आज परथून अंणभव घेतलो. हे सगळें तो चित्रलेखा ताच्या आस्रमांत आयलेपसून शेणून बशिल्लो,- ''तूं बीजगुप्ताक फटोवंक शकता, म्हजो घात करूंक पावता. जाल्यार स्वताक कशेतरेन धोको दिवंक शकतलें? तुवे वासनेच्या हावेसा फाटल्यान लागून पवित्र प्रेमाचेर खोंट मारली. म्हज्यांत इल्ले बरें कितें पळेंले आनी भुल्लसल्यावरी जावन तूं हांगा आयले खरें, पूण तुज्यांत पशूवरी एक आसक्ती जोर धरून बशिल्ली -तशेंच तुवें मनिसपणाक पुराय

तिळांजली दिल्ली. बीजगुप्ताल्या इत्सेबगर ताचो रोखड्यारोखडो त्याग करून ताका संकश्टांत घालें आनी म्हजेकडेन आयलें. आनी बीजगुप्त? तो बाबडो एक सादारण नाचणारीणील्या नादाक लागून आपणाले थीर गिरेस्तपणाचे सुखाचें जिणें घालोवन बसलो-इतलेच न्हय, ताणे स्वताले जियेवप नश्ट करून घेतले ताका मुळावे कारण तूच. तो तुजयेर उपाट मोग करतालो आनी वयल्या पावंड्यावेले, सात्वीक अणभव घेतालो.''

चित्रलेखा किळांचली, ''पुरो करात, पुरो करात हे उलोवणे.''

कुमारगिरीन आपणाली नदर चित्रलेखार थीर केली. उपरान्त तो व्हडान हांसलो, ''पुरो करूं म्हणटा? इतलेंशाच सांगण्यार तूं खुबळून उठलें, नर्तकी. अजून पुराय खंय तुवें आयकलां? म्हाका जें सांगपाचे आसा तें पूर्ण करतां आनी तें तुका आयकुचें पडटलें. तुवें जें कितें केलें ताचे फळ तुका मेळ्ळे. तुका दिसता कितें अजुनूय बीजगुप्त तुजेर मोग करता? समज बीजगुप्त हांगा परथून आयलो आनी तू ताच्या म्हऱ्यांत आपलो मोगी म्हूण गेलें जाल्यार तो तुका पत्करतलो अशी समजूत आसल्यार ते सामके चुकीचे आसतले ते ध्यानांत घे. तुजो विखाचो वरचडपणा निस्तरूंक आतां ताका एक अमृतकुपी मेळल्या. तुवें बीजगुप्ताक पुराय तरेन मातयेत भरवण करूंक कांयच कमी केलें ना. जाल्यार यशोधरान ताका वाचयलो. तूर्ताक तो यशोधराल्या सांगातान लग्ना उपरान्तच्या जिणेंतली खोस भोगत आसा.''

चित्रलेखाल्या मुखामळार फिकट सया आस्पावली, ''तुमी खरें सांगतात योगी? बीजगुप्तान यशोधराकडेन खरेच लग्न केलें? अशें घडप अजिबात शक्य ना.''

''कित्याक म्हूण घडूंक पावचे ना,'' योगील्या आवाजांत खोल घाव घालपी तीख बाणासारखें वांकडेपण भरिल्ले,'' वासनेच्या आधीन जावन सात्विक प्रेमाक खोंट मारून तूं म्हजेमेरेन पावूंक शकता आनी बीजगुप्ताले एके देवीसारखें चलये बरोबर लग्नाचे संबंद जुळप मात घडूंक पावनात हे कशें जायत? तुज्यांत कितलो लटको हांवकार भरला, आनी स्वतारूच कितलो भरवंसो? पुरो जालें; आतां म्हजेर विस्वास ना जाल्यार स्वताच वचून पळय. नवदंपती आज सकाळीच नगरींत येवन पावल्यात. वच आनी तांका दिनवास दी. चल, बेगीन वच, आनी स्वताल्या दोळ्यांनी तुजो मोगी - न्हय, तुजो तो दास दुसऱ्या एके बायले सांगातान प्रेमाचे खेळ करतना पळोवन यो.''

''अशें आसा तर; बीजगुप्त परथून आयले म्हणपाचे?'' चित्रलेखा पटकन उठून उबी रावली. तिची कूड थरथरताली-मुखामळ निर्शेणीन फिकट पडिल्लें. पाटलीपुत्र नगरीकडेन तिणें पळेंले; ''कितें, बीजगुप्त परथून आयले? योगी तुमका हात जोडटा, तुमी आत्ता बीजगुप्ताल्या लग्नाविशी जें सांगलें तें फट आसा म्हूण परथें एक फावट सांगात.''

''लटके आसा म्हूण सांगू? हाः, हाः, हाः!! खऱ्या गजालीक फट म्हणू? वच, वच आनी स्वताच पळय.'' योगीन तिची पुराय निराशा केली.

चित्रलेखान थंयच बसकण मारली, ''आरे अद्रुश्टा, सगळेच सोंपलें म्हणपाचें. आतां वचून तरी कितें करूं? म्हजें धन लुटले'' तिच्या आवाजांत काकुळटाय भरिल्ली.

योगी कुमारगिरी चित्रलेखाल्या सामक्या म्हऱ्यांत सरकलो, ''सगळेच सोंपले खरें! केन्नाय असलें घटिचार सोंपतात थोडेंच? आगो नर्तकी, जेन्ना एक गजाल सोंपता तेन्ना दुसऱ्या गजालीक सुरुवात जाता. अशें कशें सोपलें म्हूण हुसको करत बसला तूं ह्या वेळा?''

कुमारगिरीलें उलोवप मात्शें नमळायेचे आसलें. ते म्होवें आसुनूय तांतूत एक तरेची गुन्याव करपा आदीच्या भंयाचें कांपरे आस्पाविल्लें. ''चित्रलेखा तू जाणटा, हांव तुजेर मोग करता. तू म्हजेर मोग करना तशें दुस्वासूय करना. तूं म्हज्या जिणेंत रिगचाक संद सोदता. आनी ते तुका जमले ना फकत बीजगुप्ताक लागून. तुवें ताचे जिणे दुखखाचे केलें, आनी ताणे तुजें जियेवप नाकाशें केलें. बीजगुप्ताक एक आदार मेळयलो, तुकाय एक आदार सोदचो पडटलो. चित्रलेखा, तुजेर म्हजें मोग जडला-तें नाकारनाका.''- अशे सांगत आसतनाच ताणें चित्रलेखालो हात घट्ट धरलो.

चित्रलेखान कांयच आडमेळें घेतले नात. आपणालो हात योगील्या हातांत तसोच रावंक दिलो. तिणें स्वताली नदर वयर केली आनी योगील्या नदरेक सरळ सरळ भिडयली.

कुमारगिरी सांगत रावलो, ''प्रेम आनी प्रेमच म्हजो तूर्ताक एक आचार-विचार जावन आसा. तूं म्हज्या जिणेंत आयलें. आनी म्हाकाच मोगाची दीक्षा दिवंक आयले अशें समजता. यो, अजून म्हऱ्यांत यो, आमी दोगांय एकठांय जांवया!''

कुमारगिरीली मान आपसूक बागवली तर चित्रलेखालो तोंडावळो आपशीच वयर सरलो. दोगांयलें ओठ एकमेकांक तेंकले आनी खूब वेळ ते एकमेकाले उमो घेत रावले. कुमारगिरी अरवळावरी बडबडत रावलो, ''तू म्हाका बुडोंवक आयला, हांवूय सामको बुडून वचूंक तयार जाला. तांतुतूय कितली खोस आसा-कितली उमळशीक आसा ती भोगूं दी. म्हज्या प्राणेश्वरी, आयज तुज्या जुवानीच्या म्हासागरांत बुडकी मारूंक आयला'' - कुमारगिरीले दोळे धांपिल्ले तशें चित्रलेखालेय दोळे धांपिल्ले, दोगेंय एकमेकांक गोपांत घेवन आलिंगणाचे सुख भोगताली. चित्रलेखानूय मनांत म्हळें, ''जें घडटा तशेंच घडूं दी,'' आनी ती ताच्या घट्ट वेंगेत विरगळून गेली.

सकाळी चित्रलेखा न्हिदेतंल्यान उठली तेन्ना मनाच्या घालमेलीच्या आवतिकायेंत आसली. बीजगुप्तान आपणालो त्याग केलो हो विचार तिका परत परत सतायतालो. स्वताचे जग आतां पुराय काळखान भरलाशें दिसलें आनी ते विशी रावन रावन तिका आपणालीच तिडक मारली ''आपणें बीजगुप्ताक सोडलोच कित्याक?''

तेद्यावेळार कुमारगिरी न्हिदून आशिल्लो. ताच्या तोंडार विकारी भाव दिसताले. मनावयलो ताबो एकाच खिणाक निखळावपी कामातुर वासनेन ताची सदाची पर्जळी मुद्रा एक

इबाडिल्याशा म्हणा वा पिशेपणाच्या भावनांत आस्पाविल्ली. काय वेळ ती ताचेकडेन नियाळत रावली आनी अवचीत तिका भयान कांपरे भरलें. अजून अदीक वेळ थंय रावपाचो तिका धीर जालो ना. बेगोबेग ती खोंपी भायर आयली. ज्या दादल्याच्या सहवासांत तिणे भोगविलास केलो त्या व्यक्तीचो तोंडावळो आकांताच्या भेश्टावणीचो तशेंच अळशीकवाणो कित्याक दिसतालो हाचेर तिचे तिकाच नवल दिसलें.

विशालदेव त्या वेळार ध्यानधारणा सोंपवून उठलो मात ताणे चित्रलेखाकडेन पळोवन हांसत प्रणाम केलो, आनी सहजशें विचाल्लें, ''आर्ये, आज तुजें मुखामळ कित्याक निर्शेणीन भरलां?''

''रातभर हांवे भयानक सपनां पळेली'' चित्रलेखान लटके हांसत म्हळे, ''ताणी म्हाका भोव मनस्ताप दिलो.''

''अजूनमेरेन गुरुदेव खोंपीभायर दिसले नात?''

''ते अजून समाधिस्त आसात.''

''समाधिस्त?'' अचर्येन विशालदेवान विचाल्लें, ''आज पयलेफावट गुरुदेवान आपणांलो नेम चुकयलो म्हणपाचें!''

दोगांय कांय वेळ वोग्गी रावली. विशालदेवान नमळायेन विनंती केली, ''आर्ये, तुका पडिल्ल्या सपनाविशी थोडे अदीक कळल्यार बरें जाता आसलें.''

''ते सगळे म्हज्या पूर्विल्या जिणेविशी संबंदीत आसात. इतलेच तुका सांगल्यार पुरोंशे मानतां.''

''पुर्विल्ले जिणे संबदीत?'' विशालदेवान मात्शें थांबून म्हळें, ''आर्ये, तुजें आडमेळें नासल्यार नगरांत वचून बीजगुप्तालो सोद घेवूं? संभव आसा तो परथून आयिल्लो आसूंक जाय!''

'' तो भोवंडी मारून आयला इतले हांव जाणा,'' चित्रलेखालो गळो दुख्खान दाटून आयलो, ''पूण सोद घेवन कितें उपेग आतां? तो आयलो वा ना आयलो ताणे म्हाका कसलोच फरक पडपाचो ना.''

विशालदेवान चित्रलेखाकडेन पळेलें, ''तुजें वागणें, उलोवणे खरें तर विचित्रच. तुका समजून घेवप भोव कठीण. काय दिसांपयली तूं बीजगुप्तासर वचूंक चड उत्सूक आशिल्ली.''

चित्रलेखाले मुखामळ तांबडेंगुंज जालें, ''हय त्या दिसा वचूंक सोदताले खरें पूण उपरान्त थंय वचूंक मन तयार ना जालें. म्हज्या खाजगी जिणेंत तुजी उत्सुकताय इतली कित्याक उचांबळून आयल्या? हे योग्य न्हय हाचेर तुवें केन्नाय विचार केला?''

विशालदेवान लजेन मान सकयल घाली. ताणे सकयल्या आवाजांत ल्हवू ल्हवू सांगूक सुरुवात केली, ''खरें तेच सांगले आर्ये, तुमच्या खाजगी जिणेंत म्हजें नाक खुपसप म्हळ्यार

म्हज्या गुरुदेवाली व्यक्तिगत जीण जाणून घेवपाची एक उत्सुकताय म्हण जाल्यार. ते सहज आनी सभावीक आसा. आर्ये, म्हाका नित्शित खबर आसा तुजो हांगासरचो राबितो आस्रमाच्या संयमार आदारिल्ली शांती नश्ट करपाक कारण जाला. हो आस्रम एक कुटुंबावरी आसा आनी हांगाच्या दरेक व्यक्तीक एक दुसऱ्याल्या बरेंवायटाच्या वावराचेर टीका वा उसतणी करप इतलेंच न्हय तांचेत धवळाधवळ करूंक बी अधिकार आसा.''

''ह्या असल्या गजालींक हांव भीक घालीना.''

''ते बरें आसा. तरीय हांव आयज बीजगुप्ताकडेन वचून येतलो ते फकत म्हजो गुरुबंधू; श्वेतांकाली भेट घेवंक. आर्ये, तू अजून एक फावट विचार कर आनी आमचेर दया कर.''
चित्रलेखा हांसली, ''दया? आनी ती कोणाचेर करूंक सांगता ? तशेंच दया दाखय म्हूण कोणाक सांगत आसा विशालदेव. आरे, जाका बादला ताचे कडसून दयेची आशा करता? सांवाराक निर्मणी करूंक सांगता? तूं चूक करीत आसा, नित्शीत तू चूक करीत आसा'' अशें म्हणत तिणें थंयसरच्यान लगबगीन पांय काडलो.

दनपारा विशालदेव नगरांत भोवंडी मारून आयलो. चित्रलेखा ताचीच वाट पळयताली. विशालदेवार अविश्वास आसून लेगीत आपणाल्या मनांतल्या मनांत केल्ल्या येवजणीच्या थारावणी उपरान्त ताचेकडसून बीजगुप्ताविशी जाणून घेवंक ती खर इत्सा बाळगून आशिल्ली. विशालदेव जेन्ना परथून आयलो तेद्यावेळार ती खोंपीभायर वडारुखा पोंदा आडवी जाल्ली, तो आस्रमांत रिगतना पळयतकीर ती उठून बसली.

विशालदेव सामको चित्रलेखा लागसार येवन रावलो, ''आर्ये, हांव खऱ्यान सांगता म्हाका आर्य बीजगुप्ताली भेट घेवंक जमलें ना. फकत श्वेतांकाक मेळून आयलो. थंयसर हांव चड वेळ रावलो ना कारण श्वेतांक आर्य मृत्युंजयाल्या घरां वचूंक तयार जावन आसलो आनी खुबूच उतावळो दिसलो. हांवूय ताच्या सांगातान भायर सरलो आनी आर्य मृत्युंजयाल्या घरांसरी आमी उलयत गेले. श्वेतांकालो थंयसरुच निरोप घेवन भायलें भायर परथलो.

चित्रलेखान विचाल्लें, ''श्वेतांकान म्हजेविशी कांय चवकशी केल्ल्यो काय ना?''

''हय, चवकशी केली खरी, तुज्या प्रकृतिविशी आनी कुशलकाय विचारत रावलो. तो धांवाधांव करपांतूच अडकल्लो. ना जाल्यार हांगासर येवपाचो. आनी एक म्होवी गजाल सांगता, आयकून सामके अजाप पावतली-श्वेतांक यशोधराचेर मोग करता आनी ताचें लागी लग्न करची इत्सा बाळगून आसा.''

चित्रलेखा कुवाड्यांत पडली. तिणें परथें विचाल्लें, ''तुका खात्री आसा? अनुमान आसलो हे वेळेमेरेन यशोधराले लग्न बीजगुप्ताबरोबर जावन गेल्लेय आसतले?'' आनी आतां विशालदेवार अचर्ये पावपाची वेळ आयली, ''बीजगुप्तालें लग्न यशोधरा सांगाती जालें हो कसलो तर्क केलो, आर्ये. श्वेतांकान सांगले ते खरें. बीजगुप्ताले मन यशोधरेसरी भुल्लसिल्लेंशे

जाल्लें ख्रें. हांतूत तथ्य आसा. जाल्यारूय तशी लग्नाची मागणी बीजगुप्त घालचो ना हाचो श्वेतांकान खात्रीचो भरवंसो दिला.तुजे विशी बीजगुप्तालें मोग कायमचे थीर आसा अशें तो म्हणटालो.''

चित्रलेखा सटसटीत उठून उबी रावली, ''धन्यवाद विशालदेव. जी काय कडवट उतरां हांव उलयलें ते विशी माफी मागतां. हांव आजूच हांगाथावन भायर सरतलें इतली खात्री दवर;'' अशें म्हणत ती खोंपी भितर रिगली. तिच्या अशा वागणुकेक विशालदेव उमजूंक पावलो ना. ताणे स्वताकूच उद्देशून म्हळें,''भोव चमत्कारिक बायल म्हणपाची.''

कुमारगिरी पडिल्लो कडेनच चित्रलेखा संबंदी येवजण करतालो. ताचे मन उचांबळीत जाल्लें. चित्रलेखा भितर येतसतना पळोवन ताकतिकेन उठून तिच्या लागसार गेलो आनी पिसाटावरी उलयलो, ''येदो वेळ मेरेन तूं खंयसर आशिल्ली म्हज्या मोगा, यो, यो अशे म्हज्या म्हऱ्यांत यो.''

पूण चित्रलेखाल्या दोळ्यांक योगीले दोळे मेळटकीर स्वताल्या अरवळपणाचे ताका कळून चुकले. तिचें दोळे पेटिल्ल्या तांबडेशार इंगळ्या सारखें जळटाले. तांतूत अनावर संताप, अळशीक आनी निर्शणेची सया उपाट भरसून आशिल्ली. एकेरीर येवन तिडकीन ती योगीचेर धेंगशेली, ''नीच आनी फटिंग मनीस तू; पशू खंयचो, चल कुशीन सरक.''

कुमारगिरी कडसरावन रावलो. चित्रलेखालो संताप अजुनूय उणो जाल्लो नाशिल्लो. मान दिनसतना तिणे कडक उतरांत ताका आयकायलें, ''वासनेचो किडो तूं-म्हजेकडेन फट उलयलो इतलेंच न्हय म्हाका धोको दिलो. तुजी तपस्या व्यर्थ जातली आनी तू युगायुगानी नरकांत हुल्पत रावतलो. हांव आत्तांच हो आश्रम सोडून चल्लें. तू म्हाका आडोवंक पावचो ना.''

कुमारगिरीन धिटायेन म्हळें, ''हांवे जें कितें केलें तें मोगांत कुड्डो जावन केलें'' चित्रलेखा व्हडान किळांचली; ''आरे, स्त्रीलंपट योगी, मोग हे कितें आसता तुका कशें कळटलें? मोगांत पुरतेपणान ओंपून दिवपाचे आसता, थंय आत्मसमर्पण आसता आनी हांवकार विसरून वचपाची मुखेल गरज आसता. तुजी तपस्या, गिन्यान तशेंच साधना आनी पूजापाठ ही सगळी धोंगापोंगा आसात. खरेंपणापसून तूं कितेक कोस पयस आसा. तुंवे सुवार्थाक लागून आपणाल्या खोशीखातीर गिरस्तायेंतल्या अडचणीचेर मात करूंक जायनाशिल्ल्यान कामुकतायेची कास धरली. स्वताली वखवख पुराय करूंक म्हाका फुसलावन हांगासर मुजरत दवरून घेतलें. इतलें करून लेगीत तू आपणाक व्हड आनी बरो गुणाचो समजता?''

कुमारगिरीक हो अपमान सोसना जालो. ताणें परथें मनांत बळगें हाडून निर्वाणीचें सांगलें, ''नर्तकी, तूं आतां खऱ्यान वच. म्हाका तुजी गरज आतां रावली ना. तुवें म्हाका पराजित केले इतलेंच न्हय, तूंय अपेशी जावन रावलें. तू म्हाका कितें सांगता,-आदी स्वताकूच

भितल्ल्यान नियाळ, स्वताल्या मुखामळार दुश्ट जनावरांली रसणाय पळय, ते तुकाच पळोवंक जावपाचे ना, -इतपत भयांकृत आसा इतलें हांव जाणा. आनी ह्या खिणाक तुजें काळें तोंड घेवन भायर सरल्यार उपकारतलें.'' कुमारगिरी खुबळिल्ल्या दशेंत पुराय थरथरतालो, आनी तशा अवस्तेंत आपूण जावन तो तरातरा खोंपीभायर सरलो.

✽✽✽

...२१...

मृत्युंजयागेर वचून आयल्या उपरान्त श्वेतांकान बीजगुप्ताक सांगले, ''धनी, आयज कुमारगिरीलो शिश्य विशालदेव म्हाका मेळिल्लो. चित्रलेखा सुखरूप आसून तिची प्रकृती उत्तम आसा.'' बीजगुप्तान तें सांगणे मातय ध्यानांत घेतले ना.

श्वेतांकान परथून विचाल्लें, ''आस्रमांत वचून चित्रलेखाक हांवें स्वताच वचून पळोवन येवप योग्य दिसता.''

''ना, तें सगळे व्यर्थ आसा'' बीजगुप्तान शांतपणान जाप दिली.

बीजगुप्ताक चित्रलेखाविशी इल्लीय आपुलकाय रावली ना हें श्वेतांकाल्या ध्यानांत आयलें. ताका तिडक मारली आनी थंयसरच्यान तो सटकलो.

पाटलीपुत्र नगरांत येवनूय बीजगुप्ताल्या मनांतली घालमेल कांय उणी जाली ना. ताच्या काळजांत हय-न्हयंचे, बऱ्या-वायटाचे, झूज जाय ते वेळार चलताले. दोन विचारांचे चोमे थंय सारखें गोंदळ घालताले-ताकालागून तो घुस्पागदळांत सांपडिल्लो. चित्रलेखा सोडून गेल्ल्या उपरान्त ताणे आपणाल्या जिणेंत एक रितेपणाचो अणभव घेतिल्लो. आनी त्या पोकळींत व्यर्थ जियेवप ताच्यान सोंसूंक जाले ना, अशा वेळार यशोधरा ताच्या जिणेंत भितर रिगलें. ताच्या ओडलायणीन जिणेंत एक तरतरी आयली. देखून ताचेकडेन लग्न लावंक तो पळेतालो. तूर्ताक मृत्युंजयाकडेन ताची मागणी घालप गरजेचें जाल्लें. ताचे सावन तो आपलो एक तरेचो पराजय समजतालो. ताचे मन स्वताक अपेशी मानूंक अजिबात तयार नासलें.

बीजगुप्त मौर्य साम्राज्याच्या सैन्यार नियंत्रण दवरपी समितीर एक सदस्य आशिल्लो. पाटलीपुत्र नगरींत पावल्या उपरान्त राजकारणांत ताचें लक्षच लागनाशें जालें. बीजगुप्ताल्या मनांत परत परत उचांबळपी घुस्पागदळा कारणान वाज येवन एक वेळ विरक्तीची भावना उपजल्ली ती आता वाडूंक लागिल्ली. घराभायर सरप ताणे सोडून दिल्लें. नगरांतलो बोवाळ, लोकालें सुवाळें, तशेंच भोवंतणेत नित्य घडपी मौजमजा आनी खोसमस्करी ताच्या मनाक तोंपताली.

आज चित्रलेखालो विशय उगडासाक येवन बीजगुप्ताल्या काळजांत भौन एक सांवार उप्रासिल्लो. त्या राती तो न्हिदलोच ना - सारक्यो यादीचेर याद्यो... चित्रलेखा सुखरूप आसा... खुशीत आसा - मात बीजगुप्त खंती. ही कसली उरफाटी दशा, कसलो भरम. पराजित जालो म्हूण कितें जाले, यशोधराकडेन लग्न करप हेच योग्य... आपणांल्या जिणेंतली पोकळी भरून काडूंकच जाय.

बीजगुप्ताल्या उलोवण्यांत, ताच्या मुखामळार तशेच चित्रलेखाविशी आस्त न बाळगुपी वावरांत खरेपणाचो दिश्टावो श्वेतांक पयले फावट पळयतालो. आनी ते न पळयिल्लेवरी दाखोवपाचें यत्न करतालो. ताकाय त्या रातीक न्हीद पडली ना.

दुसऱ्या दिसा सकाळी बीजगुप्त भोव खुशीत आशिल्लो. यशोधरालागी लग्न करूंक मृत्युंजयाकडेन उलोवणी करचो ताणे नित्शय केल्लो. तो महाला भायर येवन रावलो. भोव दिसा उपरान्त आज ताच्या तोंडार एक सभावीकशें मुमुरखें हांसप झळकले. अशे हांसप ही बीजगुप्ताली एक खासीयत आसली. सकाळचे तानेक - खाणेक बसलो तेन्ना श्वेतांक थंयसर उपस्थित दिसलो ना म्हूण ताणे सेवेकान्नीक ताका आफोवन हाडूंक आज्ञा केली.

श्वेतांक आयलो. ताचे तोंड फिकटसाणेन साप्प पडिल्लेशें दिसताले. कसल्या तरी हुसक्यान तो त्रासिल्लो. ते पळोवन बीजगुप्तान सहजशें विचाल्लें, ''श्वेतांक, तुजी भलायकी बरी दिसना?'' श्वेतांकान मान सकयल घालन जाप दिली, ''धनी, प्रकृती शाबूत आसा. जाल्यार मन मात जाग्यार ना. ते सैरभैर जावन आसा. तूर्ताक ते काकूळटीक आयला.''

''अशें घडलें तरी कितें म्हाका सांगतलो काय ना?''

श्वेतांक काय वेळ वोग्गी रावलो. उपरान्त धिटायेन मान वयर करून ताणें सांगलें, ''धनी, म्हजेर तुमचे भोव उपकार आसात. आनी आतां तुमच्या मदतीनूच म्हजी उदरगत घडूंक पावतली.'' बीजगुप्त कांय वेळ हांसत रावलो. ''आरे श्वेतांक, तू म्हज्या धाकल्या भावावरीच. आनी तें तूं जाणा. जें कितें म्हज्यान जाता तें तुजेखातीर करूंक हाव सदाच तयार आसा.''

''ताकालागून तर तुमका विनंती करूंक म्हजे मन धजना.'' श्वेतांकान इल्लो स्वास घेवन म्हळें, ''धनी, म्हासामंत मृत्युंजयाली धूव यशोधराकडेन लग्न करूंक इत्सा बाळगून आसा.'' बीजगुप्त मात्सो कांचवेलो - जशें कांय जायत्या विंचवानी एकाच वेळार ताच्या कुडीचेर धुरी घाली आनी ताचो परिणाम म्हूण भितल्ल्यान एक आकांताची कळ उठली. अशा अवस्तेंत तो कांय वेळाखातीर शाबुद्धी शेणिल्ल्यावरी एकटक श्वेतांकाकडेन पळयतूच रावलो. शुद्धीर आयल्या उपरान्त बीजगुप्तान परथें विचाल्लें, ''कितें म्हळें श्वेतांक? यशोधराकडेन लग्न करपाची तू आस्त बाळगून आसा अशेंच न्हय? तांतूत म्हज्या मजतीची गरज ती कसली?''

''धनी, ती सुचोवणी आर्य मृत्युंजया सामकार दवरूंक जाय.''

''-आर्य मृत्युंजयान तिच्या लग्नाचो प्रस्ताव म्हजेमुखार दवरिल्लो हे तूं जाणा. पूण त्या वेळार चित्रलेखाले निमित्त करून हांवे ते नाकारिल्ले हेंय तुका खबर आसा. चित्रलेखा हालींसर म्हजेपसून खुबूच पयस गेल्या आनी सद्यांक हाव यशोधराकडेन चड भुल्लसिल्लो जावन आसा. हेंय तुका कळळे ना अशेंय ना.''

''ते सगळे जाणा धनी, जाल्यार यशोधराकडेन लग्नाची येवजण तुमच्या मनांत येतली तरी कशी ही ध्यानांत घेवपा सारखी गजाल. हाचोच म्हाका उमज पडना.''

''ना, श्वेतांक, तुज्या विनंतीक मान्यताय दिवपा सारकी ना. हांव यशोधराल्या मोगांत पडला. आनी काल रातीकूच हांवे यशोधराकडेन लग्न करपाचो नित्शय केला'' बीजगुप्तालो आवाज एक तरेच्या उबगणीन उचांबळून आयलो. गंभीरतायेन ताणे सांगले, ''म्हजें कडसून कसल्या तरेच्या मदतीची आस्त बाळगून आसा? आरे श्वेतांक, तुका जाला तरी कितें? म्हजेर येवन पडिल्ली संकश्टां, जायती पिडां आनी मेळिल्लो धोको पुरो नात काय म्हणटा? हांव म्हजें जिणें अशेंच नश्ट करूं? ना श्वेतांक, अजिबात ना. हांव यशोधराकडेन लग्न करतलो ही फातरावयली रेग समज.''

श्वेतांकाल्या दोळ्यांत दुकांची धार लागली. ताणे बीजगुप्ताक दोनी हात जोडून विनंती केली, ''क्षमा मागता धनी. हांव चुकलो. अधिकाराभायर म्हजी वागणूक घडली ते विशी क्षमा मागता. तुमचे काळीज मोगाळ आनी दुसऱ्यालें हीत करपी आसा. तुमची आयज मेरेनची जीण देखदिणी आसा. धनी म्हजेर दया करात.''

बीजगुप्त तिडकेन किळांचलो, ''म्हाका पिसो करनाका श्वेतांक. चल, ऊठ आनी रोखडोच हांगाथान तोंड घेवन वच. तुका बरेतरेन सांगत आसा तेन्ना तू आसा तसो उठून वच पळोवंया.''

श्वेतांक ल्हव, ल्हव पावलां घालीत थंयसरच्यान भायर सरलो.

''हायरे अद्रुष्टा,'' अशें म्हणत बीजगुप्तान आपणालो हात कपळार मारलो. उपरान्त ताणे स्वताकूच संबोदून म्हळें, ''ना, ना, श्वेतांक तुका जाय तशें घडपाचे ना. हांव लग्न करतलो म्हळयार लग्न करतलो. आरे, सुखान जियेवपाकलेगीत म्हाका अधिकार ना काय म्हणटा?''

बीजगुप्त आतां उठून उबो रावलो. ताणे आपशीच म्हळें, ''म्हाका आता भायर सरूंक जाय. म्हज्या निर्णयाक कोणूच आडखिळे घालूंक पावचे नात. हांवे पुराय विचारांती थारायला ते यशोधराकडेनूच लग्न करपाचे - तांतूत आतां बदल शक्य ना.'' बीजगुप्तान आपलो रथ मागयलो. ताचें विचार चक्र चालूंच आसलें.

भोवन भोवन तो चिंतूक लागलो. 'पूण यशोधराचेर प्रेम करूंक श्वेतांकाक कोणे अधिकार दिलो? म्हजो तिचेर जीव जडला हे कितें ताका खबर ना?' बीजगुप्ताली सगळी कुडी

हुलपतापान जळटाली. ताचो गळो सुकलो. तो एक पेलो उदक पियेलो. ताची उबगण मात्शीं उणी जाली. ताचें माथें थोडें शांत जाले. तरीय ताचे विचार ताकाच सतायताले, 'आरे, हातूंत श्वेतांकाली चूक ती कितें? जुवानींत प्रेमांत पडप सहज अशेंच आसा. म्हजेवरी तोय हाडां मांसा, रगताचो. ताच्यांत निसर्गान दिल्ल्यो भाव भावना आस्पाविल्ल्यो आसात...!' बीजगुप्ताल्ल्या विचारधारेंन आतां विरुद्ध दिशा घेतली, ''म्हजों चित्रलेखावेलों मोग खरेंच मेलो? अशे कित्याक काय जालें म्हणटा! आरे, हांव कितलो दुबळो. एके बायलेचेर मोग करत आसुनूय दुसरीचेर तेच करत आसा. खरेंच, वास्तवांत मोग तात्पुरतें आसता?'

भोव गोंदळिल्ल्या अवस्तेंत बीजगुप्त नकळसो जावन रावलो. 'मोग हो तात्पुरतो' हाका पाळो दिवंक तो तयार नासलो. जरी तो स्वताच त्या अणभवातल्यान वतालो - ''ना ते शक्य ना. खरेंमोग इतल्या थोड्या काळाखातीर आसना - तशें आसल्यार नाकाजाल्लो वावर करूंक कित्याक भायर सरला? चित्रलेखार बदलो घेवंक म्हूण? ना, ना तें खरें न्ही -'' चित्रलेखाविशी ताच्या मनांत चुकूनलेगीत वायटाची भावना नाशिल्ली.

रथ यशोधराल्या घरादिकेन धांवक लागलो. जोरजोरांत धावंपी रथांतलेगीत बीजगुप्ताली येवजणेची सांखळी तुटली ना, ''आरे, संयमाचो होच अर्थ समजुचो. संवसारांत जे जाय ते स्वताल्याच पदरांत पाडून घेवपांत सगळे कांय म्हत्वाचे आसता? मागीर मनशांत आनी जनावरांत फरक तो कितें? दरेक प्राणी स्वताखातीरच जीवित रावता; प्रत्येक व्यक्ती मानवी भावनांची - म्हळ्यार जाणीवपूर्वक गिन्यान जोडून दुसऱ्याक शिकोवंक पावपी स्फूर्ती घेवन वावर करता. तेन्ना म्हज्यांत आनी पशूंत भेद तो कसलो? यशोधराले म्हजेकडेन लग्न जाल्ल्यान कसलें बरें परिणाम घडटले? एका दादल्यालें जिणें मात पुराय इबाडून वतलें - म्हळ्यार श्वेतांकालें. तो तर म्हजो मोगाच्या भावासारको. हांव म्हज्या स्वताच्या जीविताच्या नेमापसून खाला पडटलो. आनी तरीलेगीत यशोधराचेर निखटो मोग करूंक पावतलो?

बीजगुप्ताली तकली घुंवपाक लागली. अजुनूय ताच्या मनांत विचारांचो घुस्पागदळ चालूंच आसलो. - हालीं म्हजी मनस्थिती सारकी ना. आनी ती पयस करूंक हांव यशोधरालो हात धरूंक मुखार सरला. पुण फुडारा कशें जमतले? तशें घडप बऱ्याक पडपाचे ना. श्वेतांकाले जिणें दुखेस्त करूंक म्हाका अधिकार ना. हांवे म्हज्या जिणेची वाट नित्शीत केल्ली ती खासा विचारपूर्वक. आतां तांतूत यश मेळूं दी वा ना मेळूं दी - सुख लाबूं दी अथवा ना लाबूं दी म्हाका म्हजो मार्ग सोडूंक जायना. दुसऱ्याल्या सुखांत आडखीळ घालप आनी तेंय स्वताल्या खुशीखातीर हें निखटें नीचपणाचे, भिजूडतायेचे. यशोधराकडेन लग्न केल्यार हांव अन्याव करत आसाशें जातलें - दुसऱ्याचेर आनी म्हजेरूय. म्हज्या पिरायेत सुख आनी दुख्ख दोनूय वाटेकरी आसात. आनी म्हजे कर्तव्य आसा ते दोनी धिटायेन भोगप.''

तो मेरेन मृत्युंजयाल्या दारवटेर बीजगुप्तालो रथ येवन थांबलो. ताका बीजगुप्त आयिल्लयाची सुलूस मेळळी. तो भायल्या बसके वासरेर आयलो आनी दोगांली सुखरूपताय आनी प्रकृतीविशी वासपूस जाली. उपरान्त मृत्युंजयान विचाल्लें, ''आर्य, खंयच्या कारणान अचानक अशें हांगा येवचे पडले?''

सुरवेक बीजगुप्त मात्सों गणमणलो. ताणे स्पश्ट उतरांनी सांगले, ''म्हासामंत, हांव तुमचे कडेन तुमची धूव यशोधरा हिका मागणी घालूंक आयला.''

मृत्युंजयाल्या तोंडार एक ल्हव मुमुरखे हास्य पर्जळून गेलें.'' बीजगुप्त अजून कांय सांगचे आसा?'' ताणे परथें विचाल्लें.

मृत्युंजयाल्या हांसपाचो अर्थ बीजगुप्त समजलो. तोय हांसलो, ''आर्य, हांव म्हजेविशी मागणी घालूंक आयलो ना. आमचे संबंध आदीच स्पश्ट केल्यात. म्हजी सुचोवणी आसा ती वेगळीच. ती म्हळयार यशोधरालें लग्न श्वेतांकावांगडा करून दिवप. ताचेखातीर आयिल्लो. सांगचे म्हळयार श्वेतांक वयल्या कुळांतलो, आंकवार तरुण आसा. तो गोमटो तर आसाच. तसोच विनयशील आनी शिकिल्लोय आसा. खरें म्हळ्यार म्हज्या मत्तान तोच फावोसो न्हवरो आसा. घडये म्हजेपरस चड लायक म्हणयेत.''

बीजगुप्ताल्या ह्या सुचवणेचेर मृत्युंजयाक नवल दिसलें. ताची अटकळ आशिल्ली ती बीजगुप्त स्वताखातीर मागणी घालतलो. जाल्यार घडलें ते उरफाटेंच. श्वेतांकाविशी मागणी आयकून ताची वाचाच बसली. कांय वेळ वोग्गी रावन ताणें म्हळें, ''आर्य, श्वेतांक योग्य आसा खरो. पूण तो श्रीमंत घराण्यांतलो ना. तो सद्यांक तरी निर्धन आसा. अशा अवस्तेंत तुवें केल्ल्या मागणेचेर विचार करूंक लेगीत म्हाका जमचे ना.''

आतां अजाप पावची वेळ मात्र बीजगुप्ताचेर आयली. ताणे भासाभास मुखार व्हेली, ''जाल्यार म्हासामंत तुमी तर मोजदाद करूंक येवपाचे ना इतले दुडुवांकार आसात. आनी तुमका यशोधराशिवाय दुसरें कोणी नात.''

मृत्युंजय व्हडान हांसलो, ''आर्य, म्हज्या पयशां आडक्याचेर यशोधरालो कसलोच अधिकार ना. ताचो धनी म्हजो दत्तक घेतिल्लो चलो आसतलो. बीजगुप्त तू स्वताच लग्नाक कित्याक तयार ना हे म्हाका कळनाशें जाला.''

''ना, हांव आंकवारूच रावतलो आर्य. यशोधराले लग्न श्वेतांका वांगडा करूंक सामके कठीण वा असंभव आसा काय म्हूण विचारता.''

मृत्युंजयान सावकासयेन पूण नित्शयान सांगले, ''बीजगुप्त, श्वेतांक लायक आनी वयल्या कुळांतलो आसा हे मान्य. जाल्यार जो मेरेन तो श्रीमंतीचो धनी जायना तो मेरेन ताचो विचार.. करप व्यर्थ समज.''

बीजगुप्तान वोग्गी रावन कांय वेळ चिंतूपांत घालयली. अवचीत तो उलोवन गेलो, ''आर्य मृत्युंजय, हांवे श्वेतांकाक दत्तक चलो म्हूण आपणायल्यार? ताचे सावन तो म्हज्या

संपत्ती, धनदौलतीचो मालक जातलो. अशावेळेर तुमका कसलेच आडमेळे घेवपाची गरज भासची ना.''

''ना, ते शक्य ना बीजगुप्त. तुजी पिराय ती कितली. तू अजून युवावस्तेच्या निमण्या शिमेर उबो आसा. म्हजें आयकय बीजगुप्त. लागीच्या फुडारांत तूं लग्न कर म्हळ्यार तुजो खरो चलोच तुज्या उपरान्त तुज्या सगळ्या संपत्तीचो आनी वैभवाचो धनी जातलो.

''तुमी सांगले ते खरें आसा. तूर्ताक तरी हांवे लग्न न करपाचो निर्णय घेतला. फुडाराक मतींत कितें येतलें ताचें आजूच भाकीत करप चुकीचें थारतले. म्हजी अजून मागणी आसा ती श्वेतांकाले यशोधराकडेन लग्न करून दिवप आनी तेच योग्य दिसता. ती दोगांय सुखी जातलीच आनी तांचे खातीर हांव व्हडांत व्हड त्याग करूंक तयार आसा. आर्य, आत्ता ह्या वेळार हांव म्हजी सगळी संपत्ती, वैभव म्हज्या मालकीचे हेर सगळें श्वेतांकाक दान करता.'' मृत्युंजयाक मळबांतल्यात धर्तरेर धपकन आपटिल्लेवरी जाले, ''तुका खबर ना बीजगुप्त तू कितें करता तें. तुजें मन खरेंच थाऱ्यार ना.''

''म्हजी कसलीच चिंता करनाकात, म्हासामंत. म्हजी सगळी धन-दौलत, श्वेतांकाक दान दिली म्हूण आतांच स्पश्ट सांगले न्हय? तुमीच हाचे साक्षी आसात. आतां रावली ती सामंत पदवीची गजाल. हाचेखातीर राजाज्ञेची गरज आसा. तेविशी हांव सम्राट चंद्रगुप्ताक आजूच मेळून ताची वेवस्ता करून दिता. आतां तुमच्या मनासारकेच जातलें आनी श्वेतांकाल्या लग्नाविशी आडमेळें आसूक नजो.''

आर्य मृत्युंजय बीजगुप्तासर अजापान विस्फारिल्ल्या दोळ्यांनी एकटक पळयत रावलो, ''हांव तुका अजून एक संद दिता, बीजगुप्त. एक फावट विचार कर. तुज्या सुचोवणेक पाळो दिलो म्हणटकीर परथून मागशी वचूंक तुका शक्य जावचे ना.''

बीजगुप्तान एकेका उतरांचेर जोर दीत म्हळें, ''आर्य मृत्युंजय, हावें जें कांय सांगलें तेंच हांव करतलो. हांव खऱ्यांतलो मनीस आसा, दिल्ले उतर फिरोवपाचे म्हज्या नीतिंत बसना''

''तर तुजी मागणी म्हाका मान्य आसा,'' मृत्युंजयान भियेत भियेत आनी थरथरत्या आवाजांत मान्यताय दिली. त्या सरशीं बीजगुप्त उठून उबो रावलो, ''हांव आतां रोखडोंच भायर सरता. आनी दानपत्र तशेंच राजाल्या आज्ञेची वेवस्ता आजूच जातली. उशीर करपांत कांयच अर्थ ना. लग्न मुहूर्ताचे तुमीच नित्शीत करात.''

मृत्युंजयान उठत आसताना सांगले, ''बीजगुप्त, हांवे संवसारांत जायतो अणभव घेतलो. पूण खरें सांगता, तू मनीस न्हय, - देवासारखो आसा''. मृत्युंजयाल्या दोळ्यांत आनंदाची दुकां भरून आयिल्ली.

बीजगुप्त आपणाल्या घरा पावलो. भराभर चलत तो श्वेतांकाल्या कुडासरी पावलो. तो अजून न्हिदून आसलो. ताचें पांगरूण भिजिल्लें अशें दिसतालें. ताच्या दोळ्यांतली दुकां

पोल्यार देंविल्ली आनी जंयथंय ओलसाणेच्यो रेगो दिसताल्यो. बीजगुप्तान श्वेतांकाक उठयले. ताका जाग आयली तशें ताणे बीजगुप्ताक सामकार पळेंलें. बेगोबेग तो सटसटीत उठून उबो रावलो आनी ताणें नमळायेन विचाल्लें, ''धनी कसली आज्ञा?''

''हाचे मुखार म्हाका धनी म्हणपाचे ना - सामंत श्वेतांक!!''

विस्फारिल्ल्या नदरेन पळयत श्वेतांकान विचाल्लें, ''हे आनी किते? अशें कित्याक म्हणटात धनी?''

''हांव जे सांगत आसा तें खरें आसा श्वेतांक. ध्यान दिवन आयक, हावें तुजी लग्नाची मागणी आर्य मृत्युंजयामेरेन पावयली. ताणे अदीमदीं आडखीळ घाली खरी, पूण ते सगळे पयस करूंक हांवे म्हजी सगळी धनदौलत - पयसो आडको आनी सामंत पदवी लेगीत तुज्या नांवान केल्या. ते देखून तुजें लग्न यशोधरा सांगाती करूंक ताचे आतां कसलेच आडमेळें नात.''

श्वेतांक कांय वेळ अचळ आनी वोग्गी रावलो. अजापान फुलिल्ले मोटे मोटे दोळे आनी थीर दिश्टीन तो बीजगुप्ताक पळेतूच रावलो. उपरान्त अचकीत ताका रडूंक आयले, ''ना, ना धनयानू, म्हाका हाचेर हयकार दिवंक जमचे ना. हांव कितलो पापी आसा. धनी, म्हाका क्षमा करात - हाव हांगाथान म्हज्या पुर्विल्ल्या आस्रमांत चल्लो. ताचे पयली एक मागणें मागता. म्हज्या चुकांक माफ करात. आर्य, हांवे तुमचे बरें जिणे इबाडलें. अशा हीण, लाचार मनशार तुमी कित्याक म्हूण जीव लायलो. अशा तरेचे जिणें म्हाका केन्नाच आपणावचे ना.'' अशें म्हणत ताणे बीजगुप्ताल्या पांयार लोटांगण घालें.

बीजगुप्तान श्वेतांकाक हाता आदारान उठयले, ''श्वेतांक, जें कितें घडूंक जाय आसलें ते घडलें म्हणपाचे. अजून तुज्या काळजांत म्हजेंविशी इल्ली जरी इश्टागत, आदर आसल्यार हांव सांगता तशें कर. ह्या जगांत म्हाका फटास थारावनाका. ह्या वैभवाचो गरजेपरस चड भोग हांवे घेतला. आतां ताचो पुराय वाज आयला. हाचे फुडारा तू ताचो सुवाद, अणभव घे. तुज्या बऱ्याकूच सांगता. ही संद नाकारनाका. तयारी कर आनी म्हज्या सांगातान चल. दानपत्र आनी पदवीविशी राजाज्ञेची वेवस्ता रोखडीच करूंक जाय.''

❊❊❊

...२२...

चित्रलेखा परथून पाटलीपुत्र नगरीतल्या महालांत येवन रावली. जाल्यार तिणे बीजगुप्ताली भेट घेतली ना. ताका प्रत्यक्ष मेळूंक ती अनमनताली. ताच्या सामकार ती गुन्यावकार थारताली. आनी ताकालागून तिचें मन थतरवितर जाल्लें. अशा दशेंत ती बीजगुप्ताक वाटावन रावताली.

आपणाल्या वैभवान उपाट भरिल्ल्या सुखदिण्या महालांत हालीसर जपतप, साधनेचो पालव धरून जियेवपाक तिणें सुरुवात केली. अशा जिणेंत तिका शांतताय मेळटाली. ती पच्छतापाच्या उज्यांत हांसत हांसत जळून वचूंक तयार आसली. तिका स्वतालीच अळशीक सदांकाळ जाणवताली. दीस रात रडत घालोवप हो तिचो नित्याचो क्रम आनी मुखेल वावर जाल्लो.

ती बीजगुप्तार खऱ्यान मोग करताली. ताचेविशी कितलो मोग काळजांत लिपून आसा हाचो अणभव खूब म्हयन्याचो विरह सोसून जाल्ले उपरान्त तिका कळून आयलो. कुमारगिरील्या आततायीपणाक लागून ती भश्टल्ली आनी आपणाल्या अविचाराचेर एके अवचित खिणांक आपणालें सगळें काय ओंपून रिती जाल्ली. ती बीजगुप्तार चड म्हळयार शीमेभायर मोग करताली. ताचेसावन ताका फटवप वा ताचें लुकसान करप तिच्या मनांत केन्नाच आयलें ना. तिणे गुन्याव केल्लो - पाप केल्लें आनी त्या पापाचे प्रायश्चीत म्हूण सोंसपाक भोव कठीण अशा - निर्शेणीन उपाट भरिल्ल्या - उज्याच्या भगभगेत हुल्पून गेल्यार खऱ्यान बरे जातासलें अशें तिका सदांकाळ दिसताले. जितली ती अदीक जळून वताली तितलें अदीक सुख तिका मेळटालें. जितली ती अदीक रडटाली ताचे परस खूबूच चड मनाक शांती मेळटाली आनी समाधान मेळटालें.

अशा तरेच्या घटिचारांत एक म्हयनो सरून गेलो. एक दीस ती अशीच पच्छत्ताप करीत बशिल्ली आसतना एके दासीन सुलूस दिली, ''आर्य श्वेतांक भेट मागता.'' ती अचर्येन उठून उबी रावली. बीजगुप्ताल्या लग्नाचे आमंत्रण घेवन आयला काय अशें तिका मनांत दिसलें. त्याच विचारांत तिणे लगबगीन विचाल्लें, ''खंय आसा? चल हांवूंच येता थंयसर.''

सोयऱ्यांक येवकार करपी वासरेंत बसून श्वेतांक चित्रलेखाली वाट पळेतालो. ती नदरेमुखार आयली तेन्ना तो कुवाड्यांत पडलो, - तिच्या मुखामळार फिकटसाणेची सया पातळिल्ली - ती निर्शेणीची कुरू आसली. शरीर पुराय भागिल्ले. तिची सोबितकाय आतां इबाडिल्ली. न्हय, ती काळवंडिल्ली. तिका वळखुपाचें मात्शें कठीण जाल्लें. ताणे नमळायेन विचारपूस केली, ''आर्ये, तुजी ही दशा अशी कशी जाली?''

''हालीं बरी आसा.'' अशें म्हणत ती आसनार बसली. कांय वेळ दोगांय नुलयत बेठीच बसून रावली. उपरान्त चित्रलेखा हळुवारपणान उलयली, ''आर्य बीजगुप्त खुशाल आसात मूं?''

श्वेतांकाल्या तोंडार एक खंतीची भावना नकळत झळकून गेली, ''आर्य बीजगुप्त सुखरूप आसात. जाल्यार तांचेत आतां खूब बदल घडल्यात.''

''बदल घडल्यात?'' चित्रलेखाली उत्सुकताय वाडली, ''कसलो बदल आनी ताणी लग्न केलें ना काय म्हूण विचारतां?''

मात्शें हांसून आपणाले तोंड लिपयत श्वेतांकान जाप दिली, ‘‘आर्य बीजगुप्त अजून आंकवार आसा. लग्नाक मात हांव उबो रावला. आर्य मृत्युंजयाली चली यशोधराकडेन म्हजें लग्न थारला आनी ताचेंच आमंत्रण घेवन हांव हांगासर आयलां. कितें सांगू आर्ये, म्हजेखातीर आर्य बीजगुप्त एक व्हड त्याग करून रावल्यात, आतां म्हाका ते देवासमान. आर्य मृत्युंजय म्हाका जांवय म्हूण पत्करूंक तयार नासलो. कारण हांव पडलो गरीब - निर्धन. सामंत बीजगुप्तान आपणाली सगळी सगळी धनदौलत, मान-मरातब तशेंच सामंत पदवी बी म्हाका अहेर केली. आनी ते हे नगर सोडून वचपाचे आसात. फकत म्हजेखातीर म्हजो लग्न सुवाळो सोपेमेरेन ते हांगा रावल्यात.’’

चित्रलेखाल्या हड्ड्यांत धडधडूंक लागलें. तिच्या दोळ्यांत सरसर दुकां भरून आयली, ‘‘बीजगुप्तान इतलें सगळें केलें? आरे श्वेतांक, हो सगळ्यांत व्हडलो त्याग आसा. हाचें मुळावेंत हांवूच कारण. तरीपूण श्वेतांक तुजें अभिनंदन करतां. तुजो लग्न सुवाळो केन्ना आसा?’’

‘‘येवपी सप्तकांतल्या आयतारा. सोमाराक प्रीतिभोजन थारायला. तेन्ना सम्राट चंद्रगुप्त आनी ताचे राज्यकारभारी अदीक तांचे सामंतगण येवपाचे आसात. त्या वेळार तुजी हाजिरी सामकी गरजेची जाल्या.’’

‘‘श्वेतांक म्हाका क्षमा कर - हांव आनी केन्ना तरी येन. प्रीतिभोजनाक हांव येवचे ना हे नित्शीत. तसो आग्रो करूं नाका. हालींसार हांवे वेगळे जिणें आपणायलां. अशा तरेच्या सुवाळ्याक हजर रावप बरोबर जावपाचे ना.’’

‘‘चित्रलेखा तुवें म्हाका भाव मानला. तेन्ना म्हज्या विनंतीक पाळो दिवंकच जाय.’’

‘‘म्हज्यांत आतां तें बळगें उरलेंना श्वेतांक. तुका खबर आसा म्हजो नित्शय घट आसता. एकवेळ थारायले तें केन्नाच बदलपाचें ना. खरें सांगता भयणीली माया आसा पूण ती व्हडल्या भयणीली. आतां तू वच. हांव केन्नाय एक दीस तुका मेळूंक येन.’’

‘‘जशी तुजी इत्सा. परंत एक गजाल सांगलें बगर रावंक जायना. सोमारा रातीकूच आर्य बीजगुप्त देशविदेशाची भोवंडी मारूंक म्हूण नगर सोडून वतले. बरें, विचार करून तूच थाराय.’’

‘‘आरे देवा, बीजगुप्त त्याच राती नगर सोडटले?’’, चित्रलेखा गणमणली, जाल्यार दुसऱ्या खिणाक तिणे स्पश्ट आंवाज्ांत म्हळें, ‘‘पूण ताचें म्हाका कितें पडला काय म्हणटां, म्हज्या निर्णयांत कांयच फरक पडपाचो ना.’’

श्वेतांक उठून उबो रावलो, ‘‘जशी तुजी इत्सा.’’



श्वेतांकाले लग्न जालें. प्रीतिभोजनावेळार सम्राट चंद्रगुप्तासाथीन तांचे अधिकारी आनी हेर आमंत्रित बी आयिल्ले. त्यादिसा बीजगुप्त स्वताजावन सगळ्यांक येवकार करतालो. जायताचेकडेन तो हांसून उलयतालो जाल्यार ताचें काळीज मात हुल्पतालें. चित्रलेखाली गैरहाजिरी ताच्या मनांक भोव लागली. पाटलीपुत्रनगर सोडचे पयली निमाणे एक खेप तरी चित्रलेखाल्या भेटीची आस्त ताणे बाळगिल्ली जाल्यार चित्रलेखाले अखेरमेरेन दर्शन घडलेंच ना.

जेवणाउपरान्त सम्राट चंद्रगुप्तान श्वेतांकाले अभिनंदन केले आनी ताका सामंत म्हूण संबोदलें. सम्राटाली नदर सहजशी जेन्ना बीजगुप्तार पडली. रोखडेंच ताणें ताका आफोवन घेतलें. ताचो हात आपणाल्या हातांत घट्ट धरून ताची विचारपूस केली. सम्राट उबो राविल्लो पळोवन ताच्या पंगडांतले सगळेजण आपापल्या जागेर उठून उबे रावले. लग्न मंडपात शांतताय पातळली तशें सम्राटान बीजगुप्ताकडेन पळयत जमिल्ल्यांक संबोदून सांगले, ''बीजगुप्त, तू एक महात्मो आसा. तुंवे जें घडपासारखें नासलें ते घडोवन दाखयलें. तू मनीस न्हय देवासारखो आसा. आयज भारत देशाचो सम्राट चंद्रगुप्त तुज्या सामकार नतमस्तक जाता.'' इतलें सांगून ताणे बीजगुप्ताक हात जोडून मान बागयली. सुवाळ्याक जमिल्ल्या सगळ्यांनी एकेक करून बीजगुप्ताक आदरासयत प्रणाम केलो. बायलाल्या पंगडांतल्यान हिमटीकाडून रडपाचे आवाज आयकूंक येताले.

बीजगुप्तान सम्राटासामकार मान बागोवन नमस्कार करून नमळायेन म्हळें, ''म्हाराज, ह्या तरेच्या आदराक हांव खरोच लायक ना. तूर्ताक हांव देशविदेशांत भोवंडी मारूंक वता आनी तेंय निर्धन अवस्तेंत... म्हाका आशीर्वादासयत निरोप दियात इतलेंच मागता.'' आनी बीजगुप्तान लग्नघराच्या दारवट्यावटेन तोंड फिरयलें. आमंत्रित सगळें ताच्या वाटेर दोनूंय बगलेन ताका मानवंदना दिवंक ओळीन उबे रावले. तांच्या मदल्यान बीजगुप्त चलत गेलो. ताच्या मुखामळार एक आगळें सात्वीक हांसप उपजल्लें आनी तांतूत एक वेगळीच पर्जळ दिसून येताली. बीजगुप्तान मेळयिल्ल्या अपरूपशा शांतीच्या आनी त्यागाच्या व्हडविकायेंत ताचो पुर्विल्लो वैभवाचो आनी बळिश्टतायेचो दबाजो केन्नाच कडसरून शेणून गेल्लो.

लग्न मंडपाभायर बीजगुप्ताले सेवेकार आनी सेवेकान्नी ताचीच वाट पळेताले. तो सामकार येतकूच ते सगळें रडूंक लागले. बीजगुप्त एक खीणभर थांबलो. ताणे दरेक व्यक्तींचेर नदर घाली आनी सांगले, ''तुमी श्वेतांकाक म्हजेंवरीच समजा आनी म्हाका विसरून वचपाचे यत्न करात.'' हे आयकून सगळ्यांक आनीकूय व्हडान रडूंक आयले. कायजणांनी फुडाकार घेवन म्हळें, ''आमी बी तुमच्या सांगातान येतात.''

बीजगुप्त मात्सो गंभीर जालो, ''कितें आयकता हांव? म्हज्या आज्ञेक तुमी पाळो दिवन हांगाच रावतले, कोणी एक हांगाथान हालचो ना.'' आनी ताचो मान राखूंक सगळे शांत

जाले. आपणाली समजावणी आपुणूच करून घेत ते फाटल्यान सरले तशें बीजगुप्त ताकतिकेन भायर सरलो.

अर्दी रात सरून गेल्ली. नगरींत चोंयवशीन किण्णताय पातळिल्ली. बीजगुप्त ल्हवू चालीन मार्ग चलतालो. भिकाऱ्यावरी तो पायपीट करतालो. ताच्या आंगार सामान्य लोक घालतात तसलो पोशाक दिसतालो. तशा दशेंतूय तो कांय चांदीची नाणी बाळगून आसलो.

बीजगुप्ताल्या कानार कोणालो तरी पावलांचो आवाज पडलो. तो आवाज ताचेच दिकेन लागी, लागी येतालो तसो व्हड, व्हड जायत गेलो, तेन्ना बीजगुप्तान मागशी वळून पळेंले. काळखांत ताका कांयच दिश्टीक पडले ना, म्हणटकीर तो मुखार सटसटीत चलत रावलो. कांय वेळान पावलांचो आवाज चड स्पश्ट आनी लागसार पावलो. त्या किण्ण काळखांत आपणाली पुराय कुडी वस्त्रांनी धांपिल्ली अशी एक व्यक्ती नदरे पट्ट्यांत आयली. ती सामकी म्हऱ्यांत येवन फुतफुतली, ''म्हज्या देवा!!''

बीजगुप्ताले चलप अचकीत थांबले, ''कोण तू?''

''म्हज्या देवा म्हाका क्षमा कर,'' इतलें म्हणत आसतनाच त्या व्यक्तीन बीजगुप्ताल्या पायांर लोटांगण घालें. बीजगुप्त वळखलो आनी तो किळांचलो - ''चित्रलेखा?''

बीजगुप्त तिका बगल मारून उबो रावलो. ताका तिडक मारली, ''पापिणी, म्हजें जिणें पाड घालपी तूं. आनी हांगा कित्याक आयल्या? वच म्हजेपसून पयस राव. चल ऊठ,'' ताचो राग अनावर जालो. ''आता सगळें सोंपिल्लेवरीच आसा. ह्या अशा वेळार म्हजेंसर आयला कित्याक?''

''म्हज्या देवाली पांयधूळ कपळाक लावंक, ताची पूजा करूंक.'' म्हणत चित्रलेखा स्वता उठून उबी रावली, ''धनी हांवेच तुमचे जियेवप पुराय इबाडिल्लें. हांवेच तुमका मातयेत मेळयलें. म्हाका तुमी स्राप दियात, दंड दियात वा खोटान मारात परंत म्हजो दुस्वास करूं नाकात.''

बीजगुप्ताले आंग रागान थरथरूंक लागले. ताणे दाटिल्ल्या खर्ज सुरांत म्हळें, ''चित्रलेखा, सगळें कांय आतां सोंपला. तुवेंच तर सगळें सोंपून उडयलें. तूं योगीलो आस्रम सोडून आयलें ना आनी हांव पुराय निर्शेणीन खचलो. आतां ह्या वेळां म्हाका विचळीत करूंक कित्याक आयला? आतां म्हजेकडेन कांयच, म्हळ्यार कांयच शिल्लक ना - ना काळजांत उमळशीकाय, ना हातांत पयसो आडको, ना ते पयलेचें वैभव. घडपाचें ते घडून गेले.''

चित्रलेखान बीजगुप्तालो हात घट्ट धरलो, ''ना, आता हांव तुमका पयस वचूंक दिवचें ना. धनी, फकत एक दीस म्हज्या घरांत सोयरे म्हूण रावात ही नमळायेची विनंती. जंयखंय वचपाचे आसा ते फाल्या उपरान्त थारायात. त्या वेळार हांव आडखीळ घालपाचे ना.''

बीजगुप्तान आपणालो हात सोडोवन घेतलो, ''म्हज्या मुखाल्ल्यान कुशीक सरक नर्तकी. बरे भशेन सांगता बाजून सरक. आतां तू म्हाका धरून रावंक शकचे ना. तुज्या नश्टेपणाच्या वावराचे परिणाम कितें घडत आसतले ते फकत पळेत राव, ताचेर हांसत राव. चल कुशीक, म्हाका वचूं दी.'' आनी बीजगुप्तान चलूंक पाय उखललो मात चित्रलेखान ताचे दोनी पांय घट्ट धरले.

''हांव सांगता तुमका वचूंक दिवचे ना म्हूण. म्हजें सांगातान म्हज्या महालामेरेन येवचेच पडटलें. आर्य बीजगुप्त. आरे म्हज्या देवा.... म्हजे वयलो तुजो सगळो मोग आटलो काय म्हूण विचारता... म्हजो धनी तूच....'' आनी तिचो दुख्खावेगाचो बांध फुटून ती हुंडकेवन रडूंक लागली.


तिची जाल्ली दशा पळोवन बीजगुप्त स्वताक सांबाळूक पावलो ना. ताणें म्हळें, ''आरे, अद्रुश्टा, म्हज्यांतलो मोग साप्प मरून गेला. ना जाल्यार म्हाका म्हजें वैभव कित्याक सोडचें पडटासलें? चित्रलेखा खरें सांगता, तुज्यावयली प्रीत म्हज्या काळजांतल्यान कायमची नश्ट करपाची म्हजी इत्सा आसली. जाल्यार तशें घडूं शकलें ना. आनी तशें घडपाचेंय ना.'' ताणें चित्रलेखाक हाताक धरून उठयलें. तिका तो मोगान गोपांत घेवंक पळयतालो; जाल्यार ताची सुलूस लागून ती बीजगुप्तापसून चटकन पयस जाली, - ''ना म्हज्या देवा - म्हज्या कुडीक आफुडनाका. हांव अपवित्र जालां - म्हजेकडसून पातक घडला. हांव पापी आसा. एकूच मागणी मागता - दया करून म्हज्या महालांत येयात, थंयसर फकत एक दीस रावात आनी म्हाका पवित्र जावंक मजत करात. म्हाका मेळिल्ल्या स्रापाच्या उज्यांत हुल्पोवन - अग्निदिव्यातल्यान तापून, सुलाखून - पवित्र करून घेयात.''

''चल तर'', बीजगुप्तान म्हळें, ''आख्ख्या संवसारांत तुजी एकटीली विनवणी हांव नाकारूंक शकना. म्हाका अजून जितलें चरित्रहीण करपाचे बाकी आसा तितलें कर. पूण ताचें आदीं म्हाका एक उतर दी - फाल्या तू म्हाका म्हज्या नित्शयापसून आडावपाचें ना म्हूण'' बीजगुप्तालो राग उणो जाल्लो.

''उतर दिलें म्हज्या देवा; म्हजेर भरवंसो दवरात.''

चित्रलेखा बीजगुप्तासांगातान आपणाल्या महालांत पावली. तिणें बीजगुप्ताली न्हिदपाची वेवस्ता केली, ''धनी, तुमी आतां विस्रांती घेयात. फाल्या सकाळी तुमकां सगळें कितें मन उकतें करून सांगता.'' इतलें सागूंन तिणे बेगोबेग थंयसरच्यान पांय काडलो. बीजगुप्त नवलायेन तें सगळें पळेत रावलो.

दुसऱ्या दिसा सकाळी चित्रलेखा बीजगुप्तासरी आयली, ''धनी, तुमच्या पांयाचेर म्हजें माथें तेकवंक मान्यताय मागतां.'' बीजगुप्ताक कुवाडे पडलें हे आनी कितें? ताणे विचाल्लें, ''कित्याक म्हूण सांगतलें काय ना?''



“हांव म्हाकाच पवित्र करून घेतां. धनी हांवे म्हज्या पुर्विल्ल्या जिणेक सोडचीट दिल्या. कुमारगिरील्या कामुकतायेक हांव शिकार जालें. ताच्या सतावणेक कंटाळून त्या भिरभिरेंत हांवे म्हजी कुडी ताका सोंपयली आनी ती आतां परथून पवित्र करूंक जाय,” अशी सुरवात करून तिणे बीजगुप्ताक ताका सोडून गेल्ल्यापसूनचे सगळे घटिचार आयकायले. “धनी, आतां तुमच्या ध्यानांत आयलें आसूंक फाव. - काल हांव तुमच्या म्हऱ्यांत कित्याक आयलें ना ते.!!”

“सामकीच ल्हान गजाल म्हणपाची,” बीजगुप्त हांसलो, “चित्रलेखा, तुवें भोव व्हड चूक केली. तू म्हाका समजून घेवंक शकले ना. तू म्हजेकडेन क्षमा मागता. बरें दिसलें. जाल्यार, चित्रलेखा, मोगांत एक त्याग आसता, पुरायतरेन स्वताक विसरप आसता, दोगांत एकरूप जावपाचे आसता. मोगाल्या वाठारांत कसलोच गुन्यावकारी आसना, तेन्ना क्षमा कर म्हूण कित्याक विनंती करता. तरी पूण म्हजेकडसून वदोवन घेवंचेच आसल्यार, म्हणता - ‘हांवे तुका क्षमा केली’! आतां तरी जालें मनासमाधान?”

चित्रलेखान बीजगुप्ताल्या दोनी पांयांक घट्ट वेंग मारून म्हळें, “धनी, आतां म्हजो स्वीकार करात.”

“हे कशें घडटलें चित्रलेखा? हांव आतां गरीब - निर्धन, भीकमागो जाला. म्हजो पयसो - आडको, वैभव सगळें, सगळें दिवन उडयलां. आता तें शक्य ना”, बीजगुप्तान सुस्कारो सोडलो.

“धनी,,, म्हजेकडेन अमाप धनराशी आसा. हांव तुमचें जालें म्हणटकीर म्हजी धन-संपत्ती ही आतां तुमचीय जाली. तेन्ना तुमी निर्धन कशेतरेन? आनी स्वताक भिकारी, भीकमागो ही दूशणां कित्याक लावन घेतात?”

“चित्रलेखा, तें सगळे म्हजें कामाचे नात. हांव वैभवाचो त्याग करून आयला ते परथून आपणावंक न्हय. तांका कायमचेच नाकारला. एक मात करूं येता - तुका निर्धन - गरीब अवस्तेंत स्वीकारूंक शकतलो. तुका जमतले काय पळय. विचार कर.”

चित्रलेखा उठून उबी रावली, “तुमच्या मताप्रमाण घडटलें. धर्तरीर आमी दोगांय निर्धन जावनूच भायर सरूंया. मोग आनी निखटों मोगाचोच आमका आधार आसतलो. ...म्हज्या देवा म्हजी सगळी धनसंपत्ती, आजूच दान करून उडयतां. आयज रातीच थाव नाशिल्लया ह्या संवसारांत मोगा व्हडयेर बसून भोवंडी मारूया.” चित्रलेखालें मुखामळ अचकीत पर्जळून उठलें. तिच्या दोळ्यांत एक प्रकारची ज्योत पेटिल्लिशी दिसताली. तिचो आत्मो धादोसकायेन उचांबळिल्लो.

बीजगुप्तान चित्रलेखालो हळूच एक उमो घेतलो आनी संथपणान म्हळें, “आमी दोगांय कितली सुखी आसात!!”

❊❊❊

...समाप्ती...

एक वर्साउपरान्त -

म्हाप्रभु रत्नांबरान विचाल्लें, ''शिश्य श्वेतांक तुजें लग्न जालें आनी गिरेस्तपणांत प्रवेश केलो. आतां सांग बीजगुप्त आनी कुमारगिरी हांचेमदीं कोण पापी आसा?''

श्वेतांकान मान बागोवन प्रणाम करीत म्हळें, ''गुरुदेव, बीजगुप्त देवासमान आसात. संवसारांत ते त्यागाची मूर्तिमंत देख आसात. आता कुमारगिरीविशी थोडें - ते पशूसारखे स्वताखातीरूच जगले. संवसारांत तांचें जियेवप केन्नाच आनी कोणाकूय उपकाराक पडपी ना. ते सभाविक जिणेच्या नेमा उरफाटे जगतात. आपणाल्या सुखाखातीर संवसारांतल्या अडचणीचेर मात करपाचे सोडून जगाचेर फाट फिरोवन जगले. त्या कारणासावन ते पापी म्हणपाचे.''

''आनी शिश्य विशालदेव, तुका जप-तप योग-साधनेची दीक्षा मेळ्ळी. आनी आतां तू 'योगी' लायक जालो. आता तुज्या मताप्रमाण बीजगुप्त आनी कुमारगिरी ह्या दोगांमदीं कोण पापी आसा?''

विशालदेवान गुरुदेवाक मान बागोवन प्रणाम केलो, ''योगी कुमारगिरी अजेय आसा. ताणी 'ममत्व' जिखला आनी संवसारापसून बऱ्या वयल्या पावंड्यार येवन थीर जाल्यात. तांची साधना, तांचे गिन्यान आनी मनावयलो संयमाचो ताबो पूर्ण आसा. आनी बीजगुप्त. तो सामको विकाराचो गुलाम. तार्चे जियेवप जगान दुस्वास करपी भोगविलासांत - पापाच्या वाठाराचो तो एक भाग. देखून बीजगुप्त पापी समजता.''

आचार्य रत्नांबरान निमाणे सांगलें, ''तुमी दोगेजाण विंगड विंगड भोंवतणेंत रावले आनी ताकालागून 'पाप' हे विशयीच्या तुमच्या माताचो वेगळोचार जाला. आतां तुमका निरोप दिवपाचो वेळ आयला. म्हजेकडसून शिकपाक जाय आसलें ते पुराय शिकून जाला. तरी पूण अखेरचो म्हूण तुमका एक उपदेश करता -

''संवसारांत पाप आनी पुण्य अशें कांयच नासता. ते मनशाल्या आपणाल्या नदरेंतल्यान पळोवपाचे वा विचारसरणीचें दुसरे नांव आसा. जल्मापसून दरेक जण एक खाशेल्या मनाची ओड घेवन आयिल्लो आसता आनी जगाच्या माचयेर आपणालो एक अभिनय तो सादर करीत आसता. आपणाल्या अंतर्मनातल्या धारणेंतून स्फूर्त घेवन तो आपणाक जाय त्याच तरेन वागता आनी ताकाच आमी व्यक्ती व्यक्तीलें खाशेलपणाचे जियेवप म्हणटात. ह्या संवसारांत मनीस जे कितें करता ते त्याच्या मूळ सबावाक धरून. आनी सबाव तर निसर्गाची देणगी. मनीस स्वताचो असो धनी जावंक शकना कारण तो भोंवतणेचो गुलाम आसता.

ताका इतरांचेर निंबून रावचे पडटा. तो कर्ता न्हय तर फकत एक साधन मात जाता. देखून पापाची आनी पुण्याची लक्षणां वा तांची शीमेची थारावणी सारखी बदलत आसतात.

मनशांत 'ममत्व' - हांवकार हो मुखेल भाव. दरेक मनशाक सुख जाय आसता. परंत निखटें सुखाचें केण वा मदेवर्ती थळ हे विंगड विंगड आसतात. कोणी पयसो आडको हांतूत सुख पळेता, कोणाक सोरो पिवपांत सुख मेळटा, कोण शिंदळकीत सुख सोदता आनी ताचें उरफाटें कांय जण त्यागांत सुख मानतात. मथितार्थ एकूच - जो तो सुखा फाटल्यान धांवत आसता. ह्या जगांत कोणूच आपल्या इन्सेप्रमाण असलें कसलेंच काम करना जे दुखदिणे आसता. मनशाली विचारधारा सदांकाळ सुखाकडेन ओडिल्ली आसता. जाल्यार सुखाकडेन पळोवपी दिश्टी मात प्रत्येकाली वेगळी वेगळी आसता. ताकालागून फोडणिशी वा लक्षणां कोणेच तयार केली नात, आनी तशें सांगुकूय पावचें नात. आमी पाप करनात तशें पुण्यय जोडनात, आमी तेंच करतात जें आमका मुजरत करचें पडटा."

म्हाप्रभु उठून उबे रावले, "हे म्हजें मत जाले. तुमी सहमत आसात वा ना हें हांव नकळ. आनी तुमी ते मान्य करात असो तुमचेर हांव दबाव हाडूंक शकना आनी तशें करचो बी ना. संवसारात परथून वचात आनी सुखी, आनंदी रावात. होच म्हजो तुमका तूर्ताक आशीर्वाद."

❊❊❊



"........ संवसारांत पाप आनी पुण्य अशें कांयच नासता. ते मनशाल्या आपणाल्या नदरेंतल्यान पळोवपाचें वा विचारसरणीचें दुसरे नांव. जल्मापसून दरेक जण एक खाशेल्या मनाची ओड घेवन येत आसता आनी जगाच्या माचयेर आपणालो एक अभिनय सादर करीत आसता - म्हळयार अंतर्मनांतल्या धारणेंतून स्फूर्त घेवन तो आपणाक जाय त्याच तरेन वागता. ताकाच आमी व्यक्ती व्यक्ती मदलें वेगळें जिणें म्हणटात. ह्या संवसारांत मनीस जें कितें करता ते ताच्या मूळ सबावाक धरून आनी सबाव तर निसर्गाची देणगी. मनीस स्वताचो असो धनी जावंक शकना कारण तो भोंवतणेचो गुलाम आसता-ताका इतरांचेर निंबून रावचें पडटा. तो कर्ता नासून फकत एक साधन जाता आनी ताकालागून पापाची आनी पुण्याची लक्षणां वा तांची शीमेची थारावणी सारखी बदलत आसतात.........."

प्रभाकर नाडकर्णी हांगेली ह्या आदीची पुस्तकां-

- गजलप्रभा
- शिशिरांतली शेंवते फुलां
- वळेसर शेर शायरीचो
- हांव एक बुदवंत

ISBN NO. : 81-88202-03-7